उदय भेंब्रे

अस्मितायेचो कसाय

अस्मितायेचो कसाय

उदय भेंब्रे

संजना पब्लिकेशन्स
सांगें - गोंय



Asmitayecho Kasaay
(compilation of selected articles)
by
Uday Bhembre
udaybhembre@gmail.com

अस्मितायेचो कसाय

'लक्ष्मीप्रभा' घोगळ,
पोस्ट फोतोड्डें, गोंय
403 602
फोन: 0832 2731661

प्रकाशक :
संजना पब्लिकेशन्स,
39, दत्तवाडी, सांगे, गोंय
403 704
sanjanapublications2@gmail.com
प्रकाशन क्रमांकः 37
पयली उजवाडावणीः 2015

टायप सेटिंग, छापणावळ :
बांदेकार ऑफसेट,
कुडचडें, गोंय
bandekaroffset@gmail.com
फोन: 9422437236

मुखचित्र : गौरीश वेर्णेकार

मोलः रू. 200/-

ISBN 978-81-931381-8-2

अर्पण पत्रिका

19 जुलय 1985:
गोंय दमण-दीवचे विधानसभेंत
लुईझिन्यु फालैरो हांणी
कोंकणीक राजभास करूंक
खाजगी विधेयक मांडपाचो यत्न केलो.
सरकारान आरंभाकूच ताका विरोध केलो
आनी तें विधेयक भायर पडलें.
कोंकणी चळवळींत सगल्यांकूच वायट दिसलें
मात् कोंकणी अस्मितायेच्या
एका स्वाभिमानी पुताक
तो कोंकणी भाशेचो खर अपमान दिसलो.
तो 10-12 जाणांक मेळ्ळो
आनी त्या अपमानाचो निशेध जावंक जाय
असो आग्रो धरलो.
त्या 10-12 जाणांनी फुडाकार घेवन
पणजे निशेधाचो व्हड मोर्चो काडलो.
तो गाजलो.
ते घडणुकेंतल्यान 'कोंकणी प्रजेचो आवाज'
ही संघटणा जल्माक आयली.
ते संघटणेन 3 हावेस मुखार दवरून
वर्सभर खर आंदोलन चलयलें
आनी 7 वर्सां मर्दी ते तिनूय हावेस साध्य केले.
ज्या स्वाभिमानी मनशान आरंभाचें पावल घालें तो
श्री. बाबली रा नायक.
लेखांचो हो झेलो
ताच्या स्वाभिमानाक ओंपला.

मांडावळ

विशय आयचे आनी घडये, फाल्यांचेय...

'राष्ट्रमत' दिसाळ्याच्या 'ब्रह्मास्त्र' स्तंभांत हांवें बरयल्ल्या लेखां मदल्या वेंचीक लेखांचें संकलन करून तें उजवाडा हाडपाचो विचार सुमार 27-28 वर्सां फाटीं राजहंस वितरणाचे धनी प्रभाकर भिडे हांणी मांडलो. म्हजी प्रतिक्रिया मात्शी नकारात्मकशी आशिल्ली. पुस्तक येवचें न्हय अशा अर्थान न्हय; पूण ओपीनियन पोल 1967 वर्सा जावन गेला, पिळगी बदलल्या, आतां इतल्या वर्सांनी ते लेख वाचपाची इत्सा कोणाक आसतली अशें म्हाका दिसतालें. पूण प्रभाकर भिडे हांणी आग्रो धरलो. वेंचीक लेखांचें संकलन- संपादन डॉ. तानाजी हळर्णकार हांणी केलें. हांव त्या वेळार विधानसभेचो वांगडी. ते भायर 1986 वर्सांत खर अशें राजभास आंदोलन चलतालें. भिडे आनी डॉ. हळर्णकार हांकां संकलन संपादनाच्या वावरांत हांव कसलोच पालव दिवंक पावलों ना. लेखांचीं कात्रणांय म्हजे कडेन नाशिल्लीं. तांणीच सगले कश्ट घेतले आनी 'ब्रह्मास्त्र' नांवानूच तें पुस्तक उजवाडायलें.

उप्रांत म्हाका अणभव आयलो तो मात म्हज्या आदल्या मता परस वेगळो आसलो. 'ब्रह्मास्त्रा' चो उगडास काडपी आनी पुस्तक आयलां तें सोदपी मेळत रावले. आयचे पिळगेंतले लेगीत कांय अभ्यासक त्या पुस्तका विशीं वासपूस करतात; ताची प्रत सोदतात. त्या पुस्तकांत वाचप्याक ओपीनियन पोलाचो पुराय इतिहास मेळना; पूण त्या वेळार कसले मुद्दे वा प्रस्न उप्राशिल्ले ते कळटात; तांकां दिल्ल्यो जापो मेळटात आनी वातावरणाचो अदमास येता. आज म्हाका दिसता, प्रभाकरबाब आनी

तानाजीबाब हांणी घेतिल्ले कश्ट फळादीक जाल्यात.

हेच खातीर, 'सुनापरान्त' दिसाळ्यांत फाटल्या कांय वर्सांच्या काळांत उजवाडा आयिल्ल्या लेखां मदल्या वेंचीक लेखांचो झेलो उजवाडावया असो प्रस्ताव 'संजना पब्लिकेशन्स' हे प्रकाशन संस्थेचे धनी दिनेश मणेरकार हांणी मांडलो तेन्ना हांवें रोखडोच हयकार दिलो. त्या सगल्या लेखांचीं कात्रणां सांबाळून दवरिल्लीं आशिल्लीं हें एक सोपेपण आशिल्लें.

लेख वेंचून काडपाक इश्टांचो पालव घेतलो. वेंचून काडिल्ले लेख इतले जाले की दोन झेले उजवाडावया अशें मणेरकार हांणी थारायलें. लेख दोन झेल्यां मर्दी वांट्टना अशोकबाब कामत हांणी एक भोव बरी सुचोवणी केली. ती अशी की भास, संस्कृती, अस्मिताय ह्या विशयां कडेन संबंद आशिल्ले लेख एका झेल्यांत आसचे आनी हेर विशयां वयले दुसऱ्या झेल्यांत. म्हाका तें पटलें. विद्यार्थी आनी अभ्यासक हांचे नदरेनूय तें बरें जातलें अशें दिसता. देखून भास, संस्कृती आनी अस्मिताय हांचें संबंदींचे लेख 'अस्मितायेचो कसाय' ह्या नांवाच्या झेल्यांत गुथल्यात; तर हेर विशयां वयल्या लेखांचो आस्पाव 'विचारांचें किरायतें' ह्या नांवाच्या झेल्यांत केला.

दोनूय झेल्यांनी कांय विशय, विचार आनी मुद्दे पर्थून पर्थून आयल्यात असो अणभव वाचप्यांक येतलो. ताचें कारण अशें: हे दिसाळ्या खातीर बरयल्ले लेख. खंयचोय विशय पर्थून उप्रासलो म्हणटकूच ताचेर पर्थून बरोवप जालां आनी कांय विचार वा मुद्दे मांडचे पडल्यात. पूण लेख आर्दी छापून आयला तसोच दवरचो अशें धोरण आपणायलां देखून कांय विचारांची, मुद्द्यांची

आनी मतांची पुनरावृत्ती ह्या संकलनांनी जाल्या. हो दोश अशें दिसलें जाल्यारूय वाचप्यांनी ताचे फाटलें कारण समजून घेवचें.

लेख वेंचून तांची संकलनां करून तीं उजवाडा हाडी मेरेन जायत्या जाणांचो पालव मेळ्ळा. भोव करून माधव बोरकार, अशोक आनी अर्चना कामत, चित्रकार गौरीश वेर्णेकार हांचें. हे सगले इश्ट आनी बरें मागते. अशें आसलें तरी तांणी दिल्ल्या सहकार्या खातीर हांव दिनवाशी आसां. 'सुनापरान्त' दिसाळ्यांत उजवाडा आयिल्ले हे लेख पुस्तक रुपान उजवाडावपाक मान्यताय दिली हे खातीर गोवा पब्लिकेशन्स प्रायव्हेट लिमिटेड आनी 'सुनापरान्ता'चे संपादकीय कारभारी हांकांय हांव बरें मागतां. दोनूय झेल्यांचें प्रकाशन 'संजना पब्लिकेशन्स' चें आनी फुडाकार दिनेश मणेरकार हांचो. देखून हे झेले उजवाडाक येतात हाचे स्रय तांकांच.

फायच्या विद्यार्थ्यांक आनी अभ्यासकांक दोनूय झेल्यांतल्या लेखांचो उपेग जावचो असो आवंडो.

मडगांवः 10 एप्रिल 2014

उदय भेंब्रे

मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम, अनुदान आनी सरकारी धोरण

आमी गोंयकार! कसल्याय विशयाचो खोलायेन अभ्यास करिनासतना काडली जीब लायली ताळ्याक अशें करप हो कांय गोंयकारांचो सबावगुण. कानार आयिल्ली खबर खरी काय फट, खरी जाल्यार कितली खरी हाची खात्री करिनासतना बल्कांवार बसून मत उक्तावप होवूय कांय गोंयकारांचो सबावगूण. सबावाक वखद नासता. ताका लागून असले सबावगूण मातल्यात. तातूंत, 450 वर्सां घुस्मटमारांत काडले उपरांत आमकां लोकशाय मेळ्ळ्या. संविधानान अभिव्यक्तीचें स्वातंत्र्य मुळावो अधिकार म्हूण दिलां. भुकेल्लो मनीस सुमारा भायर खाता आनी तानेल्लो सुमारा भायर पियेता. तशेंच कांय जाणांचें घडलां. ते धरबंद नासतना उलोवंक वा बरोवंक लागल्यात. ते घडये खरे गोंयकार!

आज, मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम, अनुदान आनी तांचे

विर्शीचें सरकारी धोरण त्या तसल्या सबावगुणांनी गाजता. सवंगां आनी तांचीं धुमशेणां मतींत घेतल्यार हो कांय दीस आनी कांय राती चलपाचो जागोर आसुंये अशें दिसता.

4 जून दिसा मुख्यमंत्री पर्रीकार हांणी पत्रकार परिशदेंत सरकारी धोरणा विर्शींचो प्रस्ताव जाहीर केलो. 6 जून दिसा मंत्रिमंडळान तो मानून घेतलो आनी आतां तें मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम, अनुदान आनी संबंधीत विशय हांचे वयलें सरकारी धोरण जालां. हें धोरण गोरें पिठ्ठ ना आनी काळें किट्ट म्हणपा सारकेंय ना. चडशें गोरेंच आसा; पूण ताका एक काळें खत आसा. तें काळें खत काडून उडयलें जाल्यार मुळाव्या शिक्षणा विर्शी हें बरें आनी गोंयच्या हिताचें धोरण थारूं येता.

कितें आसा ह्या धोरणांत?

मुळावें शिक्षण हें मायभाशेंतूच आसचें हो सिद्धान्त ह्या धोरणान स्पश्टपणान मानून घेतला. सुमार दोन-अडेच पानांनी ते विर्शीचें तत्वगिन्यान बरे तरेन मांडलां. राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरण, संवसारान मानून घेतिल्लो सिद्धान्त, माधव कामत समितीचो रिपोर्ट हांचो उल्लेख आसाच; पूण सर्वोच्च न्यायालयाचो एक निकाल आनी महात्मा गांधींचें मत हांचोय आसपाव केला. कर्नाटकांतली इंग्लिश भाशेचो पाखो घेवपी पालकांची एक संघटना कर्नाटक सरकारा आड सर्वोच्च न्यायालयांत गेल्ली. त्या प्रकरणांतल्या निकालांत सर्वोच्च न्यायालयान मुळाव्या शिक्षणा खातीर मायभास हें माध्यम गरजेचें आनी हिताचें कशें हें भोव बरे तरेन मांडलां. परदेशी भाशेक लागून लुकसाण कशें जाता हेंवूय त्या निकालांत सांगलां. महात्मा गांधींचें सांगणें तेच तरेच्या

मुद्द्यांचेर आदारिल्लें आसा. भारतीय भाशा सुरक्षा मंच आनी 'गॅट वॅल सून दिगंबर' सारकी युवा संघटना आंदोलनांत तोच आग्रो धरीत आयल्यात. सरकारी धोरणांत तो आग्रो उखलून धरून संवसारान मानून घेतिल्ल्या सिद्धान्ताक पाळो दिला.

अप्रत्यक्ष रितीन (आनी स्पश्ट उतरांनी सांगलें ना तरी) इंग्लिशवाद्यांचे चार मुद्दे सरकारान भायर मारल्यात. हे मुद्दे अशेः

1. मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम थारावपाची मेकळीक पालकांक आसूंक जाय.

2. पालक माध्यम म्हूण जी भास वेंचून काडटात ते भाशेंत शिकोवपी शाळेक सरकारी अनुदान मेळपाक जाय.

3. शिक्षणाच्या माध्यमाची भास थारावप हो पालकांचो जल्मसिद्ध हक्क.

4. पालकांक जाय तें माध्यम आनी त्या माध्यमाक सरकारी अनुदान मेळप ना हो मानवी हक्कांचो भंग.

सरकारी धोरणांत ह्या मुद्द्यां विशीं निखालस उल्लेख ना. पूण मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम मायभास आसूंक फावो हो सिद्धान्त पुरायेन मानून घेतले उपरांत ते चारूय मुद्दे आपशींच भायर पडटात. आतां, जे पालक 'कोंकणी आमची मायभास', 'कोंकणीचो आमी मोग करतां' वा 'कोंकणीचो आमकां अभिमान आसा' अश्यो आड्ड्यो मारतनाच आपणाल्या भुरग्यांक मुळावें शिक्षण इंग्लिशींत, पुर्तुगेजींत, फ्रँचींत वा जर्मन भाशेंत दिवंक सोदतात तांकां तें करपाची मेकळीक आसा. पूण ते खातीर सरकारी अनुदान मागपाचो अधिकार ना.

सरकारी धोरणांतलो दुसरो म्हत्वाचो मुद्दो म्हळ्यार सरकारी अनुदान हें फकत कोंकणी वा मराठी माध्यमाच्या शाळांकूच

मेळटलें. हाचो अर्थ असो की इंग्लिश, पुर्तुगेज हांचे सारक्यो परदेशी भाशा तर भायर पडल्योच; पूण कन्नड, गुजराथी, तेलगु, हिंदी सारक्यो देशी भाशाय कडेक उरतात. भारतीय भाशा सुरक्षा मंचान कोंकणी, मराठी अशीं नांवां घेनासतना फकत देशी भाशांनी शिकोवपी शाळांक अनुदान मेळचें अशी भुमिका घेतिल्ली. म्हणचे, ह्या मुद्द्याचेर आवांठ व्हडलो धरिल्लो. पूण सरकारी धोरणांत गोंयच्या संदर्भांत विचार केला आनी कोंकणी आनी मराठी ह्या भाशांचींच नांवां घेतल्यांत. हाचें एक कारण अशें आसुंये की संविधानांतल्या 350 अ अनुच्छेदांत हेर प्रदेशांतल्यान येवन राविल्ल्या लोकां पासत एक तजवीज केल्ली आसा. ते लोक भुरग्यांक आपले मायभाशेंतल्यान शिक्षण दिवंक सोदतात जाल्यार राज्य सरकारान तांकां त्या माध्यमाच्यो शाळा दिवपाक जाय. देखीक, हेर राज्यांतल्यान आयिल्ल्या लोकांनी मागणी केल्ले प्रमाण गोंय सरकार कन्नड, हिंदी, उर्दू, तेलगु बी भाशांतल्यान मुळाव्यो शाळा चलयता. भा.भा.सु.मंच 'देशी भाशा' हीं उतरां वापरीत आयला जाल्यार सरकारान 'कोंकणी आनी मराठी' अशीं उतरां वापरल्यांत. पूण तात्वीक पांवड्यार ह्या मुद्द्या वयलीय मंचाची भुमिका सरकारी धोरणांत मानून घेतिल्ली आसा. (ह्या मुद्द्या विशीं एक आडवाद सांगला आनी तो सुमार 105 शाळां विशीं आसा जांणी पोरूं माध्यम बदललें. ह्या आडवादा वयलो विचार फुडें येतलो.)

सरकारी धोरणांतलो फुडलो मुद्दो आसा: कोंकणी आनी मराठी माध्यमाच्यो शाळा सुरू करपाक प्रोत्साहन दिवप. असल्या शाळांक बेगोबेग मान्यताय दिवप आनी तांकां अर्थीक पालव दिवप- आरंभाक 12 लाख रुपया आनी उपरांत कांय काळ

वर्सांक 1 लाख रुपया.

ह्या धोरणाचो आनीक एक वांटो आसा. इंग्लिश माध्यमाच्यो शाळा नांवाच्या कारखान्याक आळाबंद घालपाचो. इंग्लिश माध्यमाच्या नव्या शाळांक सरकार मान्यताय दिवचें ना हें स्पश्ट उतरांनी सांगिल्लें आसा.

शिक्षण हक्क कायद्याच्या 29 व्या कलमा प्रमाण सरकारान एक अॅकॅडमीक ऑथॉरिटी स्थापन करपाक जाय. ती शिक्षण तज्ञांची आसूंक जाय. अभ्यासक्रम थारावप, परिक्षेची रीत थारावप आनी विद्यार्थ्यांच्या अभ्यासाचें मूल्यमापन करपाची पद्दत थारावप हें ते ऑथॉरिटीचें काम. ही ऑथॉरिटी फकत बुद्द दिवपी वा शिफारशी करपी न्हय; तर अभ्यासक्रम, परिक्षेची रीत, मूल्यमापन बी थारावपाचो अधिकार तिकाच दिला. ही ऑथॉरिटी सरकार रोखडेंच स्थापन करतलें आनी ती थारायता तें चालीक लायतलें अशें सरकारी धोरणांत म्हणलां. हे ऑथॉरिटीन निर्णय घेतना 8 मुद्दे मतींत दवरूंक जाय अशी तजवीज 29 व्या कलमांत आसा. तातुंतलो एक मुद्दो माध्यमा विशींचो आसा. शिक्षणाचें माध्यम, व्यवहार्य जायत ते मेरेन भुरग्याची मायभास आसची अशें ती तजवीज सांगता. (MEDIUM OF INSTRUCTION SHALL, AS FAR AS PRACTICABLE, BE THE CHILD'S MOTHERTONGUE)

जे भाशेंत हे सगले मुद्दे मांडल्यात ती मात्शी सुदारून अदीक स्पश्ट करपाची गरज आसली तरी हे मुद्दे शिक्षणशास्त्राक धरून आसात, तांतूत विद्यार्थ्यांचें हीत आसा आनी गोंयची अस्मिता तिगोवपाचोय हावेस आसा. ह्या धोरणा प्रमाण शिक्षण घेतिल्ले विद्यार्थी संस्कृतीभ्रश्ट जावपाची भिरांत वा पांजऱ्यांतले कीर जावपाची भिरांत उरना. मात आर्दी म्हणलां ते भाशेन, ह्या

धोरणाच्या गोन्या पोल्यार एक लाशें आसा. तोच ह्या धोरणांतलो गंभीर दोश. धोरणाचेर आज टिका जाता ती भोव करून ह्या दोशाक लागून.

अनुदान कोंकणी आनी मराठी माध्यमाच्या शाळांकूच मेळटलें हो मुद्दो मांडटना सरकारान एक आडवाद केला ताचो उल्लेख ह्या लेखांत आर्दी केला. ह्या आडवादा प्रमाण पोरूं जून म्हयन्यांत ज्या शाळांनी माध्यम बदललें- म्हळ्यार, कोंकणी आसलें तें इंग्लिश केलें-- त्या शाळांक अनुदान चालू उरतलें अशें म्हणलां. अनुदानांत खंड पडचो न्हय आनी विद्यार्थ्यांचें लुकसाण जावचें न्हय अशीं कारणां दिल्यांत. पूण ही वेवस्था सदांकाळ चालू उरपाची काय तात्पुरती हे विशीं कांयच सांगूंक ना. खाजगी इंग्लिश शाळा ज्यो अनुदान घेनात तांकां हें लागू जायना हें स्पश्ट केलां; पूण अनुदाना खातीर कालमर्यादा सांगूंक ना. ही वेवस्था सदांकाळ उरपाची असो अर्थ लायलो जाल्यार हो आडवाद मूळ धोरणाक विरोधी थारता. मागीर धोरणाचो अर्थ जाता कोंकणी, मराठी आनी कांय इंग्लिश शाळा हांकां अनुदान मेळटलें. परिणामीं, अनुदानांतल्यान इंग्लिश माध्यमाच्यो शाळा भायर उरनात; मर्यादा उरता ती फकत तांच्या आंकड्याचेर. हें भारतीय भाशा सुरक्षा मंच आनी आंदोलनांतल्यो सांगाती संघटना हांणी केल्ले मागणेचे आड जाता. धोरणाचो हो वांटो आंदोलकांक मान्य ना.

हो विशय अदीक गंभीर जाता ताका आनीक एक कारण आसा. ज्या शाळां पासत हो आडवाद केला त्यो गुन्यांवकार शाळा. तांणी नेम मोडून माध्यम बदललें. (शिक्षण खात्यान तांकां 2011-2012 वर्सा खातीर अनुदान दिलें हें शिक्षण खात्याचें

चुकलें) ह्या शाळांनी शिक्षण क्षेत्रांत सोबना अशी मस्ती केली. तांणी न्यायालयाच्या आदेशाचो अपमान केलो आनी ते खातीर तांचेर कारवाय जावपाची आसा. असल्या शाळांक अनुदान दिवपाचें चालू दवरप म्हळ्यार ख्यास्त दिवपाचे सुवातेर इनाम दिवप. खूब जाणांक वायट दिसलां आनी राग आयला तो हेच खातीर. मस्ती, नेमांचो भंग, न्यायालयाचो अपमान हांकां इनाम दिलें जाल्यार शिक्षण क्षेत्रांत वायट संस्कार घडून येतलो अशी भिरांत नागरिकांक दिसता.

हो दोश काडून उडोवपाक सरकारान पावलां उखलूंक जाय आनी दोश ना जातलो तेन्नाच तें धोरण रुळार येतलें. आनी योग्य दिशेन विचार करपी गोंयकार ताका तेंको दितले. गोरे चलयेचें बरें जावचें अशें सरकाराक दिसता जाल्यार तिच्या सोबीत सुंदर पोल्यार हें लाशें कित्याक?

***

अविचारी दबावाखाला कसलेंच धोरण थारावचें न्हय

सरकारी खर्चान मुळावें शिक्षण इंग्लिश माध्यमांतल्यान दिवचें हे मागणे खातीर चळवळ सुरू जाल्या. अशें हें पयलेच खेपे घडटा अशें मात न्हय. राजभास आंदोलना उपरांत कांय तेंपान, म्हणचे सुमार वीस वर्सां आदीं, तेच मागणे खातीर चळवळ जाल्ली. तेन्नाय पालकांची दिशाभूल करून वा तांकां खुबळावन बर्शींनी पणजे व्हेल्ली आनी सभा जाल्ल्यो. पूण तेन्ना ती चळवळ फळादीक जाली ना. हे खेपे केंद्र सरकाराच्या शिक्षणाच्या हक्का विशींच्या कायद्याचें निमित्य करून पर्थून माध्यमाचो प्रस्न वयर काडला आनी तरेकतरांनी सरकाराचेर दबाव हाडपाचो यत्न चल्ला. वयर वयर पळयल्यार 'इंग्लिश भास माध्यम म्हूण जाय' अशी ही चळवळ अशें दिसता.

खरेपणीं, ही चळवळ नकारात्मक. मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम म्हूण कोंकणी नाका- खंयचीच देशी भास नाका- हें ते चळवळीचें वास्तव रूप. हे चळवळींत मायभास आशिल्ले कोंकणीचो मोग, अभिमान असलें कांय ना. आसा तो विरोध- न्यूनगंडांतल्यान जल्माक आयिल्लो विरोध. कोंकणी? आंवंऽऽय!

गोंयचो इतिहास जे जाणात तांकां खबर आसा, पुर्तुगेज राजवटकेच्या धोरणांक लागून गोंयांत एक वर्ग असो निर्माण जालो जो कोंकणीक क्रियादांची भास वा फकत क्रियादां कडेन उलोवपाची भास मानूंक लागलो. भौजनसमाज उंचेल्या वर्गाचें अनुकरण करता हो समाजशास्त्रांतलो नेम. त्या नेमा प्रमाण कोंकणी विशींचो हो न्यूनगंड आनीक पातळ्ळो. 'आंवंऽऽय! क्रियादांचे भार्शेतल्यान शिकपाचें?!' ही भावना बळावली. तातुंतल्यान 'कोंकणी नाका, इंग्लिश जाय' ही मागणी फुडें सरली. ती 'पोटाची भास' जाली! आमच्या देशांत इंग्लिश बरोवंक-वाचूंक जाणा आशिल्ल्यांचो आंकडो धा टक्के पसून ना. तो धा टक्के आसा अशें धरलें जाल्यार उरिल्ल्या णव्वद टक्के लोकांक पोटां नात काय? आनी इंग्लिश नेणा आसतनाय ते पोटां भरिनात काय?!

हे चळवळीची आंखणी सुमार देड-दोन म्हयन्यां आदीं जाली. दुसऱ्या उतरांनी सांगचें जाल्यार, हेरशीं 'कोंकणी कोंकणी' म्हूण ढोंगीपणान हुयेली मारपी एका इंग्लिशवाद्यान इंग्लिश माध्यमाची मागणी रोमी कोंकणी संमेलनाचे माचये वयल्यान केली ताचे आदींच चळवळीची आंखणी जाल्ली. तो इंग्लिशवादी चळवळीची आंखणी करप्यां मदलो एक. घडये आपणें आरंभ केलो अशें स्रय घेवपाक वा चळवळीचो नाल्ल फोडपाक ताणें

कोंकणी माचयेचो उपेग केलो. 'इंग्लिश जाय' ह्या उतरांचो अर्थ 'कोंकणी नाका'. पूण त्या इंग्लिशवाद्याक इतली ताक्तीक जाल्ली की कोंकणी माचये वयल्यान आपूण कोंकणीक विरोध करतां हें ताचे मतींत रिगलें ना. रोमी कोंकणीक विरोध करतां हें ताचे मतींत रिगलें ना. रोमी कोंकणी संमेलनाच्या आयोजकांचेय बुद्दीची तांक तितलीच. तांणी टाळयो मारल्यो!

चळवळीची आंखणी अशी: शिक्षणा विशींच्या हक्काच्या कायद्याचें निमित्य करून पालक-शिक्षक संघाच्यो सभा घेवप. त्या कायद्याक विरोध करतनाच माध्यमा विशींची थारावणी पास करप. मंत्र्यांक, आमदारांक निवेदनां दिवप, मोर्चे काडप. पालकांक पणजे व्हरून सभा घेवप आनी ही चळवळ पालक करतात अशें भासोवप. डायोसीजन शिक्षण मंडळान आपूण अलिप्त आसां अशें भासोवन पालकांचे मागणेक तेंको दिवप. ते वटेन आमदारांनी, मंत्र्यांनी सरकाराचेर दबाव हाडप आनी असल्या मार्गांनी हाडिल्ल्या दबावा खाला सरकाराक धोरण बदलूंक लावप. अर्थसंकल्पी अधिवेशन सुरू जावपाच्या अदमासाक ही चळवळ सुरू जाल्या ताचेंय कारण तेंच.

पालकांक आनी हेर लोकांक खुबळावपाक कांय फटींगपणांय जाल्यांत. कोणें म्हणलां, केंद्रीय कायद्या प्रमाण मायभास हें माध्यम पांचवे मेरेन वतलें. कायद्यांत तशें कांयच सांगूंक ना. आनीक कोणें म्हणलें, मायभास हें माध्यम आठवे मेरेन वतलें. तशीय सक्ती कायद्यांत ना. ह्या फटींगपणांचो एकमेव हेतू पालकांक खुबळावपाचो. आदींच कोंकणी नाका. तातूंत ती पांचवे मेरेन वा आठवे मेरेन वता जाल्यार सामकीच नाका अशें तांकां दिसचें आनी माध्यम म्हूण कोंकणी विशींचो

दुस्वास वाडचो.

आतां मेरेन आंखिल्ले प्रमाण नाटक जालां. विधानसभेंत प्रस्न काडला आनी माध्यम बदलप म्हणचे मोटार बदलप अशा थाटांत शिक्षणमंत्र्यान ह्याच अधिवेशनांत, म्हणचे पंदरा दिसां मर्दी धोरण जाहीर करतले अशें सांगलां. वीस वर्सां चलत आयिल्लें तर्कशुद्ध धोरण पंदरा दिसां मर्दी बदलप म्हणचे तें मतां खातीर रेफ्रिजरेटर काय टीव्ही वांटच्यो अशें थारावपा सारकें काय? शिक्षणाचें माध्यम म्हणचे सरकारी नेम मोडून उदकाच्यो टांकयो वांटपा सारकें काय? आनी कोण धोरण बदलतलो? बाबुश मोंसेर्रात? आसा ताका हो विशय समजुपाची तांक? शिक्षण खात्यांतले अधिकारी? आसा तांकां तो अधिकार? आनी हो विशय असो की जो राजकारण्यांनी हाताळपाचो न्हय. शिक्षणाचें एक शास्त्र आसा आनी त्या शास्त्रांतले तज्ञ आसात. असले तज्ञ राष्ट्रीय पावंड्यार आसात आनी राज्यांतूय आसात. तांचें कोणाचेंच मत घेनासतना बाबुश मोंसेर्रात ह्या विशयांत मत कोणाचें घेतलो- रेजिनाल्डाचें? काय मिकी पाशेकाचें?

ह्या विशयांत मुख्यमंत्री दिगंबर कामत हांणी घेतिल्ली भुमिका शाणेपणाची आसा. पालकांचो एक मोर्चो तांगेर गेलो तेन्ना तांणी सांगिल्लें, केंद्रीय कायद्याच्या विशयाचेर शिक्षण खात्यांतले अधिकारी अभ्यास करतात. सगल्या संबंदितांचेय विचार समजून घेवंक जाय. ताकतिकेन कांय जावचें ना आनी चालू अधिवेशनांत ते विशीं कांय मांडचे नात.

ह्या विशयांत अभ्यास करपा सारक्यो आनी विचारांत घेवपा सारक्यो कितल्योश्योच गजाली आसात. त्यो अश्यो:

- गोंय सरकाराचें फाटलीं 20 वर्सां चलत आयिल्लें

धोरण.

- शिक्षणा विशींचें राष्ट्रीय धोरण.

- माध्यमा विशींचो शिक्षणशास्त्रांतलो सिद्धान्त जो संवसारान मानून घेतला.

- लुईझीन फालैरो शिक्षणमंत्री आसतना प्राचार्य माधव कामत हांच्या अध्यक्षपणा खाला नेमिल्ले समितीन दिल्लो आनी सरकारान मानून घेतिल्लो रिपोर्ट.

- मुळाव्या पावंड्यार परदेशी भास हें माध्यम करपाचे समाजीक आनी सांस्कृतीक परिणाम.

- शिक्षकांच्या फुडाराचो प्रस्न.

- भुरग्यांक फुकट आनी अनिवार्य शिक्षणाचो अधिकार दिवपी कायदो.

हें सगळें शिक्षणमंत्र्याक ग्रीक वा चीनी दिसतलें. तांकां ह्या विशयांचो अभ्यास ना हें समजुं येता. पूण तो करपाची गरज आसा आनी ते खातीर ताकतिकेन कसलेंय धोरण थारावप वा निर्णय घेवप योग्य जावचें ना. शिक्षण खात्यांतल्या अधिकाऱ्यांक अभ्यास करपाक फावो तितलो वेळ दियात. शिक्षणशास्त्राच्या जाणकारांचें मत समजून घेयात. अणभवी लोकांची बुद्द घेयात. तशें केलें ना जाल्यार सरकार लोकांक त्रासांत घालतलें आनी आपुणूय त्रासांत पडटलें.

चलत आयिल्ल्या धोरणाक हात लावपाची ताकतीक करूंक जायना हाका आनीक एक म्हत्वाचें कारण आसा. शिक्षणा विशींच्या हक्काचो कायदो सारको समजून घेतलो जाल्यार तें कारण समजतलें. त्या कायद्याच्या 29 व्या कलमांत म्हणलां, त्या त्या सरकारान एक 'अॅकॅडमिक ऑथॉरिटी' स्थापन करूंक

जाय आनी ते ऑथॉरिटीन शिक्षणक्रम आनी मूल्यमापनाची रीत थारावंक जाय. मूळ तजवीज अशी आसा-

29. Curriculum and evaluation procedure - (1) The Curriculum and evaluation procedure for elementary education shall be laid down by an academic authority to be specified by the appropriate Goverment, by notification.

(2) The academic authority, while laying down the curriculum evaluation procedure under sub-section (1), shall take into consideration the following, namely:-

ह्या कलमांत फुडें म्हणलां, शिक्षणक्रम आनी मूल्यमापनाची रीत थारायतना ऑथॉरिटीन आठ मुद्दे लक्षांत घेवंक जाय. तातुंतलो पांचवो मुद्दो हो-

'शिक्षणाचें माध्यम, व्यवहार्य जायत ते मेरेन, भुरग्याची मायभास आसूंक जाय.'

मूळ तजवीज इंग्लिश भाशेंत अशी आसा-

(f) medium of instruction shall, as far as practicable, be the child's mothertongue;

ह्या कलमांत पर्थून पर्थून "SHALL" हें उतर वापरलां कायद्याचे नदरेन तें MANDATORY- म्हणचे बंधनकारक.

आतां समजुंया, अविचारी दबावाखाला सरकारान धोरण बदल्लें- मुळाव्या पावंड्यार सरकारी खर्चान इंग्लिश भास हें माध्यम दिलें.... फाल्यां सरकाराक ॲकॅडमिक ऑथॉरिटी नेमची पडटली. ते ऑथॉरिटीन एक ती चार यत्ता मेरेन मायभास हेंच

माध्यम आसचें अशें थारायलें जाल्यार? पर्थून धोरण बदलतले? म्हणचे, शिक्षणा कडेन, शाळांच्या व्यवस्थापनां कडेन, शिक्षकां कडेन आनी चड म्हत्वाचें त्या विद्यार्थ्यांच्या फुडारा कडेन खेळ मांडटले?

इंग्लिश माध्यमाची मागणी करपी विसरतात की तांकां ती मेकळीक आसा. गोंयांत इंग्लिश माध्यमाच्यो मुळाव्यो शाळा आसात. सरकारी खर्चान इंग्लिश माध्यम मेळचें ही मागणी सरकारी धोरणा कडेन विसंगतूच न्हय तर विरोधी. गोंय सरकाराचें धोरण मुळावें शिक्षण मायभाशेंतल्यान दिवपाचें. इंग्लिश ही गोंयकारांची मायभास न्हय. शिरगणटी तें स्पश्ट सांगता. म्हणटकूच जें शिक्षण मायभाशेंतल्यान दिवपाचें तें शिक्षण एके परदेशी भाशेंतल्यान दिवचें ही मागणी सरकारी धोरणांत कशीच बसना. फाल्यां कांय जाण उठ्ठले आनी म्हणटले, 'आमी पुर्तुगेज पासपोर्ट घेतला. आमच्या भुरग्यांकूय थंय धाडटले. तांकां सरकारी खर्चान मुळावें शिक्षण पुर्तुगेज भाशेंतल्यान दियात.'

गोंय सरकार ती मागणी मानून घेतलें?

***

ढक्लिफायड इन चिक्लिफिकेशन!

मायभाशेंतल्यान मुळावें शिक्षण घेवपी भुरग्याक ते रितींतले सगले लाब मेळटात. फकत एक आडखळ ताका हुपची पडटा; ती चवथे उपरांत माध्यम बदलतना. पूण पयलेक सावन इंग्लिश एक विशय म्हूण शिकयली आनी तिसरे-चवथेंत इंग्लिशीची संवकळ वाडयली जाल्यार भुरगें ती आडखळ सोपेपणान हुपूंक शकता. हाचे आर्दी हजारांनी भुरग्यांनी इंग्लिशीचो वास नासतना ती आडखळ हुपल्या. आतांचे रितींत तें सोपें जालां.

पूण कांय पालक ती आडखळ खूब मोटी अशें समजतात; कांय जाण ते आडखळीचें निमित्य करून इंग्लिशीचे फॅशनी फाटल्यान धांवतात आनी भुरग्यांक इंग्लिश माध्यमाच्या मुळाव्या शाळांनी धाडटात. तांच्या निर्णयाचे कितले वायट परिणाम भुरग्यांक भोगचे पडटात हाची तांकां जाणविकाय नासता.

पयले सुवातेर, भुरग्यांक संवकळीची नाशिल्ली एक नवी भास शिकची पडटा आनी ते भाशेंतल्यान हेर विशयांचें गिन्यान घेवचें पडटा. भुरग्यांचेर ताचो दोट्टी ताण पडटा. हेरशीं, मुळावें शिक्षण पिरायेच्या स वर्सांचेर सुरू जाता. पूण हालींसरा शारांनी के जी जाल्यात. पालक भुरग्यांक तीन वर्सांचे पिरायेर ह्या के जीं नी धाडटात. थंय माध्यम इंग्लिश. ते पिरायेर भुरग्यांक इंग्लिश कितलीशी समजत? शिकयता तें पाठ करपाची संवय भुरग्यांक जाता. तें तांकां समजलां अशें नासता. भुरगीं 'बाऽ बाऽ ब्लॅक शीप' वा 'लंडन ब्रीज इज फॉलिंग' असलीं गितां आयकून-आयकून म्हणटात. पालकांक दिसता! भुरगीं हुशार जाल्यांत. 'स्मार्ट' जाल्यांत! खरेपणीं तशें कांय घडिल्लें नासता. तीं फकत आयकून तीं गितां म्हणटात; तांचो अर्थ तांकां समजल्लो नासता. आनी 'लंडन ब्रिजा' चेंय दर्शन घेतिल्लें नासता. भुरगीं फकत 'कीर' आनी 'किरांट्यो' जातात! 'हडवो ताल्ल बेबो' वा 'बिलुबाय बिलुबाय, कोणें खाली साय?' हें भुरग्यांक ते पिरायेर सहजतायेन समजता. हीं गितां भुरगीं समजून म्हणटात. 'ये रे ये रे पावसा' हें गीत पसून गोंयच्या भुरग्यांक 'बाऽ बाऽ ब्लॅक शीप' ह्या इंग्लिश गिता परस लागीं.

आयज के जी शारांनीच आसल्यो तरी ती फॅशन सगल्या वाठारांनी पातळपाची शक्यताय आसा. गोंयांत एके वटेन शारीकरण वाडटा; तर दुसरे वटेन शार आनी गांव हांचे मदली वळ दिशीं मार्शी पुसून वचत आसा. ते भायर, घोव आनी बायल नोकरी करपी आसतकूच भुरग्याचे वेवस्थे खातीर तांकां के जी जाय पडटा!

भुरग्यांक- के जींत वा मुळावे शाळेंत- फकत पाठ करपाची

संवय जातकूच स्वता विचार करपाची संवय जावंक पावना. तीं फकत शिकयलां तेंच सांगतात; स्वताची कल्पना लडयनात आनी स्वताचे बुद्दीक ताण दिनात. हे परिस्थितींत तांचे बुद्दीचो विकास आडखळटा आनी शिक्षणाचो एक मुखेल हावेस निर्फळ जाता. भुरगीं पाठांतराचेर अवलंबून उरतात आनी ताका लागून तांचो आत्मविस्वास उणो जाता. तांच्या मनाचेर एके तरेचो कांच उरता आनी भुरग्यांच्या आंगांतले गूण फुलून येवंक पावनात.

भुरग्यांची उलोवपाची स्पर्धा आसता तेन्ना खूब फावटी आमी एक अणभव घेतात. विशय समजून घेनासतना जें भुरगें पाठ करून उलोवप करता तें मदीं विसरलें जाल्यार ताची गाडी थंयच आडखळटा. तशेंच हुशार भुरगें आसत जाल्यार तें पासून व्हरता आनी उलोवप पूर्ण करता. जें भुरगें विशय समजून घेवन आपले बुद्दीन उलोवप करता तें मात् आडखळना. एक वाक्य येवजलें ना जाल्यार त्या अर्थाचें दुसरें वाक्य वापरून तें फुडें सरता.

असलोच आनीक एक अणभव आसा. भुरगीं ल्हान पिरायेर पालकांक काणयो सांग म्हूण सांगतात. संवकळीचे भाशेंत ती सांगली जाल्यार भुरग्याक समजता. 'ती काणी आतां तूं सांग' अशें भुरग्याक सांगलें जाल्यार भुरगें आपले पद्दतीन ती सांगता. पूण हीच काणी त्या भुरग्याक इंग्लिशींत सांगली जाल्यार कशें जातलें? भुरग्याक ती सारकी समजुची ना. 'हें म्हळ्यार कितें?' 'तें म्हणल्यार कितें?' अशें तें विचारीत रावतलें. आनी 'आतां ती तूं इंग्लिशींत सांग' म्हणलें जाल्यार भुरगें सांगूंक पावतलें? तें मोनें जातलें आनी प्रयत्न केल्यार घुस्मट्टलें. हेंच इंग्लिश माध्यमाचे मुळावे शाळेंत घडटा. भुरग्याचें आकलन आडखळटा

आनी जें कळ्ळां तें पसून व्यक्त करतना तें घुस्मट्टा. एका विद्यार्थ्याची एक खबर सांगतात. शिक्षकान 'अ रेनी डे' ह्या विशयाचेर खंय निबंद बरोवंक लायलो. भुरग्याच्या दोळ्यां मुखार चित्र स्पश्ट आशिल्लें; पूण ताची वर्णना करपा इतली इंग्लिश उतरावळ ताचे कडेन नाशिल्ली. शेतांत मेरे वयल्यान वतना बैलान आपणाक धुकळ्ळो आनी आपूण चिखलांत पडलों अशें ताका बरोवपाचें आशिल्लें. पूण फावो तितली उतरावळ नाशिल्ल्यान ताणें 'ढक्लिफायूड मी इन चिक्लिफिकेशन!' अशें बरोवन वाक्य पूर्ण केलें! त्या भुरग्याचो गुन्यांव कसलो? व्यक्त करतना तो घुस्मटलो आनी त्या घुस्मटमारांतल्यान ताणें ती वाट काडली. हें शिक्षण न्हय; हो त्या बाबड्या भुरग्याचेर अन्याय.

कांय भुरग्यांचें हें घुस्मटप फुडेंय अशेंच चालू उरता. तशींच हुशार आसतात तीं भुरगीं ही आडखळ हुपून फुडें सरतात, डॉक्टर, इंजीनियर जातात; पूण ते आडवाद; नेम न्हय. चडश्या भुरग्यांचे बुद्दीचो विकास मध्यम जाता आनी "average" भुरगीं असो फुडें तांचेर छाप पडटा. देखून ज्या भुरग्यांची मायभास खंयचीय देशी भास आसता, त्या भुरग्यांचेर मुळाव्या पावंड्यार इंग्लिश माध्यम थापप हो खूब मोटो अन्याय. पुर्तुगाली वसाहतवादांत राजवटकेन पुर्तुगेज माध्यमाच्यो मुळाव्यो शाळा उगडून आपणाली भास गोंयकार प्रजेचेर थापचेलो यत्न केलो हें तांच्या वसाहतवादी धोरणांत बसलें. मात् आयज स्वतंत्र गोंयांतले गोंयकार पालक आपूण जावन कंवळ्या भुरग्यांचेर एके येवरोपी भाशेचें माध्यम थापतात तें पळोवन सालाझाराक ताच्या थड्यांत खातकुतल्यो जातात आसतल्यो!

दुसरे सुवातेर, मुळाव्या पावंड्या वयलें इंग्लिश माध्यम

भुरग्यांक देशी संस्कृतायेंतल्यान हुमटिता; मायभाशे विशीं तांच्या मनांत एके तरेचो न्यूनगंड निर्माण करता. हें घडटा अशें- सुमार तीन वर्सांचे पिरायेर भुरग्याक इंग्लिश माध्यमाचे के.जीं.त धाडटकूच ताका इंग्लिश भास समजुची हे खातीर आवय-बापूय ताचे कडेन इंग्लिश उलोवंक लागतात. हें मुळाव्या शिक्षणाच्या पांवड्यारूय चालू उरता. सगल्याच आवय-बापांयक इंग्लिश सारकी उलोवंक येता अशें नासता. तांचीच मोडकी-फुटकी भास भुरगीं उलोवंक लागतात. ल्हवू ल्हवू घरा-दारांत, शाळेंत, मैदानार इंग्लिश उलोवप जाता; मायभास फाटीं पडटा. कांय शाळा-भोव करून कॉन्वेंट स्कुलां- कोंकणी उलोवपाचेर बंदी घालतात आनी उलयल्यार भुरग्याक दंड भरूंक लायतात. ह्या धोरणाक लागून कोंकणी उलोवप हें वायट, उणेपणाचें अशी भुरग्याची भावना जाता आनी कोंकणी विशीं एके तरेचो न्यूनगंड ताच्या मनांत उप्रासता. तें भुरगें कोंकणी वापरपाची टाळटा. ताका मागीर 'पंदरा' म्हणचे कितले तें समजना. 'पंदरा म्हणचे फिफ्टीन' अशें सांगतकूच कळटा; 'ग्रीन,' 'ब्लू' हे रंग वळखूंक येतात; पूण 'पाचवें' 'निळें' ह्या उतरांचो अर्थ समजना.

असलीं भुरगीं मायभाशे पसून पयस वतात. आनी भास ही संस्कृतायेची बुन्याद आशिल्ल्यान देशी संस्कृताये पसून पयस वतात. क्रिस्तांव समाजांत हे प्रक्रियेची गती चड आसा. ताचें कारण पुर्तुगाली वसाहतवादान तांचे मदल्या एका वर्गाक देशी संस्कृतायेंतल्यान पुरायेन हुमटिला आनी गंवा-रंगाचो फिंर्गी करून उडयला; तर दुसऱ्या एका वर्गाक खूबश्या प्रमाणांत हुमटिला आनी निजाचे संस्कृताये पसून पयस पावयला. देखून इंग्लिश माध्यमांतल्यान फिंर्गी संस्कृताय रिगप सोपें जाता. ते संस्कृतायेक

कशिल्ली भूंय मेळटा; ती रोखडेंच मूळ धरता. माध्यम प्रस्ना वयर कोंकणी नाका; इंग्लिश जाय ह्या रुपाचें आंदोलन सुरू जालें ताचें मूळ हे परिस्थितींत आसा. हिंदू समाज देशी संस्कृतायेंतल्यान तितलो हुमटल्लो ना. देखून हिंदू कुटुंबांनी ते प्रक्रियेची गती उणी आसतली; पूण निमणो परिणाम तोच. देशी संस्कृतायेंतल्यान हुमटून संस्कृतायशुन्य जावन पडपाचो.

तिसरे सुवातेर, संस्कृतायशुन्यताय नवे पिळगेक अ-राष्ट्रियत्वाचे दिशेन व्हरतली. हांगा 'अ-राष्ट्रियत्व' (राष्ट्रियत्वाचे भावनेचो अभाव) हें उतर हांव Denationalisation ह्या अर्थान वापरतां. ही प्रक्रिया अशी जाताः संस्कृतायशुन्यताय अ-राष्ट्रियत्व (deculturisation- denationalisation). हो नवो सोद वा ही नवी कल्पना न्हय. हें गोंयच्या इतिहासांत घडलां. आनी इतिहासांतल्यान फावो ती देख घेतली ना जाल्यार आमचे सारके कर्मकट्टे आमीच. पुर्तुगेज राजवटकेन 16 व्या-17 व्या शेंकड्यांनी पुरायपणान एकनिश्ठ अशी गोंयकार प्रजा निर्माण करचे पासत धर्मांतरा उपरांत संस्कृताय बदलपाचें धोरण आपणायलें. कोंकणी भाशेचे सुवातेर पुर्तुगेज हाडची आनी देशी संस्कृताय मारून उडोवची हे खातीर ती राजवट वावुरली. क्रिस्तांव समाजाच्या एका मोट्या वांट्यांत तें धोरण फळादीक जालें आनी कांय प्रमाणांत हिंदू समाजाकूय त्या धोरणाची बादा जाली. वर्सां गेलीं आनी ते अडेचे संस्कृतायेंतल्यान अ- राष्ट्रियत्व (denationalisation) आयलें. गोंयचे सुटकेन तें ना जावंक ना. रिगलां तें उरलां आनी ताची गवाय वेगवेगळ्या रुपांनी मेळटा. हालींच तसली एक घडणूक जाल्या. इंग्लिशवाद्यांचें सादलें अशें धरून कांय जाणांनी 'हिंदी सक्तीची आसची न्हय' अशी मागणी

केल्या. हिंदी वरवीं देशा कडेन जें नातें आसा तेंवूय तोडून उडोवपाची वान्सा ते मागणे फाटल्यान आसा. म्हजे नदरेन, अ-राष्ट्रियत्वाचें हें एक स्पश्ट लक्षण. अ-राष्ट्रियत्वाक बळी पडिल्ल्यां मर्दी जे अतिरेकी आसतात ते कालांतरान राष्ट्रद्रोही जावपाची भिरांत आसता.

इंग्लिशवादी पालकांक हेच वाटेन वचपाचें आसा? हे वाटेन गेल्यार तांच्या भुरग्यांचो फुडार पर्जळीत जातलो? हातुंतल्यान गोंयकारपण तिगून उरतलें? हातूंत गोंयकारांचें हीत आसा?

जमलें जाल्यार तांणी ह्या प्रस्नांच्यो जापो सोदच्यो- तांच्या आनी तांच्या फुडल्या पिळग्यांच्या बऱ्या खातीर.

***

पालकांक हें कळना काय?
तांचे खातीर शाळा जाय!

दिगंबर कामतीच्या पालकांनी ताका मराठी माध्यमाचे शाळेंत घालो. उपरांत इंग्लिश माध्यमांतल्यान शिकून ताणें पदवी मेळयली. तो प्यून जालो ना. आज तो मुख्यमंत्री ह्या नात्यान गोंयचें सरकारी प्रशासन इंग्लिश भाशेंतल्यान चलयता.

सुभाष शिरोडकाराच्या पालकांनी ताका मराठी माध्यमाचे शाळेंत घालो. थंय चार यत्ता शिकून तो इंग्लिश माध्यमाच्या हायस्कुलांत गेलो आनी मागीर पदवीधर जालो. तो प्यून जालो ना. हायस्कुलांत शिक्षक जालो; मागीर शिक्षण संस्थाय स्थापन केली.

चर्चिल आलेमांव, मिकी पाशेको आनी बाबुश मोंसेर्रात हांच्या पालकांनी चर्चिल, मिकी आनी बाबूश हांकां इंग्लिश माध्यमाच्या शाळांनी घाले. तिगूय 'ड्रॉपाउट' जाले. एस्.एस्.सी.

पसून पास जावंक पावलेनात. एकलो तारवटी जालो, दुसरो दर्जी जालो, तिसऱ्यान सावकारी सुरू केली.

खंयच्या पालकांनी शाणेपण केलें आनी खंयचे पालक चुकले? पालक शाणे आसतात! आनी पालक पिशेय आसतात!!

अशिक्षीत आनी अर्दशिक्षीत पालक तांकां कोण आमुडटा ते दिशेन वतात. तांचे मदल्या चडश्या जाणांक स्वतंत्र रितीन विचार करपाची तांक नासता. पूण शिकिल्ले-सवरिल्ले पालक, जांकां स्वतंत्र विचार करपाची तांक आसची अशी अपेक्षा आसता ते पसून जाणकारांनी भुरग्यांच्या बऱ्याची वाट कशी दाखयल्या हें समजून घेनासतना फॅशनीक, पिसायेक, अनुकरण करपाच्या मोहाक वा हेरां कडेन स्पर्धा करपाच्या दुबळेपणाक बळी पडून चुको करतात. तातुंतले कांय जाण मागीर आपणाले वागणुकेचें समर्थन करपाक तरेकतरांचे मुद्दे मांडटात. तातुंतलो एक मुद्दो असो: भुरगें चार यत्ता देशी भाशेंतल्यान शिकता. मागीर माध्यम बदलता. म्हणटकूच, आर्दी कोंकणी/मराठी आनी मागीर इंग्लिश अशें जातकूच तो बदल भुरग्याक जड वता. हे खातीर आरंभा पसून इंग्लिश माध्यम आसतकूच चवथे यत्ते उपरांत आडखळ जायना.

वयले वयर पळयल्यार हो मुद्दो तर्कशुद्ध आसुंये अशें दिसता. म्हणचे, गोंया सावन दिल्ली वतना मुंबय मेरेन रेल्वेन आनी मागीर मोटारीन वचचे परस गोंया सावनूच मोटार घेवन गेल्यार मर्दी बदल करपाचो प्रस्न येना असो-सो. पूण खरेपणीं तो मुद्दो तर्कशुद्ध न्हय; अर्दकुट्या विचाराचेर आदारिल्लो. तो असो-जल्माक आयिल्ल्या भुरग्याक आर्दी आवयचें दूद, मागीर गायचें दूद आनी व्हड जातकूच चिकन सूप दिवचे सुवातेर आरंभा सावन चिकन सूप दिल्यार भुरगें चड घटमूट जातलें!

पयल्यो चार यत्ता देशी भाशेंतल्यान आनी इंग्लिश हो एक विशय नासतना शिकले उपरांत पांचवेक इंग्लिश माध्यमांतल्यान शिकप इल्लें आडखळीचें जाता ही गजाल खरी. पूण ही आडखळ केदीशी? हुपूंक जायना अशी? हे आडखळीक लागून भुरगीं शिक्षण सोडटात वा फुडल्या शिक्षणांत अपेशी थारतात असो अणभव ना. थोड्याश्या प्रयत्नान इंग्लिशी कडेन संवकळ करून घेतकच ती आडखळ हुपूंक जाता. भुरग्याक गिन्यान आसता; जाय आसता ती इंग्लिश भाशेची संवकळ. ती एक- दोन वर्सां भितर जाता. गोंयांत हिंदू समाजांत आर्दी मराठी आनी मागीर पुर्तुगिज वा इंग्लिश ही परंपरा शंबरां परस चड वर्सां चलत आयल्या. मुक्ती उपरांत कोंकणी माध्यम सुरू जालें आनी मुळावें शिक्षण कोंकणींत आनी उपरांत इंग्लिश माध्यमांतल्यान ही रीत सुरू जाली. हे परंपरेंतल्यान जांणी उंचेलें शिक्षण घेतलें तांचें घणघणीत येस पळयल्यार चवथे-पांचवे मदली आडखळ कितली किरकोळ तें कळटा.

डॉ. रघुनाथ माशेलकार आर्दी मराठी, उपरांत इंग्लिश हे परंपरेंतल्यान गेले आनी कीर्त तसोच भौमान जोडूंक पावले. तशेंच घडलां डॉ. अनिल काकोडकार हांचें. हे परंपरेंतल्यान फुडें सरिल्ले कांय जाण आय ए एस तर कांय जाण आय एफ् एस अधिकारी जावंक पावले. कांय जाण आय आय टी चें शिक्षण घेवन उंचल्या पदांचेर वावरूंक पावले. आज गोंयांत 40-50 वर्सांचे पिरायेचे डॉक्टर, इंजीनीयर, आर्किटॅक्ट, वकील, चार्टर्ड अकौंटंट, अशे जे शेंकड्यांनी वेवसायीक आसात ते सगले हेच परंपरेंतल्यान गेल्यात. मुळावें शिक्षण इंग्लिश माध्यमांतल्यान घेनासतना तांणी पदव्यो मेळयल्यात आनी वेवसाय चलयला.

स. मुकुंद शिंक्रे, स. आत्माराम पाळंदीकार, स. गोपाळ आपा कामत, स. पांडुरंग मुळगांवकार, ॲड. मनोहर उसगांवकार ह्या वकिलांनी तर विशेष कर्तुत्व दाखयलें. तांचें शिक्षण आर्दी मराठी, उपरांत पुर्तुगेज अश्या माध्यमांनी जालें. मुक्ती आर्दी तांणी पुर्तुगेज भाशेंतल्यान वकिली केली आनी नांव जोडलें; तर मुक्ती उपरांत इंग्लिश भाशेंतल्यान तितलेच तांकीन तो वेवसाय चलोवन नांव जोडलें. कोणूच इंग्लिश माध्यमाचे मुळावे शाळेंत वचूंक नाशिल्लो; वचपाची गरजूय कोणाकूच दिसली ना.

हे परंपरेंतल्यान फुडें सरिल्ले आनीक कांय जाण न्यायाधीश जाले, उच्च न्यायालयाचे न्यायमूर्ति जाले; विद्यापीठांतले प्राध्यापक जाले; कांय जाण इंग्लिश भाशेचे शिक्षक- प्राध्यापक जाले तर कांय जाणांनी इंग्लिश भाशेंतल्यान ग्रंथ बरयले. हालींच मडगांवचे एक सुपुत्र डॉ. दत्तकुमार नायक अमेरिकेच्यान गोंयांत आयिल्ले. तांणी 'नासा' आस्थापनांत काम केलां आनी सध्या ते अमेरिकेंतल्या एका विद्यापिठांत पदव्युत्तर पावंड्या वयले डीन आसात. सीताराम टेंगसे हांच्या सत्कार सुवाळ्यांत ते उलयले. आपलें मुळावें शिक्षण मराठींत जालां; पूण इंग्लिशी विशीं कसलीच आडखळ आपणाक आयली ना; ती रीत बरी अशें तांणी सांगलें. तांचें आयकुचें न्हय जाल्यार कोणाचें चर्चिल आलेमांव आनी बाबुश मोंसेर्रात ह्या अर्दशिक्षितांचें आयकुचें? कित्याक, दिगंबर कामत आयकता म्हणून? डॉ. नायक हांचे भाशेनूच अमेरिकेंत आनी येरोपांत शेंकड्यांनी गोंयकार आसात जे आर्दी मराठी, मागीर इंग्लिश हे रितीन शिकल्यात. इंग्लिशी विशींची आडखळ आयली अशें तांचे मदल्या एकल्यानूय केन्ना म्हणलें ना.

बाकीबाब बोरकार, लक्ष्मणराव सरदेसाय, मनोहरराय

सरदेसाय, र.वि. पंडित आनी साहित्य अकादेमीचे पुरस्कार मेळोवपी साबार गोंयकार हिंदू साहित्यीक आर्दी मराठी आनी उपरांत पुर्तुगेज वा इंग्लिश अशे वेवस्थेंत शिकिल्ले. तांचें कांयच अडलें ना. मुळावें शिक्षण इंग्लिशींत आसूंक जाय आशिल्लें अशें कोणाकूच दिसलें ना. डॉ. काशिनाथ महाले मणिपूर विद्यापिठाचे उपकुलगुरू जावंक पावले, वासुदेव गायतोंडे, लक्ष्मण पै मुळावें शिक्षण देशी भाशेंत घेवन व्हड चित्रकार म्हूण नामना मेळोवंक पावले. ते इंग्लिश शिकले, फ्रेंच शिकले, पारिसांत रावले, अमेरिकेंत रावले. मुळावें शिक्षण इंग्लिशींत जावंक जाय आशिल्लें अशें कोणेंच म्हणलें ना.

एक म्हत्वाची गजाल मतींत दवरूंक जाय. ज्या मनशांचीं नांवां हांवें घेतल्यांत ते आनी तांच्या पिळग्यांतलीं हेर शिक्षीत मनशां मुळावें शिक्षण घेतालीं तेन्ना थंय पुर्तुगेज वा इंग्लिश भाशेचो वास पसून नाशिल्लो. अशें आसुनूय माध्यम-बदल ही तांकां व्हडली आडखळ जाली ना. आज सोपेपण आयलां. मुळावे शाळेंतूच इंग्लिश भाशेची वळख करून दिवन, एक विशय म्हूण ती शिकोवन, आकलन आनी प्रकटीकरण ह्या दोनूय गजालीं खातीर ती फावो तितली येवची अशी वेवस्था जाल्या. ही वेवस्था सारकी चल्ली जाल्यार माध्यम-बदलाक लागून जी इल्ली आडखळ जाताली ती पुरायेन ना जावं येता. देखून ते आडखळी खातीर भुरग्यांक इंग्लिश माध्यमाचे शाळेंत धाडचे ह्या मुद्द्याक वजन उरना. म्हाका कांय वेळा दिसता, जे पालक हो मुद्दो मांडटात ते फकत आपले चलणुकेचें समर्थन करचे पासत तो मुद्दो फुडें हाडटात. तो मुद्दो पांगळो आनी ताचेर सादो-सोपो उपाय आसा हें तांकांय बेस बरें खबर आसता. 'मॉल' मनोवृत्ती

तांकां तें करूंक लायता. म्हाका एक घडयाळ घेवंक जाय. हाचे पयलीं घडयाळींच्या दुकानांनी वचून त्यो हांवें घेतल्यात. पूण आतां 'मॉल' आयलां! हेरशीं थंय मोल इल्लें चड. तरी पूण हांव 'मॉलां'त वचून घडयाळ घेतां. आतां दुकानांत वचप म्हाका उणेपणाचें दिसता. हांव हेरां परस इल्लो वयर, इल्लो वेगळो हें कशें दाखयतलों? देखून 'मॉलां'त वतां! इंग्लिश माध्यमाच्या मुळाव्या शाळांनी भुरग्यांक धाडटात त्या चडश्या सुशिक्षीत पालकांची मनोवृत्ती हे 'मॉल' मनोवृत्ती भाशेनूच आसता. तांणी मुळाव्या शिक्षणाचो हावेस लक्षांत घेनासतना अर्दकुटो विचार केल्लो आसता.

भुरग्याक नवी भास शिकोवप आनी ते सारकी कळनाशिल्ले भाशेंतल्यान हेर विशयांचें गिन्यान दिवप हो मुळाव्या शिक्षणाचो हावेस नासता. भुरग्याक सबावीक रितीन जी भास येता ती सारकी बरोवंक -वाचूंक- उलोवंक शिकोवप आनी ते कळटा ते भाशेंतल्यान ताका हेर विशयांचें गिन्यान दिवप हो त्या शिक्षणाचो हावेस आसता. हे रितीन भुरग्याचें आकलन आनी प्रकटीकरण चड बरें जाता. भुरगें स्वतंत्र रितीन विचार करपाची देख घेता, ताचो आत्मविस्वास वाडटा. मुळावें शिक्षण मायभाशेच्या माध्यमांतल्यान जावचें हो संवसारान मानून घेतिल्लो सिद्धान्त ह्याच अणभवांतल्यान उप्रासला. पूण कांय सुशिक्षीत पालक चवथे-पांचवे मदली आडखळ हुपची पडची न्हय म्हूण आरंभा सावन इंग्लिश माध्यम बरें असो अर्दकुटो विचार करतात. अर्दकुटो हे खातीर की ते एके ल्हानशे आडखळीचोच विचार करतात. आरंभा सावन इंग्लिश ही परकी भास माध्यम म्हूण वापरतकूच ताचे शिकपी भुरग्याचेर, ताच्या फुडाराचेर, लोकभाशेचेर,

लोकसंस्कृतायेचेर, राष्ट्रीयत्वाचे भावनेचेर वायट आनी कांय वेळा गंभीर परिणाम कशे जातात तें समजून घेवपाचो यत्न ते करिनात. ते 'कॉमनसॅन्स' म्हणचे 'सामान्य मनशाचें पिशेपण' अशे नदरेन पळयतात आनी स्वताक 'उंचले' मानतात आशिल्ल्यान 'सॅन्स' कडेक दवरून वागतात!

मुळाव्या पावंड्यार माध्यम इंग्लिश आसतकूच लुकसाण कशें आनी केदें जाता तें सांगुंकूच जाय. पूण फुडल्या लेखांत.

***

पालक करतात पाप भुरगीं बाबडीं दितलीं जाप

'पालकांक जाय' ह्या एकाच मुद्द्या वयल्यान दिगंबर कामत सरकारान लोकांच्या पयशांतल्यान एके परदेशी भाशेंतल्यान मुळावें शिक्षण दिवपाचो निर्णय घेतला आनी ते वरवीं शिक्षणांत विकृती हाडपाची गंभीर चूक केल्या. लोकशायेंत लोकांचे इत्शेक फावो तें म्हत्व सरकारान दिवंक जाय हें खरें; पूण सगलेच विशय 'लोकांक कितें जाय' ह्या एकाच मुद्द्याचेर थारावपाचे नासतात आनी सरकार ते तशे थारायना. कांय विशय आसतात जंय 'लोकांची इत्सा' हो एकूच कस लावपाचो आसता. थंय लोकशायेचो मार्ग योग्य आसता. देखीक, गोंयकारांक महाराष्ट्रांत विलिनीकरण जाय काय नाका हो प्रस्न लोकांचे इत्शे वयल्यान थारावपाचो आशिल्लो. देखून ओपीनियन पोल जालो, लोकांनी मतां घालीं आनी तो थारायलो. वेंचणुकेंत लोकांक प्रतिनिधी

म्हूण कोण जाय हें थारावपाक वेंचणूक जाता; लोक मतां दितात आनी चड मतां जाका पडटात तो वेंचून येता.

पूण कांय विशय शास्त्राचेर, विज्ञानाचेर वा तंत्रज्ञानाचेर आदारिल्ले आसतात. थंय 'लोकांक जाय' हो मुद्दो लागू जायना आनी सरकारूय ते लोकांचीं मतां घेवन थारायना. थंय 'लोकांक कितें जाय' हाचे परस 'लोकांच्या बऱ्याचें कितें' हो मुद्दो म्हत्वाचो आसता आनी सरकारूय तोच कस लायता. हॅल्मॅटाची सक्ती करतना सरकारान लोकांचें मत घेवंक ना. घेतिल्लें जाल्यार घडये चडसो लोक ती सक्ती नाका म्हणटलो आसलो. सरकारान बऱ्याचें म्हूण सक्ती केल्या. 'फ्रीडम ऑफ च्यॉयस' दियात अशी मागणी त्या विशयांत जावंक ना. सरकार दर वर्सा पावसाळ्याच्या आरंभाक ट्रॉलरांचेर बंदी घालता ती विज्ञानाच्या आदारान लोकांच्या बऱ्या खातीर घालता. तशें करतना लोकांचें मत घेना आनी ट्रॉलरवाल्यांनीय अजून तरी 'फ्रीडम ऑफ च्यॉयस' जाय अशें मागूंक ना. भुरगें जल्माक येवचे आदीं ताचें लिंग तपासपाचेर बंदी घालपाचो कायदो आसा. चली-भुरग्या विशीं भारतीय समाजांत जो पूर्वग्रह आसा तो मतींत धरून समाजाच्या बऱ्या खातीर तो कायदो केल्लो आसा. परिणाम मतींत घेवन कायदो केल्लो आसा. थंय 'फ्रीडम ऑफ च्यॉयस' ना. आज कांय पालक 'आमच्या भुरग्याक खंयचें माध्यम बरें तें आमी थारायतलीं' अशें म्हणटात, तेच चालीर खंयचेंय जोडपें म्हणूंक शकता: 'आमकां चलो काय चली जाय तें आमी थारायतलीं; आमकां चली नाका जाल्यार आमी जाय तें करतलीं; सरकार कोण आमकां सांगूंक? आमगेर चली नासली जाल्यार सरकाराचें कितें वता?' ही भास चलची ना; ती कित्याकूच उपकरची ना; तिचो परिणाम

जावचो ना. हाचें कारण, समाजाचो फुडार मर्तीत धरून, सैमांतली तुळा मर्तीत धरून समाजाच्या बऱ्या खातीर तो कायदो केला.

समजुंया फाल्यां कॉलराची वा प्लेगाची सांथ पातळ्ळी. भौशीक भलायकेच्या शास्त्रांतले तज्ञ उपाय थारायतले ते प्रमाण सरकार निर्बंध घालतलें, कडक नेम लागू करतलें. सरकार लोकांचें मत घेवचें ना आनी त्या विशयांत कोणाकूच 'फ्रीडम ऑफ च्यॉयस' आसचें ना. हाचें कारण, तो विशय लोकान थारावपाचो न्हय; राजकारण्यांनीय थारावपाचो न्हय. तो विशय भौशीक भलायकेच्या शास्त्रांतल्या तज्ञांनी थारावपाचो.

शिक्षणाचेंय एक शास्त्र आसा. बालमानसशास्त्र ह्या शास्त्राचोय थंय संबंद आसा. देखून मुळाव्या शाळांतलें माध्यम हो विशय त्या शास्त्रांतल्या तज्ञांनी सांगलां ते प्रमाण थारावपाचो. त्या तज्ञांक जें कळटा तें सत्ता आसली म्हूण राजकारण्यांक कळना आनी शिक्षण आसलें म्हूण पालकांक कळना. कारण, दोगांयकूय शिक्षणशास्त्र आनी बालमानसशास्त्र हांचो अभ्यास ना. हे फाटभुंयेचेर, 'पालक मागतात' इतलोच मुद्दो नदरे मुखार दवरून दिगंबर कामत सरकारान निर्णय घेतना पयली चूक केल्या. तज्ञ जें सांगतात आनी अख्खो संवसार जो सिद्धान्त मानता ताचे कडेन आडनदर करून सरकारान दुसरी चूक केल्या. आनी आपणाल्या निर्णयाचे परिणाम कितें जातले हाचो विचार- अभ्यास टाळून तिसरी चूक केल्या. खंयच्याय लोकनियुक्त सरकारान एखाद्रो म्हत्वाचो निर्णय घेतना जे जापसालदारकेन वागूंक जाय ती जापसालदारकी पाळूंक दिगंबर कामत सरकार पुरायेन अपेशी थारलां.

जे पालक कामत सरकाराच्या निर्णयाचें समर्थन करपाचो

यत्न करतात तेवूय गंभीर चूक करतात. कांय पालक नेणार आसात; तांची काकुळ्ट करपाची. पूण जे हरशीं शिकिल्ले - सवरिल्ले आसात ते 'जाणकारां' चो आव हाडटात आनी आपणाक तज्ञ समजतात! खरेपणीं, आपूण भुरग्याचें लुकसाण करतां हें तांकां कळना.

पालकांक भुरग्यांचो फुडार पर्जळीत जावचो अशें दिसप, भुरग्यांच्या फुडारा विशीं हुस्को दिसप हें सबावीक. पूण जंय शास्त्राचो संबंद आसा, थंय तो निर्णय आपणें घेवप ही चूक हें तांकां कळना. भुरग्याक जोर येता आनी घरगुती वखदां दिवन तो वचना तेन्ना त्या भुरग्याचे पालक कितें करतात? वैजा कडेन वतात. भुरग्याक शाळेंत शिक्षकान येतिश्ट मारलो आनी पालकांक ते घडणुके विशीं कायद्याची कारवाय करचीशी दिसली जाल्यार ते कितें करतात? आदोगादासरीं वचून सल्लो घेतात. मागीर शिक्षणशास्त्र आनी बालमानसशास्त्र ह्या विशयांतूच ते आपूण तज्ञ कशे जातात? सगलो संवसार ज्या तज्ञांनी घालून दिल्ल्या सिद्धान्ताक पाळो दिता त्या सिद्धान्ता कडेन ते आडनदर कित्याक करतात? तज्ञांच्या सांगण्या प्रमाण भुरग्यांचें हीत कित्यांत आसा हें समजून घेनासतना ते आपली इत्सा (फकत इत्सा- तिका कसल्याच शास्त्राचो आदार ना) भुरग्यांचेर कित्याक थापतात? ह्या प्रस्नांची एकूच जापः हे पालक शाणे न्हय. ते शिकिल्ले आसतीत. डॉक्टर, आदोगाद, इंजीनीयर, उद्देजक आसतीत. पूण शिक्षणशास्त्र आनी बालमानसशास्त्र ह्या म्हत्वाच्या शास्त्रां संबंदान ते अशिक्षीत आसात, नेणार आसात. तीं शास्त्रां समजून घेवपाक आनी त्या शास्त्रांतल्या तज्ञांचीं मतां जाणा जावपाक तांचो अहंकार आडखळ हाडटा. जशे मंत्री आपणाक संवसारांतल्या सगल्या

विशयांतले तज्ञ समजतात तशे हे पालक स्वताक शिक्षणशास्त्रांतले तज्ञ समजतात! भुरग्याक बूट घेतना 'च्यॉयस' करचो, फाटीर मारपाचें बॅग घेतना 'च्यॉयस' करचो तसोच माध्यमाचो 'च्यॉयस' करचो अशें ते मानतात! परिणामीं, ते भुरग्यांचें बरें करपाची भास उलयतना भुरग्या मुखार आडखळी उब्यो करपाची मांडणी करतात. 'झोपी गेलेला जागा झाला' ह्या मराठी नाटकांत एक पात्र आसा. तेन्नाचे फॅशनी प्रमाण तें पात्र टायट पँट घालता. (तें सवंग खासा लेखक बबन प्रभू करताले) एक दीस हें पात्र कोणा एका दुसऱ्यागेर वता. थंय ताका सोफाचेर बस म्हूण कितलो आग्रो जाता. पूण तें पात्र बसना. येजमानाक तें बरें दिसना, तो पर्थून पर्थून बस म्हणटा. अखेरेक तें पात्र येजमानाचो मान राखपाक एक पावल सोफाचेर दवरून उबें रावता. अशें कित्याक म्हूण विचारतकूच तें पात्र सांगताः टायट पँट घालां, बसल्यार कुल्यार पिंजत म्हूण भंय दिसता!

'फॅशन' वा 'क्रेझ' ही अशी आसता. ती आपणाक सोबता काय ना, ती आपणाक बऱ्याक पडटा काय ना हाचो विचार करिनासतना 'फॅशन' करपी दादले-बायलां आसतात. इंग्लिशी विशींचे 'क्रेझी' क लागून कांय पालकांचें अशेंच घडलां. 'जाणें देखलें ना धर्कल, ताणें देखलें कालूं; खंयच्या तवल्यांत घालूं?' अशी जाण्टेल्यांची एक म्हणणी आसा. कांय लोकांच्या विशयांत इंग्लिश भास हें तसलें 'कालूं' जालां! तें कुळण्यांत दवरचें, भुजांर दवरचें काय माथ्यार दवरचें हें तांकां कळना! इंग्लिश भाशेचें म्हत्व आसाच; पूण आवयच्या दुदाची सर प्लॅस्टिक पोतयेंतल्या दुदाक येना हें तज्ञांचें सांगणें सोनसड्यार व्हरून उडोवपाचें? डॉक्टरान दिल्लें वखद खळयेंत उडोवन 'आमच्या भुरग्याचें बरें

कित्यांत आसा तें आमकां चड बरें कळटा' अशें आवय-बापायन म्हणपाचें? आनी असल्या आवय-बापायक शाणे लेखपाचे? कामत सरकार लेखता. जो जें मागता ताका तें दिलें की तो खोशी जाता हें सरकाराचें धोरण! परिणामांचें कोणाक पडलां?! एक-दोन पिळग्यो उलगतकूच परिणाम कळटले. तेन्ना घडये पालक शाणे जातले. पूण विचारपाक वा जापसालदार धरपाक कामत सरकार आसतलें?

नागरीक ह्या नात्यान खंयच्याय विशयाचेर मत उक्तावपाचें स्वातंत्र्य आनी अधिकार संविधानान आमकां दिला. पूण शास्त्राचेर आदारिल्ल्या विशयांत मत म्हत्वाचें आसता तें त्या शास्त्रांतल्या तज्ञाचें. मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम मायभास आसचें काय एखाद्री परकी भास आसचें हे विशीं हांव कितें बरयतां; एकाद्रो डॉक्टर, इंजीनीयर वा आर्किटॅक्ट कितें सांगता; मराठींतल्यान मुळावें शिक्षण घेवन इंग्लिशींतल्यान सरकार चलोवपी दिगंबर कामत कितें सांगता वा इंग्लिश माध्यमाचे मुळावे शाळेंत वचून 'ड्रॉपाउट' जाल्लो चर्चिल आलेमांव कितें सांगता हाका म्हत्व ना. शिक्षणशास्त्र आनी बालमानसशास्त्र हातुंतले जाणकार जें सांगतात तें म्हत्वाचें. संवसारभरांतले शिक्षणतज्ञ आड्डून सांगत आयल्यात- मुळावें शिक्षण मायभाशेंतल्यान जावचें. स्वीडनांतल्या स्टॉकहोम विश्वविद्यांतल्या डॉ. कॅरोल बॅन्सन हांच्या मतान मायभाशेचेर आदारिल्लें द्विभाशीक शिक्षण (MOTHER TONGUE BASED BILINGUAL EDUCATION), म्हणचे मुळावें शिक्षण मायभाशेंत, फुडें इंग्लिशींत ही तरा भुरग्याचे बौद्धीक वाडीक, एकेच भाशेंतल्या शिक्षणा परस अदीक बरी थारता. पूण ज्या गोंयांत शिक्षक जावन गेल्ल्या सुभाष शिरोडकाराचें पसून ह्या

विशयांत अज्ञान आसा त्या गोंयांतल्या सर्वसामान्य पालकांच्या अज्ञानाची खोलाय कितली आसुंये हाचो अदमास करूंक जाता. ख़ंत इतलीच भोगता की अविचार करतात पालक पूण त्या अविचाराच्या परिणामांतल्यान लुकसाण जातलें तें मात भुरग्यांचें. कोण एकली आवय खंय धुवेक सुंदर करचे पासत तिचे कुडीक कितल्योश्योच सुयो तोपता आनी इंजेक्शनां दिता. धूव बाबडी ती पिडापीड दिसपट्टी भोगता. गोंयांतूय पालक आसात जे ल्हानपणांतूच भुरग्यांक इंग्लिशीचीं इंजेक्शनां दिवन 'पेलवान' करूंक सोदतात! असले पालक-मतदार गोंयांत आसात हेच खातीर आमकां दिगंबर कामतीच्या नांवान चलयल्लें चर्चिल आलेमांवाचें सरकार फावो जाता काय?

***

शिक्षणाच्या माध्यमाचो विशयः लोकांचो कौल जाय? हो घेयात!

मुळाव्या शिक्षणाच्या माध्यमाचो विशय हो आझाद मैदानार वा लोहिया मैदानार जमिल्ल्या लोकांनी हात वयर करून थारावपाचो न्हय. हो विशय ओपीनियन पोल घेवन थारावपाचो न्हय आनी वेंचणुके वरवीं थारावपाचो न्हय. 'मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम खंयचें आसचें?' ह्या प्रस्नाची जाप दोन शास्त्रांच्या आदारान सोदची पडटाः शिक्षणशास्त्र आनी बालमानसशास्त्र. त्या शास्त्रांच्या तज्ञांनी तें थारावपाचें आसता. तज्ञांनी तें थारायल्लें आसा आनी अख्ख्या संवसारान तें मानून घेतलां. देखून दर एका राष्ट्रांत मायभास हें मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम आसचें हें तत्व मान्य केलां. इंग्लिश भास ही 'अंतरराष्ट्रीय भास' वा 'ग्लोबल भास' अशें लेखून फ्रान्स, स्पेन, पुर्तुगाल, जर्मनी ह्या युरोपांतल्या देशांनी मुळाव्या शाळांनी इंग्लिश भास माध्यम म्हूण आपणावंक

ना. चीन, जपान, रशिया ह्या देशांनीय तशें करूंक ना. भारतांतल्या 28 राज्यां मदल्या 27 राज्यांनी तेंच संवसारीक तत्व मानून घेतलां.

अशें आसुनूय कामत सरकारान- भोव करून कामत सरकारांतल्या काँग्रेस पक्षान- अविचारान माध्यमा विशीं निर्णय घेतलो आनी ताचें समर्थन करतना सांगलें, लोकांक जाय म्हूण तो निर्णय घेतला; 52 हजार पालकांनी सयो करून तशी मागणी केल्या.... म्हणचे, लोकांक तें जाय आनी लोकांचे ते इत्शेचो मान राखूंक आपणें तशें केलां अशें भासोवपाचो यत्न काँग्रेस पक्षाच्या फुडाऱ्यांनी केला.

त्या अविचारी निर्णयाक विरोध करचे पासत भारतीय भाशा सुरक्षा मंच ही संघटना स्थापन जाली. सरकारान तो निर्णय रद्द करचो अशी मागणी करून ते संघटनेन आंदोलन चलयलें. सुमार 8-9 म्हयन्यांनी विधानसभेची वेंचणूक आयली. ती लागीं पावतकूच भारतीय भाशा सुरक्षा मंचान घोशणा दिली- निर्णय रद्द करात; तशें केलें ना जाल्यार सरकाराक सत्ते भायरें करून तो निर्णय बदलून घेतले.

आनी वेंचणूक जाली. बदल जालो. काँग्रेस-राष्ट्रवादी काँग्रेस हांची युती खर अपेसाक लागून लजेक पडली आनी भाजपा- म.गो. हांची युती सत्तेर आयली. हो बदल फकत भाभासुमं संघटनेन घडोवन हाडलो अशें म्हणपाचो अहंकार कोणूच दाखोवचो ना. तें खरें न्हय. पूण बदल घडोवन हाडपाक जे पक्ष आनी ज्यो संघटना वावुरल्यो तांचे मदीं भाभासुमंचो खेरीत वांटो आशिल्लो आनी वेंचणूक- प्रचारांत जे जे मुद्दे आयले तातूंत माध्यमा विशींचें काँग्रेस पक्षाचें धोरण हो एक मुद्दो आशिल्लो. देखून वेंचणुकेचो

निकाल आनी माध्यमाचो विशय हांचे मदीं संबंद आसा. ह्या विशयाचो प्रभाव वेंचणूक- निकालाचेर पडला हें काँग्रेस फुडाऱ्यांनीय कबूल केलां. हेरशीं, आदीं म्हणलां ते भाशेन माध्यम हो विशय वेंचणुके वरवीं थारावपाचो न्हय; पूण लोकांच्या नांवान जेन्ना एक अविचारी निर्णय जाता आनी ताचेर आंदोलन चालू आसतनाच वेंचणूक येता तेन्ना जांकां लोकांचो कौल जाय तांकां तो वेंचणूक- निकालांत दाखोवं येता.

काँग्रेस पक्षान तो माध्यमा विशींचो निर्णय फुडें व्हरपाचें उतर जाहिरनाम्यांत दिल्लें. वेंचणुकेंत लोकांनी काँग्रेसीक सत्ते वयल्यान देंवयली. तिचो जाहिरनामो मानून घेतलो ना; तो नाका अशें स्पश्टपणान सांगलें. फाटले विधानसभेंत काँग्रेस वांगड्यांचो आंकडो 20 आसलो. तो णवांचेर हाडलो आनी काँग्रेसीक विरोधी पंगडांत बस म्हूण सांगलें. ज्या मंत्रिमंडळान तो माध्यमा विशींचो निर्णय घेतिल्लो त्या मंत्रिमंडळांत काँग्रेसीचे 9 मंत्री आशिल्ले. तातुंतल्या 6 जाणांक घरा धाडले; फकत तीग जाण हावा-शिवा करून जिखूंक पावले. लोकान काँग्रेसीक माथ्यार घेवन नाचयली ना; तिका पुराय नेटान धरणीर आपटिली. लोकान कसलो कौल दिलो?

दुसरे वटेन, लोकान भाजपा आनी म.गो. हांचे युतीक सत्तेर हाडली. दोनूय पक्षांनी मुळावें शिक्षण मायभाशेंत आसूंक जाय आनी इंग्लिश मुळाव्या शाळांक अनुदान फावना हें धोरण आपणायलां आनी जाहिरनाम्यांनी तें स्पश्टपणान सांगलां. फाटले विधानसभेंत भाजपाचे 14 आनी म.गो. चे 2 मेळून 16 वांगडी आशिल्ले. वेंचणुकेंत लोकान 21+3 मेळून तांचे 24 वांगडी वेंचून दिल्यात; तांकां भौमताची घटाय दिल्या. लोकान कसलो

कौल दिला?

इंग्लिश माध्यमाच्या मुळाव्या शाळांक अनुदान दिवचें अशी मागणी करून चळवळ सुरू जाली ती साश्ट म्हालांत. 'फोर्स' नांवाचो फार्स हो साश्टींतलोच. आनी ह्या साश्ट म्हालाक काँग्रेसीचो बालेकिल्लो म्हणटाले. साश्टीन कौल दिलो तो कसलो? फाटले विधानसभेंत साश्टींतले 6 काँग्रेस मंत्री वा आमदार आशिल्ले. 8 जाग्यांमदले 6 जागे. वेंचणुकेंत कितें घडलें? काँग्रेसीचे फकत 2 उमेदवार वेंचून आयले. भाजपाचो 1 आनी त्याच पक्षाच्या आदारान वेंचून आयिल्ले 2 अपक्ष अशे तीन वांगडी आज सरकार-पक्षांत आसात. साश्ट म्हालान काँग्रेसचें धोरण उखलून धरलें ना होच हाचो अर्थ न्हय?

इंग्लिशवादी निर्णया फाटलो सगल्यांत व्हडलो खलनायक चर्चिल आलेमांव. तोच दिगंबर कामत, सुभाष शिरोडकार, 'फोर्सा'चे प्रतिनिधी हांकां घेवन दिल्ली गेल्लो आनी थंयच त्या अविचारी निर्णयाचो बेत थारिल्लो. कामत-शिरोडकार चर्चिलाक शरण गेल्ले. दिल्लीश्वर तर समजताले, अख्खें गोंय चर्चिलाच्या पांयां कडेन लोळटा! चर्चिल थंयसून 'हिरो' कसो गोंयांत परतलो आनी आपणाल्या 'पराक्रमा'ची पान-पानभर जायरात ताणें कांय दिसाळ्यांनी छापली! ह्या चर्चिला विशीं लोकान कौल कितें दिलो? लोकान ताका घरा बसयलोच; पूण आलेमांव कुटुंबांतल्या आनीक तिगांक कांय कोटी रुपया खर्चूंक लावन घरा बसयले. जो स्वताक हिरो समजतालो ताका लोकान खलनायक लेखून ख्यास्त दिली. ताची काकुळट अशी की ताचे आड 'कारस्थानां' फकत मनशांनीच न्हय; तर यंत्रांनी पसून केलीं! चर्चिल आलेमांवाक लोकान जो न्याय दिला तातूंत कौल ना?

आर्दी म्हणलां ते भाशेन आदले मुख्यमंत्री दिगंबर कामत आनी प्रदेश काँग्रेसचे अध्यक्ष सुभाष शिरोडकार हे चर्चिल आलेमांवाक शरण गेल्ले आनी ताचीच भास उलयताले. संद मेळटा थंय ते त्या अविचारी निर्णयाचें समर्थन करूंक पळयताले. ते चर्चिलमय जाल्ले. फातोर्ड्यांचे सभेंत सोनिया गांधी हांणी जें भाशण फिर्गी भार्शेत वाचलें त्या भाशणांत हो इंग्लिशवाद आयलो तो कामत-शिरोडकार हांकांच लागून. लोकान कितें कौल दिलो? सोनिया गांधींचो फिर्गी भाशेंतलो शेमांव लोकाचे तकले वयल्यान गेलो; दिगंबर कामत मुख्यमंत्रीपदाचे पुण्यायेन जिखलो; पूण प्रदेश काँग्रेसच्या अध्यक्षाक, सुभाष शिरोडकाराक, शिरोडेंच्या लोकान आपटिलो. 2007 वर्सांतले वेंचणुकेंत आपटिल्लोच. हे खेपे इंग्लिशवादा सकट आनीक नेटान आपटिलो. आनीक कौल जाय?

नवे विधानसभेंतलें चित्र होच कौल वेगळे तरेन नदरेक हाडून दिता. मुळावें शिक्षण देशी भाशांतल्यान आनी इंग्लिश माध्यमाक अनुदान ना ह्या धोरणाक बांदिल्ले उण्यांत उणे 24 वांगडी आसात. भाजपाच्या पालवान वेंचून आयिल्ले दोन अपक्ष वांगडी सरकार-पक्षांत आसात. तांकां युतीचीं ध्येयधोरणां मान्य आसात हेच खातीर ते सरकार- पक्षांत आसात. ते भायर, माध्यमाच्या विशयाचेर तांणी वेगळें मत उक्तावंक ना. म्हणटकूच तो आंकडो 26 जाता. हाचे आड इंग्लिश माध्यमाक अनुदान दिवचें ह्या धोरणाक बांदिल्ले 11 वांगडी आसात- काँग्रेसीचे 9 आनी मिकी पाशेकोचे गोवा विकास पार्टीचे 2. उरतात 3 अपक्ष. तांणी माध्यमाच्या विशयांत आपणालीं मतां जाहीर करूंक नात. अशे परिस्थितींत 26 आड 11 आनी 3 तटस्थ अशें हें चित्र

जाता. हे 3 अपक्ष वांगडी विरोधी पंगडांत बसतले. तांकां आनी हेर 11 जाणांक एकठांय केले जाल्यार 14 जाण जातात. तरी 26 आड 14! लोकान कौल कसो दिला?

क्रिस्तांव समाजाक तें इंग्लिशवादी धोरण जाय अशें भासोवपाचो यत्न जाला. थळाव्या कॉंग्रेस फुडाऱ्यांनी दिल्लींत तशेंच चित्र पितारलां. पूण तें सत्याक धरून ना. गोंयांतल्या क्रिस्तांव समाजांत संस्कृतीभ्रश्ट (deculturised) असो एक घटक आसा. 'फोर्स' संघटना प्रतिनिधित्व करता तें ह्या घटकाचें. ह्या घटकाक जें जें देशी ताचे विशीं न्यूनगंड आसा; तातूंतल्यान तांचो इंग्लिशवाद येता आनी कोंकणी ही तांकां 'क्रियादांची भास' दिसता. संवसारान वा देशान मानून घेतिल्लो सिद्धान्त तांकां नाका जाता. पूण सरसकट सगलोच क्रिस्तांव समाज त्या मताचो ना. थोडे धडधडीत उलयतात वा बरयतात आनी आपलीं मतां उक्तायतात; तर थोडे उलोवंक वा बरोवंक फाटीं रावतात इतलेंच. भाजपाच्या तिकेटींचेर वेंचून आयिल्ले क्रिस्तांव समाजांतले 6 वांगडी नवे विधानसभेंत आसात. ते भाजपाच्या जाहिरनाम्याक बांदिल्ले आसात. जे दोन अपक्ष वांगडी सरकार-पक्षांत आसात तेवूय क्रिस्तांव समाजांतले आसात आनी सरकार-पक्षाच्या धोरणांक तांचो तेंको आसा. हाचे वयल्यान, सरसकट सगलोच क्रिस्तांव समाज माध्यमाच्या विशयांत 'फोर्स' संघटने वांगडा ना असोय कौल हे वेंचणुकेन दिला.

भाजपान ह्या विशयांतलें आपणालें धोरण लिपोवन दवरूंक ना वा कायलोळ्योय करूंक नात. तें जाहिरनाम्यांत मांडलां आनी जाहिरनाम्याचें प्रकाशन करतना तें विस्कावन सांगलां. तो जाहिरनामो उजवाडा येतकूच 'फोर्स' संघटनेन भाजपाचेर टिका

केली आनी भाजपाक मतां दिवचीं न्हय असो उलो लोकाक मारलो. कोणें आयकलो तो? हिंदू समाजान तर आयकलोच ना; पूण क्रिस्तांव समाजानूय आयकलो ना हाची गवाय वेंचणुकेच्या कौलांत मेळटा. तो उलो क्रिस्तांव समाजान आयकल्लो जाल्यार चर्चिल भूंयभरवण जावचो नाशिल्लो; आज 8 क्रिस्तांव वांगडी सरकार- पक्षांत आसचे नाशिल्ले आनी भाजपा-म.गो. युतीचें सरकार घडचें नाशिल्लें.

दुसरी देख आसा तृणमूल काँग्रेसीची. डॉ. विली डिसोझा ह्या पक्षाच्या गोंय फांट्याचे मुखेली. जाहिरनाम्यांत तांणी माध्यमा विशींचो मुद्दो ठळकपणान मांडलो आनी जाहिरनामो लोकां मुखार मांडटना तो पोटतिडकीन सांगलो. लोकान कसो कौल दिलो? गोंयकारांनी तृणमूल काँग्रेसीक सुक्या तणा वांगडा हुलपायली. त्या पक्षाचे सगले उमेदवार पडले- न्हय; पडून बरेच धाडावले. एक समीर साळगांवकार सोडलो जाल्यार हेर सगल्या उमेदवारांचें डिपॉझिट जप्त जालें- डॉ. विली डिसोझाचें धरून! डॉ. विलीक 700 परस उणीं मतां पडलीं. जिखून कोण आयलो? ग्लॅन डिसोझा तिकलो. तो उमेदवार भाजपाचो. हळदोणें मतदारसंघांतल्या लोकान कितें उखलून धरलें: डॉ. विलीचो फिर्गीवाद काय भाजपाचे देशी संस्कृती विशींचो अभिमान? हळदोणेंच्या मतदारांनी खंयचे वाटेन कौल दिलो? जो कौल हळदोणें मतदारसंघाचो तोच कौल गोंय राज्याचो हें वेगळें सांगपाक जाय?

इतलें सगलें बरयलें तरी पर्थून सांगपाक जाय- माध्यमा विशींचो निर्णय हो ओपीनियन पोल घेवन वा वेंचणुके वरवीं घेवपाचो नासता. पूण लोकांचो कौल घेवपाची खुरखुरी जांकां आशिल्ली तांकां लोकान वेंचणुकेंत कौल दिला. जांकां समजून

घेवपाची तांक आसा तांणी तो समजून घेवचो. जांकां ती तांक ना वा इत्सा ना तांणी कितें करचें? तांणी कट्टीभर उदकांत नाक बुडोवन जीव दिवचो अशें कोणूय म्हणत! हांव तशें म्हणचों ना.

***

खर आंदोलनाची तयारी दवरचीच पडटली

मुळाव्या शिक्षणाच्या माध्यमा संबंदान कोंकणी भाशा मंडळान खर शिटकावणी दिल्या ती योग्य आसा. पूण तितलें पावचें ना. चारित्र्यहीन, कायदे नेम मोडपी आनी आपसुवार्था खातीर कितेंय करूंक गोंयच्या फुडाराची वाट लावपाक पसून-तयार आसपी अशे कांय मनीस मंत्रिमंडळांत पावल्यात. हे असले अविचारी मनीस केन्ना कितें करतीत ताचो नेम ना. देखून शिटूक तर रावचें पडटलेंच; माध्यमा विशीं सध्याचें धोरण बदलपाचो यत्न जावं येता अशें दिसलें जाल्यार खर आंदोलन सुरू करपाची तयारीय दवरची पडटली. कोंकणी भाशा मंडळ ही चळवळींतल्यान जल्माक आयिल्ली संस्था. ती सरकारी अनुदानाचेर न्हय तर लोक -बळग्याचेर चलत आयल्या, वाडत गेल्या. चळवळीचें फुडारपण करपाची शक्ततिका आसा. आनी हे चळवळींत मंडळान

एक सुरेपणान फुडें सरपाची गरज ना. कितल्याशाच संघटनांनीय कांय राजाकारण्यांच्या त्या पिशेपणांक विरोध उक्तायला. तांकांय वांगडा घेवन मोटें आंदोलन उबारूंक जातलें. मंडळान ती तयारी सदांकाळ दवरची.

इंग्लिशीच्या नांवान तरेकतरांचीं पिशेपणां घडत रावतलीं. हाचें कारण गोंयकार समाजांत संस्कृतीचे नदरेन हुमटल्लीं जायतीं मनशां आसात. त्रिश्तांव ब्रागांझ कुन्य हांच्या वेळार गोंयकार समाजांत देशभ्रश्ट मनशां आशिल्लीं. तांचेर कुन्य हांणी उजवाड घालो. तीं देशभ्रश्ट मनशां आर्दी संस्कृतीभ्रश्ट जालीं हाचेरूय तांणी उजवाड घालो. आयच्या गोंयांत असलीं मनशां नासतलीं पूण कांय संस्कृतीभ्रश्ट मनशां आसात आनी ताचे वरवीं गोंयच्या फुडाराक भिरांत आसा. हीं मनशां कितें उलयतात ताका म्हत्व नासता. तीं कशीं वागतात आनी कसल्यो करण्यो करतात हाचे वयल्यान तांची संस्कृती पारखुची पडटा. घरांत इंग्लिश उलोवपी मनीस भायर कोंकणीवादाचें लेबल लावन भोंवलो म्हूण कोंकणीवादी जायना. मुळावें शिक्षण इंग्लिश भाशेंतल्यान करचें अशें सांगपी मनीस कोंकणी भास पाडा घालूंक सोदता; वयर काडूंक न्हय. तो स्वता संस्कृतीभ्रश्ट जाल्लो आसता आनी गोंयकारांच्यो फुडल्यो पिळग्योय तश्योच संस्कृतीभ्रश्ट जावच्यो असो ताचो आंवडो आसता.

इंग्लिशवादी मनशांनी लोकांची दिशाभूल करपाचो वावर चालू दवरला हाचीय जाणविकाय कोंकणी चळवळींतल्या वावुरप्यांनी धरपाक जाय. एक रोमी कोंकणीवादी-खरेपणीं इंग्लिशवादी -एका इंग्लिश नेमाळ्याचो स्तंभलेखक आसा. तो आपणाल्या स्तंभांत बरयता, कोंकणी आनी मराठी माध्यमांतल्यान

शिकतात तीं भुरगीं खंय गोंया भायल्यान आयिल्ल्या कामगारांचीं! आनीक एका इंग्लिश सप्तकी नेमाळ्याची एक स्तंभलेखिका प्रस्नचिन्नां घालून बरयता, गिरेस्त लोक देशी भाशा गरिबांचेर थापूंक सोदतात काय?! एक तर तो स्तंभलेखक आनी ही स्तंभलेखिका गोंयांतले परिस्थिती विशीं अज्ञानाच्या काळखांत आसात; वा फटींगपणांनी लोकांक फटोवंक सोदतात. भुरग्याचें माध्यम पालक थारायतात. तें कोण कोणाचेर थापिना. सरकारी खर्चान एके परदेशी भाशेंतल्यान देशी भुरग्यांक मुळावें शिक्षण दिवप हें शिक्षणीक धोरणांत बसना आनी सरकारी धोरणांतूय बसना. देखून इंग्लिश माध्यमांतलें मुळावें शिक्षण फी फरीक करून घेवचें पडटा. तें म्हारग पडटा जाल्यार तो दोश हेरांच्या माथ्यार फोडूंक जावचो ना. फॅशन आनी व्यसन म्हारग आसता. देखून सरकार सोरो, सिगरेट असल्यो गजाली म्हारग करीत वता. गिरेस्तांकव्हिस्की आनी दुर्बळांकमाडाची वा काजूची फेणी अशें कोणूच पिरंगना. पयशेकार खाजगी हॉस्पिटलांनी वतात आनी मोटीं बिलां भरतात. सरकारी हॉस्पिटलांनी तसो खर्च नासता. पूण सरकारी हॉस्पिटलां गरिबांच्या माथ्यार मारल्यांत असो शीण कोणूच काडिना. पूण मुद्दे नासतकूच मागीर फटींगपणाचे सरयेर असली सर्कस करची पडटा. असले मुद्दे मांडपी मनशां आपणाले भोंवतणी थोडेंच कितें पळयतात आनी तेंच सगलें अशा भ्रमांत वावुरतात. हेर कडेन कितें चल्लां हाचे विशीं तीं अज्ञानी तर आसतातूच; पूण तें समजून घेवपाचो यत्न पसून करिनात.

गोंयांत इंग्लिश ही एकूच भास मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम करपाचो अविचार जांकां सुचलो तांकां संविधानाची वळख ना आनी देशांत कितें घडटा हाचीय खबर ना. कर्नाटक सरकारान

फकत कन्नड भास हें सगल्या मुळाव्या शाळांनी शिक्षणाचें माध्यम करपाचो निर्णय घेतिल्लो. हालींच कर्नाटक उच्च न्यायालयान तो रद्द केला. हाचें कारण तो संविधानान दिल्ल्या अधिकारांचे फास्केंत बसना. संविधान दर एका राज्यांत रावपी भाशीक अल्पसंख्याकांक आपणाले मायभाशेंतल्यान मुळावें शिक्षण घेवपाचो अधिकार दिता. तें तांकां राज्य सरकारान दिवपाक जाय. संविधानांतले ते तजविजेक लागून गोंय सरकार हिंदी, कन्नड, उर्दू बी भाशांतल्यान मुळाव्यो शाळा चलयता. देखून माध्यमा खातीर एक भास वेंचून काडप शक्य ना. आनी मुळावें शिक्षण मायभाशेंतल्यान दिवपाचें धोरण सरकारान आपणायतकूच सरकारी शाळांनी इंग्लिश हें माध्यम जावप शक्य ना. कांय वर्सां आदीं इंग्लिशवाद्यांनी एक आंदोलन केल्लें. तें निर्फळ जालें. न्यायालयाचें दार धोडावपाक कोणाकूच काळीज जालें ना. हाचें कारण, आपणाली मागणी कायद्याभायरी हें ते बेस बरें जाणा आशिल्ले. हालयल्यार कितेंय झडटा काय म्हूण ते पळयताले. कोंकणीचें आंदोलन वेगळें आनी इंग्लिशवादी आंदोलन वेगळें हें तांकां मागीर कळ्ळें.

बाबुश-लौरेंस हांचो हो नवो यत्न निर्फळ जालो तरी हो रोग पुरायेन ना जावचो ना. फाल्यां कोणूय बाबाझिन्य-मेर्गुल्यांव एकठांय जावन पर्थून इंग्लिशीचो बावटो वयर काडपाची शक्यताय आसा. हाका एक मुळावें कारण आसा. वसाहतवादाच्या काळांत गोंयकार समाजाच्या एका वांट्याक देशी संस्कृतायेंतल्यान हुमटावन 'निश्ठावंत पुर्तुगेज नागरीक' करपाचो यत्न पुर्तुगेजान केलो. ताचे खूब वायट परिणाम जाले. तो वांटो देशी संस्कृताये पसून पयस गेलो; इतलेंच न्हय, तर कांय जाणां मर्दी देशी

संस्कृतायेक उणाक लेखपाची भावना उप्रासली. गोंयचे सुटके उपरांत हें सगलें बदलूंक जाय आशिल्लें. प्रवास देशी संस्कृतायेचे दिशेन जावंकजाय आशिल्लो. जांकां हुमटायिल्ले तांणी आपणार्ली मुळां सोदपाचो यत्न करूंक जाय आशिल्लो. अडेचें तें सोडून दिवन निजाचें तें आपणावंक जाय आशिल्लें. पूण तशें कांयच घडलें ना. पुर्तुगेज भाशेची सुवात इंग्लिश भाशेन घेतली आनी पुर्तुगेजी परस इंग्लिशीक संवसारांत चड म्हत्व आशिल्ल्यान ती नेटान पातळ्ळी. देशी संस्कृताय सोडून दिवन परदेशी संस्कृताय आपणावपाचो रोग उणो जावचे सुवातेर तो बळावलो. आर्दी संस्कृतायेंतल्यान दुसरे हुमटायताले. आतां नवी पिळगी आपणाक आपुणूच हुमटावंक लागली. म्हाजनांची नक्कल भोवजन समाज करपाक लागलो आनी संस्कृतीभ्रश्ट मनशांचो आंकडो वाडत गेलो- वाडत आसा. मुळाव्या शिक्षणा खातीर इंग्लिश भाशेच्या माध्यमाचो आग्रो हें त्या रोगाचें फकत एक लक्षण. गोंयाकारान गोंयकारा कडेन इंग्लिश भाशेंत उलोवप हें दुसरें लक्षण. मुखार गोंयकार बशिल्ले आसात तें खबर आसतनाय सभा-संमेलनांनी फिर्गी भाशेंत भाशणां करप हें तिसरें लक्षण. अशीं आनिकूय कितलींशींच लक्षणां आसात. थोडे भितर सांगचें जाल्यार, वसाहतवादांत परक्यांनी सुरू केल्लो रोग स्वराज्यांत आनिकूय पातळ्ळा; तो पातळपाक फावो तें वातावरण आमीच तयार केलां. देशी संस्कृतायेचो अभिमान नासप आनी तिका कुस्कुटावन हेर संस्कृताय आपणावप हें देशभ्रश्टपणाचें एक लक्षण अशें मानलें जाल्यार आयजूय आमचे मर्दी देशभ्रश्ट मनशां आसात अशें खंतीन म्हणचें पडटलें.

आयच्या गोंयांत तीन गजाली समांतर चलिल्ल्यो दिश्टी

पडटात. गोंयकार समाजांतले कांय घटक आपणाले नीज संस्कृतायेचीं पाळां-मुळां घटमूट करून तांकां सारें-उदक घालून अस्मितायेचो खताविल्लो हारसो पुसून चक्क करूंक सोदतात. भारतीय संस्कृतायेच्या पोरसांत गोंयचे कोंकणी संस्कृतायेचें फूल पुरायेन फुलचें आनी परमळचें म्हूण यत्न करतात. कांय घटक देशी संस्कृतायेचें दायज मानतात, पूण तांकां आपणाले अस्मितायेची सारकी वळख अजून घडूंक ना. ती वळख घडपाची प्रक्रिया चालू आसा; पूण गती मंद आसा. एक -दोन पिळग्यां उपरांत ह्या घटकांक योग्य मार्ग मेळटलो आनी अडेची कात सोड्न ते अस्मितायेच्या आंगणांत वावुरतले असो विस्वास धरूं येता. तिसऱ्या वर्गांतले घटक मात स्वराज्यांतूय 'परदेशी' जावपाक हात-पांय धोडायतात. पुर्तुगेजान दिल्लें बरें तें सांबाळून दवरचेंच; पूण जें बळजबरेन थापिल्लें ताकाय ते वेंग मारून रावपाक सोदतात. मुळाव्या शाळांनी माध्यम म्हूण फिंर्गी भास जाय; घरांत आनी घरा भायर उलोवपाकइंग्लिश भास जाय; फिंर्गी लिपी जाय, गरज नासतनाय फिंर्गी भेस जाय; फिंर्गी चाली जाय, फिंर्गी रिती जाय. हो यत्न आपल्याच हातान मुळां खणून काडपाचो. पूण परिणाम? धड देशी न्हय; धड परदेशी न्हय असो हो मदले मर्दी हुमकळपी अस्मिताय शेणयल्लो गोंयकार! हे असले परिस्थितीक लागून गोंयकार समाज दिशाहीन जाला; एकवटाचे नदरेन विस्कळीत जाला आनी संस्कृतायेचे नदरेन कांय जाणांक 'कॉज्मॉपॉलिटन' दिसूंकलागला. 'कॉज्मॉपॉलिटन' ह्या उतराचो मूळ अर्थ कितेंय आसूं, गोंयच्या संदर्भांत ताचो अर्थ जाला आपणाली अशी संस्कृताय आनी अस्मिताय नाशिल्लो. एक मोटी भरस-रुप-रंग नाशिल्ली, खेरीतपण नाशिल्ली! मागीर आमी जाका 'गोंयकारपण'


म्हणटात तें खंय गेलें? आसा तें; पूण आमी तें माळ्यार दवरलां. आदीं पुर्तुगेजान बळजबरेन तें आमकां माळ्यार दवरूंक लायलें. मागीर मराठी आयली तेन्ना आमी तिचें बोट धरलें. माळ्या वयलें गोंयकारपण सकयल देंवोवंक विसरले. 'आमी कोण?' ह्या प्रस्नाची जाप तर विसरलेच; पूण गरज उप्रासली तेन्ना तो प्रस्न स्वताक विचारूंकूय विसरले. आतां जर आमकां जाग येता, स्वताची वळख मेळटा, भ्रमाचे बोमाडे फुट्टात, कोण इश्ट आनी कोण दुस्मान हें कळटा; तर जेन्ना जेन्ना संस्कृतायेचेर आनी अस्मितायेचेर कोणूय हावळ हाडूंक सोदता तेन्ना तेन्ना ताचे आड झूज मांडपाक फुडें सरचें पडटलें. लोक शायेंत त्या झुजाचो सध्या तरी अर्थ असो की खर आंदोलन करपाची तयारी दवरची पडटली.

***

आतां उक्ती एकूच वाट: तो निर्णय रद्द करात

दिगंबर कामत सरकार सध्या बाबुश मोंसेर्रात हांचे कडेन आशिल्ल्या शिक्षण खात्या वरवीं दोन तरांनी गोंयकारांक वीख खावोवपाचो यत्न करता. एक तरा-जेवणांत पाली घालून विद्यार्थ्यांक वीख खावोवपाची; तर दुसरी तरा - सरकारी खर्चान एके परदेशी भाशेंतल्यान मुळावें शिक्षण दिवन आयच्या भुरग्यांक फाल्यां संस्कृती भायरे आनी परकी करून उडोवपाची. पयले तरेचें वीख रोखडोच परिणाम दाखयता आनी विद्यार्थ्यांक हॉस्पिटलांत घालचें पडटा. दुसरे तरेचें वीख हें 'स्लो पॉयझन' ह्या रुपाचें. हाचे परिणाम रोखडे दिसनात. धा- बारा वर्सां वतलीं. घडये एक-दोन पिळग्यां उपरांत ते नदरेंत भरतले.

दुसरे तरेचें वीख सरकारी खर्चान पातळावपाचो जो निर्णय कामत सरकारान घेतलो तो शुद्ध मनान आनी फावो ते रितीन



घेतलो ना. जें शुद्ध मनान जायना तें केन्नाच सारकें जायना. तेंच ह्या निर्णया विशीं घडलां. निर्णय बारा जाणांच्या मंत्रिमंडळान घेतलो; पूण आतां त्या निर्णयाचे अंमलबजावणेचेर नदर दवरपाक नेमिल्ले समितींतल्या अधिकाऱ्यांनी त्या निर्णयांतले दोश दाखयल्यात. त्या दोशांक लागून बाराय मंत्र्यांचें अबुद्दीपण आनी निर्णय घेवपांतली बेपर्वाय वाऱ्यार पडल्या. घडये उच्च न्यायालयांतूय त्या दोशांक लागून सरकाराची अब्रू वचपाची आसा.

जे तरेन, म्हणचे ज्या बेजबाबदारपणान आनी बेपर्वायेन, कामत सरकारान तो निर्णय 25 मे दिसा घेतलो ती तरा बारीक तपासून पळयल्यार हें अशेंच घडपाचें. सरकार जेन्ना एकाद्रो कायदो करता तेन्ना ताची एक थारिल्ली प्रशासकी प्रक्रिया आसता. कायदो ज्या खात्या कडेन संबंदीत आसा तें खातें त्या कायद्याचो मसुदो तयार करता. तो मागीर कायद्या खात्या कडेन वता. थंय कायद्याच्या सगल्या आंगांनी ताचो अभ्यास जाता, दोश वा विसंगती आसत जाल्यार मूळ खात्या कडेन चर्चा करून ते काडून उडयतात. उपरांत वित्त खातेंय तो कायदो तपासून अर्थीक भार येतलो काय कितें, येतलो जाल्यार कितलो हाचो अभ्यास करता, फावो तें सुचयता. अशे तरेन तो कायदो निर्दोश आसा अशी खात्री जातकूच तो मूळ खात्या कडेन वता. त्या खात्याचो मंत्री मंत्रिमंडळाचे मान्यताये खातीर तो मंत्रिमंडळाचे बसकेंत मांडटा. मंत्री शिकिल्ले आसत आनी आपणाले जापसालदारकेची जाणविकाय आशिल्ले आसत जाल्यार तो मसुदो वाचतात, सुचोवण्यो करतात. ते चर्चिल वा बाबूशा भाशेन आसत जाल्यार मसुद्याक आफुडनात. मंत्र्यांक बुद्द आसत जाल्यार ते मसुद्याचेर

चर्चा करतात, सुचोवण्यो करतात. बुद्दीचो दुश्काळ आसता तेन्ना ते 'पास' म्हणटात आनी व्हिस्की पियेवंक बसतात. मंत्रिमंडळान मानून घेतिल्लो मसुदो मागीर छापूंक वता आनी संबंदीत मंत्री तो विधानसभेंत मांडटा.

कसलोय म्हत्वाचो निर्णय घेवपाचो आसता तेन्नाय प्रशासकी प्रक्रिया लार्गी- लार्गी अशीच आसता. संबंदीत खातें निर्णय कित्याक घेवंक जाय वा आसा तो निर्णय कित्याक बदलूंक जाय हाचे विशीं कारणां दिवन आनी फावो ती म्हायती, आंकडे दिवन एक निवेदन तयार करता आनी निर्णय वा बदल कसो आसचो ताचो मसुदोय वांगडा जोडटा. ताची 'फायल' जाता आनी ती संबंदीत खात्यांनी, म्हळ्यार कायदो, वित्त आनी गरज आसल्यार हेर खंयचेंय खातें अश्या खात्यांनी भोंवता. अखेरेक मूळ मसुदो आशिल्लो तसो वा फावो ते संस्कार घडून पर्थून मूळ खात्या कडेन येता. त्या खात्याचो मंत्री तो मंत्रिमंडळा मुखार मांडटा. अबुद्दी मनशांचें मंत्रिमंडळ ताचेर नदर पसून घालिनासतना 'पास' म्हणटा; जबाबदार मंत्रिमंडळ तो चिकित्सायेन वाचता, ताच्या परिणामांचोय विचार करता आनी योग्य दिसल्यार ताका मान्यताय दिता. मागीर तो सरकारी निर्णय जाता. हो निर्णय विधानसभेंत मांडचो पडना. कामत सरकारान घेतिल्ल्या निर्णयाच्या मसुद्या विशीं असली कसलीच प्रक्रिया गोंय सरकाराच्या प्रशासनांत घडली ना. तो मसुदो शिक्षण खात्यान तयार केलोच ना. म्हणटकूच तो कायद्या खात्या कडेन वा वित्त खात्या कडेन वचपाचो प्रस्नूच आयलो ना. गोंय सरकाराच्या प्रशासनांत त्या मसुद्याचेर विचार-अभ्यास जालोच ना. आतां, अंमलबजावणेची ताकतीक सुरू जातकूच अधिकाऱ्यांक तातूंत दोश दिसल्यात. फावो तो अभ्यास

जावंक ना हाची जाणविकाय जाल्या. कांय मुद्दे स्पश्ट करपाची गरज कळून आयल्या. आतां तो मसुदो घेवन पर्थून मंत्रिमंडळा कडेन वचपाची भास आयकूंक येता. पूण मंत्रिमंडळ कितें स्पश्ट करतलें? ताणें तो मसुदो तयार केला? तो दिल्लीच्यान आयला! देखून तो 'पवित्र'! दोळे धांपून बाराय जाणांनी तो पास केला! उपरांत, कारस्थान फळादीक जाल्ल्याची खोस मनोवंक कोणें चिकन खालां; कोण व्हिस्की पियेला!

इतलें अबुद्दीपण आनी इतलें बेजबाबदारपण गोंय सरकारांत हाचे आदीं केन्नाच घडूंक ना. 1962-1987 ह्या काळांत गोंय दीव-दामांवा वांगडा संघप्रदेश आशिल्लें. म्हत्वाच्या दर एका विशयांत फायल दिल्ली धाडची पडटाली. ती कांय म्हयने वा एक-दोन वर्सां थंय भिजत पडटाली आनी पास जावन येतकूच गोंय सरकारांत निर्णय जातालो. त्या काळांत पसून अशे तरेची घडणूक जाली ना.

तर मागीर, सारको विचार-अभ्यास करिनासतना तो मसुदो कोणें तयार केलो?

मार्च- एप्रिलांत विधानसभेचें अदमासपत्रकी अधिवेशन जालें. त्या अधिवेशनांत इंग्लिश माध्यमाच्या मुळाव्या शाळांक अनुदान दिवपा विशींचो प्रस्न आयलो. सरकारान जाप दिली: त्या विशयांत 'जैसे थे' स्थिती दवरतले. तें चिकान थारलां. तो सभाघराचो अपमान थारला. रोखडेच मे म्हयन्यांत मुख्यमंत्री आनी हेर कांय मंत्री दिल्ली गेले. सरकारी धोरणांत बदल करपाचो निर्णय थंय जालो. पूण बदल करपी निर्णयाचो मसुदो कारस्थानवाल्यांनी दिल्लीच्यान मागयलो. ताकाय कारण आशिल्लें. मंत्रिमंडळांत कोणेंच वेगळो सूर काडचो न्हय म्हूण

निर्णयाक दिल्लींतल्या वरिश्ठांचो आशिर्वाद आसा अशें दाखोवंक जाय आशिल्लें. तें नाटक सादलें. दिल्लीच्यान मसुदो आयलो. तो वाचपी थोडे आनी वाचलोय जाल्यार समजुपाची तांक आशिल्ले आनीक थोडे. सगले 'माकड' जाले. तोंडार, दोळ्यांर, कानांर हात दवरले आनी मसुदो पास केलो! हो मसुदो 'फोर्स' संघटनेन दिल्ली पावयलो आनी ब्रार नांवाच्या सरदारजीन तो गोंयां धाडून दिलो काय काँग्रेस कार्यालयांतल्या एकाद्र्या वांयगण्या बुदवंतान तो तयार करून धाडून दिलो हें अजून स्पश्ट जावचें आसा. पूण इतलें खरें की जाणें तो तयार केलो तो साश्टींतलो आसूं वा दिल्लींतलो, ताणें गोंयचो शिक्षणा विशींचो कायदो आनी त्या कायद्या खाला केल्ले नेम वाचूंक नात; ताका शिक्षणाच्या हक्का विशींच्या कायद्याचो अभ्यास ना आनी गोंयांतले शिक्षण- वेवस्थेचीय सारकी म्हायती ना. आनी हें सगलें नाटक घडटना शिक्षण सचीव, मुख्य सचीव हे आय ए एस अधिकारी खंय आशिल्ले? काकुळट बाबड्यांची! तांकां कोणें विचारलेंच ना! कित्याक विचारतले? बुदवंतकायेच्या मळार ते आय ए एस अधिकारी हे तायखिळे; जाल्यार मंत्रिमंडळांतले बारा जाण हे माड!! तांणी दिल्लीच्यान चिकणमाती हाडून गणपतीची मूर्त करूंक घेतली. आतां अधिकारी सांगतातः तो गणपती जावंक ना; जाला हुंदीर! हुंदरा वयल्यान म्हाका त्या लोकप्रिय दुलपदाचो उगडास जाता-

हुंदीर म्हुज्या मामा
आनी हांव सांगतां तुका
त्या माजोरीच्या पिल्या लागीं
खेळ मांडिनाका

हुंदीरमामा आयलो
खाटे पोंदा लिपलो
त्या माजोरीच्या पिल्यान ताका
एका घांसा खायलो

हुंदरांचें धुमशेण खूब जालें! कारस्थानांय चड जालीं! आतां माजोरीचो पिलो जागो जाला. तिडकला. संतापला. ताका घांस मारूंक येता. ताका एका घांसाक खावंकूय येता. ती पाळी ताचेर हाडपाची चूक कोणेंच करची न्हय.

सरकारी निर्णयाचो अभ्यासा विणें केल्लो मसुदो पर्थून मंत्रिमंडळा मुखार वतलो काय ना तें आयचे घटकेक स्पश्ट ना. पूण तो गेलोच जाल्यार पर्थून दिल्लीक धाडपाचें वा तो मसुदो सुदारपाचें अबुद्दीपण सरकारान करचें न्हय. सरकार लजेक पडलां तें पुरो! ताणें गोंय राज्याक लजेक घालां तेंवूय पुरो! 'चड शाणो तीन कडेन घाणटा' अशी म्हणणी आसा. कामत सरकार आदींच दोन कडेन घाणलां- दिल्लीच्यान मसुदो हाडटना आनी तो दोळे धांपून पास करतना. तिसरे कडेन घाणपाचो हट्ट ताणें धरचो न्हय. तो निर्णय ताणें रद्द करचो आनी 'जैसे थे' चें जें उतर विधानसभेक आनी विधानसभे वरवीं लोकाक दिल्लें ताका पाळो दिवचो. सरकाराक आतां ही एकूच वाट उक्ती आसा. दुसरें कितेंय केल्यार तें आंगार येतलें.

***

कोंकणी भास आनी नागरी लिपी हांचें नातें 900 वर्सांचें

कोंकणी भाशेक लिपी नाशिल्ली, सोळाव्या शेंकड्यांत जे परदेशी धर्मप्रसारक गोंयांत आयले तांणी रोमी लिपयेंत कोंकणी बरयली आनी तशे तरेन तांणी कोंकणीक लिपी दिली अशें मानपी आनी तशें सांगपी मनीस आसात. कोंकणीक लिपी नाशिल्ली आनी रोमी ही तिची पयली लिपी अशें मानतात तांचे मदले चडशे जाण अज्ञानाच्या बिण्ण काळ्खांत आसात. जे हड्डें पेटून तशें सांगतात तांचे मदले चडशे जाण लोकांक फटोवपाचो धंदो करतात.

कोंकणी ही इंडो-आर्यन भास. ती प्राकृता वरवीं संस्कृत भाशेंतल्यान आयिल्ली भास. ते नदरेन संस्कृत भाशेची जी लिपी ती नागरी लिपी ही कोंकणी भाशेची सभावीक लिपी. पूण तितलोच मुद्दो ना. कोंकणी भास आनी नागरी लिपी हांचें नातें सुमार 900

वर्सांचें. 12 वो शेंकडो तो 17 वो शेंकडो ह्या काळांत नागरी लिपींत बरयिल्ले कोंकणीचे कितलेशेच नमुने मेळटात. दोळे आशिल्ल्यांक ते बेस्स बरे दिसतात; कुड्ड्यांक मात दिसनात.

नागरी लिपींत बरयल्ले कोंकणीचो पयलो नमुनो मेळटा तो 12 व्या शेंकड्यांतलो. कर्नाटकांत श्रवणबेळगोळ गांवांत गोमटेश्वराची पाशाणाची व्हडली मूर्त आसा. ते मुर्तीच्या पांयां लागसार कोंकणी भाशेंत दोन वळी कोंत्रायिल्ल्यो आसात त्यो अश्यो.

श्री चावुण्डराजें करवियलें

श्री गंगराजे सुत्ताले करवियले

ह्या शिलालेखाचो काळ 1116-1117 अशें डॉ. जुझे पेरैर आपणाल्या 'कोंकणी मंदाकिनी' ह्या पुस्तकांत म्हणटात. त्या दोन वळींच्या अर्था वयल्यान त्यो वेगवेगळ्या वेळार कोंत्रायल्यो अशेंय जाणकारांचें मत आसा. पयली वळ कोंत्रायली ती चामुंडरायान मूर्त उबारली तेन्ना आनी दुसरी वळ कोंत्रायली ती गंगराजान भोंवतणची वणत बांदून काडली तेन्ना. ह्यो वळी मराठी भाशेंतल्यो अशी समजणी आदीं आशिल्ली. पूण त्यो कोंकणी भाशेंतल्यो म्हणपाचें डॉ. जुझे पेरैर आनी नागपूर विद्यापीठाच्या मराठी विभागाचे आदले मुखेली डॉ. सु. बा. कुळकर्णी हांणी स्पश्ट रितीन दाखोवन दिल्ल्यान ते समजणेचेर आतां पड्डो पडला.

त्याच शेंकड्यांत चालुक्यांचो सोमेश्वर तिसरो हो सम्राट जावन गेलो. ताचो काळ 1126-1138. ताणें भारतीय लोकगितांचो पयलोच संग्रह रचलो आनी ताचो आसपाव आपणाल्या 'अभिलाबतीर्थचिन्तामणी' ह्या ज्ञानकोशांत केलो.

तातूंत एक कोंकणी पद आसा, तें कोणें रचलें हें कळपाक मार्ग ना. पद अशें:

जेणे रसातळावनु
मत्स्य-रुपें वेद आणीयलें
मतु शिवाक वाणीयले ।
तो संसार-सागर तारणु मोहंतो
राखो नारायणु ॥

संत नामदेव 13 व्या शेंकड्यांत जल्माक आयलो आनी 14 व्या शेंकड्यांत ह्या संवसाराक अंतरलो. 1270 ते 1350 हो ताच्या जिविताचो काळ. ताणें एक 'गवळण' रचली जे 'गवळणीं'त पांच गवळणी आप-आपणाले भाशेंत उलयतात. कोंकणी भास उलोवपी गवळणीक तो 'कोंकणी' हें विशेशण लायता. गवळणीचो आरंभ मराठींत आसा तो असो:

गौळणी ठकविल्या
एक एक संगतीने
मराठी कानडीया
एक मुसलमानी
कोंकणी गुजराती
अशा पांची जणी गौळणी ठकविल्या

आनी ते गळवणीं मदली कोंकणी गवळण उलयता ती अशी:

पाव गा दातारा
पाव गा दातारा
तूं नन्दाचो झिलो
माका फडको दी

मी हिंवाब मेलो
घे माझो कोयतो
देवा पायां पडलो

डॉ. जुझे पेरैर हांच्या मतान हें कवन नामदेवान रचूंक ना. तें लोककाव्य नामदेवान आपणाले गवळणींत वापरलां.

नागरी लिपयेंत बरयल्ले कोंकणीचे हे तिनूय नमुने परदेशी धर्मप्रसारकांनी कोंकणी बरोवपाक रोमी लिपी वापरली, ताचे सुमार 450 तीं 500 वर्सां आदले. आयचव्यान मेजल्यार 850 ते 900 वर्सां आदले.

पुर्तुगेज गोंयांत पावचे आदीं नागरी लिपींत रचिल्लें साहित्यय आसा. कृष्णदास शामान गद्य काणयांच्या रुपान बरयल्लें महाभारत आनी रामायण हें तें साहित्य. हें साहित्य 15 व्या शेंकड्यांतलें अशें डॉ. ओलिव्हीन्यु गोमिश हांचें मत. तशें आसुंयेता; पूण तें निश्चीतपणान सांगूंक जायना. इतलें मात खरें, त्या साहित्याचेर पुर्तुगेज भाशेचो मात पसून प्रभाव ना; म्हणटकूच तें 1540 वर्साचे आदीं बरयल्लें आसूंक जाय. कृष्णदास शामान 'श्रीकृष्णचरित्रकथा' हें मराठी काव्यय बरयलां. तें बरोवपाक 1526 वर्सा आरंभ केलो असो उल्लेख त्या काव्यांतूच आसा. महाभारत आनी रामायणांतल्यो काणयो शामान 1526 चे आदीं वा उपरांत बरयल्ल्यो आसूंक जाय.

त्या काणयांचें मूळ हातबरप वा ताची प्रत मेळूंक ना. ब्राग शारांतल्या आर्किव्हांत मेळटा ती रोमी लिपींत उतरायिल्ली प्रत. शामान त्यो काणयो कंदवी लिपींत बरयल्यो अशेंय मत डॉ. गोमिश मांडटात. पूण तें बुद्दीक पटना. त्या काळांत कंदवी लिपीचो उपेग जातालो हें खरें आसलें तरी शामाक ते लिपीची गरज

पडपाचें कारण ना. तो संस्कृत जाणा आसलो. ताका मराठी भास येताली. म्हणचे नागरी लिपीची बरी संवकळ आसली. कोंकणी पासत दुसरी लिपी वापरपाचें ताका कसलेंच कारण नासलें.

दुसरें, शामाच्या 'श्रीकृष्णचरित्रकथा' ह्या मराठी काव्याचें मूळ हातबरप मेळूंक ना. पूण दोन प्रती मेळ्ळ्यात. त्यो दोनूय नागरी लिपींत आसात. मराठी काव्य नागरी लिपींत बरोवपी शामा कोंकणींतल्यो काणयो हेर खंयचेय लिपींत कित्याक बरयतलो? देखून तें साहित्य नागरी लिपींत आसपाची शक्यताय चड.

शामाल्या साहित्याचें जाणें रोमी लिपींत लिप्यंतर केलां ताचें अक्षर आनी फा. थॉमस स्टीवन्स हांणी बरयिल्ल्या पत्रांतलें अक्षर जुळटा; देखून तें लिप्यंतर फा. थॉमस स्टीवन्स हांचें आसूंक जाय अशें प्रो. पांडुरंग पिसुर्लेकार आनी अ. का. प्रियोळकार हांचें मत आसलें अशें फा. आंतोन पेरैर हांणी आपणाल्या 'मेकर्स ऑफ कोंकणी लिटरेचर' ह्या पुस्तकांत म्हणलां.

आनीक एक गवाय मेळटा ती फा. आंजेलस माफे हांच्या ग्रंथांत 'अ कोंकणी ग्रॅमर' हो तांचो ग्रंथ 1882 वर्सा उजवाडा आयलो. ते मंगळूर वाठारांत वावुरताले. ग्रंथाच्या आरंभाकूच ते सांगतात:

THE KONKANI LANGUAGE WAS FORMERLY WRITTEN WITH THE ALPHABET CALLED BALABODHA OR NAGAR; SOMETIMES IT WAS WRITTEN WITH THE MODI ALPHABET, WHICH IS THE MARATHI ALPHABET, NOW THE KANARESE ALPHABET IS GENERALLY USED, AND ALTHOUGH

IT DOES NOT EXPRESS ALL KONKANI SOUNDS, YET IT IS BETTER ADAPTED FOR THIS THAN THE LATIN ALPHABET

(कोंकणी भास आर्दी बालबोध वा नागर हे लिपींत बरयताले; कांय वेळा ती मोडी लिपींत, म्हणचे मराठी लिपींत बरयताले. आतां चडशी कानडी लिपी वापरतात, आनी हे लिपींत जरी कोंकणीचे सगले उच्चार दाखोवंक मेळनात तरी लॅटिन लिपी परस ती हांगा चड बरी जुळटा.)

मंगळूर वाठारांतल्या कोंकणीभाशी लोकांचे पुर्वज गोंयच्यान थंय गेल्ले आनी पयलें स्थलांतर भोव करून गोंयांतल्या धर्मांतरा वेळार जाल्लें. तेन्ना ते लोक कोंकणी नागरी लिपींत बरयताले जाल्यार तशी परंपरा गोंयांत चलताली आसूंक जाय. हाचो अर्थ, गोंय पुर्तुगेजांच्या चपक्यांत गेलें तेन्ना गोंयांत कोंकणी नागरी लिपींत बरोवपाची चाल आशिल्ली.

अशीच गवाय मेळटा केरळांतल्या कोंकणीभाशी लोकांमर्दी. सतराव्या शेंकड्यांत पसून ते कोंकणी नागरी लिपींत बरयताले हाचो लिखीत पुरावो आसा. मागीर केन्ना तरी तांणी मल्याळम लिपी आपणायली. सतराव्या शेंकड्यांत कोचीचे डच गव्हर्नर हेन्रीकस व्हान रीड हांणी वखदी वनस्पती विशीं एक ग्रंथ रचलो. त्या ग्रंथांत दर एके वनस्पतीचें नांव भाशे वांगडा बरयल्लें आसा. अदीक म्हत्वाचें म्हणचे ह्या ग्रंथाच्या आरंभाक तीन आयुर्वेद पंडितांनी दिल्लें सर्टिफिकेट छापलां. तें कोंकणींत आनी नागरी लिपींत आसा. ही खबर 1678 वर्साची. (हो ग्रंथ हालींच इंग्लिशींत अणकारून केरळ विद्यापीठान 12 खंडांनी उजवाडायला.) हाचे वयल्यान एक गजाल स्पश्ट जाता. 1678 वर्सा जर केरळांतले

कोंकणी पंडित नागरी लिपी वापरतात तर ती चाल तांणी गोंयच्यान वतना व्हेल्ली आसूंक जाय. कोंकणीक लिपी नाशिल्ली जाल्यार ते थंय मल्याळम वापरतले आसले. ह्या लोकांचेय पुर्वज गोंयच्यान गेल्ले आनी भोव करून धर्मांतराचो सांवार चलतालो तेन्ना गेल्ले.

परदेशी धर्मप्रसारकांनी रोमी लिपी वापरली ती कोंकणीक लिपी नाशिल्ली म्हूण अशें भासोवपाचो जो यत्न जाता तो फटोवपाच्या धंद्याचोच एक वांटो. सत्य अशें की त्या धर्मप्रसारकांक आरंभाच्या काळांत एकूय भारतीय लिपी बरोवंक येनाशिल्ली. तांकां संवकळ आशिल्ली रोमीची. देखून आपणाक सोपे जाता म्हूण तांणी रोमी लिपींत कोंकणी बरयली. आनी कोंकणीच न्हय; मराठीय तांणी रोमी लिपींत बरयली. फा. थॉमस स्टिव्हन्स हांणी क्रिस्त पुराण हें मराठी काव्य रोमी लिपींत बरयल्लें. तेन्ना मराठीकूय लिपी नाशिल्ली अशें कोणूय म्हणटा जाल्यार तो विरार जाला अशेंच म्हणचें पडटलें.

ही सगली गवाय दाखोवन दिता-

कोंकणी भास नागरी लिपींत बरोवपाची चाल 12 व्या शेंकड्यांत आशिल्ली. म्हणचे ही परंपरा सुमार 850 तीं 900 वर्सांची. रोमी लिपीची परंपरा परदेशी धर्मप्रसारकांनी सुरू केली 16 व्या शेंकड्याच्या दुसऱ्या अर्दांत. कोंकणी पासत नागरी लिपी वापरपाची परंपरा ताचे सुमार 450 तीं 500 वर्सां आदीं सुरू जाल्ली.

***

कोंकणीची लिपी: फा. स्टीवन्स, फा. माफे आनी मों. दाल्गाद

हालींसरा कोणूय वायंगणो विद्वान उठ्ठा, डॉक्टरेट म्हणचे विपर्यास करपाचो वा दिशाभूल करपाचो वा दुस्वास करपाचो परवानो अशें समजता आनी आपूण सोडून हेर सगल्यांक मूर्ख लेखता. आपूण एकलो बुदवंत; हेर सगले मूर्ख अशें कोणूय लेखता तेन्ना ताची विद्वत्ता पोकी म्हणपाची गवाय मेळटा. तातूंत असल्या मनशाचे गोमटेर धर्मवाद आनी जातवाद हांचीं भुतां बशिल्लीं आसतकूच तो विद्वान उरना; विद्वाटो जाता.

कोंकणी भाशेचे लिपीचो मुद्दो कांय जाणांनी पर्थून एक फावट उस्तून काडला. ते सगलेच समविचाराचे आसात अशें न्हय. कोणाक नागरी लिपी ही भारतीय लिपी म्हूण दुस्वास आसा; कोणाक कन्नड लिपी ही आपणाले अस्मितायेची कुरू दिसता; तर कोणाक नागरी लिपी वांगडाच रोमी लिपीचीय परंपरा

चालू दवरची अशें दिसता. ह्या विशयांचेर चर्चा सध्या चालू आसा आनी ते चर्चेच्या संदर्भांत हो लेख आसा.

आयज वायंगण्या विद्‌वानांनी धुमशेण कांडलें तरी आदल्या काळांत अस्सल विद्‌वान कोंकणीच्या मळार वावरून गेल्यात. तांचें योगदान कोंकणी भाशेच्या अभ्यासाक म्हत्वाचें आनी मोलादीक थारलां. त्या विद्‌वानांनी लिपीच्या विशयांतूय बरोवन दवरलां. आयच्या पेण्यार तें जाणा जावन घेवप गरजेचें. ह्या लेखाक सुवातेची मर्यादा आसा देखून फकत तीन विद्‌वानांच्या मतांचो नियाळ केला. हे तीन विद्‌वान म्हणचे फादर थॉमस स्टीवन्स हो इंग्लिश मिशनरी, फादर आंजेलस फ्रांसीस शाव्हियेर माफे हो इटालियन मिशनरी आनी मोंसिन्योर सेबास्तियांव रुदोल्फ दाल्गाद हो नीज गोंयकार.

फा. थॉमस स्टीवन्स हांचो जल्म इंग्लंडांत 1549 वर्सा जालो. ते सोसायटी ऑफ जीझस ह्या पंथाचे वांगडी जाले. 1579 वर्सा ते गोंयांत आयले आनी चाळीस वर्सां तांणी भोव करून साश्टींत सारलीं. साश्टींतच तांकां मरण आयलें. फादर स्टीवन्स हांणी कोंकणी भाशेच्या अभ्यासाचें मुळावण घालें. कोंकणी आनी मराठी ह्या दोनूय भासांनी तांणी बरयलें. कोंकणींत तांणी 'दौत्रीन क्रिश्तां' हें संवादाच्या रुपान धर्मीक शिकवण दिवपी पुस्तक रचलें. 'आर्ति दे लिंग्व कानारी' ह्या नांवान तांणी पुर्तुगेज भाशेंत कोंकणीचें व्याकरण बरयलें.

भारतांत छापखानो पुर्तुगेजांनी हाडलो. तांणी तामीळ, मल्याळम ह्या भाशांचे टायप तयार केले. उपरांत देवनागरी लिपीचे टायप तयार करूंक घेतले. ही खबर प्रा. अ. का. प्रियोळकार हांणी बरयल्ल्या 'दि प्रिंटिंग प्रेस इन इंडिया' ह्या ग्रंथांत मेळटा.

त्या पुस्तकाच्या 12 व्या पानार ते फा. शुरहॅमर हांणी संशोधना उपरांत बरोवन दवरिल्ली म्हायती दितात. ती अशी:

'1577 वर्साचे अखेरेक देवनागरी लिपीचे सुमार 50 टायप तयार जाल्ले.

पूण ते तयार करपी ब्रदर ज्युआंव गोन्साल्वीश फुडल्या वर्सा भायर पडलो. ताका पालव दिवपी फा. ज्युआंव दे फारीय होवूय 1582 वर्सा संवसाराक अंतरलो.

तो वावर फुडें व्हरपी आनीक कोणूच नासलो. देखून पुराण राशोल कॉलेजींत 1616 वर्सा आनी सेंट पावल कॉलेजींत 1654 वर्सा लॅटिन लिपींत छापलें.'

फा. थॉमस स्टीवन्स आपणालीं कोंकणी पुस्तकां नागरी लिपींत छापचीं अशी इत्सा आसली म्हणपाचें तांच्या एका पत्रा वयल्यान कळटा. प्रा. अ. का. प्रियोळकार हांचो एक लेख "Two recently discovered letters of Fr. Thomas Stephens" ह्या माथाळ्याखाला मुंबय विद्यापीठाच्या जर्नलाच्या 1956 वर्साच्या सप्टेंबर अंकांत उजवाडा आयला. त्या लेखा वांगडा तांणी फा. स्टीवन्स हांचीं दोन पत्रां मूळ पुर्तुगेजींत दिल्यांत आनी तांचो इंग्लिश अणकारूय दिला. हीं पत्रां फा. स्टीवन्स हांणी सोसायटी ऑफ जीझस ह्या पंथाच्या मुखेल्याक बरयल्यांत. 5 डिसेंबर 1608 दिसाच्या पत्रांत तांणी बरयलां:

"Before I end this letter I wish to bring before Your Paternity's mind the fact that for many years I very strongly desired to see in this Province some books printed in the language and alphabet of the land, as there are in Malabar with great benefit for that Chris-

tian community. And this could not be achieved for two reasons; the first because it looked impossible to cast so many moulds amounting to six hundred, whilst the characters are syllables and not alphabets, as our twenty-four in Europe. The other because this holy curiosity could not be put into execution without the order and concession of the Provincial, and they have so many things to look after that they have no time to attend to this, much more to take it in hand. The first difficulty has its remedy in this that these moulds can be reduced to two hundred. The second will vanish if Your Paternity thought it fit to write to Father Provincial, recommending him that he may do it if he feels that it will be for the greater glory of God, and edification and benefit of this Christian community."

आपणालीं कोंकणी पुस्तकां आनी मराठींतलें ख्रिस्तपुराण नागरींत छापचीं अशी फा. स्टीवन्स हांची इत्सा आसली. हाची गवाय ह्या पत्रांत आसा. पूण तांची इत्सा फळाक आयली ना. कांय वर्सा तांणी वाट पळयली; पूण अखेरेक तीं पुस्तकां रोमी लिपींत उजवाडा आयलीं. ते 'थळावी भास आनी लिपी' असो उल्लेख करतात तेन्ना कोंकणी भास आनी नागरी लिपी हेंच सांगतात हें वेगळें सांगपाची गरज ना.

गोंयांत फा. स्टीवन्स हांच्या नांवान एक संस्था चलता. फा. स्टीवन्स हांचे इत्सेक सामकें उरफाटें अशें धोरण ते संस्थेन आपणायलां. हो फा. स्टीवन्स हांचो भौमान काय अपमान हाचो

विचार करपाचो विवेक ते संस्थेच्या जाळवणदारांक ना. ताकाच लागून फा. स्टीवन्स ह्या विद्वानाचीं तांणी फकाणां चलयल्यांत.

फा. आंजेलस फ्रां. शा. माफे हे 19व्या शेंकड्यांतले विद्वान. 1844 वर्सा ते इटलींत जल्मले. पाद्री जाले आनी सोसायटी ऑफ जीझस ह्या पंथांत भितर सरले. 1879 वर्सा ते मंगळूर पावले आनी फुडलीं 20 वर्सां तांणी दक्षिण कन्नड वाठारांत सारलीं. त्याच वाठारांत ते संवसाराक अंतरले. फकत 20 वर्सां मदीं तांणी कोंकणी, कन्नड, मल्याळम, तामीळ, मराठी, संस्कृत ह्यो भासो शिकून घेतल्यो. मोटया उमाळ्यान तांणी कोंकणी भाशेचो अभ्यास केलो. कोंकणी-इंग्लिश आनी इंग्लिश-कोंकणी अशे दोन कोश रचले. "A grammar of Konkani" ह्या नांवान तांणी इंग्लिशींत कोंकणीचें व्याकरण बरयलें. त्याच शेंकड्यांत हीं पुस्तकां उजवाडा आयल्यांत.

1882 वर्सा उजवाडा आयिल्ल्या व्याकरणाच्या ग्रंथांत पयलो वांटो बरोवपाचे रिती विशीं (ORTHOGRAPHY) आसा. त्या वांट्याचो आरंभ करतना फा. माफे बरयतात :

"The Konkani language was formerly written with the alphabet called Balabodha or Nagar; sometimes it was written with the Modi Alphabet, which is the Mahratti Alphabet. Now the Kanarese Alphabet is generally used, and although it does not express all konkani sounds, yet it is better adapted for this than the Latin Alphabet. But as the Kanarese Alphabet is not known to the greater part of my brethren, for whom I write, I shall use the Latin Alphabet, with the required modifi-

cations to be explained later on.

Now let us explain the Konkani Alphabet and the modifications to be introduced in the Latin Alphabet in order to make it express the Konkani sounds."

आदल्या काळार देवनागरीक 'नागर' अशेंय म्हणटाले. आर्दी कोंकणी नागर लिपींत बरयताले अशें फा. माफे स्पश्ट म्हणटात. फटी मारपाक ते कांय आयज लिपीचें राजकारण करतात तातूंतले नासले. तांणी प्रामाणीकपणान कोंकणी भाशेचो अभ्यास केलो आनी आपणाल्र्ीं मतां मांडल्र्ीं. नागरी फाटल्यान कन्नड लिपी वापरूंक लागले इतलेंच म्हणून ते रावनात; तर रोमन लिपी परस कन्नड बरी अशेंय सांगतात. फा. माफे इटलीचे लॅटिन संस्कृतींत वाडिल्ले, धोशी घालूंक सोदपी अशे अडेचे रोमन न्हय आनी लिपीक धर्म दसोवपी अविचारीय न्हय.

हांगा आनिकूय एक म्हत्वाची गजाल आसा. आपणें रोमी (लॅटिन) लिपी वापरल्या ती लॅटिन उच्चारां प्रमाण अशें ते म्हणटात. रोमी लिपी खूबश्यो भासो वापरतात; तरी वेगवेगळे भाशेंत त्याच अक्षरांचे वेगवेगळे उच्चार जातात. जशे परी "A" ह्या स्वराचो इंग्लिशींत उच्चार 'ए' जाता, तर पुर्तुगेज भाशेंत 'आ' जाता आनी "D" ह्या व्यंजनाचो उच्चार इंग्लिशींत 'डी' तर पुर्तुगेजींत 'दे' जाता. देखून रोमी लिपी वापरतना उच्चार खंयचे येवरोपी भाशेचे घेवचे हेंवूय थारावप गरजेचें जाता.

जे गोंयकार त्या काळांत गोंय सोडून गेले आनी कर्नाटकांत राबितो करून रावले ते आर्दी नागरी लिपी वापरून कोंकणी बरयताले. कालांतरान ते कन्नड लिपी वापरपाक लागले हो इतिहास फा. माफे हांच्या बरपांतल्यान मेळटा. हाका समांतर अशी आनीक

एक गजाल आसा. 1675 वर्सा तीन कोंकणी भाशी आयुर्वेद पंडितांनी 'हॉर्टस इंडिकस मलबारिकस' ह्या महाग्रंथाक जें सर्टिफिकेट दिलें आनी जें त्या महाग्रंथांत छापलां (1678) तें नागरी लिपींत आसा.

उपरांत केरळांतलो कोंकणीभाशी लोक मल्याळ्म लिपींत कोंकणी बरोवंक लागलो. कर्नाटकांत आनी केरळांत गेल्ल्या गोंयकारांच्यो नव्यो पिळग्यो थंय थळाव्यो भासो शिकल्यो आनी ल्हवू ल्हवू तांचो नागरी लिपी कडलो संपर्क तुटलो; देखून थंयच्या लिपींचो उपेग ते करूंक लागले हाची गवाय त्या गजालींनी मेळटा.

19 व्या शेंकड्यांत जल्मल्लो आनीक एक विद्वान हो नीज गोंयकार. मों सेबेश्तियांव रुदोल्फ दाल्गाद हे आसगांवचे. तांचो जल्म जालो 1855 वर्सा. ते संस्कृत भाशेचे पंडित. लिज्बन विद्यापिठांत संस्कृताचे प्रोफेसर जाले. पुर्तुगेज भाशेंत तांणी संस्कृताचें व्याकरण बरयलां. नल-दमयंती, हितोपदेश हांचो पुर्तुगेज भाशेंत अणकार केला. आशियाई भाशांचेर पुर्तुगेज भाशेचो प्रभाव पडला ताचेर तांणी मोलादीक ग्रंथ बरयला. ते 1922 वर्सा संवसाराक अंतरले.

कोंकणी भाशेचेर तांचे व्हड उपकार आसात. कोंकणी-पुर्तुगेज आनी पुर्तुगेज-कोंकणी अशे दोन मोटे शब्दकोश तांणी रचले. कोंकणी म्हणींचो एक झेलो उजवाडायलो आनी कोंकणीचें एक व्याकरणय बरयलें.

मों. दाल्गाद हांचो कोंकणी-पुर्तुगेज शब्दकोश 1893 वर्सा उजवाडा आयलो. तो मुंबय छापिल्लो. ह्या शब्दकोशांत मूळ उतर नागरी लिपींत आसा. मागीर तेंच उतर रोमी लिपींत आसा

आनी उपरांत ताचो पुर्तुगेज भाशेंत अर्थ दिला. दुसरो, पुर्तुगेज-कोंकणी शब्दकोश 1905 वर्सा पुर्तुगालांत उजवाडा आयलो. देखून त्या कोशांत नागरी लिपी वापरूंक मेळ्ळी ना. दोनूय कोशांनी व्हड अशीं प्रास्ताविकां आसात. पयल्या कोशांत मों. दाल्गाद हांणी कोंकणीचे लिपी विशीं मत मांडलां. तें प्रास्तावीक पुर्तुगेज भाशेंत आसा. ताचो अणकार असो (पान X तें XIII):

'हेर नवआर्यन भासांभाशेन कोंकणीचीय खाशेली भारतीय लिपी आशिल्ली जावये. पूण ते विशीं निश्चीतपणान सांगूंक जायना.'

'संस्कृत भास बरोवपाक जी देवनागरी लिपी वापरतात ते लिपींत दर अक्षराक एकूच नाद आसा. तातूंतच ते लिपीचें पूर्णपण (PERFECTION) आसा.'

'कानडींत मराठी इतलींच अक्षरां आनी नाद आसात. दोन स्वर चडूच आसात. कानडी लिपींत कोंकणी सारकी बरोवपाक जाता. पूण ती लिपी द्राविडी कुटुंबांतली आनी गोंयची भास तर आर्यन वर्गांतली. देखून ते भाशेची लिपी देवनागरीच आसूंक फावता, जशे परी अक्षरांचे विविधताये सयत ती हेर भयणभासांची लिपी जावन आसा...'

'पूण एके प्राच्य (ORIENTAL) भाशेक खंयचेय येवरोपी भाशेन मार्ग दाखोवपाची गरज ना. कोंकणी तिचे स्वताचे देवनागरी लिपींत (वा लागीं आशिल्ले कानडी लिपींत) बरोवपाक जाय. आनी जेन्ना तिचें रोमीकरण करपाची गरज उप्रासता तेन्ना आमचे मायभाशेपासत आनी हेर देशी भासांपासत जी रीत वापरल्या तीच रीत आमी पाळ्ची, म्हणटकूच वेव्हारांत उपेग करतनाच कुटुंबीक संबंदय सांबाळून दवरपाक मेळटले'....



अस्सल विद्वानांचें हें मार्गदर्शन आमचे नदरे मुखार स्पश्ट आसतना आयच्या वांयगण्या विद्वानांच्या धर्मवादाक आनी जातवादाक आमी बळी कित्याक पडचे?

मों. दाल्गाद हांचें नांव दिल्ली एक संस्था गोंयांत आसा. मों. दाल्गाद हांणी जें सांगलां ताचे कडेन फाट करून ती उरफाट्या मताचो प्रसार करपाक वावुरता. हो मों. दाल्गाद हांचो भौमान? काय अपमान? एका नीज आनी मानादीक गोंयकार विद्वानाचो अपमान तांणी कित्याक करचो? अज्ञानांतल्यान तें घडटा आसत जाल्यार तांणी ती चूक सुदारपाक जाय. पूण जाणा जावनूय तें मस्तेन वा कोण तरी दिशाभूल करता म्हूण घडटा आसत जाल्यार तांकां भगसणें ना...

***

रोमीवादाची रांदन 3 फातरांची: धर्मकोल्ल, जातवाद आनी देशभ्रश्टपण

फा. प्रताप नायक ह्या कर्नाटकांतल्यान आयिल्ल्या जेजुईत पाद्रीन रोमी कोंकणी संमेलनांत जें बीजभाशण केलें त्या बीजभाशणांत साहित्य आनी संस्कृती हांचे सुवातेर धर्मकोल्ल आनी जातवाद कितलो आशिल्लो तें ताच्याच उतरांनी हांवें दोन लेखां वरवीं दाखोवन दिलां. तें बीजभाशण फकत धर्मकोल्ल आनी जातवाद हांणीच उपाट भरिल्लें आसा अशें म्हणलें जाल्यार इल्लीय अतिताय जावची ना. म्हजे लेख वाचले उपरांत फा. प्रताप नायकाचें मन कितलें कुसलां आनी वेगळी रांदन मांडपाचे खर दुवाळे ताका कशे जाल्यात हें खूब जाणांक कळ्ळें. कांय जाणांनी म्हाका प्रस्न विचारलो: 'त्या बीजभाशणांत फा. प्रताप नायकान जें सांगलां तें ताचें एकल्याचेंच मत काय सगल्याच रोमीवाद्यांचें धोरण ताणें उलोवन दाखयलां?'

त्या प्रस्नाक म्हजी जाप अशी -

सगल्या रोमीवाद्यांचें धोरण एकूच. मात फा. प्रताप नायक आनी हेर रोमीवादी हांचे मर्दी एक अंतर आसा. प्रताप नायक ताकाक येवन गाडगो लिपयना; वयल्यान, त्या रित्या गाडग्यांत भिकणां घालून तो चड बोवाळ करता. हाचे उरफाटें, हेर रोमीवादी ताकाक येवन गाडगो लिपयतात. जें प्रताप नायकाच्या मना-काळजांत आसा तेंच हेर रोमीवाद्यांच्या मना-काळजांत आसा. मात तें ओंठार हाडपाची धिटाय तांकां जायना. पूण तें जाहीर तर करूंक जाय, हाचेर उपाय म्हूण ते प्रताप नायक नांवाचो लावडस्पिकर वापरतात.

फा. प्रताप नायक हो रोमीवाद्यांचो बुदवंत. दाल्गाद कोंकणी अकादमी खूबशी ताच्या मतान चलत आयल्या. ताचे विचार, ताचीं मतां सगल्या रोमीवाद्यांक सारकीं बरीं खबर आसात. आनी म्हत्वाचें म्हणचे तांकांय तीं मान्य आसात. तीं मान्य नाशिल्लीं जाल्यार रोमी कोंकणी संमेलनाचे आयोजक बीजभाशण करपाक प्रताप नायकाक आपोवचेच नासले. प्रताप नायक जें उलयला तें ताणें उलोवचें अशेंच तांचें धोरण आसलें, तशीच तांची इत्सा आसली. देखुनूच तें काम ताणी ताचेर सोंपयिल्लें. हेरशीं, प्रताप नायक हो रोमी लिपींत बरोवपी साहित्यीक न्हय. रोमी लिपींतलें कोंकणींत ताच्या साहित्याचें एकूय पुस्तक उजवाडाक येवंक ना; जावं, रोमी लिपींतलें कोंकणींत ताणें कसलेंच नेमाळें चलोवंक ना. हाचे उरफाटें, रोमी लिपींत कादंबऱ्यो बरयिल्ले लेखक आसात, कथा बरोवपी आसात, कवितां झेले उजवाडायिल्ले कवी आसात. तांचे मदल्या कोणाचोच उगडास संमेलनाच्या आयोजकांक कित्याक जालो ना? तांचे मदल्या

कोणाय एकल्याक बीजभाशण दिवपाक तांणी कित्याक आपयलो ना? जाप सादी आनी सोपी : संमेलनाच्या आयोजकांक साहित्याचेर वा संस्कृतीचेर उलोवपी नाका आशिल्लो. तांकां जाय आशिल्लो धर्मकोल्ल खुबळावपी आनी जातवाद मातोवपी. आनी तें काम अती फटकळपणान करपाक प्रताप नायका परस बरो दुसरो कोणूच नाशिल्लो!

रोमीवाद हो रोमी लिपीच्या मोगांतल्यान उप्रासला अशें मानपाक कांयच कारण ना. तशें आशिल्लें जाल्यार राजभास कायद्यांत रोमी लिपीचो आसपाव आसुंकूच जाय ही मागणी 5 फेब्रुवारी 1987 दिसाच जातली आसली आनी ते मागणेचेर आदारिल्लो रोमीवाद तेन्नाच सुरू जातलो आसलो. तशें घडलें ना. राजभास कायदो पास जावन 17 वर्सां उलगले उपरांत रोमीवाद सुरू जाला. राजभास कायद्याचें विधेयक 4 फेब्रुवारी 1987 दिसा पास जाल्लें आनी 5 फेब्रुवारीच्या दिसाळ्यांनी उजवाडाक आयिल्लें. तेन्ना कोणेंच लिपी विशीं ब्र काडलें ना. कायद्यांत चूक जाल्या; वा कोणेंय चिकान केलां; वा कोणेंय विस्वासघात केला जाल्यार तें कळपाक 17 वर्सां लागतात? 17 वर्सां उपरांत हे सगले आरोप कित्याक?

तोमाझीन्य कार्दोज हो मुखेल रोमीवाद्यां मदलो एक. फा. प्रताप नायकाक लागीं. आनी कांय वेळा ताचीच भास उलोवपी. राजभास कायदो पास जातकूच तो लिपी विशीं कांयच उलयलो ना. उपरांत कांय वर्सां तो विधानसभेचो सभापती आसलो. कायद्यांत चूक उरिल्ली जाल्यार ती सुदारपाक वा कायद्यांत बदल घडोवन हाडपाक सरकारा कडेन उतर घालपाची ताका ती भोव बरी संद आसली. सभापतीपदाचो उपेग करून घेवन ताच्यान 'अन्याय'

ना करूं येतालो. तशें कितेंय केलें ताणें? सभापतीपदार आशिल्ल्या काळांत एक दीस तरी तो राजभास कायद्याच्या संदर्भांत रोमी लिपी विशीं उलयलो? तेन्ना ताणें कांयच कशें केलें ना? तें कित्याक, सभाघरांत सभापती म्हूण बसलो तेन्ना तो कोंकणी तरी उलयलो? पयल्या दिसा इंग्लिश, दर दिसा इंग्लिश आनी निमण्या दिसा इंग्लिश! इतलो हो मोग कोंकणी भाशेचो!

तोमाझीन्य कार्दोजाच्या रोमी लिपीच्या मोगा विशींची खबर तर अदिकूच मौजेची. 1992 वर्सा तियात्राक शंबर वर्सां जालीं. गोवा कोंकणी अकादेमीन ती शंबरी भौशीक कार्यावळीन मनयली. त्याच वांगडा तियात्राचें डॉक्युमेण्टेशन करचें ह्या हावेसान अकादेमीन 4 झेले उजवाडावपाचें थारायलें. एक झेलो आदल्या तियात्रिस्तांच्या प्रातिनिधीक बरपांचो. दुसरो, हालींच्या व्हड तियात्रिस्तांच्या प्रातिनिधीक बरपांचो झेलो. तिसरो, खेळतियात्रांचो प्रातिनिधीक झेलो आनी चवथो - शंबर वर्सांतल्या गाजिल्ल्या शंबर कांतारांचो झेलो. हे चारूय झेले रोमी लिपयेंत उजवाडावपाचे आसले. त्या प्रमाण पयले दोन झेले कांय वर्सां आदीं उजवाडाक आयल्यात. खेळतियात्रांचो झेलो फेलिस्यु कार्दोज संपादीत करतालो. अचकीत अपघातांत तो संवसाराक अंतरलो आनी तो झेलो आडखळून उरला. कांतारांचो झेलो उजवाडाक येवंक ना. ताचें कारण अशें -

कांतारांच्या झेल्याचें संपादन करपाची विनंती अकादेमीन तोमाझीन्य कार्दोजाक केल्ली आनी ताणें ती मान्य केल्ली. पूण बरोच तेंप तो झेलो तयार जालो ना. अकादेमी मागत रावली आनी तोमाझीन्य 'करतां', 'दितां' म्हणत रावलो. उपरांत तो सभापती जालो. तें पद सांबाळटना ताका झेल्या खातीर वेळ

मेळना जालो. सभापतीपदाची जापसालदारकी सोंपतकूच अकादेमीन पर्थून तिशठत लायली. आदाराक दुसरो कोणूय दितां अशेंय सांगलें. तोमाझीन्य झेलो तयार करून दितां अशें सांगत रावलो. पूण तें घडलेंच ना. तो झेलो उजवाडाक येवंक पावलोच ना. रोमी लिपींतलें एक म्हत्वाचें पुस्तक तयार करून दिवपाचें काम जालेंच ना. इतलो हो रोमी लिपी विशींचो मोग!!

एकाद्रे चळवळींतले फुडारी जेन्ना ढोंगीपणान वागतात तेन्ना तांचीं ढोंगां लोकाक कळपाची गरज आसता. देखुनूच हें सगलें सांगचें पडटा.

रोमीवादाचें आदन धर्मकोल्ल आनी जातवाद ह्या दोनूच फातरांचे रांदनीचेर दवरिल्लें आसा अशेंय न्हय. हे रांदनीक तिसरो फातोर आसा आनी तो देशभ्रश्टपणाचो. 'नागरी लिपीक आमचो विरोध ना' अशें कोणूय कितलोय आड्डून सांगूं, रोमीवादाच्या मुळांत नागरी लिपी विशींची नसाय आसाच. राजभास कायदो चालीक लावपाच्या वावराक आडखळी जातात त्यो ताकाच लागून. नागरी लिपी ही भारतीय लिपी; देखून ती नाका. रोमी लिपी ही परदेशी मिशनऱ्यांनी हाडिल्ली लिपी; देखून ती जाय - आनी सासणाची जाय! भारतीय दायज उणाक; परदेशी लोकांचें दायज उंचलें! तेच भावनेन फा. प्रताप नायक कृष्णदास शामाचो उल्लेख टाळटा आनी कोंकणी साहित्याचें दायज फ्रांसिस्कन आनी जेजुईत पंथांच्या परदेशी पाद्रींनी सुरू केलें अशें भासोवपाचो यत्न करता. परदेशी पाद्रींनी कोंकणींत बरोवपाक आरंभ करचे आदीं कृष्णदास शामान रामायण आनी महाभारत गद्य काणयांच्या रुपान बरयिल्लें. कोंकणी साहित्याचें दायज त्या आद्य साहित्यकारा पसून सुरू जाता. पूण रोमीवाद्यांक कृष्णदास शामाची नसाय.

कित्याक तर, तो भारतीय, तो थळावो, ताचे पांय भारतीय संस्कृतायेंत आनी ताचें साहित्य भारतीय लिपींत. त्रिशतांव ब्रागांस द कुन्य हांणी ज्या देशभ्रश्टपणाचेर उजवाड घाल्लो त्याच देशभ्रश्टपणाची ही शेंपडी. पुर्तुगाली सत्तेन वा परदेशी मिशनऱ्यांनी जें दायज सुरू केलें, आपणाल्या सुवार्था खातीर वा सोपेपणा खातीर, तें दायज म्हणचे आपणाली अस्मिताय अशें मानपाची मानसिकता देशभ्रश्टपणांतल्यान उप्रासता. हांकां पुर्तुगाली सत्ता गोंयांत येवचे आदीं अस्मिताय नाशिल्लीच काय? हे शिळा जावन पडिल्ले काय? आनी येरोपेवांचे गोरे पांय लागतकूच हांचो उद्धार जालो काय? त्या गोरे कातीच्या लोकांनी हांगा येवन हांकां अस्मिताय आनी संस्कृताय दिली काय?

'आमची वाट वेगळी, तुमची वाट वेगळी' हें रोमीवादाचें मुखेल सुत्र. 'आमची वाट' वेगळी कित्याक? 'तुमची वाट' भारतीयत्वाची म्हूण. ती 'आमकां' नाका. 'आमकां' जाय गोंयच्चेर शेक गाजोवंक आयिल्ल्या; भारतीय संस्कृताय ना-नापश्चात करूंक वावुरिल्ल्या; आपली संस्कृताय बळजबरेन आमचेर थापूंक तरेकतरांचे अत्त्याचार केल्ल्या परदेशी वसाहतवाद्यांनी दाखोवन दिल्ली वाट. दर्यांतल्यान आयिल्ले ते देंवचार न्हय; ते देवाचे मनीस! तांचे पांय धुवन तीर्थ पियेवचें इतली तांची पुण्याय! तांणी आपणाली भास घेयात अशें म्हणिल्लें. 'आमी' ती घेवंक पावले नात. कितले कर्मकट्टे 'आमी'! आतां तांची लिपी तरी घेवन ती सासणाची आपणावन रावया

देशभ्रश्टपणाचेंच हें एक रूप!

***

रोमीवादाचें रुपडें घालून इंग्लिशवादाचो कार्नावाल

रोमीवाद सुरू जायत सावन एक इश्ट म्हाका सांगत आसा की रोमीवाद हो खरेपणीं इंग्लिशवाद. त्या वादाची मोख कोंकणीची उदरगत न्हय; तर इंग्लिशीक वेंग. आपणालो मुद्दो विस्कावन सांगतना ताणें म्हणचें: रोमीवाद कोंकणीच्या मोगांतल्यान उप्रासूंक ना. ती अखेरेक इंग्लिशी कडेन वचपाची मांडणी. रोमीवाद्यांक जाय फकत निमित्य-कोंकणी सोडपाक आनी इंग्लिश आपणावपाक. देखून ते कोंकणी पासत रोमी लिपी सासणाची आपणावची, देवनागरी लिपी वांगडा रोमी लिपीक समान दर्जो दिवचो अश्यो मागण्यो करतात. त्यो साध्य जावच्यो नात हें तांकां बेस बरें खबर आसा. पूण ते तांचो आग्रो धरतात हाचें कारण फाल्यां 'रोमी लिपीक समान दर्जो दिलो ना देखून आमी इंग्लिश आपणायतात' अशें निमित्य सांगपाक मेळचें.

इश्टान मांडिल्ल्या मुद्द्यां मदले कांय मुद्दे म्हाका पट्टाले; तरी रोमीवादाची मोख इंग्लिश आपणावपाची आसा हें पटनासलें. पूण रोमी संमेलनाचे माचये वयल्यान मुळावें शिक्षण इंग्लिश भाशेच्या माध्यमांतल्यान दिवपाची मागणी जाली आनी तो इश्ट मांडटालो तो मुद्दो म्हाका पुरायेन पटलो; इतलेंच न्हय तर, त्या मुद्यांतल्या खरेपणाची स्पश्ट गवाय मेळ्ळी.

इंग्लिश भाशेच्या माध्यमांतल्यान मुळावें शिक्षण दिवपाची मागणी कोणें केली हाका म्हत्व ना. जे इंग्लिशीक शीत आनी कोंकणीक किस्मूर लेखतात तांचे मदलो कोणूय तशें उलयत. आतां, शिक्षक आनी मुख्याध्यापक जावन गेल्लो मनीस संवसारान मानून घेतिल्लो शिक्षणशास्त्रांतलो सिद्धान्त भायर मारता आनी कंवळ्या गोंयकार भुरग्यांक एके परदेशी भाशेंतल्यान गिन्यान दिवचें अशें म्हणटा हें अबुद्धीपण काय ती गोंयांतल्या शिक्षणीक क्षेत्राची अधोगती हें मात समजना. असलेच मनीस फाल्यां आवयांक सांगतले, 'भुरगीं व्हड जातलीं तेन्ना गायेचें वा म्हशीचें दूद पियेतलीं; ती संवय तांकां जल्मा वांगडा लायात; आवयचें दूद केन्नाच दिवं नाकात.' आनी रोमी संमेलनाचे माचयेवयल्यान एक दीस मागणी जातली: 'हाचे फुडें तियात्र इंग्लिशींत बरोवचे; ताका संवसारीक माची मेळटली; इंग्लंडांतल्यान आनी अमेरिकेंतल्यानूय मागणी येतली. इंग्लिश ही पोटाची भास. तियात्रिस्तांकूय पोट आसा. पोटा खातीर तियात्र इंग्लिशींत आसूंक जाय.'

जंय अबुद्धीपण धुमशेण कांडटा थंय कितेंय घडुंयेता! पूर्वप्राथमीक पावंड्या पसून जीं भुरगीं इंग्लिश माध्यमाच्या वातावरणांत वावुरतात आनी फुडें शिकतात तांची गत कशी

जाता हें कोणाक खबर ना? हीं भुरगीं फिर्गीपण पांगुरतात. तांकां 'हडवो ताल्ल बेबो' खबर नासता; फकत बा बा ब्लॅक शीप म्हणूंक कळटा- अर्थ कळटा अशें मात ना. ह्या संदर्भांत एक देख म्हूण म्हजो एक अणभव सांगपा सारको आसा. सुमार 22-23 वर्सां फाटली गजाल. मडगांवचे ग्रेस चर्चीन युवा सत्तक मनयल्लें. सत्तकांतल्या एका दिसा चार उलोवपां दवरिल्लीं आनी दर एका उलोवपा उपरांत प्रस्न-जापो आसताल्यो. हॉलांत तरणाटे. हेर तिगांनीय उलोवपां इंग्लिश भाशेंत केलीं. त्या उलोवपां उपरांत चड उणी अशी प्रस्नोत्तरी जाली. हांव कोंकणींत उलयलों. तरनाट्यांनी प्रस्न विचारचे अशें फादरान सुचयलें. कोणूच उठलो ना. कोणेंच प्रस्न विचारलो ना. फादरान म्हाका म्हणलें, 'तूं इंग्लिशींत उलयल्लो जाल्यार प्रस्न येतले आसले.' हांवें म्हणलें 'हे तरणाटे गोंयकार न्हय?' फादरान सांगलें, 'गोंयकार तर! मडगांवांतल्या नीज गोंयकार कुटुंबांतलेच ते भुरगे. पूण तूं उलयलो तें तांकां समजलें ना.'

हो परिणाम पूर्वप्राथमीक पावंड्या पसून इंग्लिश माध्यमाच्या वातावरणांत वाडिल्ल्याचो. कोंकणी समजना. उलोवंक येना. थोडी कळ्ळी तरी ती उलोवपाक लज दिसता असो न्यूनगंड. रोमीवाद्यांच्या फुडाऱ्यांक असलेंच गोंय निर्माण करून इंग्लिशी वरवीं अस्मिताय सांबाळपाची आसा! आफ्रिकेच्यान कॅनडाक गेल्लो तिसरे पिळगेचो गोंयकार आनी गोंयांतलो गोंयकार हांचे मदीं कसलेंच अंतर उरचें न्हय अशी तांची वान्सा!!

कोंकणी कडेन ही दुस्मानकाय गोंयच्या इतिहासांत दुसरे फावट घडटा. पयले खेपे हें दुस्मानपण घडिल्लें 17 व्या शेंकड्यांत, वसाहतवादी पुर्तुगेज राजवटीन 1684 च्या कायद्या

वरवीं कोंकणीक शिक्षणांतल्यान, बरोवपांतल्यान आनी उलोवपांतल्यानूय भायरी केल्ली. थंय कोंकणी विशींचें शिक्षण बंद पडिल्लें; बरोवप बंद पडिल्लें; इतलें की बरपां ना देखून छापखानो बंद करचो पडिल्लो.

तेन्ना लोकशाय नाशिल्ली. वसाहतवादी राजवट लोकांक जापसालदार नाशिल्ली. तशी ती आशिल्ली जाल्यार सांगतली आशिल्ली: 'कोंकणीक राखण दिवपाकूच आमी तो कायदो केला. कोणेंच कोंकणी वापरली ना म्हणटकूच ती बरीऽऽ उरतली; मात पसून झरची ना.' उपरांत ते राजवटीन कोंकणीभाशी गोंयांत पुर्तुगेज भाशेच्या माध्यमाच्यो मुळाव्यो शाळा सुरू केल्यो. कोंकणीचे सुवातेर पुर्तुगेजीक बसोवप हो तांचो हावेस आसलो. तेन्ना पत्रकार नाशिल्ले. ते आशिल्ले आनी तांणी प्रस्न विचारिल्लो जाल्यार ती पुर्तुगेज राजवट जाप दितली आसली: 'आमी पुर्तुगेज भाशेच्या माध्यमाच्यो शाळा उगडल्यात त्यो कोंकणी वाटावपाक. पुर्तुगेज भाशेच्या आदारान शिकले जाल्यारूच कोंकणी जिती उरूंक पावतली.' रोमीवाद्यांचे फुडारी आयज उलयतात तीच भास 17-18 व्या शेंकड्यांतल्या पुर्तुगेजांच्या तोंडांतल्यान आयकूंक मेळटली आसली. अंतर इतलेंच- ते खरे फिंर्गी पुर्तुगेजी वरवीं कोंकणीक वाटावंक सोदताले! तर, आयचे अडेचे फिंर्गी इंग्लिश भाशे वरवीं कोंकणीक वाटावंक सोदतात!

1990 वर्साच्या सुमाराक गोंय सरकारान मुळाव्या शाळांक अनुदान दिवपा विशींचें धोरण थारायलें. त्या धोरणा प्रमाण देशी भाशेंतल्यान शिक्षण दिवपी शाळेकूच अनुदान फावतालें. इंग्लिशवाद्यांनी चळवळ करून त्या धोरणाक विरोध केलो; पूण तो धरलो ना. तें धोरण आयज मेरेन चालू आसा. तें धोरण

सरकारान थारायलें तेन्ना डायोसीजन शिक्षण संस्थेन योग्य आनी शाणेपणाचो असो निर्णय घेतलो. ते संस्थेन शिक्षणाचें माध्यम कोंकणी आसतलें असो निर्णय घेतलो. तो क्रिस्तांव धर्मसंस्थेच्या संवसारीक धोरणाक लार्गी आशिल्लो. शिक्षणशास्त्रांतल्या सिद्धान्ताक धरून आशिल्लो. त्या निर्णयाक लागून ते संस्थेच्या शाळांनी शिक्षण घेतल्या विद्यार्थ्यांची देशी संस्कृती कडली नाळ तिगून उरल्या; त्या विद्यार्थ्यांचे पांय गोंयचे देशी संस्कृतायेंत रोमून उरल्यात; तांची सर्जनशक्ती पसवल्या; तांची कोंकणी उतरावळ वाडल्या, उच्चार सुदारल्यात; वेगवेगळ्या विशयांचें गिन्यान आपणावपाची तांक वाडल्या; 'ड्रॉपाउट्सां'ची वाड आडावल्या; विचार वा भावना उक्तावपाचें सोपेंपण मेळ्ळां; तांचे शिक्षणीक आनी सांस्कृतीक उदरगतीक मेकळी वाट मेळ्ळ्या.

कांय इंग्लिशवाद्यांक हें सोंसना. तांकां इंग्लिश कातरपी कीर आनी किरांट्यो वाडच्यो अशें दिसता. रोमीवाद्यांचे फुडारी तांकां मेळ्ळ्यात. कांय पयशेकार पालक, जांकां शिक्षणशास्त्रांत कांय कळना आनी भुरग्याक जल्माक येतनाच आपोल खावोवंक लागल्यार तें घटमूट जातलें अशें दिसता, हेवूय तांचे वांगडा आसात. ह्या संस्कृती भायऱ्या लोकांनी चर्च फुडाऱ्यांचेर दबाव हाडपाचे आनी डायोसीजन सोसायटीचो निर्णय बदलूंक लावपाचे यत्न चलयल्यात. पूण त्या यत्नांक तितलोच खर विरोध आसा. इंग्लिशवाद जैतवंत जायना म्हूण रोमीवाद्यांच्या फुडाऱ्यांक निर्शेणी येवंक लागल्या. देखून आतां यत्न जाला तो रोमीवादी इंग्लिशवाद्यां वांगडा आसात हें दाखोवन दिवपाचो. तेच खातीर रोमी संमेलनाचे माचये वयल्यान ही मागणी जाल्या. पूण हे मागणेक लागून इंग्लिशवाद्यांनी जें रोमीवादाचें रुपडें घालून कार्नावाल चलयला

तें रुपडें निखळून पडलां. रोमीवाद रोमाक थांबना; तो बद्द इंग्लंडाक पावता हाची अदीक बरी गवाय आनीक दुसरी ना.

रोमीवाद्यांच्या फुडाऱ्यां सकट इंग्लिशवाद्यांनी कांय अबुद्दी आनी शिक्षणशत्रू अशा राजकारण्यांक फुलां माळून सरकारान धोरण बदलचें म्हूण तांणी दबाव हाडचो असोय यत्न केला. अबुद्दी राजकारण्यांनी त्या यत्नांत एक-दोन फावटी बोटां लासून घेतल्यांत. त्या यत्नांक सरकारान भीक घालूंक ना ही बरी गजाल.

ज्या संमेलनाचे माचयेर ती इंग्लिशधार्जिणी मागणी जाली तें संमेलन दाल्गाद कोंकणी अकादमी घडोवन हाडटा. अकादमी कोंकणी पासत वावुरता अशें सांगलां म्हूण गोंय सरकार तिका अनुदान दिता. संमेलनाचेर खर्चता तो दुडू त्याच अनुदानांतलो. पूण अकादमीची निश्ठा कोंकणीक ना; ती इंग्लिशीचे व्हडविके पासत वावुरता हे विशीं आतां दुबाव उरूंक ना. हो वेळ सरकारान विचार करपाचो. जो पयसो कोंकणीचे उदरगतीक लागपाक जाय तो इंग्लिशीचें प्रस्न वाडोवपाक खर्चता आसत जाल्यार दाल्गाद कोंकणी अकादमीक सरकार जें अनुदान दिता त्या अनुदाना विशीं गंभीरपणान पर्थून विचार जावपाक जाय.

हे संस्थेन दाल्गाद हांचें नांव संस्थेच्या नांवांत घालून त्या व्हड विद्वानाचो अपमान केलाच; पूण आतां मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम म्हूण इंग्लिश आपणावपाची मागणी ते संस्थेच्या माचये वयल्यान जाल्ल्यान मोंसिन्योर दाल्गाद हांचो आत्मो दुख्खान रडटा आसतलो. आकांतवाद्यांचे एकाद्रे संघटनेन 'गांधी संघर्श मोर्चो' अशें नांव घेवन हिंसेच्यो करण्यो केल्यो जाल्यार कशें जातलें? तशेंच हें. सरकारान रुपड्यांचो नियाळ करूंक जाय आनी इंग्लिशवाद्यांचो हो कार्नावाल समजून घेवंक जाय. खर्चता

तो लोकांच्या घामाचो पयसो. त्या पयशांतल्यान राष्ट्रभ्रश्ट आनी संस्कृतीभ्रश्ट प्रवृत्तीक जेल मेळूंक फावना. त्या पयशांचो बरो उपेग जावपाक जाय; तो गोंयचे देशी संस्कृतायेचे सेवेक वापरूंक जाय.

***

चत्राय: हो लेख गोंय सरकारान 2011 वर्सा अनुदाना विशींचें धोरण बदलपाचो निर्णय घेवचे आदीं उजवाडाक आयिल्लो.

विस्कटावपी विविधतायेंत एकवट नासता

'विविधतायेंत एकता' हीं ओडलायणीं उतरां! खूब जाण तीं वापरतात; मात थोडे तीं लागू पडनात थंयूय वापरतात. कोंकणीच्या मळार लिपीवाद उचांबळ जाता तेन्ना कांय जाणांक तीं उतरां वापरपाचो सोस आसा. गोंयांत तोमाझिन्य कार्दोज वापरता; तर मंगळूरांत एरिक ओझारियो वापरता. एकेच माळेचे मणी!

आमच्या देशाचे संस्कृतायेंत विविधताय आसा. हे विविधतायेंत एकता आसा. हाचें कारण ती विविधताय एकवटाच्या आड येना. आमच्या देशांत धर्माची विविधताय आसा. ती विविधताय आमचो एकामेकां कडलो संपर्क तोडिना. देखून थंयूय एकता आसा. आमच्या देशांत भाशेची विविधताय आसा. ती एकवटाच्या आड येना. एकता थंयूय आसा. पूण दर

एक विविधताय बरी वा विधायक आसताच अशें ना. थोडी विविधताय वेगळोचार करपी, लुकसाण करपी आसता. जी विविधताय विधायकआसता थंय एकता आसता; जी विविधताय वेगळोचार करता, तोडटा, अंतरां निर्माण करता ते विविधतायेंत एकता नासता. विधायक विविधतायेच्यो देखी संस्कृताय, धर्म, भास ह्या मळांचेर मेळटात. नश्टे विविधतायेची देख जात ह्या विशयांत मेळटा.

आमच्या देशांत जाती आसात. त्यो हिंदू समाजांत नदरेंत भरतात. गोंयांतल्या क्रिस्तांवांमदींय जाती आसात. म्हणचे, देशांत जातीची विविधताय आसा. पूण हे विविधतायेंत एकता आसा अशें कोणेंय म्हळें जाल्यार ताका तकली विरार जाल्ल्यांच्या हॉस्पिटलांत घालचो पडटलो. जातींत उंच-उणाकपण आसा, वेगळोचार आसा. जात वेगळायता, जात अंतरां निर्माण करता, जात अविश्वास निर्माण करता, जात दुस्वासाक जल्म दिता. जात फोडटा, मोडटा, लुकसाण करता. जात एकवटाक खिळखिळो करता. असले विविधतायेंत एकता नासता. देखून दोळे धांपून 'विविधतायेंत एकता' अशो हुयेली मारतल्याक शाणे म्हणूंक जावचें ना.

जें जातीक लागू जाता तेंच आगळ्या-उण्या प्रमाणांत कोंकणीच्या संदर्भांत लिपीक लागू जाता. लिपींक लागून कोंकणीभाशी समाजांत वण्टी उब्यो जाल्यात. लिपींक लागून कोंकणीभाशी लोकांचे जुंवे जाल्यात. लिपींक लागून संपर्क तुटला. लिपींक लागून एक कोंकणी भाशी कोंकणींत बरयता तें दुसऱ्या कोंकणीभाशी मनशाक कळना अशी परिस्थिती उप्रासल्या. लिपींक लागून आमी एकामेकाक पैसावल्यात.

लिपींक लागून आमी एकामेका विशीं अज्ञानांत उरल्यात. अशे परिस्थितींत एकवट खंयचो!? जे एकामेकाक सारके वळखनात तांची एकता कसली? हें कोडू सत्य जे मानून घेवंक तयार नात तांकां कोंकणी समाजांत एकवट नाका आनी आज जशे जुंवे आसात तशेच ते सासणाचे दवरूंक जाय अशेंच म्हणचें पडटलें.

घडये ते इतिहास वाचिनात आनी वाचला आसत जाल्यार विसरल्यात. काय विसरपाचें सवंग करतात?

16 व्या शेंकड्यांत पुर्तुगेजांचे पांय गोंयचे भुंयेक लागचे आदीं गोंयांत कोंकणी नागरी वा कंदवी लिपींनी बरयताले. घडये, जांकां संस्कृत भास वाचूंक येताली ते नागरींत बरयताले आनी जांकां संस्कृत येनाशिल्ली ते कंदवी लिपी वापरताले. धर्मप्रसारा खातीर येरोपांतल्यान जे पाद्री आयले तांकां एकूय भारतीय लिपी येनाशिल्ली. तांकां सवंकळीची आशिल्ली ती रोमी लिपी. तांणी आपणाक सोपेपण मेळचें म्हूण कोंकणी, मराठी ह्यो भारतीय भासो रोमी लिपींत बरयल्यो. तांणी धर्मीक साहित्य रोमी लिपींतले कोंकणींत रचलें. रोमी ते तरेन इगर्जेंत पावली. 19 व्या शेंकड्यांत जेन्ना गोंयकार क्रिस्तांवांनी कोंकणी भाशेंत बरोवपाक आरंभ केलो तेन्ना रोमीची ती परंपरा फुडें चलयली. रोमी लिपीचो उपेग सुरू जालो तो असो.

16 व्या शेंकड्यांत धर्मांतर आनी पुर्तुगाली सत्तेच्यो आगळिको सुरू जाल्यो तेन्ना कांय गोंयकार कुटुंबां घर-दार सोडून दक्षिणेक गेलीं. कांय कुटुंबां कर्नाटकांत राबितो करून रावलीं. हो लोक आदीं नागरी लिपी वापरतालो आनी उपरांत कन्नड लिपींत कोंकणी बरोवंक लागलो अशें कोंकणी व्याकरण

आनी शब्दकोश रचपी फादर माफे हांणी बरोवन दवरलां. ताचे वयल्यान स्पश्ट जाता की गोंयकार कर्नाटक वाठारांत वचून रावले तेन्ना कोंकणी नागरींत बरयताले. उपरांत केन्ना तरी तांणी कन्नड लिपीचो उपेग करपाक आरंभ केलो. अशे तरेन कन्नड लिपीचो उपेग सुरू जालो.

दक्षिणेक गेल्ल्या कुटुंबां मदलीं कांय कुटुंबां केरळांत वचून रावलीं. अठराव्या शेंकड्या मेरेन ते लोक कोंकणी बरोवपाक नागरी लिपी वापरताले. उपरांत, भोव करून 18 व्या शेंकड्यांत तांणी कोंकणी मल्याळम लिपींत बरोवपाक आरंभ केलो. हाची गवाय मेळटा. 'हॉर्टस इंडिकस मलबारिकस' हो डच भाशेंतलो वनस्पतीची वळख घडोवपी ग्रंथ 1678 वर्सा उजवाडा आयलो. ह्या ग्रंथाकतीन कोंकणीभाशी आयुर्वेद पंडितांनी दिल्लें सर्टिफिकेट त्या ग्रंथांत छापलां. तें कोंकणी भाशेंत आनी नागरी लिपींत आसा. हालींच केरळ विद्यापिठान त्या ग्रंथाचो इंग्लिश भाशेंत अणकार करून घेवन तो 12 खंडांनी उजवाडायला. तें कोंकणींतलें सर्टिफिकेट तशेंच छापलां आनी खाला ताचो इंग्लिश भाशेंत अणकार छापला. कोंकणी पासत केरळांत मल्याळम लिपी वापरपाक आरंभ जावपाचीं कारणां वयर सांगल्यांत तीं.

इतल्यान सोंपना. कर्नाटकांत भटकळ वाठारांत नवायत मुसलमानांचो एकवर्ग आसा. तो कोंकणीभाशी. तो लोक नेमाळीं बी उजवाडायतालो. तीं पर्सो-अरॅबिक लिपींत बरयल्ले कोंकणींत आसतालीं. पर्सो-अरॅबिक लिपीचो उपेग जातालो तो तसो.

अशे तरेन, 20-25 वर्सां आदीं कोंकणी पांच लिपींनी बरयताले. पांच लिपींक लागून पांच जुंवे जाल्ले. एका जुंव्यार

कितें घडटा तें दुसऱ्या जुंव्या वयल्या लोकाक कळनाशिल्लें. पांच जुंव्यां मदीं व्हडलोसो संपर्क नाशिल्लो. केरळांत वा मुसलमानां मदीं कोंकणीभाशी लोक आसात हें पसून चडश्या गोंयकारांक खबर नाशिल्लें. एकामेकाची वळखच नाशिल्ली; एकवट खंयचो!

ही दुर्दशा पळोवनूच कारवारचे पयले परिशदेंत म्हालगड्यांनी थारावणी पास करून समेस्त कोंकणी समाजाक उलो मारलो की तांणी ल्हवू-ल्हवू एक लिपी- नागरी लिपी- आपणावची.

कांय वर्सां आदीं केरळांतल्या कोंकणी समाजान एक शाणेपणाचो निर्णय घेतलो. कोंकणी मल्याळम लिपींतल्यान बरोवपाचें सोडून दिवन तांणी नागरी लिपी आपणायली. थंय कोंकणी माध्यमाच्यो दोन शाळा चलतात. थंय शिक्षण नागरी लिपींतले कोंकणींतल्यान जाता. ते आतां पुस्तकां फकत नागरी लिपींत उजवाडायतात. केरळांत कोंकणी पासत मल्याळम लिपी वापरपाची परंपरा लागीं-लागीं बंद जाल्या.

नवायत मुसलमान हो आंकड्यान ल्हान समाज. ते उजवाडायताले तीं नेमाळीं ल्हवू ल्हवू बंद जाल्यांत. तेच बराबर कोंकणी खातीर जातालो तो पर्सो-अरॅबिक लिपीचो वापर बंद जाला. फाटीं कुमठा शारांत जाल्ल्या अ. भा. कोंकणी साहित्य संमेलनांत त्या समाजांतल्या एका कवीचो कवितां झेलो उजवाडा आयला. त्या झेल्यांतली कोंकणी नागरी लिपींत आसा.


कोंकणी परिशदेन थारावणी घेतल्या उपरांतच्या काळांत पांच लिपींतल्यो दोन गळून तीन लिपी उरल्यात. नागरी आनी रोमी ह्यो गोंयांत आनी कन्नड लिपी कर्नाटकांत. म्हणचे पांच

जुंव्यां मदले तीन जुंवे उरल्यात. तांचे मदलीं अंतरां उरल्यांत. रोमीवाद्यांचे आनी कन्नडवाद्यांचे भाशेंत सांगचें जाल्यार, 'विविधताय' उरल्या!

पूण एकता खंय आसा? कर्नाटकांतलो कोंकणी क्रिस्तांव कन्नड लिपी ही आपणाले अस्मितायेची कुरू अशें सांगता. गोंयांतलो रोमीवादी क्रिस्तांव रोमी लिपी ही आपणाले अस्मितायेची कुरू अशें मानता. ताची एक अस्मिताय तर हाची दुसरी अस्मिताय! खंय आसा ती एकता? लिपी ही भाशेक लागता; धर्माक लागना ही गजाल वेगळी.

दुसरें, कन्नड लिपींत एड्वीन डिसोझा बरयता तें तोमाझिन्य कार्दोजाक कळना, तो तें वाचुंकूच पावना. गोंयांत रोमी लिपीचो उपेग क्रिस्तांवां मदीं जाता. कांय आडवाद आनी कोंकणींत शिकून भायर सरिल्ल्यो पिळग्यो सोडल्यो जाल्यार क्रिस्तांव बरोवप्यांक नागरी कळना आनी हिंदू बरोवपी रोमींतलें बरप वाचूंक वचनात. पर्थून एकाच गोंयांत दोन जुंवे. मंगळूरांतल्या एड्वर्ड नाझारेथाक नागरींतलें साहित्य परकी तशें रोमींतलेंय साहित्य परकी. दोगांचें एकामेका विशींचें अज्ञान ही एकता काय? एकामेकाक वळखनात तांचो एकवट केन्ना जाता काय??

जी विविधताय वेगळोचार करता ते विविधतायेंत एकता नासता. जातीची विविधताय हे ते तरेची. ती विस्कटायता. ती फोडटा. ती कुडके करता. असले विविधतायेंतल्यान एकवट जायना. डॉ. राम मनोहर लोहियांनी म्हळां, आमच्या देशाचेर खूब आगळिको जाल्यो आनी आमकां शरण वचचें पडलें हाचीं खूब कारणां आसत; पूण मुखेल कारण- जात. जातीन आमकां सदांच विस्कळीत दवरले, एकवटीत जावंक दिलें ना.



जें जातीक लागता तेंच कोंकणीच्या विशयांत लिपीचे विविधतायेक लागता. ही विविधताय आमकां विस्कळीत करता, एकवटाक आडखळ हाडटा. हे विविधतायेंत एकता ना. संवसारांतले दर एके प्रगत भाशेक एकूच लिपी आसा हाचें मुखेल कारण हेंच.

***

हें साहित्य न्हय, ही संस्कृतीय न्हय; ही धोशी घालपाची विकृती

-पूर्वार्ध-

मडगांवांत 20-21 डिसेंबराक 'पयलें कोंकणी (रोमी लिपी) साहित्यीक आनी सांस्कृतीक संमेलन' ह्या नांवाखाला एक कार्यावळ जाली. ही कार्यावळ म्हणचे रोमी लिपींतल्या कोंकणी साहित्या विशींचें संमेलन अशी म्हजी समजणी जाली. पूण ते कार्यावळींत जाल्लें बीजभाशण वाचलें आनी ती कार्यावळ म्हणचे साहित्याचें संमेलन न्हय तर वेगळेंच कितें आशिल्लें हें स्पश्ट जालें. बीजभाशण हें तर विकृतीचें प्रदर्शन आशिल्लें. खंयचेय कार्यावळींत बीजभाशण ते कार्यावळीचें रूप, तिचो हावेस, फुडाराची दिशा हांचेर उजवाड घालता. रोमी संमेलनांतलें बीजभाशण वाचतकूच म्हाका तर संमेलन नांवाचे ते कार्यावळीचें रूप स्पश्ट जालें, आयोजकांचो हावेस स्पश्ट जालो.

हे कार्यावळींत आयोजकांनी फा. प्रताप नायक हांकां

बीजभाशण दिवपाक आपयले. त्या बीजभाशणांत रोमी कोंकणी साहित्याचो नियाळ ना, रोमी कोंकणी साहित्याची कसलीच चर्चा ना; त्या साहित्याची फुडाराची दिशा कशी आसची हाचे विशीं एक उतर ना. थोडे भितर सांगचें जाल्यार 7 पानांच्या त्या भाशणांत रोमी कोंकणी साहित्या विशीं एक पॅरेग्राफ पसून ना. हेरशीं, गोंयकारांची रोमी लिपींत कोंकणी बरोवपाची परंपरा फाटल्या सुमार 120 वर्सांची. ताचे आदीं ती परंपरा परदेशी पाद्रींची. 1889 मेरेन एकाय गोंयकारान रोमी लिपींत बरयल्लें कसलेंच साहित्य मेळूंक ना. 1889 वर्सा एदुआर्द ब्रून द सौझ हांणी पुण्यांत 'उदेन्तेचें साळक' ही पत्रिका सुरू केली आनी थंयसून रोमी लिपींत कोंकणी साहित्य रचपाची गोंयकारांची परंपरा सुरू जाली. त्या वर्साच्यान आयज मेरेन बरोवप्यांनी रचिल्लें रोमी लिपींतलें कोंकणी साहित्य आसा. पूण बीजभाशण ताची निखालस दखल घेना. एकाय रोमी कोंकणी लेखकाचो उल्लेख ना. तर त्या भाशणांत आसा कितें? आसा धर्मकोल्ल. आसा जातवाद. आसा रोमी लिपीचें राजकारण. आसा उपाट विकृती. साहित्य आनी संस्कृती हांच्या नांवान जाल्ल्या संमेलनाचो आरंभ अशे तरेन खर विकृतीच्या दर्शनान जावचो हाची खंत भोगता. अजाप मात् दिसना. विकृत मनोवृत्तीच्या मनशा कडल्यान संस्कृतीचो आवंडो कोणें आनी कसो धरचो?

फा. प्रताप नायक हांच्या बीजभाशणांतलें एक फटींगपण हांवें फाटल्या एका लेखांत उजवाडा हाडिल्लें. तसलीं आनिकूय फटींगपणां आसात. देखीक, मोंसिन्योर दाल्गाद हांणी नागरी लिपी विशींचें मत उपरांत बदल्लें अशी फट हो मनीस मारता. मों. दाल्गाद हांणी मत निखालस बदलूंक ना. तांच्या पयल्या

कोशांत मूळ कोंकणी उतर नागरी लिपींत छापिल्लें आसा. तो कोश मुंबय छापिल्लो. दुसरो कोश पुर्तुगालांत छापलो. थंय नागरी खिळे नाशिल्ले आनी खिळे जुळोवपीय नाशिल्ले. तरी आसतना प्रस्तावने खातीर कांय नागरी खिळे तांणी तयार करून घेतले आनी ते वापरले. तीं कारणां तांणी प्रस्तावनेंत सांगल्यांत. आपलें मत बदल्लां अशें तांणी खंयच सांगूंक ना. पूण दाल्गादाच्या नांवान रोमी लिपीची चळवळ चलोवप हो मों. दाल्गादांचो अपमान हो आरोप फाफडून उडोवपाक हो मनीस धडधडीत फट उलयता. मुखार बसल्यांत तीं बोकडां अशें धरप हो ताचो सबावगूण!

प्रताप नायकाच्या त्या भाशणांत रोमी लिपींतलें साहित्य सोडून हेर जायतें आसा. खर धर्मकोल्ल आसा. हळशिकावणो जातवाद आसा. गोंयकार समाजाचे दोन कुडके करपाचो खर हावेस आसा. क्रिस्तांव समाजांतल्याच सुशिक्षीत वर्गाक 'घांटी' म्हणपाची मस्ती आसा. हें सगलें हांवें म्हज्या उतरांनी सांगचे परस प्रताप नायकाच्याच उतरांनी सांगप अदीक बरें जातलें. बीजभाशणांतलीं कांय मुक्ताफळां ह्या लेखांत सकयल दिल्यांत. उतरां तशींच दवरल्यांत, फकत नागरींत हांवें उतरायल्यांत. सरसकट गोंयकार समाजान आनी भोव करून कोंकणी भाशेचे उदरगतींत वांटो घेवपी आख्ख्या कोंकणी समाजांतल्या वावुरप्यांनी तातुंतलें वीख पारखून घेवंक फावो. कोंकणीभाशी समाजाक धर्माच्या आनी जातीच्या नांवान फोडून विस्कळीत करपाच्या ह्या यत्नाची दखल समेस्त कोंकणीभाशी समाजान गंभीरतायेन घेवची पडटली.

हीं मुक्ताफळां अशीं:

1

'गोंयची सुटका जातच गोंय महाराष्ट्रांत वेचें न्हय पूण तें वेगळें उरचे खातीर ओपीनियन पोला वेळार रोमी लिपींतली कोंकणी वापरच्या लोकान पुरतो तेंको दिल्लो. हाका लागून आज गोंयचें खाशेलेपण उरलें.'

2

'रोमी लिपयेंतली आनी कन्नड लिपयेंतली कोंकणी बरपावळ आनी वावर पळोवन 1975 वर्सा साहित्य अकादेमीन कोंकणी साहित्याची भास म्हूण मान्यताय दिली. नागरी लिपयेंत तेन्ना भोव थोडी कोंकणी बरपावळ आसली. गोंयांत चिमूटभर बरोवपी नागरी लिपयेंत कोंकणी बरयताले आनी तेच आपली बरपावळ वाचताले.'

3

'राजभास कायद्याचे चळवळीक पयशांचो आनी लोकाचो पुरतो तेंको कोणें दिल्लो? आमीच. रोमी लिपयेंतली कोंकणी वापरतल्यांनी. कोंकणी चळवळी वेळार मार खाल्ले आनी जीव होगडावन घेतलले कोणें? आमच्याच लोकान.'

4

'आमकां फटोवन आमच्या लोकाच्या बळार आपली कोंकणी आनी नागरी लिपी गोंयच्या राजभास कायद्यांत आस्पावन घेतली. कोंकणी म्हणचे देवनागरी लिपयेंतली कोंकणी हें वाक्य राजभास कायद्यांत घालूंक लायलें.'

5

'कोंकणी गोंयची राजभास जाली देखून गोंयाक घटक राज्याचो दर्जो मेळ्ळो आनी 40 आमदारांक आमचेर राज करूंक

वाट मेकळी जाली. घाम काडूंक पावलू आनी खावंक मात् पांडू ही गत इतले दीस आमची जाल्ली. कामा पुरते मामा आसलल्या हांणी आमचे हक नाकारले.'

6

'आयचें हें संमेलन भाशे आनी लिपये मळावयली आमची सुटका खुणायता. इतले दीस आमचो लोक नागरी लिपयेच्या आनी तातूंत बरोवचे कोंकणीच्या गुलामपणांत जियेतालो आनी आपलें आपलेपण वा अस्मिताय उगत्यान दाखोवंक पाटीं सरतालो.'

7

'गोंयची सुटका जाय मेरेन धवे कातीचे पाकले आमचेर राज चलयताले. गोंयची सुटका जातच मूठभर काळे कातीच्या नागरी आकांतवाद्यांनी आमच्या इस्कोलांनी आपली कोंकणी भितर रिगोवन आमच्या लोकाक आपले बोलयेचे आनी नागरी लिपयेचे गुलाम केले. ही तांची 'आशिल्ली' 'नाशिल्ली' शीशी कोंकणी बोली आनी नागरी लिपी तांच्याच लोकान आजून मांदून घेवंक ना हें उगतें सत् आमी विसरूंक फावना.'

8

'मराठीची भिरांत सदां आमच्या लोकामदें पसरावपी ह्या नागरी आकांतवाद्यांनी कोंकणी मळाचेर रोमी लिपयेंतले कोंकणीची आनी रोमी लिपी वापरतल्या लोकाची सदां नसाय केल्या आनी आड पांय दिल्यात.'

9

'हे आकांतवादी भोव शाणे. राजभास कायद्यांत आपली कोंकणी भितर काडटना मराठी भितर काडूंक ते बिलकूल विसरूंक

नात. एके खांकेंत तांकां आपली कोंकणी जाय आनी दुसरे खांकेंत मराठी जाय. आपली चलाकी वापरून फकत आमची रोमी लिपयेंतली कोंकणी तांणी भायर दवरली.'

10

'आर्यन कूळ, संस्कृत भास, नागरी लिपी आनी आपली जात पवित्र, उंच आनी बरी हें बामणवादाचें आपलें जानवें दुसऱ्यांच्या गळ्यांत घालूंक ते रातदीस वावुरतात. बामणवाद म्हणजे बामणांचो वाद न्हय. बामणवाद हें एक घातमारी चिंतप. आपलें म्हणटलें सगळें बरें, उंचलें, दुसऱ्यांचें मात् वायट, सकयल्या पांवड्याचें ह्या चिंतपाक बामणवाद म्हणटात. एक भास, एक लिपी, एक साहित्य आनी एक समाज हें बामणशायेचें नाझी तत्व कोंकणी संवसारांत विस्तारचें मिसांव तांचें.'

11

'दाल्गाद शाणो मनीस आसलो. ताका आपलें चुकीचें चिंतप कळून आयलें, देखून ताणें नागरी लिपी भायर मारली आनी रोमी लिपी आपणायली. हाका लागून ताची बरपावळ संवसारभर लोकाक वाचूंक मेळ्ळी आनी कोंकणीचो बावटो ताणें संवसारभर उबयलो. तुमच्या शणै भाशेन नागरी लिपीक वेंगावन तो बसललो जाल्यार आज ताका फकत गोंयांत मात् मूठभर लोकूच वळखता आसलो.'

12

'आमी पासियेंस काडपी शांत गुणाचे मनीस. हाचो अर्थ असो न्हय सदां काळ आमी अनीत सोंसून तुमचे गुलाम रावतले. आतां आमकां जाग आयल्या आनी तुमचो राग आयला. आमी तुमकां बोट दिलें. तुमी आमचो हात गिळ्ळो. आतां तुमी आमकां

आख्खे गिळूंक सोदतात.'

13

'सरकाराचो कितेंच तेंको नासतना इतलीं वर्सां आमी आमची कोंकणी सांबाळ्ळ्या आनी ती वाडयल्या. तुमकां धीर आनी ताकत आसल्यार सरकाराचो दुडू घेवचें बंद करात. फकत तुमच्या बळार तुमची कोंकणी आनी नागरी लिपी 50 वर्सां चलोवन दाखयात. हिम्मत आसा जाल्यार हें पयलें करात आनी मागीर तुमचीं शापोतां आमकां सांगात.'

- उत्तरार्ध -

साहित्य संमेलनांत केल्ल्या बीजभाशणांत साहित्या विशीं कसलीच चर्चा नासची आनी एकाय साहित्यिकाचो उल्लेख नासचो हें विचित्र! पूण एक विचित्र आनी अविचारी मनीस तें बीजभाशण करता तेन्ना अजाप कसलें! रोमी लिपींतले कोंकणींत चर्चा करपा सारकें साहित्य ना वा ते लिपींत बरयतल्यां मर्दी नांव घेवपा सारको एकूय लेखक ना अशें प्रताप नायकाक दिसता आसुंये. ताचो आज मेरेनचो अविचार आनी घातमारो आचार जगजाहीर आसा. अशें आसतनाय संमेलन घडोवन हाडपी दाल्गाद कोंकणी अकादमीन ताका आपयलो हाचे वयल्यान ते अकादमीच्या हावेसा विशींय दुबाव उप्रासला. ते अकादमीक मों. दाल्गाद हांचें नांव दिल्ल्यान त्या विद्वानाचो अपमान आदींच जाला. आतां ते अकादमीन घडोवन हाडिल्ल्या संमेलनाचे

माचयेचो उपेग धर्मकोल्ल आनी जातवाद मातोवपाक जाला देखून त्या अपमानाच्या घायाचेर मीठ- मिरसांग चोळिल्ले भाशेन जालां.

फाटल्या लेखांत हांवें प्रताप नायकाच्या बीजभाशणांतलीं कांय मुक्ताफळां दिल्लीं. त्या भाशणांत साहित्याचो वास पसून नाशिल्ल्यान तें तसल्याच मुक्ताफळांनी भरलां. हीं आनीक कांय मुक्ताफळां:

14

"आतां तुमी आमकां आख्खे गिळूंक सोदतात. तुमच्या पासांतली आनी घासांतली आमी आमची सुटका करून घेतल्या. हे फुडें आमचे भाशेचो बावटो आमच्या हातांत घेवन तिचो फुडार आमी थारायतल्यांव आनी घडयतल्यांव. तुमची वाट तुमकां दवरून आमची वाट सोदून काडून तांतल्यान आमी चलतल्यांव."

15

" एकवटाच्या नांवान तुमच्या कपटी जाळांत आमी शिरकल्यांव आनी घुस्मटून उरल्यांव. तुमच्या गुलामपणांतली सुटका आतां आमी करून घेतल्या. हे फुडें तुमच्या आंगणांत आमी फुगडी आनी देखणी नाचचेनांव. कोंकणी मळार इतले दीस तुमी चलयल्लें भाटकारपण आतां सोंपलां. कोंकणीचे मुंडकार आमी, आतां तुमच्या दोळ्यां मुखार भाटकार कशे भोंवतल्यांव आनी तुमी आमचेर घाल्ल्यो बोलियेच्यो, लिपयेच्यो आनी हेर सांकळी तोडून मोडून सुटकेची जीण आमी जगतल्यांव."

16

"आज पासून तुमचे वाटे परस आमची वाट वेगळी

आसतली. कित्याक, तुमी आमचे वांगडा नासलेच. तुमी फकत तुमच्या सुवार्था खातीर आमचो फायदो काडून घेतलो. उसारोस पियेतच चिवडां भायर मारतात तशें तुमचें काम जातच तुमी आमचो घात केलो.''

17

''इश्टांनो, आयचें हें संमेलन म्हळ्यार आमकां चेपून दवरलल्या आमच्या दुस्मानांच्या तोंडार आमी मारललें जैताचे सुटकेचें एक सणसणीत थापट.''

18

''मराठी आमच्या हिंदू भावांची आनी भयणींची धर्माची भास. हें सत आमी विसरूंक फावना. गोंयांत मराठी वाचतलीं आनी बरयतलीं आमचीं दुस्मानां केदींच न्हय. तांणी आमचे कोंकणीक आनी रोमी लिपयेक विरोध केदनाच करूंक ना.''

19

''आमच्या घामार ते फुडारी जाले, तांणी नांव जोडलें, पुरस्कार घेतले, के पी ए वेळार लोकाचे दुडू आनी उपरांत सरकाराचे लाखांनी दुडू आपल्या बोल्सांत घाले आनी हें दुडू भितर घालचें काम चालूच आसा.''

20

'' रोमी लिपयेंतले कोंकणीक, सरकारान तेंको दिलो जाल्यार आपणाक मेळटा तें चुकत आनी रोमी लिपयेंतली कोंकणीच फुलत रावून गोंयची राजभास जातली आनी हांची बामणशायेची शीशी कोंकणी एक दीस सोंपत ही तांकां भिरांत लागल्या.''

21

'' नागरींतली कोंकणी फकत लोका थावन सरकाराक

मेळटल्या दुडवांचेर बेंदल कशी दीस काडटा. हे दुडू मेळचे बंद जाले जाल्यार हेच नागरी आकांतवादी मराठीचे कुशीन उडी मारतले आनी आपूण सदांच मराठीचे भक्त आसले हें ढोंग करून दाखयतले.''

22

''आपली शीशी कोंकणी आमचेर थापून, परत एक पावटी ते आमकां बाटावंक सोदतात आनी सदांकाळ तांचे सावळेंत दवरूंक पळेतात. ही तांची फितुरी आमच्या साद्या आनी भोळ्या लोकाक समजना.''

23

आमच्या देसांत थंय हांगा आकांतवादी हल्ले करतात आनी निरपराधी लोकाचो जीव काडटात हें आमी जाणांव. ह्या आकांतवाद्यांक लोकूच धरतात वा मारून उडयतात वा ते पळून वेतात. पूण कोंकणी मळावेले नागरी आकांतवादी वेगळ्याच प्रकारचे. तांचीं हत्यारां म्हळ्यार आपली बोली, नागरी लिपी, पदवी आनी चलाकी. हीं हत्यारां वापरून, ते कोंकणीच्या मळार जितलो फायदो आसा, तो फकत आपणा भितर वांटून घेतात. कोंकणीच्या मळार जितले सरकारी जागे आसात तितले आपणाक ते मेळोवन घेतात. आपूण मासाचे कुडके खातना आवाज उटयतल्यांक हाडाचे कुडके उडयतात आनी तांचीं तोंडां बंद करतात. ह्या नागरी आकांतवाद्यांक सोंपोवंक आनी तांचे हल्ले थांबोवंक आमी आतां एकठांय येवंची आनी वावर करची गरज.''

24

''हेर राज्यां थावन येवन गोंयांत वस्ती करतल्या कामगार लोकाक आमी घांटी हें उतर वापरतांव. हें उतर आमी वापरचें

न्हय, कित्याक तांतल्यान आमची सेवा करपी दुबळ्या लोकाक आमी दुखयतांव. तें उतर वापरूंकूच जाय जाल्यार आज पासून तें उतर आमी अशें वापरुंया. जीं कोण आपूण गोंयकार म्हणटात गोंयांत जल्मल्यांत आनी गोंयांतूच जियेतात पूण कोंकणी उलोवंक तयार नात आनी आपल्या घरांत पुर्तुगेज वा इंग्लिश तासतात तांकां आमी घांटी म्हणुंया. तांकां आमची मानाची माची दिवंची नाका.''

25

''नागरी आकांतवादी आपले लिपये विशीं कितलींय शापोतां सांगूं, ती लिपी आजून लोकामोगाळ जावंक ना आनी हे फुडें जावंची ना. साहित्य अकादेमी आनी ज्ञानपीठ मेळ्ळल्या कोंकणी बरोवप्यांचीं पुस्तकां खपनात देखून ह्याच वर्सा ओतुब्र म्हयन्यांत तीं पणजे बस- स्टॅण्डार भिकणां विकतात तशीं सोप्यांचेर पसरून जायती सूट दिवन विकूंक दवरललीं. इतलेंय करून सैत थोडींच पुस्तकां विकून गेलीं. नागरी पुस्तकां परस भिकणांक गोंयांत चड खप आसा हांतूंत दुबाव ना. नागरी लिपयेंतले कोंकणीक गोंयांत आनी गोंयाभायर फुडार ना.''

26

'' गोंयचें खाशेलेपण उरूंक कोंकणी जाय. कोंकणी उरूंक रोमी लिपी आनी ते लिपयेंतली कोंकणी गरजेची.''

27

'' गोंयच्या म्हज्या भावांनो आनी भयणींनो, शेवटीं तुमकां इतलेंच सांगतां. उटात. जागीं जायात. इतल्या वर्सांची तुमची नीद, आळसाय आनी सुसेगादपण सोडून दियात. तुमच्या घरांत नागरी आकांतवाद्यांनी आपलें घट पेणें केलां आनी तुमकां तुमच्याच

घरांतलीं भायर घालून तुमचें घर आपलेंच करूंक ते मांडणी करतात."

28

"…. ना जाल्यार तुमची रोमी लिपयेंतली कोंकणी गोंयांत सोंपतली आनी तिचे विणें तुमचें आपलेपण आनी गोंयकारपण सासणाक ना जातलें. हें वायट तुमकां जाल्लें जाय वा नाका?"

ह्या सगल्या मुक्ताफळांचें थोडे भितर सार अशें:

आमी म्हणचे क्रिस्तांव आनी तुमी म्हणचे हिंदू. तुमी आमकां आख्खे गिळूंक सोदतात. तुमी आमचे दुस्मान. तुमच्या चपक्यांतल्यान आमी सुटका करून घेतल्या. आतां आमची वाट वेगळी; तुमची वाट वेगळी.

प्रताप नायक हो गोंयकार न्हय. तो कर्नाटकी. गोंयचे सुटके उपरांत आज मेरेन हांगा जीं आंदोलनां जाल्यांत तातुंतल्या एकाय आंदोलनांत ताणें वांटो घेवंक ना. तो गोंयकार आशिल्लो आनी कोंकणी भास वा गोंयकारपण राखून दवरपाच्या आंदोलनांनी ताणें वांटो घेतिल्लो जाल्यार ताका कळटलें आशिल्लें की क्रिस्तांव आनी हिंदू समाजाचो एक वांटो एकठांय आयले म्हणूनच ओपीनियन पोल जिखूंक पावले. सगले हिंदू एकठांय राविल्ले जाल्यार गोंय महाराष्ट्रांत विलीन जावन वचपाचें.

प्रताप नायक गोंयकार आशिल्लो आनी राजभास आंदोलनांत वावुरिल्लो जाल्यार ताका कळटलें आशिल्लें की क्रिस्तांव आनी हिंदू समाजाचो एक वांटो एकठांय आयले म्हणूनच कोंकणी राजभास जावंक पावली. सगले हिंदू एकठांय राविल्ले जाल्यार भोवसंख्य- अल्पसंख्य ह्या तत्वाचेर गोंयची राजभास मराठी जावन वतली आसली. हिंदू समाजाचो जो वांटो ह्या दोनूय

आंदोलनांनी स्वाभिमानान वागलो आनी जैत जोडपांत वांटेकार जालो तो कोंकणीचें तत्व पटिल्लो घटक. ताका खंयचोच क्रिस्तांव दुस्मान लेखचो ना. ताका दुस्मान लेखपी जो कोण आसा तो सगल्याच गोंयकारांचो दुस्मान. ताका गोंयचे दोन कुडके करपाचे आसात. आमी आनी तुमी!

फा. प्रताप नायक हो रोमीवाद्यांचो बुदवंत. ताचें स्वताचें मत थीर ना. नागरी हीच कोंकणीची लिपी असो आरंभ ताणें केल्लो. उपरांत चड लोक कन्नड लिपी वापरतात अशें कारण सांगून तो कोंकणीची लिपी कन्नड आसची असो प्रचार करूंक लागलो. गोंयांत आनी गोंया भायरूय ताका प्रतिसाद मेळ्ळो ना. आतां तो रोमीचो पुरस्कार करता. नागरींतली कोंकणी ना- नपश्चात जातली आनी रोमींतली कोंकणी उरतली अशी भास उलयता. हे कावळ्याचे स्त्राप! आज तो धर्मकोल्लाची कुदळ आनी जातवादाचें खोरें घेवन बांय खणटा. ते बांयंतलो बेबो जावपाचे दुवाळे ताका जाल्यात.

जिहादी आकांतवादी हे धर्मकोल्ल्ली आकांतवादी. ते दुसऱ्यांक जिवेशीं मारपाचीं कर्मां करतात आनी आपुणूय मरतात. तसोच हो प्रताप नायकाचो आत्मघातकी मार्ग. आमी ताचे दुस्मान! सांगून कांय उपेग ना. जो फिदायीन जावपाचो हट्ट धरता ताका कोण आडायतलो! ताका सर्गांत खाशेली सुवात राखून दवरिल्ली आसता!

***

क्रिस्तांव समाजाचे फुडारी गंभीर चूक करतात

- पयलो वांटो -

1986 वर्सा पोप जॉन पॉल दुसरे हे भारतांत येवन गेले. त्या वेळार तांणी गोंयाकूय भेट दिली. काम्पालार पापसायबाच्या मिसाची भव्य कार्यावळ जाली. ते कार्यावळीचो एक वांटो म्हूण पांच जाणांनी पापसायबाक भेटवण करपाची आसली. आयोजकांनी पांच गोंयकार वेंचून काडले. तांचे मदलो एक हांव. हेरशीं भेटवण फळांची बी करपाची आसता. पूण सुरक्षेची जतनाय म्हूण कितेंच व्हरचें न्हय अशें थारिल्लें. जण एकल्यान फुडें सरून पापसायबाच्या उक्त्या हातांत आपले उक्ते हात दवरचे अशें थारिल्लें. ते प्रमाण आमचे मदल्या दर एकल्यान मोट्या आदरान केलें. पापसायबान आमचे मदल्या जण एकल्याक जपाची माळ भेटयली. पोप जॉन पॉल दुसरे हे उदारमतवादी, आदरणीय आनी लोकप्रिय पापसायब आशिल्ले. तांचे शुभ हस्तुकीं म्हज्या हातांत पाविल्ली जपाची माळ म्हजे जिणेंतलें एक मोलादीक यादस्तीक

म्हूण हांवें आज मेरेन सांबाळून दवरल्यां.

हें सांगपाचें कारण म्हळ्यार ते घडणुके वयल्यान गोंयांतलो क्रिस्तांव समाज म्हाका इश्ट आनी बरे-मागतो मानता अशें हांव समजतां. हांवूय म्हाका क्रिस्तांव समाजाचो इश्ट आनी बरें-मागतो लेखतां. फाटल्या 30-40 वर्सांच्या काळांत जेन्ना जेन्ना क्रिस्तांव समाजाचेर अन्याय जाला, ताका पिडापीड जाल्या वा पिडापीड करपाच्या हावेसान कोणूय वागला- गोंयांत वा गोंया भायर- तेन्ना तेन्ना गोंयांत विरोधाच्यो, निशेधाच्यो वा एकवटाच्यो सभा जाल्यात. आयोजकांच्या आपोवण्यान हांव त्या सभांनी उलयलां. एकवटाच्या कांय सभांनी आदले आर्चबिशप राऊल गोन्साल्वीश हे अध्यक्ष आशिल्ले. व्हडल्या गोंयां जाल्ले एके मोटे धर्मीक कार्यावळीक जोडून जाल्ले निधर्मी कार्यावळींत उलोवप करपाकूय म्हाका धर्मीक फुडाऱ्यांनी आपयला आनी तें आमंत्रण मानून घेवन हांवेंय थंय वचून उलोवप केलां. ते भायर ओपीनियन पोलाच्या प्रचारांत आनी उपरांत राजभास आंदोलनांत हांव आनी म्हजे हिंदू सहकारी क्रिस्तांव वावुरप्यां वांगडा भाव-भाव कशे वावुरल्यात.

हांवें हें जें केलां तें क्रिस्तांव समाजाचेर उपकार करपाचे भावनेन न्हय. मनीसपणाच्या नात्यान, धर्मनिरपेक्ष भारताचो एक नागरीक म्हूण आनी गोंयकारपणाचें नातें काळजांत धरून म्हजें तें कर्तव्य अशें समजून केलां. देखुनूच, आज क्रिस्तांव समाजाचे फुडारी गंभीर चूक करतात अशें म्हाका दिसता तेन्ना ती तांचे नदरेक हाडून दिवप ही म्हजी लागणूक थारता अशें हांव मानतां आनी तेच भावनेन हें बरयतां. हें बरप जायत्या जाणांक कोडू लागतलें हाची जाणविकाय म्हाका आसा. चूक नदरेक हाडून दिली वा दोश दाखोवन दिले जाल्यार तें कोणाक आवडटा? पूण

चूक गंभीर आनी तिचे परिणाम गोंयचो फुडार इबाडपा सारके आसतात तेन्ना ते स्पश्ट उतरांनी सांगप ही गरज थारता. तशी गरज आज उप्रासल्या.

पूण गंभीर चूक म्हणचे कसली चूक, ती कशी घडटा, ती कोणा कडल्यान घडटा आनी तिचे परिणाम कितले वायट जावं येतात हाचे विशीं बरोवचे आदीं कांय उतरांचो अर्थ स्पश्ट करून सांगपाची गरज आसा. 'क्रिस्तांव समाज' आनी 'क्रिस्तांव समाजाचे फुडारी' हीं उतरां ह्या लेखांत पर्थून पर्थून येतलीं. हांव तीं कोणाक लेखून वापरतां तें सांगूंक जाय.

गोंयांत क्रिस्तांव लोक 26 टक्क्यां परस इल्लो चड आसा. 2001 वर्साचे शिरगणटेंत तांचो आंकडो 3,59,568 आशिल्लो. ह्या लोकां मदीं कांय मनशां आसात जीं मनस्पुर्वेक मानतात की गोंय हें फक्त भुगोलीक आनी राजकी नदरेनूच न्हय तर सांस्कृतीक नदरेनूय भारताचो एक वांटो. गोंयची संस्कृताय ही कोंकणी संस्कृताय जी कोंकणी भाशेचे बुन्यादीचेर उबी आसा. ही संस्कृताय ही देशी संस्कृतायेचीच एक खेरीत तरा. गोंयकाराचो धर्म खंयचोय आसलो तरी ताचे पांय देशी संस्कृतायेचे मातयेंत रोमिल्ले आसूंक जाय. ताणें मायभाशेचो मोग आनी अभिमान बाळगूंक जाय. गोंयकारपणाचो वा गोंयचे अस्मितायेचो सांबाळ करूंक जाय. संवसारांतलें बरें तें आपणावचें; पूण निजाचें बरें आसा तें वगडावचें न्हय अशेंय हीं मनशां मानतात. कांय पाद्रींचोय तांचे मदीं आसपाव जाता. असल्या मनशांचो आंकडो ल्हान आसा. ह्या मनशांक कुशीक काडटकूच जो समाज उरता ताचो उल्लेख हांवें 'क्रिस्तांव समाज' असो केला.

हिंदू समाजा भाशेनूच क्रिस्तांव समाजाक समाजीक फुडारी नात. आसात ते राजकी फुडारी आनी धर्मीक फुडारी. राजकी

फुडारी हे अवगुणांचे पोटले. तांच्या अवगुणां मदीं भ्रश्टाचार आसा, अबुद्दीपण आसा, चारित्र्याचो उणाव आसा, गुन्यांवकारी प्रवृत्ती आसा. मस्तेपण आसा, सुवार्थ आसा, गोंयच्या फुडारा विशीं आनी खासा क्रिस्तांव समाजाच्या फुडारा विशीं बेपर्वाय आसा. ह्या फुडाऱ्यांचो लोकमनाचेर तिगपा सारको प्रभाव ना. ते सत्तेर आसासर लोकांचो सलाम; सत्ता वतकूच तांकां कोणूच खायना. लोकांक तांची भिरांत आसत; पूण आदर ना. लोकाक आपणालो सुवार्थ सादपाक ते जाय पडटात. लोक तांचो उपेग करतात आनी ते लोकांचो उपेग करतात अशें नातें. लोक केन्ना मतां दितात, केन्ना विकतात. ह्या फुडाऱ्यांचें कर्तुत्व दुबावाचें; देखून ताचो प्रभाव लोकमनाचेर ना. लोकांक देख दिवपाची तांक ह्या फुडाऱ्यांक ना आनी ह्या फुडाऱ्यांची देख घेवपाची इत्सा लोकाक ना.

क्रिस्तांव समाजाचें धर्मीक फुडारपण कनिष्ठ आनी वरिष्ठ अशा पाद्रींच्या हातांत आसा. पाद्री हो शिकिल्लो-सवरिल्लो मनीस आसता. लोकांचें फुडारपण करपाचें, लोकांक देख दिवपाचें आनी लोकशिक्षण करपाचें प्रशिक्षण ताका दिल्लें आसता. धर्मीक वेवस्थेंत ताका कांय अधिकार दिल्ले आसतात. तांचो प्रभाव धर्मीक क्षेत्रा भायर समाजीक आनी सांस्कृतीक क्षेत्रांचेरूय पडटा. धर्मगुरू ह्या नात्यान कोण ताची बुद्द मागता, कोण ताचो आदार मागता. लोकमानसांत ताचे विशीं आदाराची भावना आसता. ह्या विशयांत आडवाद आसले तरी सर्वसामान्यपणान पाद्री विशीं गुरू, मार्गदर्शक आनी लोकहिताची जतनाय घेवपी अशी भावना क्रिस्तांव लोकां मदीं आसा. पाद्रीच्या अधिकाराचो पावंडो वाडटा, त्या प्रमाणांत लोकमना वयलो ताचो प्रभाव वाडटा. ताचे चलणुकेंतल्यान लोक देख घेता. आर्चबिशप हो गोंयांतलो

धर्मप्रमूख. ताणें कितेंय उलोवनूच वा बरोवनूच सांगूंक जाय'अशें ना. ताची चलणूक हीच सामान्य मनशाक देख जाता; ताची वागणूक होच संदेश जाता. ह्या सगल्या कारणांक लागून गांवचो पाद्री धरून आर्चबिशप मेरेनचे धर्मगुरू हेच क्रिस्तांव लोकांचे खरे फुडारी थारतात. हांकांच हांव 'क्रिस्तांव समाजाचे फुडारी' म्हणटां. राजकी फुडारी स्वताक कितेंय समजूं, पूण वेंचणुके वेळार धर्मीक फुडाऱ्यांचें बरेपण आनी तेंको तांकां जाय आसता. हालींच माध्यमाच्या प्रस्नाचेर आझाद मैदानार जाल्ले सभेक कांय क्रिस्तांव मंत्री आनी कांय क्रिस्तांव आमदार ठळकपणान हाजीर राविल्ले ताचें कारण हेंच.

आतां मुखेल विशय-

धर्मांतरां देशांत हेर वाठारांनीय जाल्यांत. पूण गोंयांतल्या धर्मांतराचें एक खाशेलेपण आसा. फकत धर्मांतर करून पुर्तुगेज राजवटकेंतली राजसत्ता आनी धर्मसत्ता समाधानी जालीं नात. जांचो धर्म बदल्लो तांची संस्कृताय पुरायेन बदलून उडोवप ही तांची मोख आशिल्ली आनी तांणी ते दिशेन करूंक जातालें तितलें केलें. जे क्रिस्तांव जाले तांणी भेस बदलचो, जेवण-खाण बदलचें, चाली-रिती बदलच्यो म्हूण तांणी सक्ती केली. उपरांत 1684 च्या कायद्यांत तांणी कोंकणी भाशेचो उपेग करपाचेर बंदी घाली. कोंकणी शिकूंक फावना, शिकोवंक फावना, उलोवंक फावना, बरोवंक फावना. तीन वर्सां मर्दी कोंकणीचे सुवातेर पुर्तुगेज भाशेक बसोवपाची. पुर्तुगेज राजसत्ता आनी धर्मसत्ता बेस बरीं जाणा आशिल्लीं की भास ही संस्कृतायेची बुन्याद; ती चिड्डिली म्हणटकूच संस्कृताय आपशींच ना-नपश्चात जातली. हे निर्बंध सदळ जायत म्हणून तांणी क्रिस्तांव गोंयकारांचो हिंदू गोंयकारां कडलो संपर्क पुरायेन तोडलो.

पुर्तुगेज राजवटकेन आनी धर्मसत्तेन केल्ल्या ह्या उपायांक पूर्ण येस मेळ्ळें ना. तांच्या हावेसा प्रमाण कांय कुटुंबां 'गांवठी फिर्गी' जालीं. तीं देशी संस्कृतायेंतल्यान पुरायेन हुमटलीं. पुर्तुगेजां कडेन एकनिश्ठ जालीं. हेरांचेर प्रभाव पडलो तो आगळो-उणो. कोंकणी मेली ना आनी तिची सुवात पुर्तुगेज घेवंक पावली ना. तरी कोंकणी भाशेक आनी कोंकणी संस्कृतायेक मार बसलो. कोंकणी विशीं एके तरेचो न्यूनगंड क्रिस्तांव समाजाच्या उंचल्या वर्गांत पातळ्ळो. (इकुणिसाव्या शेंकड्याचे अखेरेक मात हेर वर्गांक कोंकणीची गरज पडली आनी बरपांत कोंकणीचो उपेग सुरू जालो) हें सगलें घडलें तें पुर्तुगेज राजसत्तेन आनी धर्मसत्तेन केल्ले सक्तीक लागून. सक्ती कांय पिळग्यांक बादतकूच उपरांत ती चाल जाली, संवय जाली. आडवाद सोडले जाल्यार गोंयचे सुटके मेरेन क्रिस्तांव समाज तेच दिशेन चलत रावलो. गोंय मुक्त जावचे सुमार 40 वर्सां आदीं डॉ. त्रिश्तांव ब्रागांस कुन्य हांणी 'गोंयकारांचें देशभ्रश्टपण' ह्या प्रबंधा वरवीं ताचेर बडी मारली; पूण कांय बदल जालो ना. सुटके चळवळीच्या काळांत त्या समाजाचो मोटो वांटो अलिप्त रावलो; कांय निश्ठावंतांनी चळवळीक विरोध केलो. वसाहतवादांत जांचो लाव जाल्लो आसता वा राजवटकेक जे शरण गेल्ले आसतात वा ते राजवटके कडेन जांचे हितसंबंद घुस्पल्ले आसतात वा जांणी ते राजवटकेक निश्ठा ओंपिल्ली आसता तांचे विशीं अशेंच घडटा. देखून वसाहतवादाच्या काळांत गोंयांतलो क्रिस्तांव समाज अमूक तरेन कित्याक वागलो हे समजुं येता. अजाप दिसता तें सुटके उपरांतचे ताचे चलणुकेचें.

गोंय मुक्त जातकूच म्हाका दिशिल्लें, ज्या क्रिस्तांव समाजाक परकी राजवटकेचे सक्तीक लागून निजाचे संस्कृताये

पसून पयस वच्चें पडिल्लें तो समाज स्वातंत्र्यांत आनी स्वराज्यांत आपणालीं सांस्कृतीक पाळांमुळां सांसपूंक लागतलो, मायभाशे विशींचो न्यूनगंड सोडून दिवन तिचो मोग आनी अभिमान बाळगितलो, निजाचे देशी संस्कृतायेंत आपले पांय घट्ट रोमून उबो रावंक सोदतलो, सांस्कृतीक एकवटाचें नातें घट्ट करतलो, गोंयकारपणाची अस्मिताय राखून दवरून बळादीक करतलो आनी ते उदेशीं हेर गोंयकार आनी आपूण हांचे मदलें अंतर उणें करून एकवटाक बळ दितलो. ओपीनियन पोलाच्या काळांत ताणें 'हांव गोंयकार, म्हजी भास कोंकणी, म्हजी संस्कृताय कोंकणी, गोंयकारपण ही म्हजी अस्मिताय, ती हांव सांबाळून दवरतलों आनी म्हजें राज्य हांव चलयतलों' अशा उतरांनी विलिनीकरणाक विरोध केलो तेन्ना म्हजी आस्त अदीक खर जाली. उपरांत राजभास आंदोलन जालें. त्या आंदोलनांत क्रिस्तांव समाजान मोटें योगदान दिलें आनी अखेरेक कोंकणीक गोंयची राजभास करपाचो कायदो जालो. रोखडोच 3 वर्सांनी मुळाव्या शिक्षणाच्या माध्यमाचो प्रस्न उप्रासलो. आर्चडायोसीजन शाळांनी कोंकणी भाशेचें माध्यम आपणायलें. पर्थून देशी संस्कृतायेंत येवपाची प्रक्रिया मंद आशिल्ली, तरी वयल्या दोन घडणुकां वयल्यान हांवें धरलें, क्रिस्तांव समाजाची दिशा योग्य आसा. पूण म्हजी समजणी चुकिल्ली. म्हाका दिशिल्लें तशें नाशिल्लें. भायली वागणूक आनी भितरली चलणूक हातूंत अंतर आशिल्लें. आज, सुटकेच्या 50 व्या वर्सांत भितरलें रूप उक्तें जालां आनी ताका लागून म्हजें आनी म्हजे सारक्या आनीक कितलेशाच जाणांचें मन खंती जालां.

आयचे घटकेक चिकित्सायेन नियाळ केल्यार दिसता, क्रिस्तांव समाज खरेपणीं आमचे वांगडा नाशिल्लो. ताचो अजेंडा

वेगळो आशिल्लो. संस्कृताय बदलपाचो पुर्तुगेज राजवटकेचो जो वावर अर्दकुटो उरलो तो वावर आयचो क्रिस्तांव समाज आपूण जावन पूर्ण करूंक सोदता. तो निजाचें सोडून अडेचें पांगरूंक लागला, गोंयकारपण सोडूंक लागला. हें जितलें अख्ख्या गोंयकार समाजाक वायट तितलेंच क्रिस्तांव समाजाकूय वायट हें वळखूंक तो चुकला. क्रिस्तांव समाजाच्या फुडाऱ्यांची चूक जाल्या. तांची देख समाजान घेतिल्ल्यान समाजाची दिशा चुकल्या. देखून आयचे हे परिस्थितीक क्रिस्तांव समाजाचे फुडारी जापसालदार थारतात.

- दुसरो वांटो -

पुर्तुगाली वसाहतवादाच्या चपक्यांतल्यान गोंय मेकळें जालें तेन्ना गोंयांतलो क्रिस्तांव समाज निर्णेल्ले भाशेन जालो. पुर्तुगेज राजवटकेंत त्या समाजाक मेळिल्लें प्राधान्य आनी कांय खेरीत लाब मतींत घेतल्यार तें समजुपासारकें आशिल्लें. उपरांत 17 वर्सां महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्ष सत्तेर उरलो आनी त्या समाजाक सत्तेंत वांटो मेळ्ळो ना. मर्दी ओपीनियन पोला वेळार, कोंकणी आमची भास, आमची खेरीत संस्कृताय आनी अस्मिताय आसा, आमकां गोंय वेगळो घटक म्हूण उरिल्लें जाय ह्या धोरणान तो वावुरलो. तेन्ना तो भारतीय अस्मितायेच्या मुखेल प्रवाहांत येवपाची इत्सा धरता अशी आस्त दिसली. 1980 वर्सा सावन तो सत्तेंत वांटेकार जालो. उपरांत 1986 वर्सा राजभास आंदोलनांत ताणें 'कोंकणी आमची मायभास, तीच जावंक जाय राजभास' म्हणत

उडी घेतली. ताचो तेंको प्रभावी थारलो आनी 1987 वर्सा राजभास कायदो जालो- कोंकणी राजभास जाली. क्रिस्तांव समाजान योग्य दिशा आपणायल्या अशें दिसूंक लागलें.

ह्याच अदमासाक पिळगी बदलली. आदली पिळगी, जिणें वसाहतवादाचो अणभव घेतिल्लो आनी उपरांत स्वातंत्र्य, स्वराज्य हांचे लाब पळयले, अस्तमली आनी पुर्तुगेज राजवटके विशीं जिणें फकत आयकलें ती पिळगी मुखार सरली. हे पिळगेन उरफाटी दिशा आपणायली. भारतान गोंय काबीज केलें, आमकां स्वयंनिर्णयाचो अधिकार दिलो ना, पुर्तुगेज बरे आशिल्ले, तांणी आमचें खूब बरें केलें, आमी तांचे उपकारी आसूंक जाय अशी भावना हे पिळगेन धरली. हालींच 'साग्रिश' तारूं मुरगांव बंदरांत आयिल्लें तेन्ना जो वाद जालो त्या वादांत ही भावना अदीक उक्ती जाली, अदीक स्पश्ट जाली. सांस्कृतीक मळारूय ते भावनेचें पडबींब पडपाक वेळ लागलो ना. सरकारी खर्चान इंग्लिश भाशेच्या माध्यमांतल्यान मुळावें शिक्षण मेळचें असो हट्ट धरून कांय जाणांनी आंदोलन केलें. पूण तें फळादीक जालें ना.

उपरांत कोंकणीची एक लिपी म्हूण रोमी लिपी सासणाची उरची आनी राजभास कायद्यांत नागरी लिपीक आनी तिका समान स्थान आसचें अशी मागणी जावंक लागली. राजभास कायदो पास जावन 17 वर्सांचो काळ गेले उपरांत ही मागणी वयर सरिल्ली. 17 वर्सांच्या काळांतत 'आमकां फटयले, आमकां चिकान केलें; करस्थान करून देवनागरीचो उल्लेख कायद्यांत केलो.' असले आरोप निखालस जावंक नाशिल्ले. पूण तशे फटकिरे आरोप जाले. रोमी लिपींतल्या साहित्या विशींच्या

वावराक म्हूण वेगळें अनुदान दिवचें अशी मागणी जाली आनी सरकारान ती मानून घेतली. कला अकादमी ही संस्था सगल्या कलांच्या विकासा पासत स्थापन केल्या. तातूंत नाट्य कलेचो आसपाव आसा. तियात्र हो नाट्य कलेचोच प्रकार. पूण वेगळी तियात्र अकादमी जाय अशी मागणी जाली आनी सरकारान ती मान्य केली.

ह्या सगल्या खवदळांतल्यान दोन गजाली दिसून आयल्यो-

- ह्या समाजाक निजाचे संस्कृतायेचो वा अस्मितायेचो मोग ना तसोच अभिमानूय ना; तो पाश्चात्यांचें अंध अनुकरण करूंक सोदता; आनी

- समाजीक -सांस्कृतीक मळार हेर समाजा वांगडा एक वटान रावचे सुवातेर वेगळी चूल मांडूंक सोदता, वेगळी वाट धरूंक सोदता.

फाटल्या 49 वर्सांनी हे तरेची चलणूक आपणायिल्ल्यान ह्या समाजाची आयची स्थिती, म्हजे नदरेन, अशी आसा:

1. हो समाज निजाचे संस्कृतायेंत आपणालीं पाळां-मुळां घट्ट करचे सुवातेर आपुणूच तीं हुमटावंक लागला. कोणाचीच सक्ती वा बळजबरी नासतना तो आपणाली भास सोडूंक लागला आनी अडेची संस्कृताय पांगरूंक लागला. गोंयची सुटका जाली तेन्ना जे आपले मजगतीं पुर्तुगेज भाशेंत उलयताले तांचो आंकडो ल्हान आशिल्लो. आज आपले मजगतीं इंग्लिश भाशेंत उलोवप्यांचो आंकडो सुमारा भायर वाडला. कोंकणींत उलोवप उणाकपणाचें अशें ते समजतात हें स्पश्ट दिसता.

2. इंग्लिश माध्यमाच्या पूर्व प्राथमीक शाळांनी भुरग्यांक

धाडपाची फॅशन नेटान चलता. भुरग्यांक इंग्लिश उलोवंक येवचें म्हूण आवय-बापूय भुरग्या कडेन इंग्लिश उलयता. फुडें भुरगें मुळावें शिक्षणूय इंग्लिश माध्यमांतल्यान घेता. थंयूय वातावरण तेंच. ताणें कोंकणी उलोवचें न्हय अशें शिक्षकांक दिसता, तशेंच आवय-बापायकूय दिसता. हें भुरगें फुडें हायस्कुलांत आनी कॉलेजींत पावता तेन्ना ताका एकूय देशी भास सारकी वाचूंक - बरोवंक येना आनी उलोवंकूय येना. भुरगें निजाचे संस्कृतायेंतल्यान हुमटता, गोंयकारपणा कडल्यान तुट्टा. ही पिळगी पिराय वाडटा तशी 'गांवठी फिंग्र्यांची' पिळगी जावन पडटा. आयचे घटकेक असले 'गांवठी फिंर्गी' चांटये-पावलाक दिसतात. आदीं ते उंचल्या वर्गांनीच दिसताले, आतां सरसकट सगल्याच वर्गांनी दिसतात. असल्या वातावरणांत कोंकणी विशींचो न्यूनगंड मोट्या प्रमाणार पातळत आसा.

3. काजारांचीं आमंत्रणां इंग्लिश भाशेंत आसतात. हजारांत एक अशें केन्नाय कोंकणींत येता. काजराच्या सुवाळ्यांत 'टोस्ट' (साऊद) करप आसता. तो इंग्लिश भाशेंत आसता. शंबरांत एक असो केन्नाय कोंकणींत आयकूंक येता.

4. जें जें देशी तें तें उणाक आनी देखून नाका अशे तरेची मानसिकता समाजांत सरसकट दिसता. वयलेचाराक 'रोमी लिपी जाय' अशें म्हणलें तरी खरेपणीं 'देवनागरी नाका' ही भावना आसता. सध्या मुळाव्या शिक्षणाच्या माध्यमा विशीं संघर्श चलता. 'इंग्लिश जाय' अश्या उतरांनी जरी मागणी केली तरी 'कोंकणी नाका' ही ताचे फाटली खरी भावना आसा. मजा पळयात, रोमीवादी हो प्रामाणीक कोंकणीवादी आशिल्लो जाल्यार 'माध्यम

म्हूण रोमी कोंकणी जाय; इगर्जेंत आमी वापरतात ती रोमी कोंकणी' अशें म्हणटलो आसलो. पूण माध्यमाच्या विशयांत 'कोंकणी नाकाच' ही ताची भुमिका. थोडे भितर सांगचें जाल्यार आयचो क्रिस्तांव समाज कोंकणी भाशेक आपणाले खाजगी वा भौशीक जिणेंत मानाची सुवात दिवंकूच सोदिना.

5. ह्या समाजाचे भाशा, संस्कृताय ह्या विशयांतले आचार-विचार सुसंगत नात. 24 वर्सां आदीं कोंकणीक राजभास करची हे मागणेक ताणें नेटान तेंको दिल्लो. मोट्या प्रमाणार ताणें आंदोलनांत वांटो घेतिल्लो. आज तो पूर्व प्राथमीक पांवड्या पसून भुरग्यांक इंग्लिश भाशेच्या माध्यमांतल्यान शिकोवंक सोदता. असलीं भुरगीं मायभाशे पसून तुट्टात, निजाचे संस्कृताये पसून पयस वतात; तांकां एकूय देशी भास सारकी कळना; तीं 'गांवठी फिंर्गी' जातात; तांच्या मनांत कोंकणी विशीं न्यूनगंड उप्रासता हो आज मेरेनचो अणभव. अशें घडटा जाल्यार कोंकणीक राजभास केल्ल्याचो तांकां कसलो उपेग? हीं भुरगीं व्हड जातकूच 'राजभास इंग्लिशच जावंक जाय,' (म्हणचे कोंकणी राजभास नाका) अशी मागणी करून चळवळ सुरू करचीं नात? थळाव्या लोकांच्या हितसंबंदांची राखण करचे पासत सरकारी नोकरे खातीर कोंकणी भाशेचें गिन्यान गरजेचें करचें हे मागणेकूय ह्या समाजान तेंको दिल्लो. सरकारान तसो नेम केल्लो आसा. जे दुदा वांगडाच इंग्लिश माध्यमांतल्यान शिकून गांवठी फिंर्गी जातले तांकां कोंकणी सारकी येवची ना. ते सरकारी नोकऱ्यांचेर बहिश्कार घालतले? ना. ते मागणी करतले; कोंकणी विशींचो नेम रद्द करात; फकत इंग्लिश कळ्ळ्यार पुरो इतलेंच म्हणात. मागीर थळाव्या लोकांक

राखण क सली? हो समाज असले प्रस्न स्वताक विचारिना. ताका लागून ताचे विचार, वागणूक हें सगलें विसंगतीन भरिल्लें आसा.

6. इंग्लिश भार्शेतल्या मिसांचो आंकडो वाडला आनी तो वाडत आसा. त्या प्रमाणांत कोंकणींतल्या मिसांचो आंकडो उणो जाला. ज्या पालकांक आनी शिक्षकांक मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम म्हूण कोंकणी भाशेची नसाय आसा त्या पालकांक आनी शिक्षकांक कोंकणींतल्यान मीस आयकुचें अशें कशें दिसतलें? पणजी शारांत कांय कोंकणी मिसां बंद जावन तांचे सुवातेर इंग्लिशींत मिसां सुरू जाल्यांत. फार्टी ताचेर कांय क्रिस्तांव नागरिकांनी टिका केली. पाद्री तें आपणाले सुविधे खातीर करतात असो तांचो आरोप आशिल्लो. त्या आरोपाक पाद्रींची जाप: कोंकणी मिसांक लोक येनात. जे कोंकणी मिसां जाय म्हणटात आनी पाद्रींचेर टिका करतात तेवूय कोंकणी मिसांक येनात. कोणाचें खरें आनी कोणाचें फट हें म्हाका खबर ना; पूण कोंकणी मिसां बंद जावन इंग्लिश मिसां सुरू जाल्यात हें मात् सत्य.

हें चित्र क्रिस्तांव समाजाची दिशा स्पश्टपणान दाखयता. हें अशें क शें घडलें? कोणाचो हो प्रभाव?

म्हज्या मत्तान धर्मीक फुडाऱ्यांच्या प्रभावांतल्यान हें घडूंक पावलें. पयल्या लेखांत हांवें सांगलां की राजकी मळार फुडारी नात. आसात ते एजंट. तांचो तसो प्रभाव लोकमनाचेर ना. प्रभाव पडटा तो धर्मीक फुडाऱ्यांचो. लोक देख घेता ती धर्मीक फुडाऱ्यां कडसून. क्रिस्तांव समाजांत धर्मीक फुडाऱ्यांचो प्रभाव फकत धर्मीक क्षेत्रा पुरतो उरना. तो दर एका मनशाचे समाजीक आनी

सांस्कृतीक जिणेचेरूय पडटा. धर्मसभा एके सोसायटी वरवीं विद्यालयां चलयता. तांचे प्रिंसिपॉल पाद्री आसतात. कांय शाळांनी मुख्याध्यापकूय पाद्रीच आसता. देखून ताचो प्रभाव खेरीत भाशेन शिक्षक, पालक आनी विद्यार्थी हांचेरूय पडटा. पाद्री हो शिकिल्लो-सवरिल्लो मनीस आसता. सर्वसामान्य मनशाचे नदरेन तो 'देवाचो मनीस' आसता. पातकां केल्लीं जाल्यार तीं ताकाच सांगचीं पडटात. तो बुद्द दिता, आदाराक पावता, धा जाणां पासत वावुरता. तो बातिज्माक जाय पडटा, काजराक ताची गरज आसता. आनी मरणा उपरांत मिसाक तर तो जायच आसता. तो घर प्रवेशा वेळार आशिर्वाद घालता, नवो धंदो सुरू करतना देवाचें बेंसांव मागता. तो समाजांतलो एक मानाचो घटक आसता. हाका लागून ताच्या उतराक म्हत्व आसता, ताच्या सांगण्याचो आदर जाता, ताचो उलो हो जायत्या फावटी हुकूम जाता. परिणामीं, ताचो खूब मोटो प्रभाव सामान्य मनशाच्या मनाचेर आनी चलणुकेचेर आसता.

प्रभावाच्या संदर्भांत एक गजाल मतींत धरपाक जाय. आवय-बापूय भुरग्याक कितें सांगतात हाचे परस तीं कशीं वागतात ताचे वयल्यान भुरगें देख घेता. बापूय बेब्दो आसलो जाल्यार ताणें 'सोरो वायट' अशें दीस-रात म्हणलें तरी सोरो पियेवपाची देख भुरगो घेता. तेंच घडटा क्रिस्तांव समाजाच्या फुडाऱ्यांच्या विशयांत. ते कितें उलयतात वा भौशीक माचये वयल्यान सांगतात हाचे परस ते कशे वागतात हें म्हत्वाचें थारता. लोक तांचे वागणुकेंतल्यान देख घेता, तांचें अनुकरण करता.

क्रिस्तांव समाजाचें फिर्गीकरण जावंक लागलां ताचें मूळ

ह्या फुडाऱ्यांच्या फिर्गीकरणांत आसा. आनिकूय कारणां आसुंयेतात पूण मुखेल कारण- लोकांनी ह्या फुडाऱ्यांचे चलणुकेंतल्यान घेतिल्ली देख.

हांवें वयर म्हणलां, लोकांची पिळगी बदलली आनी दिशा उरफाटी जाली. तेंच पाद्रींच्याय संबंदान घडलें. तांचीय पिळगी बदलली. इंग्लिशवादी पिळगी मुखार आयली आनी तिणें फिर्गीकरणाची देख दिली, तिणें मायभास आनी निजाची संस्कृताय हांचे कडलें नातें पातळ करपाची आनी अखेरेक तोडपाची देख दिली.

- तिसरो वांटो -

क्रिस्तांव समाजांतल्या लोकमानसाचेर खरो प्रभाव आसा तो धर्मीक फुडाऱ्यांचो आनी देखून ते त्या समाजाचे खरे फुडारी; राजकारणी न्हय हें हांवें आर्दी सांगलां. सुमार 20-25 वर्सां आर्दी ह्या फुडाऱ्यांची पिळगी बदलली आनी तेच वांगडा नवे पिळगेची चालचलणूक बदलली हेंवूय सांगलां. हे नवे पिळगेक कांय अडवाद सोडले जाल्यार कोंकणी भाशेचो अभिमान तर नाऽऽच; पूण मोग पसून ना. कोंकणीं विशीं तिका एके तरेचो न्यूनगंड आसा, उणाकपणाची भावना आसा. थळावे संस्कृती विशीं ह्या फुडाऱ्यांक कसलीच आस्था ना. तांकां जाय तेन्ना ते 'गोंयकारपण' हें उतर वापरतात; पूण गोंयकारपण म्हणचे कितें हे विशीं स्पश्ट समजणी ना आनी तें सांबाळून दवरपाचीय इत्सा ना. ते क्रिस्तांवपणाचें नातें फिर्गीपणा कडेन जोडटात. देशी

संस्कृताये कडलें नातें ते तोडूंक सोदतात आनी मजगतीं देशी संस्कृताये पसून पयस वचूंक सोदतात. 4-5 वर्सां आदीं म्हाका शॉक बसपा सारको एक अणभव आयलो आनी हे फुडारी वांकडे दिशेन वचूंक लागल्यात हाची खात्री जाली. आदलो अणभव वेगळो आशिल्ल्यान म्हजी खंत खर जाली.

पिलार सोसायटी ही क्रिस्तांव धर्मवेवस्थेची एक घटक. पूण सगल्या घटकां मदीं हो घटक देशी संस्कृतायेक लागीं, क्रिस्तांवपण म्हणचे फिंर्गीपण न्हय अशें मानून चलपी अशी म्हजी समजणी आशिल्ली. आनी जो बदल घडून आयला ताचो अणभव जांकां ना तांची आयजूय तशी समजणी आसतली. ही पिलार सोसायटी पिलार गांवांत एक सेमिनरी चलयता- तिका पिलार सेमिनरी म्हूण वळखतात. ही सेमिनरी दर वर्सा सेमिनरी दीस सुवाळ्यान मनयता. सुमार 25 वर्सां आदीं सेमिनरी दिसाच्या सुवाळ्याक सोयरो म्हूण म्हाका आपयल्लो. तेन्नाचे आर्चबिशप मानादीक राऊल गोंसाल्विश हेवूय सुवाळ्यांत वांटेकार जाल्ले. सेमिनरींत भितर सरतना जाळवणदारांनी आमकां दोगांकूय देशी चालीन, म्हणचे कपलाक तिबो बी लावन येवकार दिलो. उपरांत जो सुवाळो जालो तो पुरायेन कोंकणी भाशेंत जालो. सूत्रनिवेदन कोंकणींत, येवकार कोंकणींत आनी उलोवपां कोंकणींत जालीं. हे मुखेल कार्यावळी उपरांत जी सांस्कृतीक कार्यावळ जाली तिवूय कोंकणींत जाली. तें वातावरण- निजाचें आनी सबावीक- म्हाका खूब मानवलें.

4-5 वर्सां आदीं पर्थून एक फावट म्हाका सेमिनरी दिसाच्या सुवाळ्याक सोयरो म्हूण आपोवणें आयलें. जाळवणदार वेगळे आशिल्ले, दुसरे पिळगेंतले आशिल्ले. पूण पिलार सोसायटीची

परंपरा म्हज्या उगडासांत आशिल्ली, फाटल्या सुवाळ्याचो गोड उगडास मनांत आशिल्लो. हांवें आपोवणें खोशेन मानून घेतलें आनी सुवाळ्याक गेलों. पूण...

तो देशी चाली प्रमाण येवकार नाशिल्लो. सगले जमिल्ले फुडारी एकामेका मर्दी इंग्लिशींत उलयताले. आर्चबिशप फिलीप नेरी फेरांव हांकांय आपोवणें आशिल्लें. ते आयले तेन्ना तेवूय हेरां कडेन इंग्लिशींत उलोवंक लागले. अशें घडत हें हांवें चिंतूंक नाशिल्लें. पूण खरो शॉक फुडें आशिल्लो. कार्यावळ जाली. म्हजें एकल्याचें कोंकणींतलें उलोवप सोडलें जाल्यार सगलो सुवाळो इंग्लिश भाशेंत जालो. सूत्रनिवेदन इंग्लिशींत जालें, रॅक्टरान येवकार इंग्लिशींत दिलो, आर्चबिशप फेरांव हांचें उलोवप इंग्लिशींत जालें. आनी ह्या सगल्याचेर कळस म्हळ्यार सांस्कृतीक कार्यावळींत जालें तें इंग्लिशींतलें नाटक! एकादऱ्या इंग्लिशभाशी जुंव्यार पावलां काय कितें अशें दिसपा सारकी दशा!

अशें घडत अशें हांवें सपनांत पसून चिंतूंक नाशिल्लें. मन खंती जालें. हे फुडारी वांकडे दिशेन वतात, देशी संस्कृताये कडलें नातें तोडपाचें तांणी थारायलां हे विशीं दुबाव उरलो ना. पूण हांवें म्हजी खंत उक्तायली ना. कोणाकूच कांयच विचारलें ना. हाचें कारण, म्हज्या एका इश्टान सांगिल्लो ताचो अणभव उगडासांत आशिल्लो.

साश्टींतलो एक गांव. पाद्रीच्या फुडाकारान एक भौशीक सभा जाली. वरिश्ठ फुडारी मुखेल सोयऱ्याच्या नात्यान आयिल्ले. म्हज्या इश्टाकूय ते सभेंत उलोवपाक आपयल्लो. सभा जाली. म्हज्या इश्टाचें कोंकणींतलें उलोवप सोडलें जाल्यार सभेचें कामकाज इंग्लिश भाशेंत जालें. म्हज्या इश्टाक तें विचित्र दिसलें.

सभा सोंपतकूच ताणें वरिश्ठ फुडाऱ्याक म्हळें, 'तुमकां वायट दिसना जाल्यार एक विचारूं?'

फुडाऱ्यान म्हणलें, 'विचार - विचार.'

'लोकांचो संबंद येता थंय लोकभाशेचो उपेग करप हें इगर्जमातेचें धोरण न्हय?' इश्टान विचारलें.

'हय तर. तशेंच धोरण'- वरिश्ठ फुडारी.

'तर तुमी लोकां मुखार इंग्लिशींतशे उलयले?'- इश्ट

'कितें करचें? लोकाक जाय न्हय इंग्लिश?'- वरिश्ठ फुडाऱ्याची जाप.

फुडें उलोवपांत अर्थ नाशिल्लो. म्हणटकूच म्हज्या इश्टान संवाद थंयच थांबयलो. वरिश्ठ फुडाऱ्यान दिल्ली जाप राजकारण्याच्या तोंडांत सोबपाची; धर्मीक फुडाऱ्याच्या न्हय. राजकारण्याक लोकांचीं मतां जाय आसतात. ते पासत तो लोकांक जाय जाय तें दिवंक तयार आसता. सोरो मागूं, घुंवळी वखदां मागूं; तें कित्याक, वीख मागूं, राजकारणी म्हणटलो, 'लोकांक जाय न्हय? दिवंया'! धर्मीक फुडाऱ्यांक मतांची गरज नासता. तांणी लोकांक जाय तें दिवचे सुवातेर जें लोकांच्या बऱ्याचें, हिताचें तें दिवचें अशी अपेक्षा आसता. पूण हांगा धर्मीक फुडारी राजकारण्यांच्या सकयल्या पांवड्यार देंविल्ले दिसतात. हें अधोगतीचें लक्षण. म्हज्या इश्टान सांगिल्लो आपलो अणभव आनी म्हजो पिलारचो अणभव हांचेवरवीं क्रिस्तांव समाजाच्या आयच्या फुडाऱ्यांनी आपणायिल्ल्या फिंर्गीकरणाच्या धोरणाचें स्पश्ट दर्शन घडलें.

ज्या क्रिस्तांव समाजाचेर - भोव करून भावार्तीं, अर्द

शिकिल्ले आनी नेणार ह्या वर्गांचेर- त्या फुडाऱ्यांचो प्रभाव आसा, ताणें फुडाऱ्यांची देख घेवन फिंर्गीकरण केळ्यलें जाल्यार अजाप कसलें! फुडाऱ्यांची देख घेवन लोक फुडें वता. देखून आज क्रिस्तांव समाज फिंर्गीकरणाचे दिशेन वचूंक लागला हाचें कारण त्या समाजाच्या फुडाऱ्यांनी ताका दिल्ली वायट देख. 'लोकांक जाय देखून' हें नीब फुडाऱ्यांच्या तोंडांत आनी 'फुडाऱ्याच्या पावलार पावल दवरून' ही भावना लोकांच्या मनांत. परिणामीं, फुडाऱ्यांचे चाल- चलणुकेक लागून क्रिस्तांव समाज देशी संस्कृताये पसून दिर्शी-मार्शी पयस वचत आसा.

हें सगलें घडटा तें सहजपणान घडटा, ताचे फाटल्यान हेतू वा मांडणी ना अशें कोणूय म्हणत जाल्यार ताचेर हांव विस्वास दवरचों ना. हाचें कारण, हें फिंर्गीकरण फकत भाशेच्याच संबंदान घडटा अशें न्हय, तर तें लोक- संस्कृताये संबंदानूय घडटा आनी तें मांडणेन घडटा. केपें आनी सांगें ह्या म्हालांतल्या कांय वाठारांनी मूळ गोंयकार (क्रिस्तांव धर्मी गावडा समाजाचे लोक) रावतात. ह्या मूळ गोंयकारांनी धर्मांतर जाले उपरांत थोडी लोकसंस्कृताय सांबाळून दवरल्या. तातुंतली एक तरा म्हळ्यार धालो. फाटलीं 400 वयर वर्सां ही धालांची परंपरा मूळ गोंयकार चलयत आयल्यात. लुवणी जातकूच शेतांनी मांड तयार करप आनी त्या मांडार बायलांनी धालो खेळप हें चलत आयिल्लें. दोनूय म्हालांतल्या पाद्रींनी दबाव हाडून त्यो धालो बंद केल्यात. मूळ गोंयकारांमदीं उरिल्ली संस्कृतायेची एक परंपरा सोंपयल्या आनी तांचे जिणेंत एके तरेची सांस्कृतीक पोकळी निर्माण केल्या.

आमी जाणात- आनी पाद्रीय जाणात- धालो म्हळ्यार धर्मीक विधी न्हय; ती लोकसंस्कृतायेची एक तरा, आदल्या

काळार संस्कृतायेंतूय इल्लो धर्म रिगतालो तशें कितेंय आशिल्लें जाल्यार तितलो बदल करुं येतालो. एका काळार लोकांनीच तो केल्लो. 'रथांत कोण देव बसे गे? रथांत शांतादुर्गा बसे गे' ह्यो वळी 'रथांत कोण देव बसे गे? रथांत सायबीण मांय बसे गे' अश्यो जाल्ल्यो. त्यो क्रिस्तांव जाल्ल्या गोंयकारांनीच केल्ल्यो आनी खंयच्याय हिंदू गोंयकारान ते गजालीक आक्षेप घेवंक नाशिल्लो. देखून, मूळ गोंयकारांच्या त्या धालांनी क्रिस्तांव धर्माक सोबना अशें कितेंय आशिल्लें जाल्यार तें काडून उडोवन फावो तो बदल करूं येतालो. पूण पाद्रींनी लोकसंस्कृतायेचे ते तरे कडलें मूळ गोंयकारांचें नातेंच तोडून उडयलें. असली करणी शाणेपणाची? आनी ते करणे फाटलो हेतू शुध्द म्हणपाचो?

आमेलिया डायस ही अस्तुरी ह्या मूळ गोंयकार जमातींतली. ती साश्टींतली. धालो खेळपी बायलांच्या एका पंगडाची ती मुखेली. तिच्या पंगडान कितल्याश्याच सांस्कृतीक कार्यावळींनी वांटो घेतला. देशाच्या वेगवेगळ्या वाठारांनी आपणाली कला दाखयल्या; इतलेंच न्हय तर, सरकारान धाडिल्ल्या हेर पंगडां वांगडा आमेलिया डायसाच्या पंगडान विदेशांतूय लोकांक धालांचें दर्शन घडयलां. हालींच गोंय सरकारान राज्य पुरस्कार दिवन आमेलिया डायसाचो भौमान केला. सांगपाचें म्हळ्यार, धालांत धर्म आशिल्लोच जाल्यार तो खेरीते भाशेन कुशीक काडुं येतालो. पूण धालो पुरायेन बंद करप हाचे फाटल्यान एकूच हेतू दिसता आनी तो थळावे संस्कृताये कडलें नातें तोडून उडोवपाचो.

16 व्या आनी 17 व्या शेंकड्यांत आनी भोव करून इंक्विझिशन सुरू जातकूच राजसत्ता आनी धर्मसत्ता हांचे अपवित्र युतीन क्रिस्तांव गोंयकारांची देशी संस्कृताये कडली नाळ पुरायेन

तोडून उडोवपाचो मार्ग आपणायिल्लो. तो अर्दकुटो उरिल्लो. ज्या पाद्रींनी धालो बंद करूंक लायल्यो ते पाद्री तो अर्दकुटो उरिल्लो वावर पूर्ण करपाच्या वावराक लागल्यात अशें म्हळें जाल्यार अतिताय जावं नये.

म्हजे नदरेन कोंकणीक कुस्कुटावन तिची सुवात इंग्लिशीक दिवप आनी हेर तरांनी देशी संस्कृताये कडलें नातें तोडून 'गांवठी फिंर्गी' जावपाचो यत्न करप ही क्रिस्तांव समाजाच्या फुडाऱ्यांची चूक. ती चूक गंभीर आनी तिचे परिणामूय गंभीर अशेंच म्हाका दिसता.

- चवथो वांटो -

कसलेंय कर्तूब बरें काय वायट, योग्य काय चुकता हें सांगतना नैतिकता, कायदो हांचो विचार करचो पडटाच पूण मुखेलपणान त्या कर्तुबाचे जे परिणाम जावं येतात त्या परिणामां वयल्यान तें थारता. क्रिस्तांव समाजाचे फुडारी चूक करतात अशें हांव म्हणटां ताचें कारण तांच्या आयच्या कर्तुबांचे परिणाम फुडाराक वायट जावपा सारके आसात अशें म्हाका दिसता. तांची चूक गंभीर अशें हांव म्हणटां ताचें कारण ते वायट परिणाम गंभीर आसतले हे विशीं म्हाका दुबाव ना.

क्रिस्तांवपण म्हणचे फिंर्गीपण न्हय. केरळांतूय रोमन कॅथॉलिक क्रिस्तांव आसात. ते गोंयकारां भाशेन फिंर्गीकरणाचे दिशेन वचनात. आपली भास, संस्कृताय, दायज, अस्मिताय हें सगलें सांबाळून ते आपणाल्या क्रिस्तांव धर्माक पाळो दितात.

गोंयांत पुर्तुगेज राजवटकेन आनी तेन्नाचे धर्मसत्तेन गोंयकार क्रिस्तांवांक फिर्गी करपाचें धोरण आपणायलें. ताचे परिणाम आमी पळयल्यात आनी भोगल्यात. स्वातंत्र्य, लोकशाय, स्वराज्य मेळटकूच गोंयकार क्रिस्तांव फुडाऱ्यांक फिर्गीकरणाची दिशा परतुपाची संद आशिल्ली. केरळांतल्या क्रिस्तांवांची देख तांच्यांनी घेवं येताली. पूण तशें घडूंक ना. 16 व्या- 17 व्या शेंकड्यांतलें राजसत्ता आनी धर्मसत्ता हांचे अपवित्र युतीचें धोरण थोडेशे बदल करून फुडें चलोवपाचो विचार तांणी आपणायला आनी ते दिशेन तांचीं कर्तुबां जातात. तांच्या त्या कर्तुबांचे परिणाम जावपाचे आसात ते अशे-

आपले मजगतीं इंग्लिश भाशेंत उलोवप (म्हणचे, उलोवपाची भास इंग्लिश करप); पूर्व प्राथमीक पांवड्या पसून भुरग्यांक इंग्लिश भाशेच्या माध्यमांतल्यान शिकोवप; भौशीक सभांनी, सुवाळ्यांनी इंग्लिश भाशेंतल्यान उलोवपां करप, सांस्कृतीक कार्यावळीं पासतूय इंग्लिश भाशेचें माध्यम वापरप ह्या सगल्याचो अर्थ एकूच-मायभाशेची, म्हळ्यार कोंकणीची-सुवात इंग्लिश हे परदेशी भाशेक दिवप, ते परदेशी भाशेक मायभास कशी जिबेर बसोवप, पाटार बसोवप, भौमानाच्या कदेलार बसोवप. हाचो दुसरो अर्थ असो की मायभास सोडून दिवप आनी मायभाशेचेर आदारिल्ली संस्कृताय आसा तिचो त्याग करप.

ह्या धोरणान फुडें सरतना कांय पिळग्यो वतकूच गोंयकार क्रिस्तांव समाजाची दशा कशी जातली हाचें चित्र नदरेमुखार हाडूं येता. जीं भुरगीं पूर्व प्राथमीक आनी मुळावें शिकप इंग्लिश भाशेंतल्यान करतलीं तांचो देशी भाशां कडलो संबंद तुट्टलो. तांची भास इंग्लिश जातली. तांचो देशी संस्कृताये कडलो संबंद

तुट्टलो. आयज आसा तो देशी भास, देशी संस्कृताय हांचे विशींचो न्यूनगंड वाडटलो. मागीर क्रिस्तांव समाजांत कोंकणींत बरोवपी जावचेनात, तियात्रिस्त जावचेनात, कांतारां रचपी जावचेनात, मांडो- दुल्पदां गावपी आसचेनात. जांच्या आंगांत साहित्य रचपाचे गूण आसतले ते इंग्लिशींत बरयतले; नाटकां बरोवपाचे गूण आसतले ते इंग्लिशींत नाटकां बरयतले; जे गावपी कलाकार आसतले ते रॉक, पॉप वा रॅप गायतले. तांचें गोंयकारपण ना-नपश्चात जातलें. ते धड देशी संस्कृतायेंत उरचेनात आनी धड परदेशी संस्कृतायेंत पावचेनात आनी ते दशेंत 'ग्लोबल' जावन हुमकळटले. गोंयकारपण म्हणचे धर्म न्हय, जात न्हय, गोंयांतलो राबितो न्हय, गोंयांतली फेणी न्हय, गोंयांतलें फोल्ग न्हय. गोंयची भास आनी तिचेर आदारिल्ली संस्कृताय ही गोंयकारपणाची बुन्याद. देखून पोटा खातीर कोणूय गोंयांत येवन 10-15 वर्सां रावलो म्हूण गोंयकार जायना. कोणूय हिंदीभाशी मनीस निवृत्त जातकूच गोंयांत येवन रावलो म्हूण गोंयकार जायना. जाच्या 'पोटाची भास' इंग्लिश असो कोणूय संपादक 7-8 वर्सां गोंयांत नोकरी करून गेलो म्हूण गोंयकार जायना. गोंयकारपण हें संस्कृतायेचेर आदारिल्लें आसा. अडेची परदेशी संस्कृताय पांगरून गोंयांत रावलो म्हूण तें गोंयकारपणाचें लक्षण जायना. गोंयकारपण सोडिल्लो क्रिस्तांव समाज खरेपणीं गोंयकार उरचो ना. तो आपणाल्या देशांत, आपणाल्या राज्यांत आनी आपणाल्याच गांवांत परकी जातलो. तो 'गांवठी फिंगी' जातलो - कातीन देशी; पूण संस्कृतायेन फिंगी!

हे दशेचे मागीर आनीक वायट परिणाम आसात. क्रिस्तांव समाज गोंयांत अल्पसंख्य. गोंयचे सुटके वेळार तो 30 टक्क्यां

परस चड आशिल्लो. 2001 वर्साचे शिरगणटे प्रमाण तो 27 टक्क्यां परस उणो आशिल्लो. लोकसंख्या वाडटा त्या प्रमाणांत ताची टक्केवारी देंवता. अदमास केल्यार आनीक कांय वर्सांनी तो गोंयांतले लोकसंख्येचो फकत चवथो वांटो वा ताचेय परस उणो आसतलो. हो समाज ज्या प्रमाणांत 'गांवठी फिंर्गी' जाता त्या प्रमाणांत हेर गोंयकार समाजाक तो वेगळो आनी परकी दिसूंक लागतलो. ताची उलोवपाची भास इंग्लिश जातकूच ताचो हेर समाजा कडलो संपर्क उणो जातलो. हेर गोंयकारांक तो आपले भाशेन गोंयकार दिसचोना. ताची वेगळी चलणूक हेर समाजा कडलें ताचें अंतर वाडयतली. वेगळोचार आयज फकत धर्मा संबंदान आसा; फुडाराक तो भास, संस्कृताय, चाली, रिती हांचेय विशीं जातलो. मुळाक एकाच रगताचे आसुनूय क्रिस्तांव गोंयकार हिंदू गोंयकारां पसून पयस वतले, वचत रावतले. परिणामीं, गोंयांत समाजीक नदरेन क्रिस्तांव समाज हो गोंयकारपण सोडिल्ल्यांचो एक जुंवो जातलो- भोवसंख्य समाजा पसून पयस आनी आवांठान ल्हान; सांस्कृतीक नदरेन परकी, धड देशी न्हय, धड परदेशी न्हय असो. हें रातयांत घडचें ना. कांय पिळग्यो वचच्यो पडटल्यो. पूण अखेरेक परिणाम होच हें दुबावा विरयत सांगपाक जाता.

पुर्तुगाली राजवटकेंत राजसत्ता आनी धर्मसत्ता हांणी आपणायिल्ल्या धोरणाक लागून क्रिस्तांव समाजाची लोकसंस्कृतायेची आनी लोककलेची खूबशी परंपरा ना जावन गेल्या. धालो, जागर, मुसळां नाच आनी कांय गितां इतल्योच तरा उरल्यात. त्यो पसून कांय थोड्या वाठारांनी. फुडाऱ्यांक त्योवूय ना- नपश्चात जाल्ल्यो जाय अशें दिसता. तांणी धालो बंद केल्यात. ज्या लोककलांनी भाशेचो संबंद आसा त्यो भाशे

वांगडाच ना जातल्यो; पूण फुडाऱ्यांच्या धोरणाक लागून हेर कलाय बंद पडटल्यो. क्रिस्तांव समाज संस्कृतीशुन्य जातलो. हेरशींय जाल्यार भास मरता तेन्ना संस्कृताय मरता हो संवसारीक नेम. क्रिस्तांव समाजांतली कोंकणी भास ना जातकूच त्या समाजाचें देशी संस्कृताये कडलें नातें पुरायेन तुट्टलें.

असलो समाज वट्ट गोंयकार समाजांत संस्कृतीशुन्य जुंवो जावन पडटलो. हेरांक तो वेगळो दिसूंक लागतलो आनी त्या वेगळेपणाक लागून हेरां कडलें ताचें गोंयकारपणाचें नातेंय तुटून वतलें.

दुसरे वटेन, देशांत धर्मकोल्ल वाडटा हें कोडू सत्य. त्या धर्मकोल्लाक वेगळोचार बऱ्याक पडटा. खंयचोय घटक सांस्कृतीक नदरेन वेगळो दिसतकूच ताका मोख करप सोपें जाता आनी पिडापीड करपूय सोपें जाता. आनी हें देशांत हेर कडेन घडलां. गोंयांत अल्पसंख्य आशिल्लो क्रिस्तांव समाज हेर गोंयकारांक वेगळो दिसतलो, आपलो दिसचो ना; पेलो दिसतलो आनी ताका पिडापीड जावपाची भिरांत वाडटली. कांय किरकोळ घडणुको सोडल्यो जाल्यार आयज मेरेन गोंयांत तशी पिडापीड घडूंक ना. हेर कडेन वायट घडणुको जाल्यात तेन्ना निशेध करपाक वा एकवट दाखोवपाक ज्यो कार्यावळी जाल्यात तातूंत हिंदू समाजाचो एक वांटो क्रिस्तांव भाव-भयणीं वांगडा रावला. पूण क्रिस्तांव समाजान देशी संस्कृताये कडलें नातें, गोंयकारपणाचें नातें तोडून अडेचें फिंर्गीपण पांगुरलें जाल्यार तो सांगात मेळटलोच म्हूण सांगूंक जावचें ना. ते परिस्थितींत क्रिस्तांव समाज एकलो-एकसुरो पडटलो.

ही परिस्थिती गोंय राज्याक वायट. क्रिस्तांव समाजाक तर

ती अदिकूच वायट. अशी परिस्थिती उप्रासपा सारकें आनी क्रिस्तांव समाजाक संस्कृतायशुन्य, आपल्याच घरांत परकी आनी संकश्ट आयल्यार एकसुरो करून उडोवपा सारकें धोरण आपणावप ही त्या समाजाच्या फुडाऱ्यांची चूक. ते चुकीचे परिणाम गंभीर जावपा सारके आसात हे खातीर ती गंभीर चूक. ही चूक तांणी सुदारची. गोंयकार क्रिस्तांवांचें गोंयकारपण तिगून उरतलें, तांचे पांय देशी संस्कृतायेंत रोमून उरतले आनी हेर समाजा कडलें तांचें नातें लागींचें आनी आपुलकायेचें उरतलें अशें धोरण आपणावचें. फकत उतरांनी न्हय तर कर्तुबांनी तशी देख समाजाक दिवची. तशें केलें ना जाल्यार इतिहास तांकां भगसुचो ना.

हे चारूय लेख वाचून कोणाकूय दिसुंयेता, क्रिस्तांव समाजांत रिगिल्ले अवगूण दाखयल्यात; हिंदू समाजांत अवगूण नात? आसात. आनी तांचीय चिकित्साय जावपाक जाय. पूण दोनूय धर्मीक समाजांच्या गूण अवगुणांची तुळा करप हो हे लेख बरोवपा फाटलो हावेस न्हय. क्रिस्तांव समाजाची आयची दिशा ही त्या समाजाच्या फुडाऱ्यांनी दिल्ले देखींतल्यान थारता आनी देख घालून दिवपाच्या विशयांत ते फुडारी गंभीर परिणामांक आमंत्रण दिवपाची चूक करतात हें दाखोवन दिवप हो ह्या लेखां फाटलो हावेस. हें सगलें मेकळेपणान आनी स्पश्टपणान बरयतना हांवें इश्टागतीचे भावनेन आनी कर्तव्याचे जाणविकायेन बरयलां इतलें मतींत धरल्यार ह्या बरपांत मांडिल्ले मुद्दे समजून घेवपाक सोपें जातलें.

***



334 वर्सां फाटली घडणूक उजवाड घालता कोंकणी कर्तुत्वाचेर

सुमार 400-450 वर्सां आदल्या गोंयांत आयुर्वेद-पांडित्याची आनी आयुर्वेद -वैजकेची व्हड परंपरा आशिल्ली हें गोंयांतल्या खूबश्या लोकाक खबर ना. पुर्तुगेजांनी गोंय जिखले उपरांत हिंदूंचेर पालखेंतल्यान येवपा-वचपाक बंदी घाली. तिका एकूच आडवाद आशिल्लो. आयुर्वेद-पंडिता संबंदान. हें गोंयच्या इतिहासांत वाचूंक मेळटा. वरिश्ट पदां वयल्या पाखल्यांचो तांच्या डॉक्टरां परस थळाव्या आयुर्वेदी वैजांचेर अदीक विस्वास आशिल्लो अशेय उल्लेख मेळटात. घडये दादा वैद्य हे ते परंपरेंतले निमणे पंडित. एकाच हिंदू गोंयकाराचो पुतळो पुर्तुगेजांनी उबारलो आनी तो दादा वैद्यांचो हाचोय संबंद आयुर्वेदी वैजके कडेन आसा. पूण हे परंपरे विशीं खूब थोडे जाणात. हाकाच लागून आज केरळांतल्या कोंकणी भाशी समाजांत जो खवदळ चल्ला

ताचीय खबर चडश्या गोंयकारांक ना. त्या खवदळाचो संबंद 'हॉर्टस इंडिकस मलबारिकस' ह्या वखदी वनस्पती विशींच्या विशाल ग्रंथा कडेन आसा.

कितें ह्या ग्रंथाचो इतिहास? आनी कित्याक आयज थंय खवदळ?

ह्या प्रस्नांच्यो जापो थोड्याच उतरांनी दिवप हें खूब कठीण. फाटभुंयेची विस्कावणी केले बगर त्यो जापो समजून घेवप हेंवूय तितलेंच कठीण. तरी तें आमी समजून घेवपाची गरज आसा. कित्याक तर तातूंत कोंकणी मनशाच्या कर्तुत्वाचो इतिहास आसा.

पुर्तुगेजांनी 1510 वर्सा गोंय (तिसवाडी म्हाल) जिखले उपरांत तांचे राजवटकेन क्रिस्तांव धर्मसंस्थे वांगडा 1540 वर्सा धर्मांतर सुरू केलें. देवळां मोडप, मुर्ती फोडप, ग्रंथ लासप आनी हिंदूंक बाटोवप असो तो धर्मांतराचो सांवार आसलो. 1560 वर्सा इंक्विझिशन स्थापन जालें आनी उज्यांत तेल पडलें. त्या सांवारांतल्यान आपणाक वाटावपाक कितलींशींच कुटंबां गोंयांतलें घर-दार सोडून दक्षिणेक गेलीं. कांय कुटंबां कर्नाटकांत राबितो करून रावलीं तर कांय कुटंबां फुडें गेलीं, केरळांत पावलीं. थंय कोचीच्या रायान तांकां आलाशिरो दिलो. आज केरळांत अदमासान सात ते आठ लाख कोंकणीभाशी लोक आसात. सगल्यांचे पुर्वज गोंयांतल्यान गेल्ले. तांचे मर्दी आंकड्यान मोटो घटक आसा तो कुणबी समाज. मागीर सारस्वत, दैवज्ञ, ब्राह्मण, वैश्य हे घटकूय आसात.

त्या वेळार कोचींत (आदलें नांव कोचीन) फोर्ट कोचीन

ह्या वाठारांत पुर्तुगेजांचें वेपारी केंद्र आशिल्लें. डच तांकां धांवडावंक सोदताले. एक-दोन खेपो तसो यत्न केले उपरांत 1663 वर्सा पुर्तुगेजांक तें वेपारी केंद्र डच लोकांचे सुवादीन करून थंयसून कडसरचें पडलें. डचांनी ल्हवू ल्हवू आपली सत्ता थंय बसयली. 1667 तें 1673 वर्सा मेरेन ॲडमिरल हॅन्‌रिक व्हान रीड हो थंय गव्हर्नर आसलो. ताचे विशीं सांगतात ती खबर खरी काय कल्पनेंतली हें कळपाक मार्ग ना. पूण दादा वैद्य हांची करामत मतींत घेतली जाल्यार कोचींतली ती खबर खरी आसुंये. खबर मेळटा ती अशी:

गव्हर्नर हॅन्‌रिक व्हान रीड हांची घरकात्र दुयेंत पडली. सगल्या तरांचे ॲलोपॅथिक वखदांचे उपाय करून जाले पूण गूण पडलो ना. अखेरेक ताका कोणें तरी सल्लो दिलो, आयुर्वेदी वैजांचें वखद करून पळोवचें. ती सुचोवणी मानून घेवन गव्हर्नर रीड हाणें आपू भट, रंग भट आनी विनायक पंडित ह्या तीन वैजांक आपयले. तिगूय कोंकणी मनीस. 16 व्या शेंकड्यांत गोंयांतल्यान गेल्ल्या गोंयकारांचे वंशज. तांणी इट्टी अच्युतन ह्या केरळी आयुर्वेदी वैजाचो पालव घेतलो. चौगांनीय मेळून गव्हर्नर रीड हाचे घरकान्नीक जाल्ल्या दुयेंसाचो खोलायेन अभ्यास केलो, चर्चा करून कसलें वखद बरें पडटलें तें थारायलें आनी उपाय केले. ते उपाय फळादीक जावन गव्हर्नराची घरकान्न दुयेंसांतल्यान निवळ्ळी, बरी जाली. हे घडणुकेक लागून गव्हर्नर रीड हाची दोन गजालींचेर श्रद्धा बसली- चारूय आयुर्वेद पंडितांच्या कर्तुत्वाचेर आनी भारतांतले वखदी वनस्पतींत भरून आशिल्ल्या गुणांचेर.

हे श्रद्धतल्यान गव्हर्नर रीड हाणें एक व्हड प्रकल्प चालीक लायलो. मलबार वाठारांतली (भारताचे पश्चिम देगे वयलो दक्षिणे कडलो प्रदेश) वखदी वनस्पत जमोवपाचो आनी तिचे गूण सांगपी ग्रंथ बरोवन घेवन उजवाडावपाचो. हो व्हड वावर ताणें आपू भट, रंग भट, विनायक पंडित आनी इट्टी अच्युतन हांचेर सोंपयलो. तांणी वखदी झाडां, वाली वळखुपी मनशां नेमून तांकां हांगा-थंय धाडून वखदी वनस्पत हाडची; ती कोर्चींत रोवन थंय ते वनस्पतीचें बाग करचें; फादर मॅथ्यू ह्या कार्मेलायट पाद्रीन दर एके वनस्पतीचें (झाड, वाल, पान, फूल, बीं) चित्र काडून दिवचें; तिगूय कोंकणी पंडितांनी ते वनस्पतीचे गूण कोंकणींत बरोवचे आनी इट्टी अच्युतन हाणें मल्याळम भाशेंत बरोवचे. (मागीर तांचो अणकार पुर्तुगेज आनी लॅटीन ह्या भाशांनीय करून घेतलो.)

हो वावर थारिल्ले प्रमाण जालो. उपरांत तांब्याचेर कोंत्रावन चित्रां तयार जालीं आनी ॲम्स्टरडॅमाक धाडलीं. थंय 12 खंडांमदलो पयलो ग्रंथ 1678 वर्सा उजवाडाक आयलो. ह्या ग्रंथांत तो तयार करतल्यांचीं सर्टिफिकेटां छापिल्लीं आसात आनी तीं आरंभाकूच वाचूंक मेळटात. आपू भट, रंग भट आनी विनायक पंडित ह्या तिगांनीय आपल्यो निशाण्यो घालून एक सर्टिफिकेट दिलां तर इट्टी अच्युतन हाचें सर्टिफिकेट वेगळें आसा. कोंकणी वैजांचें सर्टिफिकेट कोंकणी भाशेंत आनी देवनागरी लिपींत आसा; तर इट्टी अच्युतनाचें सर्टिफिकेट मल्याळम भाशेंत आसा. कोंकणी पंडितांच्या हातीं बरपाचो ब्लॉक करून तो ग्रंथांत छापला. देवनागरी कोंकणींतल्या ब्लॉक

प्रिंटिंगाचो हो पयलो नमुनो. सर्टिफिकेट अशें आसा:

स्वस्ति श्री शालिवाहन शक १५९७ राक्षस संवत्सर चैत्र बहुल १० कोचि राजपाटणी बैसिके रंग भट तथा विनायक पण्डित आपू भट तेग वैद्य तानिं कोचीचा कुमदोर आंड्रिकि फाड्रे त्याचा निरोपान ह्या मलबार देशान्तु आशिले औषध मात्र वृक्ष वालि झाड खंद ओळखतेल्या मनुष्याक मुसारो देवूनु ते ते गांवांतु पेट्टवून तिं तिं वोखद आणवून त्या त्या झाडाचें फल फूल पान बीज समस्त त्या त्या ऋतु कालावरि संपादून तिं तीं चितारिली त्या उपरांत आमि आमगेल्या वैद्य ग्रंथाचा निघंटाप्रमाणिं त्या औषधांचे गुण वा अनुभवान जो जो गुण आमकां कळेलो तो वा त्यां ओखदांचीं नावं पळेउनु आजि दानि वर्षं सकाळि साजे आमिं लागि राबूनु हा लिब्रु सपादून दिला तें लटिक अशि म्हणुंचाक नज अशि म्हणु आमि आमची निसाणि कर्णु दिली ते सत्य म्हणु मानुचे जाइद म्हणु नागर बरपान हे बरवूनु दिली- श्री रंग भटु विनायक पंडित आपु चे ओप.

ह्या 'हॉर्टस इंडिकस मलबारिकस' नांवाच्या विशाल ग्रंथाचें आनी त्या ग्रंथांत वापरिल्ले कोंकणी भाशेचें कोंकणी मनशाचें कर्तुत्व, कोंकणी भाशेचो इतिहास आनी कोंकणी भाशेचें देवनागरी लिपी कडलें नातें ह्या तीन विशयांनी खूब म्हत्व आसा. 16 व्या शेंकड्यांत जे गोंयकार घरदार सोडून केरळांत गेले ते भोव करून 1550 तीं 1575 ह्या वर्सां मदल्या काळांत गेल्ले आसूंक जाय. तांचे मदीं आयुर्वेद पंडितांचीं कांय कुटुंबां आसुंयेत आनी तांणी थंय वैजकेचो वेवसाय चालू दवरला आसुंये. इतलेंच न्हय; तर त्या मळार तांणी नामना जोडिल्ली आसुंये; ना जाल्यार, डच गव्हर्नरा कडेन तांची शिफारस कोण करतलो आसलो?

आनी डच गव्हर्नर तो विशाल ग्रंथ तयार करपाचें व्हड काम तांचेर खंयच्या विस्वासान सोंपयतलो आसलो?

आपू भट, रंग भट आनी विनायक पंडित हांणी जें सर्टिफिकेट दिलें तें कोंकणींत आनी देवनागरी लिपींत. तांचे पुर्वज 1575 च्या अदमासाक थंय पाविल्ले अशें धरलें जाल्यार मर्दी 100 वर्सां गेलीं अशें जाता. हाचो अर्थ थंय पाविल्ल्या गोंयकारांनी 100 वर्सां उपरांतूय कोंकणींत बरोवपाची चाल दवरिल्ली असो जाता. तांणी गोंय सोडलें तेन्ना ती चाल आशिल्ली आनी तीच तांणी कोची रायाच्या राज्यांत फुडें चलयली असोय ताचो अर्थ जाता. तशी चाल नाशिल्ली जाल्यार त्या वाठारांत ते संस्कृत भाशेंत वा मल्याळम भाशेंत बरयतले आसले. कोंकणींत बरोवपाची तांच्या पुर्वजांची चाल नाशिल्ली जाल्यार शंबर-सवायशें वर्सां उपरांत ते नवी चाल कित्याक सुरू करतले?!

कांय गोंयकारांनी समजणी करून घेतल्या की पुर्तुगेजांनी गोंयचेर आगळीक करचे आर्दी गोंयांत कोंकणींत बरोवपाची चाल नाशिल्ली. ती चाल युरोपियन मिशनऱ्यांनी सुरू केली आनी ते खातीर रोमी लिपी वापरली; देखून कोंकणी भाशेची लिपी रोमी! कोंकणी देवनागरी लिपींत बरोवपाची चाल 11 व्या शेंकड्यांत आशिल्ली हाची गवाय मेळटा. ताचे पयलीं न्हय जाल्यार तेन्ना तरी ती आशिल्ली. कर्नाटकांत श्रवणबेळगोळाक गोमटेश्वराची व्हडली पाशाणी मूर्त आसा, ते मुर्तीच्या पांयां कडेन दोन कोंकणी वाक्यां कोंत्रायिल्लीं आसात: 'श्रीचावुंडराजें करवियले- श्री गंगराजें सुत्ताले करवियले.' हीं वाक्यां देवनागरी लिपींत आसात. आनी हें कोंत्रावप मेळटा

कानडी प्रदेशांत. तर गोंय हें कोंकणीचें मूळ पीठ आशिल्ल्यान थंय हेर खंयचीय लिपी वापरपाचो प्रस्नूच येना. 15 व्या वा 16 व्या शेंकड्यांतलें काणयांच्या रुपांतलें कोंकणी भारत आनी कोंकणी रामायण मेळ्ळां तें रोमी लिपींत उतरायिल्लें; पूण मूळ बरप देशी लिपींतूच आसूंक जाय. ती रचणूक कृष्णदास शामाची अशें कांय जाणकारांचें मत आसा. कृष्णदास शामाक संस्कृत भास कळटाली आनी ताणें 'श्रीकृष्णचरित्रकथा' हें काव्य मराठींत बरयल्लें. तो कांय रोमी लिपींत बरोवचो ना. आनी देवनागरी कळटा आसतना तो खंयचेय दक्षिणी लिपींत बरोवपाचीय शक्यताय ना. हाचे वयल्यान, कोचींत वचून राबितो केल्ल्या गोंयकारांनी तीच परंपरा थंय चलयली आनी उण्यांत उणीं शंबर-सवायशें वर्सां तरी ती थंय चालू आशिल्ली हाची गवाय त्या आयुर्वेद पंडितांनी दिल्ल्या सर्टिफिकेटा वरवीं मेळटा.

हाका आनीक एक आदार आसा. फादर आंजेलो माफे हाणें इंग्लिशींत कोंकणीचें व्याकरण बरयलां आनी एक इंग्लिश - कोंकणी शब्दकोश रचला. तो कर्नाटकांत वावुरतालो म्हणटकच थंय ताणें कन्नड लिपी वापरल्या. फा. माफेचें व्याकरण 1882 वर्सा उजवाडा आयलें. व्याकरणाचो आरंभ तो असो करता- "The Konkani language was formerly written with the alphabet called Balabodha or Nagar; sometimes it was written with the Modi Alphabet, which is the Mahratti Alphabet. Now the Kanarese Alphabet is generally used, and although it does not express all Konkani sounds, yet it is better adapted for this than the Latin Alphabet". (कोंकणी भास आदीं जिका बालबोध

वा नागर म्हणटात ते लिपींत बरयताले; कांय वेळा ती मोडी लिपींत बरयताले जी मऱ्हाठी लिपी आसा. आतां चडशी कन्नड लिपी वापरतात; आनी जरी ती कोंकणीच्या सगल्या उच्चारांक पावना, तरी लॅटीन लिपी परस ती ह्या कामाक चड बरी जुळटा.)

फा. मापेच्चें हें सांगणें आनी 1678 वर्सांतलें तें कोंकणी बरप एक स्पश्ट गवाय दितात: 16 व्या शेंकड्यांत जे गोंयकार कर्नाटकांत आनी केरळांत वचून रावले ते कोंकणींत बरयताले; आरंभाक ते देवनागरी लिपींत बरयताले आनी उपरांत खूब वर्सांनी ते कर्नाटकांत कन्नड आनी केरळांत मल्याळम लिपी वापरूंक लागले.

***


हॉर्टस इंडिकस मलबारिकस: कोंकणी कर्तुत्वाचेर मल्याळी अन्याय

फिर्गी आगळिकेच्या उज्यांतल्यान आपलो धर्म आनी आपली संस्कृताय वाटावपाक 16 व्या शेंकड्यांत ज्या गोंयकारांनी केरळांत आलाशिरो घेतलो तांणी खूब कश्टांनी आनी तरेकतरांच्या अडचणींतल्यान वाट काडीत आपलें बस्तान पर्थून बसयलें. कोण व्यापार-उद्देग करूंक लागलो तर कोण अध्यापन करूंक लागलो. कोण भाशेच्या मळार अभ्यास -संशोधन करूंक लागलो तर कोण कलेच्या मळार वावरूंक लागलो. तांणी बरे दीस पळयले आनी तांणी संकश्टांकूय फुडो केलो. कांय राजांनी तांकां आदार दिलो तर राजा राम वर्मा (हाका 'सक्तन तंपुरन' म्हूण वळखताले) हाणें कोंकणी लोकाक पिडापीड भोगयली. तांच्या देवळांचेर हावळ हाडली; तांचे निश्ठेचो दुबाव घेतलो आनी तांकां नाका-पुरो केलें. पूण थंयसून कोणूच परत गोंयांत

आयिल्ल्याची देख ना. घडये, कांय थोडीं कुटुंबां तामीळ वा तेलगु प्रदेशांत वचून रावलीं आसुंयेता.

ह्या कोंकणी समाजान थळावी भास शिकून घेतली. कांय विद्वानांनी मल्याळम भाशेच्या अभ्यासाक-संशोधनाक योगदान दिलें; तर कांय जाणांनी मल्याळम साहित्यांत भर घाली. पूण त्या लोकांची तोखणाय अशी की तांणी निजाची कोंकणी भास आनी कोंकणी संस्कृताय सोडून दिली ना. इतलेंच न्हय; तर आपले भाशेचो आनी संस्कृतीचो अभिमान बाळगून ती सांबाळून दवरपाचो वावर केलो. हो तांचो वावर आयचे घटकेकूय चालू आसा.

कोंकणी संस्कृताय सांबाळून दवरपाचें भोव बरें काम थंयच्या कुणबी घटकान केलां. काणकोण वाठारांत 'गड्यां रामायण' हो लोकसंस्कृतींतलो नमुनो हय-न्हयसो उरला. पूण तो बरे तरेन सांबाळून दवरला कोचींतल्यान कुणबी समाजान. थंय ते ताका 'गोड्ड रामायण' म्हणटात आनी ताचे खेळ जातात. सर्गेस्त प्रा. आर के राव हांणी तें बरोवन काडून, ताचें संपादन करून तें उजवाडायलां. 'श्रवोण गीत' (श्रावणाची काणी) होवूय गावन सादर करपाचो प्रकार तांणी सांबाळून दवरला. वैश्य समाजांत कांय बरे चित्रकार जावन गेल्यात, साहित्यिकूय आसात. दैवज्ञ ब्राह्मण आनी सारस्वत हांणी व्यापार-उद्देगाच्या मळार कर्तुत्व दाखयलां. ह्या घटकां मदीं भौशीक मळार सरमिसळ आसा; पूण जातीच्यो वंयो गोंयांत आसात ताचे परस अदीक व्हड आनी घट आसात. देखून एकूच कोंकणी समाज अशे तरेन ताची वर्णना करूंक मेळना. कोंकणी मायभास आनी कोंकणी संस्कृती हांचे विशींचे दर एका घटकाचे निश्ठेंत मात कसलेंच अंतर ना.



1963 वर्सा एन् पुरुषोत्तम मल्ल्या हांणी 'कोंकणी भाशा प्रचार सभा' हे संस्थेची थापणूक केली आनी कोंकणीभाशी समाजांत मायभाशेचो उपेग वाडोवपाचो वावर सुरू केलो. थंय अ.भा. कोंकणी परिशदेचीं अधिवेशनां जावंक लागलीं, अ.भा. कोंकणी साहित्य संमेलनां जावंक लागलीं. साहित्य अकादेमीची कोंकणीक भास म्हूण मान्यताय मेळोवपाच्या वावरांत कों.भा.प्र.सभेचोय वांटो आसा. उपरांत 'केरळ कोंकणी अकादमी' हे संस्थेचो जल्म जालो. तिणें संशोधनाचो, अभ्यासाचो आनी पुस्तकां उजवाडा हाडपाचो वावर केलो. ह्या संस्थांच्या आनी हेरांच्या वावराक लागून कोंकणी संबंदान तो कोंकणी समाज आयज चड जागृत आसा, चड क्रियाशील आसा.

आदलीं 100, 150 वा 200 वर्सां केरळांतल्या कोंकणी लोकान कोंकणी बरोवपाक देवनागरी लिपी वापरली. उपरांत केन्ना तरी तांणी मल्याळम लिपींत कोंकणी बरोवपाक आरंभ केलो. कांय पुस्तकां, कांय पत्रिका मल्याळम लिपींत आयल्यो. पूण साहित्य अकादेमीचे मान्यताये उपरांत तांचे मदीं लिपीच्या विशयांत वेगळो विचार सुरू जालो आनी तांणी देवनागरी लिपीच वापरपाची चाल सुरू केली. फाटल्या सुमार 15 वर्सांच्या काळांत जितलीं पुस्तकां थंय कोंकणी भाशेंत उजवाडा आयल्यांत तितलींय देवनागरी लिपींत आसात. केरळ कोंकणी अकादमी 'स्पंदन' नांवाची म्हयनाळी पत्रिका काडटा, ती देवनागरी लिपींत आसता.

कोचींत दोन कोंकणी माध्यमाच्यो मुळाव्यो शाळा चलतात. त्या शाळांनी क्रमीक पुस्तकां वापरतात तीं गोंयांत वापरतात तींच. केरळ सरकारान येता त्या वर्साच्यान सवे यत्तेक एक विशय म्हूण कोंकणी घेवंक मेळपाचो निर्णय घेतला. राजकारणांत

सक्रीय आशिल्ल्या, कुणबी समाजांतल्या एका जागृत वांगड्यान त्या संबंदान फुडाकार घेवन तें घडोवन हाडलां. केरळ सरकारान 'केरळ कोंकणी साहित्य अकादमी'ची स्थापना करपाचो निर्णय घेतला आनी तिचें रोखडेंच उक्तावण जावचें म्हूण वावर चालू आसा. केरळ सरकारान कोंकणी समाजाक भाशीक अल्पसंख्यांक म्हूण कायद्यान मान्यताय दिल्या. 1678 वर्सा त्या तीन आयुर्वेद पंडितांनी मायभाशे विशीं जो अभिमान दाखयलो त्या अभिमानाक आनिकूय जाग आयिल्ल्याची जाणविकाय केरळांतल्या कोंकणी लोकां मर्दी भोंवतना चांटे पावलाक जाता.

'हॉर्टस इंडिकस मलबारिकस' ह्या ग्रंथाचें पयलें खंड 1678 वर्सा उजवाडा आयलें आनी 12 वें खंड 1703 वर्सा प्रसिद्ध जालें. ते पयले आवृत्तीची एक प्रत तिरुवनंतपूरम शारांत सरकारी पुरातत्व विभागांत आसा. कोची शारांत जाल्ल्या अ.भा. कोंकणी परिशदेच्या एका अधिवेशनांत ती प्रदर्शनाक दवरिल्ली. कांय वर्सां फाटीं केरळ विद्यापिठान त्या ग्रंथाचो इंग्लिशींत अणकार करून घेवन 12 खंडां उजवाडाक हाडिल्लीं. कोळिकोड (आदलें कालिकट) शारांत जाल्ल्या कोंकणीच्या एका संमेलनांत केरळ विद्यापिठाच्या पालवान हीं खंडां प्रदर्शनाक मांडिल्लीं. ही आवृत्ती सोंपल्या; मात हीं खंडां मंगळूरांत विश्व कोंकणी केंद्राच्या ग्रंथालयांत पळोवंक आनी वाचूंक मेळटात.

ह्या विशाल ग्रंथाच्या पयल्या खंडाचे उजवाडावणेक पोरूं 333 वर्सां पूर्ण जालीं. केरळांतल्या कोंकणी समाजान तीं अभिमानान मनयलीं. पूण दुसरे वटेन तांचे मर्दी खवदळ सुरू जालो तो कांय मल्याळी मनशांचे विचित्र वागणुकेन. हेरशीं, कोंकणी आनी मल्याळम ह्या भाशां मर्दी केन्नाच संघर्श नाशिल्लो.

आजूय ना. दोन संस्कृतायां मर्दीय संघर्श नाशिल्लो आनी आतांय ना. कोंकणी समाजान आपली भास आनी संस्कृताय सांबाळ्टनाच आनी तांचो अभिमान बाळगितनाच मल्याळम भास आनी संस्कृताय गिरेस्त करपाच्या वावरांत वांटो घेतला. इतलें आसुनूय आयज कांय मोटवे नदरेचे मल्याळी मनीस कोंकणी लोकांचें कर्तुत्व कुस्कुटावन तांचेर अन्याय करपाच्या वावराक लागल्यात. 'हॉर्टस इंडिकस मलबारिकस' ह्या ग्रंथाची निर्मणी करपाचें सगलें स्रय फकत इट्टी अच्युतन ह्या केरळी आयुर्वेद पंडिताक दिवन ते ताचें यादस्तीक करूंक सोदतात. तें करतना ते कोंकणी आयुर्वेद पंडितांच्या वावराक नगण्य लेखून तो कुस्कुटावंक सोदतात. हो त्या आयुर्वेद पंडितांचोच न्हय तर समेस्त कोंकणी समाजाचो अपमान. हो कोंकणी कर्तुत्वाचेर खर अन्याय.

ग्रंथाचो मुखेल वावर तीन कोंकणी आयुर्वेद पंडितांनी केलो आनी इट्टी अच्युतन ह्या केरळी आयुर्वेद पंडितान तांकां पालव दिलो अशें एक मत आसा. जाल्यार, मुखेल वावर इट्टी अच्युतन ह्या पंडितान केलो आनी कोंकणी आयुर्वेद पंडितांनी ताका आदार दिलो अशें दुसरें मत आसा. पूण खरेपणीं कितें घडलां आसुंये हाची गवाय ग्रंथांत आसा. एक सर्टिफिकेट आपू भट, रंग भट आनी विनायक पंडित ह्या पंडितांनी आपले मायभाशेंत म्हळ्यार कोंकणींत-दिल्लें आसा; तर तशेच तरेचें आनीक एक सर्टिफिकेट इट्टी अच्युतन ह्या पंडितान आपले मायभाशेंत-म्हळ्यार मल्याळम भाशेंत- दिल्लें आसा. दोनूय सर्टिफिकेटां ग्रंथांत छापिल्लीं आसात. तांचे वांगडाच डच गव्हर्नर हॅनरीक व्हान रीड हाचेंय एक बरप लॅटिन भाशेंत छापिल्लें आसा. त्या बरपांत व्हान रीड कोंकणी पंडितां मर्दीं कशी खोलायेन चर्चा जाताली; सारकें कितें तें

थारायतना ते आदल्या ग्रंथांचो कसो आदार घेताले आनी आपापलीं मतां कशे नेटान मांडटाले ताची खबर सांगता. तें वाचतकूच हे पंडित कोणाक तरी फकत पालव दिताले हें कोणाचेच बुद्दीक पटचें ना. चडांत चड अशें म्हणूंक जायत की ग्रंथाच्या वावरांत चौगांचोय वांटो आसा. सगलेच पंडित आसले, जाणकार आसले. एकलो पंडित आनी तीग मानांय वा तीग पंडित आनी एक मानाय अशें तें चित्र खात्रीन नाशिल्लें. जांणी वनस्पत पुंजावपाचें काम केलें तांकां पसून मानांय लेखले तरी ते वखदी वनस्पत वळखुपी आसले; त्या संबंदान जाणकार आसले. हें सगलें स्पश्ट आसतना हेर सगल्यांक कुस्कुटा समान लेखून फकत मल्याळी मनशाचें योगदान उखलून धरपाची तरा शाणेपणाची न्हय.

मलबारांतले वखदी वनस्पती विशीं जाल्लो हो सोळाव्या शेंकड्यांतलो वावर इतिहासीक. आयुर्वेदाचो अभ्यास करतल्यांक आनी सर्वसामान्य लोकांकूय म्हत्वाचो. असलो वावर करतल्यांचें यादस्तीक जावचेंच. पूण तें संकुचीत विचारान आनी हो आपलो तो परकी हे भावनेन जावचें न्हय. केरळ प्रदेशान थंय गेल्ल्या कोंकणी समाजाक आदार दिला तेच भाशेन कोंकणी समाजान केरळचे शिक्षणीक, उद्देगीक, व्यापारी आनी सांस्कृतिक उदरगतीक हातभार लायला. जंय ताचें कर्तुत्व नदरेंत भरपा सारकें आसा थंय ताका कुस्कुटावप ही पडमूरपणाची वागणूक जातली.

मल्याळी लोक देशाच्या सगल्या वाठारांनी पावला. आपल्या आंगांतल्या गुणांनी आनी वावरान ताणें ल्हान-व्हड स्थान मेळयलां. गोंयांतूय मल्याळीभाशी आसात. कोंकणी लोकां भाशेन ते आपली भास, संस्कृताय सांबाळ्ळुनूय गोंयचे भौशीक जिणे कडेन समरस जावपाचो यत्न करतात. ते मल्याळी म्हूण

हेरांनी तांकां कुस्कुटा समान लेखचे? तांकां जें फावता तें न्हयकारचें? तांचें योगदान नगण्य लेखचें?

केरळांत जे मल्याळी मनीस संकुचीत नदरेन आनी अविचारान वागून कोंकणी कर्तुत्व नगण्य लेखूंक सोदतात तांणी चत्रायेन पावलां घालूंक जाय. केरळांतल्या कोंकणी कर्तुत्वाचेर अन्याय हो कोंकणी समाजाचो अपमान- फकत केरळांतल्याच न्हय तर देशाच्या हेर वाठारांतल्याय. ह्या अपमानाचे परिणाम बरे जावचे नात.

***

कोंकणी लोकांच्या सांस्कृतीक राज्याचे दिशेन...

गोंय हें देशांतलें एकमेव कोंकणीभाशी राज्य. पूण सगलोच कोंकणीभाशी लोक गोंय राज्यांत आसपाविल्लो ना. देशांत हेर कडेनूय तो आसा. मात व्हड संख्येन तो रावता तो महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी केरळ ह्या राज्यांनी. हो आयचो कोंकणीभाशी लोक म्हणचे आदल्या काळार गोंयांतल्यान भायर गेल्ल्या गोंयकारांचे वंशज. महाराष्ट्रांत वचून राबितो करून राविल्ल्या कुटुंबां मदलीं कांय कुटुंबां थंयचे संस्कृतींत विलीन जालीं; पूण हेरांनी कोंकणी भास, कोंकणी संस्कृताय आनी कोंकणी अस्मिताय सांबाळून दवरल्या. भोव करून कर्नाटक आनी केरळ ह्या दक्षिणी राज्यांनी कोंकणी लोकान हें काम चड जतनायेन केलां.

ह्या समस्त लोकांचें एक राज्य जावप साध्य आशिल्लें

जाल्यार तें खूब बरें जावपाचें. पूण तें लार्गी- लार्गी अशक्य. उत्तरेक मुंबय धरून दक्षिणेक कोची मेरेन कोंकणी समाज शिंपडिल्लो आसा; पूण तो वेगवेगळ्या वाठारांनी. भुगोलीक नदरेन हे सगले वाठार गोंयाक तेंकिल्ले नात. आनी महाराष्ट्रांतले सिंधुदुर्ग, मुंबय, पुणे हे वाठार, कर्नाटकांतले कारवार, कुमठा, कुंदापूर, मंगळूर हे वाठार, तशेंच केरळांतले कोची- अर्नाकुलम, अलेप्पी बी वाठार एकठांय हाडून राज्य निर्माण करात अशें म्हणपाची परिस्थिती ना. मात एक मोख साध्य करूं येता आनी ती म्हणल्यार समस्त कोंकणीभाशी लोकांचें एक सांस्कृतीक राज्य करपाची. ती मोख साध्य करपाचे दिशेन आतां पावलां पडूंक लागल्यांत अशीं चिन्नां दिसूंक लागल्यांत. त्या राज्याक राजकी शिमो आसच्यो नात; ताची बुन्याद आसतली ती क ोंकणी भास, संस्कृ ती आनी अस्मिताय हांची.

मुंबय सावन कोची मेरेन शिंपडिल्ल्या कोंकणीभाशी समाजाची अस्मिताय जागोवपाचो वावर केलो तो कोंकणी भाशेक प्रतिश्ठा मेळोवन दिवन तिची उदरगत करपाचे चळवळीन. हे चळवळीन सुमार शंबर वर्साच्या काळांत कोंकणीभाशी लोकांक जागोवपाचो, लार्गी हाडपाचो, एके माचयेर उबे करपाचो यत्न केलो. आयज चारूय राज्यांतल्या कोंकणी लोकाक एकामेकां विशींची पुराय नासली तरी बरीच वळख घडिल्ली आसा ती ते चळवळीक लागून. आदीं कोंकणी लोकांचे वाठार हे जुंवे आशिल्ले. आयज ते एकामेका पसून पयस आसले तरी जुंवे उरूंक नात. संस्कृतायेन आनी अस्मितायेन तांचें नातें पर्थून जुळोवन दिलां.

हालींसरा हें नातें एक नवें आनी बरें रुप घेवंक लागलां.

थोड्या तेंपा आदीं मंगळूरांत विश्व कोंकणी केंद्राचें भव्य वास्तूचें उद्घाटन जालें. तें गोंय राज्याचे मुख्यमंत्री दिगंबर कामत हांचे हस्तुकीं जालें. म्हजो उगडास चुकना जाल्यार गोंयचो मुख्यमंत्री कर्नाटकांतल्या कोंकणी लोकां मदीं पावपाचो तो पयलोच योग. त्या सुवाळ्या निमतान जीं उलोवपां जालीं, जी चर्चा जाली तातूंतलें मुखेल सुत्र आशिल्लें: 'आमचे पुर्वज गोंयच्यान आयले. आमचे देव गोंयांत आसात, गोंय आमचें मूळपीठ. त्या गोंया कडेन आमकां लागींचें नातें जाय. गोंया पसून पयस आसले तरी गोंय हीच आमची मायभूंय; तिणें आमकांय आपल्यो धुवो आनी पूत म्हूण मानून घेवचें.' मुख्यमंत्र्यांक कर्नाटकातल्या कोंकणी लोकां विशीं अदीक म्हायती मेळ्ळी, तांचे उमाळे-उत्फर्केकळ्ळें. अशा वेळार त्याच उमाळ्याचें पडबिंब खंयच्याय नीज गोंयकाराच्या मना-काळजार पडप हें सबावीक. गोंयच्या मुख्यमंत्र्यांच्या संबंदान तेंच घडलें.

फाटल्या आयताराक मुख्यमंत्री दिगंबर कामत केरळांत कोचीच्या कोंकणी लोकां मदीं पावले. हाचे आदीं गोंयचो मुख्यमंत्री कोची-अर्नाकुलमांत कोंकणी लोकां मदीं पावलो नाशिल्लो. देखून पयसुल्ल्यान कुळारचो मनीस येतकूच खंयचेय बायल मनशेक खोस जावची तशी कुळारच्या मुख्यमंत्र्याक येवकार दितना कोची-अर्नाकुलमाच्या कोंकणी लोकाक जाली. तांणीय तोच उमाळो उक्तायलो: 'गोंय आमचें मूळपीठ. आमची भास, संस्कृताय आमी सांबाळ्ळ्या, आमकां तांचो अभिमान आसा. आमकां गोंयचे कडलें नातें अदीक घट करूंक जाय. अशी कितेंय वेवस्था करात, जे वेवस्थे वरवीं गोंयांतले गोंयकार आनी आमी लागीं येतले, आमचे मदीं सरमिसळ वाडटली.'

आर्दी तेराव्या शेंकड्यांत आनी उपरांत सोळाव्या शेंकड्यांत निर्वासीत म्हूण आयिल्ल्या, गोंयांतलो गांव, घरदार, शेत-भाट सोडून आयिल्ल्या, कश्टांनी थंयचे भुंयेंत पर्थून पांय रोमून उबे राविल्ल्या आनी अजून अस्मितायेन गोंयकार आशिल्ल्या त्या लोकांची मुख्यमंत्र्यांक लक्तुबाय दिसली. आनी तांणीय त्या उमाळ्याक फावो तसोच प्रतिसाद दिलो.

ज्या सुवाळ्या खातीर मुख्यमंत्री गेल्ले तो सुवाळोय अर्थपूर्ण आशिल्लो. कोंकणी भाशा प्रचार सभेन घडोवन हाडिल्ल्या ह्या सुवाळ्याचे दोन वांटे आशिल्ले. एक- एन् एम् सरस्वतीबाय हांचे जल्मशताब्दीचो समारोप आनी दुसरो- थंय चलतात त्या कोंकणी माध्यमाच्या शाळांक 40 वर्सां पूर्ण जातात हाची खोस मनोवप. एन् एस् सरस्वतीबाय ही एन् पुरुषोत्तम मल्ल्या हांची आवय. केरळांतली ती पयली स्त्री-शिक्षिका. त्या प्रदेशाक ही पयली स्त्री-शिक्षिका कोंकणी समाजान दिली. पिरायेच्या 15 वर्सांचेर ती शिकोवंक लागली. उपरांत कर्मठ लोकांनी स्त्री-शिक्षिकेक विरोध केलो. तिका शाळा सोडची पडली. पूण तिणें हार मानून घेतली ना. निशेध म्हूण दर्या वेळेर शाळा सुरू केली. थोड्या तेंपान आदले शाळेक शाणेपण सुचलें आनी तिका आपोवन व्हेली. निवृत्ती मेरेन तिणें अध्यापन केलें. कोची महापालिकेन तिचो भोवमान केला.

कोचींत कोंकणी माध्यमाच्यो शाळा हो मुख्यमंत्र्यांक नवो अणभव आशिल्लो. फाटलीं 40 वर्सां ह्यो शाळा चलतात. केरळ सरकार तांकां अनुदान दिता. गोंयांत सरकारान उजवाडायिल्ल्या पुस्तकांच्याच आदारान भुरग्यांक शिकयतात. हाचे फाटल्यान मायभास तिगोवन दवरपाचो आनी त्याच वांगडा

मायभाशेंतल्यान मुळावें शिक्षण दिवपाच्या सिद्धांताक पाळो दिवपाचोय हावेस आसा. गोंयांत रावन फिर्गीपण चलयतल्यां परस पयस आसले तरी संस्कृताय सांबाळपी कोचीकार कोंकणी लोकगोंयाक चड लार्गी आसात हाची जाणविकाय कोणाकूय जावपाचीच. मुख्यमंत्र्यांकूय ती जाली.

आदल्या काळार गोंय सोडून जे गेले ते गोंयकार दोन तरांचे आशिल्ले. कांय जाण गोंयांत जोडपार्ची साधनां नात म्हूण वा चड दुडू जोडचे म्हूण गोंया भायर आनी देशा भायर गेले. तर कांय जाणांक परकी आगळिकांक लागून, धर्मीक छळणुकेक लागून वा हेर पिडापिडींक लागून गोंय सोडचें पडलें. पयले तरेचे गोंयकार देशाच्या हेर वाठारांनी, आफ्रिकेक, येरोपाक आनी उपरांत ऑस्ट्रेलिया, अमेरिका ह्या देशांनी गेले. तर दुसरे तरेचे लोक भोव करून गोंयचे दक्षिणेक गेले. कांयय जाण- भोव करून- बार्देसकार- गोंयचे उत्तरेक वा घांटार गेले. आगळिकांक वा छळणुकेक लागून दक्षिणेक वचपाचो जांचेर प्रसंग आयलो तांकां गांव, घर-दार, शेत-भाट सोडून वच्चें पडलें. हेर कडेन निर्वासितां भाशेन रावचें पडलें. कश्ट सोंसून नवें जिवीत सुरू करचें पडलें. ते परतून आपणाल्या पांयांर उबे रावलेच; पूण पेट्ट्या इंगळ्यांचेर चलून गेले तरी तांणी भास आनी संस्कृताय सांबाळ्ळी. भारतीय संस्कृतायेंत मुंगरून रावन तांणी कोंकणी अस्मिताय तिगयली. पयली तरा आनी दुसरी तरा हांचे मदलें हें म्हत्वाचें आनी नदरेंत भरपा सारकें अंतर. पयले तरेच्या गोंयकारांनी भास, संस्कृताय, अस्मिताय हें सगलें सोडून दिलें. आयज तांची दुसरी वा तिसरी पिळगी नांवा पुरतीच गोंयकार उरल्या. 'पुर्वज गोंयचे' इतलेंच तांचें गोंया कडेन नातें.

गोंयकारपणाची आनीक कसलीच खुमा ना.

गोंय सरकाराचो एक आयोग आसा. तो ते पयले तरेच्या गोंयकारांची अपुरबाय करपांत धन्यताय मानता आनी भारतीय संस्कृतींत रोमून रावन कोंकणी अस्मितायेची जतनाय करतल्यां कडेन आडनदर करता. धर्मवादी संकुचीतपणांतल्यान तशें घडटा काय कितें हाचो तपास करपा सारको आसा. जांणी गोंयकारपण पुरायपणान सोडलें, वावर आपले खातीर केलो आनी गोंयचो लाब जायत वा गोंयचें नांव वयर सरत अशें कांयच केलें ना तांचे गोंयांत भोवमान जाले! 'भोवमान कित्याक?' ह्या प्रस्नाची जाप केन्नाच मेळ्ळी ना. पूण जांणी कोंकणी अस्मिताय सांबाळून दवरून गोंयाक अभिमान दिसचो अशें कर्तुत्व दाखयलें तांचो उगडास जावप ना हें आयोगाचे मोटवे नदरेचें आनी संकुचीतपणाचें लक्षण. हें कुड्डें धोरण जाता तितले बेगीन बदलपाची गरज आसा.

कोंकणी लोकांचें सांस्कृतीक राज्य जावचें हे भावनेचे दिशेन आयज वारें व्हांवता. गोंय सरकारान सगल्या तरांनी ते प्रक्रियेंत वांटेकार जावन ते भावनेक प्रतिसाद दिवपाची गरज आसा. तशें करपांत गोंय राज्याचो लाब आसा. ही भावना गोंयच्यो भुगोलीकआनी राजकी शिमो हुपून वता. पर्यटन उद्देगाक तिचो लाव मेळूं येता. गुंतवणूक वाडपाक आदार जावं येता आनी गोंयचे सांस्कृतीक उदरगतीक नवे आयाम मेळूं येतात. मूळ गोंयकारांचे जे वंशज आयज अल्पसंख्य म्हूण हेर राज्यांनी रावतात आनी कांय वेळा असमाधानांत दीस सारतात तांकांय धीर मेळून आपणालेच अस्मितायेचें राज्य आपणा फाटल्यान उबें आसा हे भावनेन तांचोय आत्मविस्वास वाडुं येता. कोंकणी

लोकांच्या सांस्कृतीक राज्यांत आपूण अल्पसंख्य ना ही गजाल तांकां संतोशाची. हें अशें घडलें जाल्यार गोंयकारपण फकत गोंय राज्याच्या शिमां भितरूच न्हय तर देशांत हेर वाठारांनीय तिगोवं येता. त्या विशयांत गोंय सरकारान मुजरत फुडाकार घेवचो.

***

प्रमाणीकरणाच्या पर्वांत उदरगतीचें आनीक एक पावल

कोंकणी भाशेच्या प्रमाणीकरणाचें पर्व चालू आसा. ह्या पर्वांत फाल्यां उदरगतीचें आनीक एक पावल पडटा. 50,000 उतरां परस चड उतरांचो आनी 2200 पानां परस चड पानांचो कोंकणी-कोंकणी अभ्यासकोश उजवाडाक येता. हो अभ्यासकोश तयार करून घेतला आनी उजवाडायला राजहंस वितरणाचे प्रभाकर भिडे हांणी. तो रचला दामोदर घाणेकार हांणी आनी तंत्रीक भार उखल्ला सुरेश ज. बोरकार हांणी. तांचे हे कोंकणीचे मोलादीक सेवे खातीर तांकां परबीं दीत तितलीं थोडीं.

16 व्या शेंकड्यांत कृष्णदास शामा हांणी जे कोंकणींत काणयांच्या रुपान महाभारत आनी रामायण सांगलें ती कोंकणी ही 16 व्या शेंकड्यांतली प्रमाण कोंकणी हें डॉ. जुझे पेरैर हांचें मत. आधुनीक कोंकणीच्या प्रमाणीकरणाचें पर्व सुमार 100

वर्सां आर्दी सुरू जालें. शणै गोंयबाबाचें बरोवप हो आरंभ. आज मेरेन सुमार 4 पिळग्यांनी तांची शैली नदरे मुखार दवरून बरयलां आनी तातुंतल्यान आयची प्रमाण कोंकणी घडत गेल्या. विसाव्या शेंकड्याच्या पयल्या कांय दसकांनी कोंकणीक बरोवपी मेळ्ळे ते अभ्यासक आसले. शणै गोंयबाब, ज्योकीं आंतोनियु फेर्नांदीश हांणी कोंकणीचें व्याकरण, नादशास्त्र, कोंकणीचो सबाव ह्या सगल्याचो अभ्यास करून बरयलें. ती शैली फुडल्या पिळग्यांनी उखल्ली. तांकां त्या बरपांत व्याकरण, शुद्धलेखन हांचे नेम मेळ्ळे आनी प्रमाणीकरणाचें मुळावण सबावीक रितीन घालप जालें.

इंग्लिशींत च्यॉसर हो आद्य बरोवपी. ताची रीत उपरांतच्या लेखकांनी उखल्ली आनी ते तरेन प्रमाण इंग्लिश घडत गेली. लार्गी-लार्गी सगल्याच भाशां संबंदान अशें घडलां. कोंकणीक ते परंपरे भायर आनिकूय कांय घडणुकांचो पालव मेळ्ळा.

पयली घडणूक म्हणचे 1939 वर्सा कारवारांत जाल्ली पयली कोंकणी परिशद. ते परिशदेन कोंकणीची त्या काळा वयली दशा मतींत घेवन एके म्हत्वाचे घोशणे वरवीं मार्गदर्शक संदेश दिलो: 'एक भास, एक लिपी, एक साहित्य'. कोंकणी भास उलोवपी लोकांचो सांस्कृतीक एकवट घडोवन हाडचो आनी कोंकणी भाशेच्या प्रमाणीकरणाक पालव मेळचो असो हावेस ते घोशणे फाटल्यान आसलो. त्या तेंपार कोंकणी 5 लिपयांनी बरयताले. ताका लागून कोंकणी लोकांचे 5 जुंवे जाल्ले; एकामेका कडेन संपर्क नाशिल्लो आनी साहित्या विशीं उलयतना कोंकणींतलें साहित्य म्हणचे सुवातेर नागरींतलें साहित्य, रोमींतलें साहित्य, कर्नाटकांतलें साहित्य, केरळांतलें साहित्य अशे वांटे घालून उलोवप

जातालें. म्हालगड्यांनी ते फाटभुंयेर विचार करून आनी फुडारांत पयस मेरेन नदर मारून तो संदेश दिलो. आयज तीन लिपींचो उपेग जाता आनी नागरींतली कोंकणी प्रमाणीकरणाचे दिशेन फुडें सरत आसा. ही त्या म्हालगड्यांची पुण्याय.

दुसरी म्हत्वाची घडणूक म्हणल्यार गोंय मुक्त जातकूच 1962 वर्सा कोंकणी हें मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम जालें. शाळां खातीर पुस्तकां तयार करचीं पडलीं आनी प्रमाणीकरणाची नदर धरून करचीं पडलीं. कोंकणी शिक्षणाचो प्रसार उंचल्या पांवड्यांचेर पावतना व्याकरणांची, कोशांची गरज पडली. शुद्धलेखनाचे नेम करून तांचो प्रसार करचो पडलो. हें काम करपाक कोंकणी भाशा मंडळ, गोवा कोंकणी अकादेमी ह्यो संस्था फुडें सरल्यो. शब्दकोश उजवाडावपाच्या वावरांत राजहंस वितरण हें संस्थेचें म्हत्वाचें योगदान आसा. कोंकणी शिक्षणा खातीर मार्गदर्शक पुस्तकांय ते प्रकाशन संस्थेन उजवाडायलीं. ल्हवू ल्हवू गोंय विश्वविद्यालय आनी हेर अभ्यासक हांचोय आदार मेळत गेलो.

बरोवप्यांनी, संपादकांनी, प्रकाशकांनी व्याकरणी नेम, शुद्धलेखनाचे नेम हांकां पाळो दिवपाचो यत्न करून प्रमाणीकरणाक हातभार लायलो. कांय शिक्षकांचेंय त्या वावरांत योगदान आसा. आयचे घटकेक नागरी लिपींतले कोंकणीचें प्रामाणीकरण लागीं-लागीं पूर्ण जालां. फाटल्या सुमार 100 वर्सांच्या काळांत जाल्ल्या यत्नांक इतलें येस मेळ्ळां.

मात् कांय वांयगणे बुदवंत आसात जांकां प्रमाणीकरण ह्या उतराचो अर्थ कळना वा मुजरत पिशें पांगरून ते फटकिरो प्रचार करतात. प्रमाणीकरण म्हणचे एका अर्थाचें एकूच उतर दवरून हेर उतरां ना करप, एकूच शैली वा बोली सांबाळून दवरून हेर

शैली ना करप अशें ते समजतात आनी ती समजणी हेरां मर्दीय पातळावंक सोदतात. व्याकरणाचे आनी शुद्धलेखनाचे प्रमाण नेम पाळून बरोवप इतलोच प्रमाणीकरणाचो अर्थ हें तांकां कळना. एका अर्थाचीं आसात तितलींय उतरां उरतात आनी तीं वापरूं येतात. दर एक शैली जिती उरूं येता आनी साहित्यांत तिचो उपेगूय जावं येता; थंय प्रमाणीकरणाक बादा येना. उतरांची विविधताय ही भाशेची गिरेस्तकाय; ती सांबाळुनूय प्रमाणीकरण जावं येता.

हे असले वांयगणे बुदवंत प्रमाण भाशेची गरज विसरतात. इंग्लिश भाशेच्यो जायत्यो बोली आसात; पूण शिक्षणांत, वेपार-उद्देगांत, पत्रकारितेंत उपकारायतात ती प्रमाण इंग्लिश. मराठी भाशेच्योय बोली आसात; पूण शिक्षणांत, पत्रकारितेंत, न्यायालयांनी, प्रशासनांत चलता ती प्रमाण मराठी. ही प्रमाण भास कारखान्यांत तयार जायना; ती काळा वांगडा सबावीक रितीन घडून येता. व्याकरणां, शब्दकोश, शुद्धलेखनाचे नेम हीं प्रमाणीकरणाक पालव दिवपी साधनां. तीं तयार करपाचे योग्यतायेचीं मनशां कोंकणीभाशी समाजांत जावन गेल्यांत आनी आजूय आसात हें त्या समाजाचें भाग्य. असलेंच पूण खेरीत म्हत्वाचें आनी खाशेल्या यत्नांतल्यान रचून जाल्लें साधन म्हणचे राजहंस वितरणाचो फाल्यां उजवाडाक येवपाचो आसा तो अभ्यासकोश.

हो अभ्यासकोश म्हणचे कोंकणी-कोंकणी शब्दकोश. आज मेरेन कोंकणीचे जे शब्दकोश उजवाडाक आयल्यात त्या शब्दकोशां परस व्हडलो. ह्या अभ्यासकोशांतलीं पन्नास हजारां परस चड आशिल्लीं उतरां कोंकणी भाशेची तांक दाखयतात. पूण हो फकत

शब्दकोश न्हय. ह्या कोशांत व्याकरण आसा, शुध्दलेखनाचे नेम आसात आनी भाशेच्या अभ्यासाक पालव दिवपी आनिकूय कितलेंशेंच आसा. ते नदरेन ताका अभ्यासकोश हें नांव अदीक बरें सोबता. कोंकणी भाशेचो अभ्यास करूंक सोदतल्याक तें अप्रूप अशें साधन. कोंकणीच्या प्रमाणीकरणाकूय ताचो खूब उपेग जावपा सारको आसा.

म्हालगड्यांनी कोंकणीची उदरगत, प्रमाणीकरण बी मतींत धरून समेस्त कोंकणीभाशी समाजाक संदेश दिल्लो. ते घडणुकेक येता त्या जुलय म्हयन्यांत 70 वर्सां पूर्ण जातलीं. त्या संदेशाची मोख सादपाचे दिशेन आमी मुखार सरल्यात; पूण आमची चलपाची गती मंद आसा. गती तशी मंद उरपाक कांय कारणां आसात. पूण एक मुखेल कारण म्हणचे कांय जाणांची मोटवी नदर आनी भाशेचे उदरगती विशींच्यो कांय चुकीच्यो कल्पना. तांकां दिसता, अमकेच एके लिपींत आपणाली सांस्कृतीक अस्मिताय आसा! तांकां दिसता, भास एका परस चड लिपींनी बरोवप ही तिची गिरेस्तकाय! तांकां दिसता, 'विविधतायेंत एकता' ही म्हणणी लिपींकूय लागू जाता. थोडे भितर सांगचें जाल्यार हे स्थितिप्रिय लोक. तांकां हेर सगल्या गजालीं वांगडा भास लेगीत आसा थंयच उरचीशी दिसता. लिपींक लागून जे प्रस्न उप्रासल्यात ते कितलींशींच वर्सां आमकां पिडत आयल्यात. त्या प्रस्नांक लागून आमच्यो कुणग्यो जाल्यात, भाशेचे उदरगतीक आडखळी येतात, प्रमाणीकरण कठीण जाता हें ते जाणात; पूण ताची तांकां पर्वा ना. मुळांतूच 40-50 लाख आशिल्ल्या कोंकणीभाशी लोकांचे तीन वांटे जावन दर वांट्यांतलो आंकडो अदीक ल्हान जातकूच भास फाटीं पडटा आनी ते तरेन कांय भासो ल्हवू-ल्हवू

मरतात हेंवूय ते जाणात. पूण हे मोटवे नदरेचे लोक आपणाल्या जिवीतकाळा पुरतेंच वा आपणाले पिळगे पुरतेंच येवजितात. ताचे पलतडीं विचार करपाची तांक तांचे कडेन ना.

अदीक वायट गजाल म्हणचे तांकां वेगळी वाट धरपाची आसा आनी तशें तांणी स्पश्ट उलोवन दाखयलां. ती वेगळी वाट आत्मघाताची. आमच्यानी पर्थून पर्थून सांगूं येता; 'वेगळी वाट धरून आत्मघात करून घेवं नाकात. एकवटान मुखार सरपांत शाणेपण आसा; ती वाट सगल्यांच्याच बऱ्याची'. पूण हें आयकून घेवचे नात असो हट्ट तांणी धरलो जाल्यार कोण कितें करतलो?! प्रमाणीकरणाचो मार्ग कांय सोडूंक जावचो ना. तो कोंकणी भाशेच्या हिताचो, तो कोंकणी भास उलोवपी समाजाच्या बऱ्याचो. देखून जाता ते भाशेन त्या वावराची गती वाडोवची पडटली. कोंकणी अभ्यासकोशा सारकें साधन त्या वावरांत खूब उपेगाचें. ताका येवकार दिवंया.

***

इंक्विझिशनाचे परंपरेची शेंपडी अजून वळवळटा

16 व्या शेंकड्यांतल्या गोंयांत पुर्तुगाली राजसत्ता आनी त्या वेळा वयली क्रिस्तांव धर्मसत्ता हांणी संगनमत करून थळाव्या लोकांचेर हावळ हाडली. 1541 वर्सा धर्मांतर, देवळां मोडप, धर्मग्रंथ लासप, मुर्ती फोडप असल्या कर्तुबांक आरंभ जालो. तो सांवार आदीं तिसवाडींत आनी उपरांत साश्ट आनी बार्देस ह्या म्हालांनी जालो. 1560 वर्सा इंक्विझिशनाचें संकश्ट आयलें. ताणें केल्ली पिडापीड चड क्रिस्तांवांक आनी तांचे वांगडा हिंदुंकूय जाली.

फकत धर्मांतर करप इतलोच त्या सगल्या कर्तुबां फाटलो हावेस नाशिल्लो. जे क्रिस्तांव जाल्यात वा जांकां क्रिस्तांव केल्यात तांकां भारतीय संस्कृतायेंतल्यान पुरायेन हुमटावन धर्म, भास, संस्कृताय हांचे नदरेन सामके 'पुर्तुगेज' करप असो व्यापक हावेस

आशिल्लो. त्या हावेसा फाटलें कारण अशें की पुर्तुगाली राजसत्तेक एकनिश्ठ रावतली अशी प्रजा तांकां तयार करपाची आशिल्ली.

सुमार 100 वर्सां कोंकणी भाशेचो अभ्यास, उपेग केले उपरांत युरोपियन धर्मप्रसारकांच्या मागण्यान राजसत्तेन 1684 चो कायदो केलो आनी सगल्या मळांचेर कोंकणीचो उपेग बंद केलो. थळाव्या क्रिस्तांवां संबंदान कोंकणी ना-नपश्चात करून ती सुवात पुर्तुगेज भाशेक दिवपाचो तांचो बेत आनी यत्न आशिल्लो.

त्या कायद्या फाटलो हावेस दोट्टी आशिल्लो. एक, थळाव्या क्रिस्तांवांक पुर्तुगेज भास दिवन तांचो 'उद्धार' करपाचो आशिल्लो. आनी दुसरो, थळावे क्रिस्तांव आनी थळावे हिंदू हांच्या एकवटाचो दुवो तोडून फोडून तांचो एकामेकाकडलो संपर्क ना करपाचो आशिल्लो. नवे क्रिस्तांव आनी हिंदू हे एकामेकापसून पयस उरचे म्हूण इंक्विझिशन वावुरतालेंच. ताणें त्या संबंदान कितलेशेच नेम केल्ले. स. अ. का. प्रियोळकार हांणी तातुंतले सुमार 55 नेम आपणाल्या 'दि गोवा इंक्विझिशन' ह्या ग्रंथांत दिल्यात. कोंकणीचेर घाल्ली बंदी इंक्विझिशनाक जायच आशिल्ली. नव्या क्रिस्तांवांक पुर्तुगेजी बगर कांय कळना आनी हिंदूंक पुर्तुगेज कळना अशी परिस्थिती उप्रासतकूच दोनूय समाज एकामेकापसून पयस उरपाक पालव मेळटलो अशें इंक्विझिशनाचें धोरण आसलें.

हाचेर बेस बरो उजवाड घाला पुर्तुगेज सरकाराचे गोंयांतले मुखेल अधिकारी, इतिहासकार आशिल्ले ज्योकीं एलियोदोर द कुन्य रिव्हार हांणी. 1858 वर्सा उजवाडा हाडिल्ल्या 'कोंकणी भाशे विशीं इतिहासीक निबंद' ह्या सुमार 100 पानांच्या दीर्घ निबंदांत तांणी एका इंक्विझिटराचें पत्र दिलां. गोंयांत 18 वर्सां

इंक्विझिटर म्हूण काम केल्ल्या त्या इंक्विझिटरान 1731 वर्सा तें पत्र राजाक बरयल्लें. पत्र व्हड आसा; ताचो आपरोस असो:

1684 वर्साच्या कायद्याक कडक रितीन पाळो दिलो ना हे खातीर सगली वाट लागल्या. नव्या क्रिस्तांवांक फकत पुर्तुगेज भास कळटा अशें घडिल्लें जाल्यार भट, गुरव तांचे सरीं पावचे नाशिल्ले. दोगांकूय थळावी भास कळटा म्हण्टकूच भट, गुरव असले पुजारी वा तांचे मनीस नव्या क्रिस्तांवांक मेळून तांचे कडेन उलयतात आनी ते जी शिकवण दितात तिका नवे क्रिस्तांव बळी पडटात. (कुन्य रिव्हार हांच्या निबंदाचो इंग्लिश अणकार स. अ. का. प्रियोळकार हांच्या 'दि प्रिंटिंग प्रेस इन इंडिया' ह्या ग्रंथांत छापला. हालींच व्ही एम साळगांवकार प्रतिष्ठानान ताचें वेगळें पुस्तक उजवाडायलां.)

पुर्तुगाली राजसत्तेक, धर्मसत्तेक आनी इंक्विझिशनाक सगल्याच गोंयकारांचें धर्मांतर जाल्लें जाय आशिल्लें. पूण तें घडूंक पावलें ना तेन्ना हिंदू आनी क्रिस्तांव हे दोनूय समाज वेगळे उरचे, तांणी एकामेका पसून पयस रावचें आनी तांचो एकामेका कडेन संबंद उरचो न्हय हें वेगळेचाराचें धोरण तांणी आपणायलें. तें धोरण पुर्तुगाली वसाहतवाद्यांनी गोंय मुक्त जावपाच्या दिसा मेरेन पाळ्ळें.

कायद्यान इंक्विझिशन 1812 वर्सा बंद जालें. पूण पुर्तुगाली राजसत्तेन वेगळेचाराचें धोरण फाटीं पडूंक दिलें ना. इंक्विझिशन बंद जालें तेन्ना ताचे ते वेगळेचाराचे परंपरेच्या सोरपाची शेश्टी धाडावली; पूण शेंपडी वळवळत उरली. 19 डिसेंबर 1961 दिसा गोंय मुक्त जालें त्या दिसा शेंपडेचें तें वळवळप बंद जावंक जाय आशिल्लें आनी वेगळेचाराचें धोरण सोडून सांस्कृतीक

एकचाराचें पर्व सुरू जावंक जाय आशिल्लें. तशें तें कांय मळांचेर सुरू जालेंय बी. पूण वेगळेचाराचे परंपरेचे अवशेष पुरायेन ना जावंक नात. ते केन्ना केन्नाय तकली वयर काडटात. आयचो रोमीवाद ही ताची एक देख.

रोमीवाद म्हणचे कितें हें सारकें बरें समजून घेवंक जाय. कोंकणी भास रोमी लिपींत बरोवपाक 16 व्या शेंकड्यांत आरंभ केलो तो युरोपियन धर्मप्रसारकांनी. तांणी आपणाक सोपें जावपाक तशें केलें. गोंयकारांची रोमी लिपीची परंपरा सुरू जाली ती 1889 वर्सा, एदुआर्द ब्रूनु द सौझ हांणी 'उदेन्तेचें साळक' हें नेमाळें सुरू केलें तेन्ना. त्या दिसा मेरेन गोंयकारान रोमी लिपींत बरयल्लें कांयच मेळूंक ना. भारतीय संस्कृताये पसून जांकां पुर्तुगाली राजसत्तेन आनी इंक्विझिशनान पयस व्हेल्ले त्या गोंयकार क्रिस्तांवां मर्दीं कोंकणी भास रोमी लिपींत बरोवपाची परंपरा थंयसून सुरू जाली.

1962 वर्सा गोंयांत कोंकणी हें मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम जालें.

1990 वर्सा डायोसिझन सोसायटीन एक बरो निर्णय घेतलो. सोसायटीच्या मुळाव्या शाळांनी माध्यम म्हूण कोंकणी आपणायली. फाटलीं सुमार 35-40 वर्सां क्रिस्तांव समाजांतलीं कितलींशींच भुरगीं कोंकणी माध्यमांतल्यान मुळावें शिक्षण घेतात; उपरांत कोंकणी एक विशय म्हूण शिकतात. खूबश्या जाणांनी एम. ए. कोंकणींतल्यान केल्या. तांचे मर्दीं कांय जाणां लेखक-कवी म्हूण फुडें सरल्यांत, कांय जाणां हायस्कुलांनी शिक्षक-शिक्षिका म्हूण वावुरतात; तर कांय जाण महाविद्यालयाच्या पांवड्यार कोंकणी शिकयतात. ह्या सुमार दोन पिळग्यांक नागरी

लिपी बरी कळटा आनी कोंकणी पासत रोमी लिपी वापरपाची गरज पडना.

पूण आदल्या पिळग्यांक नागरी लिपी कळना वा कळ्ळी तरी तिची संवकळ ना. त्या पिळग्यांचे लोक रोमी लिपींत बरयतात, पुस्तकां आनी नेमाळीं छापतात आनी तीं उजवाडायतात. तातूंत तांची कसलीच चूक ना वा दोश ना. ते रोमी वापरतात; पूण रोमीवादी न्हय. रोमीचो हो असो उपेग जाता ताका कोणाचोच विरोध ना. रोमी लिपीची धर्मीक, साहित्यीक, कलेच्या वा पत्रकारितेच्या मळार गरज आसा ते मेरेन ती चालू उरची हाकाय कोणाचोच विरोध ना. रोमी लिपींत बरोवपी निमणो लेखक-कवी वा तियात्रिस्त आसतलो ताकाय प्रोत्साहन मेळचें हे विशींय वाद ना. कसलीय परंपरा रातयांत बदलना; बदल घडून येवपाकूय वेळ लागता.

पूण विरोध आसा, आनी कडक विरोध आसा, तो राजभास कायदो बदलून तातूंत रोमी लिपीचो आसपाव करपाक. रोमी लिपींत बरोवपी सगलेच त्या मताचे नात. थोड्याच धर्मवादी आनी जातवादी मनशांनी हट्ट धरला की राजभास कायद्यांत कोंकणीच्या दोन लिपींचो आसपाव करचो आनी सासणाच्यो दोन चुली मांडच्यो; वेगळोचार सासणाचो सांबाळून दवरचो. वेगळेचाराची इंक्विझिशनाची परंपरा ते आयज स्वराज्यांतूय फुडें चलोवंक सोदतात. रोमीवादी ते हे.

ह्या वेगळेचारवादी रोमीवाद्यांची मानसिकता समजून घेवप कठीण न्हय. पुर्तुगाली राजसत्तेचे आनी इंक्विझिशनाचे मानसिकतेपरस ती वेगळी न्हय. तांकां गोंयकार हिंदू आनी गोंयकार क्रिस्तांव सांस्कृतीक नदरेन एकठांय आयिल्ले नाकात. दोनूय

समाजांतल्या वाचप्यांनी दोनूय समाजांतल्या बरोवप्यांचें साहित्य वाचचें अशें तांकां दिसना. आपापणालो धर्म सांबाळून कला, साहित्य, संस्कृताय ह्या मळांचेर दोनूय समाजांतल्या मनशांनी एकवटान वावुरचें हो विचार तांकां सोंसना. इंक्विझिशनाक जाय आशिल्लें ते भाशेन दोन समाज म्हणचे 'वॉटरटायट कम्पार्टमेण्ट्स' जावचे ही तांची वान्सा.

ह्या वेगळेचारवादी मनशांचे तकलेंत आनीक एक पिसाय आसा. ती गजाल उक्तेपणीं सांगपाक वा स्पश्टपणान मांडपाक ते लजतात वा भियेतात. ती पिसाय म्हणचे, रोमी लिपी ही गोंयकार क्रिस्तांवांची अस्मिताय (आयडेंटिटी) अशें ते समजतात! गोंयकार क्रिस्तांव समाज पुर्तुगालच्यान येवंक ना हें ते विसरतात. पुर्तुगेज आयले 1510 वर्सा. तेन्ना आयच्या क्रिस्तांवांचे पुर्वज हिंदू आशिल्ले. तांकां संस्कृताय नाशिल्ली? तांकां अस्मिताय नाशिल्ली? ती पुर्तुगेजांनी दिली? काय युरोपियन धर्मप्रसारकांनी दिली? ह्या प्रस्नांच्यो जापो ते सोदिनात. पुर्तुगाली सत्तेन आनी इंक्विझिशनान जें केल्लें ताचो प्रभाव तांचे मानसिकतेचेर आसा आनी ते तो सासणाचो काळजांत दवरून रावंक सोदतात. तेच खातीर ते भारतीय संस्कृतायेंत पुरायेन समरस जावपाच्या वावरांत आडखळी हाडटात.

आनिकूय एक प्रभाव तांचे मानसिकतेचेर आसा. त्रिश्तांव ब्रांगास कुन्य हांणी ज्या देशभश्टेपणाचेर (denationalisation) उजवाड घाल्लो त्या देशभश्टेपणाचे अवशेष तांच्या विचारांनी आसात. तेच खातीर कोंकणी हे भारतीय भाशेक भारतीय लिपी आसतना परदेशी लिपी आपणावची; इतलेंच न्हय, तर कायद्यांत तिका सुवात दिवन ती सासणाची कोंकणी भाशेक दसोवन दवरची

असो हट्ट ते धरतात. भारतियत्वा पसून पयस रावपाचो जाता तितलो यत्न करचो असो तांचो हावेस. तांकां कृष्णदास शामा ह्या आद्य कोंकणी साहित्यकाराची परंपरा नाका. परंपरा जाय ती परदेशी धर्मप्रसारकांची! कोणा एका जेज्वीत पाद्रीक दिसता, ती 16 व्या शेंकड्यांतल्या युरोपियन जेज्वीत पाद्रींची परंपरा म्हूण सांबाळची; तर कांय धर्मवाद्यांनी समजणी करून घेतल्या की रोमन लिपी ही रोमन कॅथलीक धर्माची 'आयडेंटिटी'! कांय जातवादी नागरी लिपीक बामण जातीचें लेबल लावंक सोदतात!

गोंयांत आयज कितें घडटा? साप्प थोडे क्रिस्तांव नागरींतलें वाचतात आनी नागरींत बरयतात. खूब थोडे हिंदू रोमींतलें वाचतात आनी रोमींत बरयतात. कांय क्रिस्तांव रोमी वापरतात आनी हिंदू नागरी वापरतात. हाका लागून एक भास; पूण दोन साहित्यां अशी दशा जाल्या. चडश्या जाणांक एकामेकाच्या साहित्याची वळख नासता. हें सासणाचें अशेंच दवरतले? हें कोंकणी भाशेचे उदरगतीक बरें? हें गोंयकारांच्या एकवटाक बरें? एकाच घरांत दोन बिराडां करून रावतात त्या भावांमदीं बरेपण कितलें? मनांचें नातें कितलें? पूण रोमीवाद्यांक हे प्रस्न विचारून कांय उपेग ना. तांकां नातें तोडपाचें आसा. इंक्विझिशनाचो नश्टो वावर अर्दार उरलो; तो पूर्ण करपाची वान्सा तांकां जाल्या.

कोंकणी भास आनी कोंकणीभाशी समाज हांचे आयचे दशेचो विचार केल्यार अंतरां ना करून लागीं येवप, एकठांय बसून साहित्याचो, कलेचो आस्वाद घेवप, भेद ना करून एका मार्गार हातांत हात घालून चलप हें धोरण समेस्त कोंकणी लोकांचें आसूंक जाय. पूण रोमी लिपी विशीं नस्तो हट्ट धरपी रोमीवाद्यांक गोंयकार क्रिस्तांव हे 'वेगळे' अशें दाखोवन वेगळेचाराची परंपरा

फुडें चलोवपाची आसा. सरभोंवतणी मूलतत्ववाद्यांचीं आकांतवादी कर्तुबां वाडत आसतना आनी देशांत इगर्जांचेर, क्रिस्तांव कुटुंबांचेर हल्ले जायत आसतना 'आमी वेगळे' म्हूण दाखोवपाचो हो हट्ट म्हणचे शिमेभायली पिसाय.

इंक्विझिशन मेलां आसत; इंक्विझिशनाची परंपरा अजून मरूंक ना. रोमीवादाचें चेपें घालून जो धर्मवाद आनी जातवाद बोवाळटा तो हेंच सांगता; इंक्विझिशनाची शेश्टी धाडायली तरी ताचे वेगळेचाराचे परंपरेची शेंपडी आजूय वळवळटा!

***

गोंय सरकार उरलां
कोंकणी भाशा मंडळाच्या उपकारांत

कोंकणी भाशा मंडळ हे संस्थेचो गोंय सरकारान खेरीत भाशेन भोवमान करूंक फावता. घडये, कोंकणी भाशा मंडळान केल्लो एक म्हत्वाचो वावर देशांतले हेर खंयचेच संस्थेन केला आसत अशें दिसना. जी जापसालदारकी गोंय सरकाराची आसली ती सरकारान टाळ्ळी. तेन्ना कोंकणी भाशा मंडळान फुडें सरून ती जापसालदारकी आपल्या भुजांर घेतली आनी भोव बरे रितीन वावर केलो. दुसऱ्या उतरांनी सांगचें जाल्यार, गोंय सरकार त्या वावरा संबंदान कोंकणी भाशा मंडळाच्या उपकारांत उरलां.

गोंय सरकार आनी तें कोंकणी भाशा मंडळाच्या उपकारांत उरलां अशें म्हणप हें आज कांय जाणांक अतितायेचें दिसुं येता. पूण सुमार 45 वर्सां फाटलो इतिहास जांणी अणभवला आनी भोव करून जांकां तेन्नाचे कोंकणी चळवळीची वळख आसा

तांकां म्हज्या त्या उतरांनी इल्लीय अतिताय दिसची ना. घडलें तें अशें-

गोंय परक्यांच्या चपक्यांतलें मेकळें जातकूच 1962 वर्सा केंद्र सरकारान शिक्षणतज्ञांची एक समिती गोंयांत धाडली. ते समितीन गोंयांतले शिक्षणीक परिस्थितीचो अभ्यास करून कांय शिफारशी केल्यो. एक शिफारस आशिल्लीः पुर्तुगेज राजवट सरकारी मुळाव्या शाळांनी पुर्तुगेज भाशेच्या माध्यमांतल्यान शिक्षण दिताली. तें शिक्षणीक सिद्धान्ताचे आड आसलें. गोंयांत लोकभास कोंकणी. देखून कोंकणी भाशेच्या माध्यमांतल्यान मुळावें शिक्षण दिवपाची मांडणी जावची. केंद्र सरकारान ती मानून घेतली आनी कोंकणी भाशेच्या इतिहासांत पयलेच खेपे ती मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम जाली. (आज कांय गोंयकार पुर्तुगेज राजवटकेचें तें धोरण फुडें चलोवंक सोदतात. वसणुकवादी पुर्तुगेजांक कोंकणी कस्पटा समान दिसली तशीच ती ह्या गोंयकारांकूय दिसता. इतलेंच की आयच्या काळांत पुर्तुगेजी परस इंग्लिश भास अदीक म्हत्वाची आशिल्ल्यान तांणी ती सुवात इंग्लिशीक दिल्या. ही आडकथा जाली. आसूं!)


केंद्र सरकाराच्या त्या निर्णया प्रमाण कोंकणी माध्यमाच्यो कांय शाळा सुरू जाल्यो. 1963 वर्सा पयली वेंचणूक जावन लोकांचें सरकार सत्तेर आयलें. मुळाव्या शिक्षणा विशींचो तो निर्णय फुडें व्हरप, पुस्तकां तयार करप, शिक्षकांक फावो तें प्रशिक्षण दिवप हें आनी त्या शाळांच्यो हेर गरजो भागोवप हें गोंयांतल्या सरकाराचें कर्तव्य आसलें. ती ताची जापसालदारकी आसली. पूण तेन्नाच्या सरकारान ते लागणुकेक पाळो दिलो ना आनी जापसालदारकीय मानून घेतली ना. वयल्यान कोंकणी

विशीं खर ॲलर्जी जाल्ले भाशेन तें सरकार वागलें. मुळावें शिक्षण मायभाशेंतल्यान जावचें हो सिद्धान्त मानपी पालक आपणाल्या भुरग्यांक कोंकणी माध्यमाच्या शाळांनी धाडपाक सोदताले. पूण एक अडचण तांकां आडायताली. क्रमीक पुस्तकां नासलीं. आनी पुस्तकां बगर भुरगीं कशीं शिकतलीं! कांय पालक फाटीं सरले. त्या काळांत सुरेश बोरकारा सारक्या शिक्षकान सांखळे हातान बरोवन काडिल्लीं पुस्तकां वापरून विद्यार्थ्यांक शिकयले. सरकारा कडेन पुस्तकां खातीर पर्थून-पर्थून मागणी जाली; पूण तें सगलें उमथ्या कळशार उदक थारलें!

अखेरेक कोंकणी भाशा मंडळ फुडें सरलें. ताणें एक समिती घडली आनी ते समितीन सरकारी अभ्यासक्रमा प्रमाण पुस्तकां तयार केलीं. रीण काडून तीं पुस्तकां उजवाडा हाडलीं. त्या पुस्तकांक मान्यताय दिवन तीं क्रमीक पुस्तकां म्हूण लावपा बगर शिक्षण खात्याक दुसरो उपाय नासलो. उपरांत खूब वर्सांनी सरकारी संस्थांनी क्रमीक पुस्तकां तयार केलीं आनी तेन्ना मंडळान उजवाडा हाडिल्ल्या पुस्तकांचो उपेग थांबलो. कोंकणी माध्यमांतल्यान मुळाव्या शिक्षणाचें मुळावण घालपाच्या वावरांतलें कोंकणी भाशा मंडळाचें हें म्हत्वाचें योगदान. त्या वेळा वयल्या सरकारी कारभारांतलें उणेपण भरून काडपाचें हें काम. ह्या कामान गोंय सरकाराक मंडळान सदांच उपकारांत दवरलां. काल मेरेनचीं सरकारां तें मानून घेवंक चुकल्यांत जाल्यार आयच्या सरकारान तरी मंडळाच्या त्या म्हत्वाच्या वावराची फावो तशी दखल घेवंक जाय. मुळावें शिक्षण हें मायभाशेंतल्यान दिवचें हो सिद्धान्त पर्रीकार सरकारान स्पश्ट उतरांनी मानून घेतला आनी ताचो आसपाव आपणाल्या धोरणांत केला. कोंकणी भाशा मंडळ फाटलीं

50 वर्सां तोच सिद्धान्त उखलून धरीत आयलां, तेच दिशेन वावर करीत आयलां.

सुमार 32 वर्सां आदीं मंडळान पूर्व प्राथमीक आनी प्राथमीक शाळा सुरू केली. ते शाळेंतले कितलेशेच विद्यार्थी फुडें शिक्षणांत पर्जळ्ळे. पूण स्रय मंडळाक मेळ्ळें ना. त्या विद्यार्थ्यांचें मुळावें शिक्षण कोंकणी माध्यमांतल्यान जालां हेंवूय खूब जाणांक कळूंक पावलें ना. तेन्ना मंडळांत असो विचार जालो की मंडळान हायस्कूल सुरू करचें आनी शालान्त परिक्षेच्या निकालांतल्यान कोंकणींतल्या मुळाव्या शिक्षणाची तांक दाखोवन दिवची. पांचवी धरून फुडलें शिक्षण कोंकणी माध्यमांतूच आसचें असो विचार नासलो. हेरशीं, तें योग्य आसलें तरी आमच्या देशांत उंचलें शिक्षण इंग्लिश माध्यमांतल्यान चलता. देखून विद्यार्थ्यांची अडचण जावची न्हय म्हूण माध्यमीक पावंड्यार माध्यम इंग्लिश आसचें असोच विचार आसलो. तो विचार अंदूं फळाक आयला आनी फाटल्या जून म्हयन्या सावन मंडळाचें माध्यमीक विद्यालय सुरू जालां. कोंकणी अस्मितायेची बुन्याद घट करचे खातीर मंडळाचें फुडाराक एक महाविद्यालयूय आसचें हो विचार आतांच सुरू जावंयेता. पर्रीकार सरकाराच्या धोरणाक लागून गोंयच्या कांय वाठारांनी अस्सल कोंकणी शाळा सुरू जाल्यात. दर वर्सा तांचो आंकडो वाडत वतलो अशीं लक्षणां दिसतात. देखून नकली कोंकणी शाळा बंद जाल्यात हे विशीं खंती जावचे सुवातेर फुडारांतल्या उजवाडा कडेन आत्मविस्वासान पळोवपाची गरज आसा. कोंकणी माध्यमाच्या मुळाव्या शाळांतल्यान जे विद्यार्थी भायर सरतले तांकां गोंयकारपणाचो, आपले संस्कृतायेचो आनी अस्मितायेचो मान राखपी माध्यमीक विद्यालयां, महाविद्यालयां आनी



विश्वविद्यालयां जायशीं दिसप हें सबावीक. त्या विशयांत मुखेल जापसालदारकी गोंय सरकाराची आसा हें खरें आसलें तरी स्वाभिमान आनी आत्मसन्मान हांचे बुन्यादीचेर उबें आशिल्ल्या कोंकणी भाशा मंडळान आपलो वांटो उखलपाची तयारी दवरचीच पडटली.

मंडळाची भांगरा उत्सवी कार्यावळ फाल्यां सुरू जाता. मुक्त गोंय आनी मंडळ हांची पिराय लागीं-लागीं एकूच. फाटल्या 50 वर्सांच्या काळांत गोंयान जशे बरे-वायट अणभव घेतल्यात तशेच अणभव मंडळाच्याय वांट्याक आयल्यात. पूण मंडळ निर्शेनासतना फुडें सरत रावलां. वेगवेगळ्या मळांचेर वावर करीत आयलां. ह्या लेखाचो आरंभाचो वांटो वाचतकूच कोणाकूय दिसुंयेता, मंडळाचें योगदान फकत शिक्षणाच्याच मळार आसा. तें योगदान म्हत्वाचें आसाच, पूण कला, साहित्य, संस्कृती ह्या आनी हेर मळांचेरूय मंडळान केल्ल्या वावराचो खूब बरो परिणाम जाला. सुमार 35 वर्सां फाटली खबर. कला अकादमी कोंकणी नाटक स्पर्धा जाहीर करताली. उण्यांत उण्या पांच पंगडांनी वांटो घेवंक जाय अशी अट आसली. तितले पंगड फुडें सरनासले आनी स्पर्धा घडून येवंक पावनासली. कांय वर्सां अशीं व्यर्थ गेलीं. मागीर मंडळान नाटक-संस्थांच्या प्रतिनिधींक एकठांय हाडून विचार-अभ्यास केलो, तांच्यो अडचणी समजून घेतल्यो. तांचेर उपाय म्हूण मंडळान नाटकांच्यो संहिता मेळोवन दिवपाची आनी थोडो दुडवांचो पालव दिवपाची मांडणी केली. स्पर्धा जावंक लागली. स्पर्धेंतल्या नाटकांचो आंकडो ल्हवू ल्हवू वाडत गेलो. स्पर्धेंतल्यान आधुनीक कोंकणी रंगभुंयेचें दर्शन घडूंक लागलें. तातूंतल्यान स्फूर्त घेवन उत्सवी रंगमाची फुडें सरली. तिणें कोंकणी

नाटक गांवागांवांत पावयलां. तिकेटींनी नाटकाचो खेळ करपाचो आरंभ जाला. ताका लागून वेवसायीक कोंकणी रंगभुंयेचो काळ लागीं पावला अशी आस्त धरुं येता. ही गोंयांतल्या सांस्कृतीक मळा वयली क्रांती. हे क्रांतीचीं बिंयां जांणी जांणी किल्लूंक घालीं तांचे मर्दी कोंकणी भाशा मंडळ हें म्हत्वाचो घटक जावन आसा.

युवा महोत्सव, शणै गोंयबाब कथामाळ, साहित्याचें आस्वादन ह्यो मंडळाच्यो कांय म्हत्वाच्यो कार्यावळी. त्यो चालू दवरुनूय कोंकणी चळवळी फाटलीं उदात्त तत्वां गोंयच्या सगल्या वाठारांनी पावोवपाची जापसालदारकी कोंकणी भाशा मंडळाचेर आसा. 50 वर्सांचो काळ नदरे मुखार दवरल्यार ह्या वावराची गती मात्शी मंद आसा; ती वाडोवपाची गरज आसा. मंडळ ही चळवळींतल्यान जल्माक आयिल्ली संस्था ताची चळवळी कडली नाळ तुटूंक फावना. मंडळाच्या वांगड्यांनी आज अभिमानान सांगुं येता, चळवळ चालू दवरुनूय रचनात्मक वावर करपाची परंपरा मंडळान आपणायल्या आनी आयचे घटकेकूय ते परंपरेंत खंड पडूंक ना. पूण हें सांगतनाच, हाचे फुडें 'वेव्हारा'ची तकली वयर सरून ते परंपरेक बादा येवची ना हाची खात्री करपाक शिटूक रावचें पडटलें.

खंयचेय भौशीक संस्थेचो फुडार ते संस्थेच्या कारभाऱ्यांचे चलणुकेचेर निंबून आसता. मंडळाचे आयचे आनी फायचे कारभारी जशे चिंततले आनी वागतले तसो मंडळाचो फुडार थारतलो. कारभाऱ्यांनी वास्तव सारकें समजून घेतलें जाल्यार आंखणी सारकी जातली आनी आंखणी सारकी जाली जाल्यार मंडळाचे हावेस साध्य जावंक पावतले. पूण वास्तवा परस कल्पनेक अदीक

म्हत्व दिलें आनी स्वप्नरंजनांत घुस्पून पडले जाल्यार आंखणी चुकतली आनी आंखणी चुकली जाल्यार हावेस फकत कागदार उरतले. काळ बदलता तशी परिस्थिती बदलता. हो बदल कांय सोपेपणां घेवन येता तर कांय नवीं आव्हानां मुखार उबीं करता. त्या आव्हानांक फुडो करून येस जोडप हातूंत संस्थेची व्हडवीक आसा. मंडळाची उबारी देंवंक फावना; ती चडटी उरूंक जाय.

20-25 वर्सां फाटलें चित्र नदरे मुखार हाडल्यार आयचें वातावरण कितलेंशेंच बरें आसा. विरोध अस्तमला आनी उवेखणी उणी जायत आसा. एक घटक कोंकणी अस्मितायेंतलीं आपलीं पाळां-मुळां हुमटावंक वावुरता ही खंतीची गजाल; पूण दुसरो घटक आपले अस्मिताये विशीं दिशीं-दिशीं जागृत जायत आसा. ह्या जागृत घटका मदीं स्वाभिमानाची आनी आत्मसन्मानाची भावना घटमूट जातली तेन्ना कोंकणी भास आनी कोंकणी संस्कृताय हांचे विशींच्या हुस्क्याक कोणाच्याच मनांत सुवात उरची ना. तो दीस लागीं हाडचे पासत वावर करीत रावपाची जापसालदारकी कोंकणी भाशा मंडळाचेर आनी तसलोच हावेस बाळ्गुपी संस्थांचेर आसा.

***

सरकारी सांस्कृतीक संस्थांच्या सुसुत्रीकरणाची गरज

गोवा कोंकणी अकादेमी प्रशासकी नदरेन कला आनी संस्कृती खात्या खाला हाडची अशी मागणी करपी थारावणी अकादेमीच्या साबार मंडळान हालींच केल्या. ही थारावणी योग्य आसा; सरकारान ती मानून घेवची आनी हें सुदरप बेगिनूच करचें.

गोंय सरकाराच्यो सांस्कृतीक मळार वावुरपी चार संस्था आसातः कला अकादमी, इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा, गोवा कोंकणी अकादेमी आनी तियात्र अकादमी, गोवा. ह्या चार संस्थां मदल्यो तीन संस्था प्रशासकी नदरेन कला आनी संस्कृती खात्या खाला आसात. फकत गोवा कोंकणी अकादेमी राजभास निदेशालया खाला आसा. हाचो अर्थ तें तें खातें संस्था चलयता अशें न्हय. दर एके संस्थेक तिची नेमावळ आसा आनी आपणाल्यो येवजण्यो चालीक लावपाचो अधिकार वा 'ऑटॉनॉमी' तिका

आसा. पूण दर एक सरकारी संस्था फावो त्या प्रशासकी खात्या वरवीं सरकाराक बांदिल्ली आसा आनी त्या खात्या वरवीं ती सरकारा कडले वेव्हार करता. हेंच महामंडळांकूय लागू जाता. देखून कदंब परिवहन महामंडळ येरादारी खात्या खाला येता, पर्यटन विकास महामंडळ पर्यटन खात्या खाला येता.

कला अकादमी, इन्स्टिटयूट मिनेझिस ब्रागांझा आनी तियात्र अकादमी ह्यो सरकारी संस्था सांस्कृतीक मळार वावुरपाक घडिल्ल्यो आसात. देखून त्यो कला आनी संस्कृती खात्या खाला आसप हें सबावीक. खरें म्हळ्यार, गोवा कोंकणी अकादेमी ही तेच तरेची संस्था; देखून तिवूय कला आनी संस्कृती खात्या खाला आसपाची. पूण सरकारांत कांय वेळा अर्दकुटो विचार जाता आनी जें सबावीक वा योग्य तें घडना. असल्याच अर्दकुट्या विचाराक लागून गोवा कोंकणी अकादेमी राजभास निदेशालया खाला पावल्या. हें सुदारपाची गरज आसा.

गोवा कोंकणी अकादेमी घडली 1986 वर्सा. तेन्ना राजभास कायदो जावंक नाशिल्लो आनी राजभास निदेशालय वा राजभास 'सॅल' नाशिल्लें. कला आनी संस्कृती अशें खातेंय नाशिल्लें. आशिल्लें तें क्रिडा आनी संस्कृती खातें. गोवा कोंकणी अकादेमी घडली ती शिक्षण खात्या खाला. शिक्षण खातें हें अकादेमीचें प्रशासकी खातें आशिल्लें. सुमार 14-15 वर्सां ही वेवस्था उरली. आनी मनोहर पर्रीकार मुख्यमंत्री आशिल्ले त्या काळांत अकादेमी राजभास निदेशालया खाला पावली. तें वायट हेतून घडलें अशें न्हय. घडये पर्रीकार सरकारान अशें चिंतलें की अकादेमी कोंकणी खातीर आसा आनी कोंकणी ही राजभास; देखून राजभास निदेशालय हें अकादेमीचें प्रशासकी खातें करचें.

पूण हें चिंतप चुकलें. गोवा कोंकणी अकादेमीचो हावेस आनी राजभास निदेशालयाचो वावर समान न्हय हें सरकारान मतींत घेतलें ना.

कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृती हांचो सांबाळ करप, तांची उदरगत करप आनी प्रसार करप हो गोवा कोंकणी अकादेमीचो हावेस; जाल्यार कोंकणीचो राजभास म्हूण उपेग करचे पासत जें जें गरजेचें तें तें करप हो राजभास निदेशालयाचो वावर. अकादेमीचें कार्य सांस्कृतीक; तर निदेशालयाचो वावर राजभास म्हूण वापरपाक कोंकणींत साधनां तयार करपाचो, प्रशिक्षण दिवपाचो - म्हणचे प्रशासकी. देखून एक सांस्कृतीक संस्था राजभास निदेशालया खाला हाडप हें सबावीक अशें जालेंना. सरकाराचें कला आनी संस्कृती खातें तेन्ना आशिल्लें. तें खातें अकादेमीचें प्रशासकी खातें जावंक जाय आसलें.

गोवा कोंकणी अकादेमी राजभास निदेशालया खाला हाडपाचें आनीक कितेंय कारण आशिल्लें जाल्यार हांव नेणां. तशें केल्ल्यान अकादेमीचो लाब जालो जाल्यारूय म्हाका खबर ना. पूण लाब जालो अशें धरल्यारूय एके सांस्कृतीक संस्थेक तें फावो तशें प्रशासकी खातें नाशिल्लें. तेन्ना तीन सरकारी संस्था आशिल्ल्यो (तियात्र अकादमी उपरांत घडल्या.) दोन संस्था कला आनी संस्कृती खात्या खाला आसतना कोंकणी अकादेमी विशीं वेगळोचार करपाची गरज नाशिल्ली. म्हजी याद सारकी आसत जाल्यार, तेन्ना कला आनी संस्कृती खातें दिगंबर कामत हांचे कडेन आशिल्लें. आनी राजभास खातें खासा पर्रीकार हांचे कडेन आशिल्लें. घडये कोंकणी अकादेमी आपणाल्या खात्या खाला उरची अशें येवजून ती राजभास निदेशालया खाला हाडली आसुंये.

हांगाय हेतू वायट आशिल्लो अशें म्हणूंक जावचें ना. पूण तें सबावीक वा सरकारां आपणायतात ते रिती प्रमाण घडलें ना हें खरें.

महाराष्ट्रांत राजभास निदेशालय आसा आनी साहित्य-संस्कृती मंडळ आसा. पूण मंडळ ही सांस्कृतीक संस्था राजभास निदेशालया खाला ना. कर्नाटकांतूय तशेच तरेची वेवस्था आसा. केंद्रांत साहित्य अकादेमी, संगीत नाटक अकादेमी आनी ललित कला अकादेमी ह्यो संस्था मानव संसाधन मंत्रालया खाला येतात; हिंदी निदेशालया खाला न्हय.

गोवा कोंकणी अकादेमीची थारावणी मानून घेवचे पासत एका मंत्र्या कडली संस्था दुसऱ्या मंत्र्या कडेन दिवची पडटा अशीय परिस्थिती ना. दोनूय खातीं एकाच मंत्र्या कडेन - मुख्यमंत्र्या कडेन आसात. मंत्री एकूच जाल्यार बदल कित्याक जाय असो प्रस्न उप्रासता. ताची जाप अशी : मंत्री सगल्यांत उंचल्या पांवड्यार आसलो तरी प्रशासकी खातें म्हत्वाचें. खात्याचें म्हणणें आसता ताचेर चडसो मंत्र्याचो निर्णय आदारून आसता आनी कोंकणी अकादेमी ही सांस्कृतीक संस्था आशिल्ल्यान राजभास निदेशालया परस अदीक बरे रितीन कला आनी संस्कृती खातें अकादेमीच्यो गरजो, येवजण्यो आनी कार्यावळी समजून घेवंक शकता. हेर तीन संस्थांच्या वावरा विशींचो अणभवूय कला आनी संस्कृती खात्याक आसता आनी समान धोरण आपणायलें म्हणटकूच ताचो लाब कोंकणी अकादेमीक मेळूंक पावता.

कोंकणी अकादेमीचें कार्यक्षेत्र व्यापक; जाल्यार राजभास निदेशालयाचें कार्यक्षेत्र ल्हान. साहित्य, कला, संस्कृती हे विशय राजभास निदेशालयाक लागनात. ह्या कारणांक लागुनूय निदेशालय

हें अकादेमीचें प्रशासकी खातें आसप हें योग्य थारना. सरकारी वावराची रीत तर्कसंगत आसूंक जाय आनी ती तर्कसंगत तशीच सबावीक जातली जाल्यार कला आनी संस्कृती खातें हें गोवा कोंकणी अकादेमीचें प्रशासकी खातें आसूंक जाय.

हें करतनाच सरकारान आनीक एके गजालीचो अभ्यास करून चारूय संस्थांच्या वावरांत सुसुत्रीकरण घडोवन हाडूंक जाय. कांय वेळा एकेच तरेच्यो कार्यावळी दोन संस्था करतात असो अणभव आसा. ते ते संस्थेच्या वावराची फास्की स्पश्ट आसूंक जाय. केंद्रांतल्या तीन अकादेमींचो उल्लेख हांवें आर्दी केला. थंय दर एक फास्की स्पश्ट आसा. सहित्य अकादेमी संगितांत हात-बोट घालिना आनी संगीत नाटक अकादेमी चित्रकलेचीं प्रदर्शनां मांडिना. गोंयांत मात् बरोच गोंदळ आसा. हाचें एक कारण, सगल्यो संस्था एकाच वेळार जल्माक येवंक नात. इन्स्टिटयूट मिनेझिस ब्रागांझा हे संस्थेच्या वावराचो आवांठ आनी ताची मोख आसूंक जाय तितली स्पश्ट ना. हाका लागून ते संस्थेचो हावेस अस्पश्ट आसा. तो अस्पश्ट आशिल्ल्यान कार्यावळी कांय वेळा दिशाहीन दिसतात. माचये वयली कला हे नदरेन तियात्र हो विशय कला अकादेमीच्या क्षेत्रांतलो. पूण सरकारान तियात्रा खातीर वेगळी अकादमी घडल्या. आतां, तियात्र हो विशय दोनूय संस्थांनी हाताळपाचो? काय तियात्रा खातीर खंयचेय एके संस्थेन वावुरपाचें? जर दोनूय संस्थांनी वावुरपाचें तर कामाची वांटणी कशी करपाची? सध्या तियात्रिस्तांचे सत्कार कला अकादमीचे कार्यावळींत जातात आनी तियात्र अकादमीच्याय कार्यावळींनी जातात. सत्कार जातात ते बरे; पूण दोनूय संस्था ते करीत रावल्यो जाल्यार कांय वर्सांनी शाळांतल्या विद्यार्थ्यांचो

'फुडाराचे तियात्रिस्त' म्हूण सत्कार करपाचो प्रसंग येतलो!

चारूय संस्था एका खात्याच्या प्रशासना खाला आयल्यो जाल्यार सुसुत्रीकरण घडोवन हाडप सोपें जावं येता. सरकारी पयशांचोय बरो उपेग जावं येता. ह्यो संस्था आनी सरकार हांचे मदल्या वेव्हारांतूय कांय भेद दिश्टी पडटात. एके संस्थेक सोपेपण आनी दुसरे संस्थेक अडचण अशें घडूंक फावना. हें कोण मुजरत करिना; संस्था वेगवेगळे परिस्थितींत घडल्यात, वेगवेगळ्या सरकारांच्या कार्यकाळांत घडल्यात आनी ताका लागून भेद उप्रासल्यात. सरकारी संस्था आनी त्योवूय संस्कृतीच्या मळार वावुरपी हे नदरेन तांचो एका बराबर विचार जावंक ना हें मात खरें. चारूय संस्थांचेर मेळून सरकार कांय कोटी रुपया दर वर्सा खर्चिता. सांस्कृतीक उदरगतीचे नदरेन ते चड न्हय. पूण जो पयसो खर्चता ताचो चडांत चड लाब मेळचो अशें सरकाराचें धोरण आसूंक फावो. असल्या संस्थांनी सचिवाचें पद खूब म्हत्वाचें आसता. त्या पदा संबंदान कला अकादमींतली वेवस्था फावो तशी आसा. मात हेर संस्थांनी सरकारी अधिकारी तें पद चलयता. प्रशासनांत वावरून आयिल्ल्याक सांस्कृतीक संस्थेचें सचीवपद जमताच अशें नासता आनी खूब वेळा संस्थेच्या कारभारांत अडचणी उप्रासतात. ह्या विशयाचोय विचार-अभ्यास जावपाची गरज आसा. हें बेगीन जावचें. तें केलें ना तरी संस्था चलतल्यो. त्यो कशाकश्योय चलच्यो काय बरे तरेन चलच्यो असो हो प्रस्न.

***

लोकभाशेचो अपमान जाता: सरकारी उपाय बेगोबेग जावचो

अस्नोड्या कदंब येरादारी मंडळान नवो बस स्टॅण्ड बांदला. थंय फलक लायतना लोकभास टाळ्ळ्या आनी ते वरवीं राजभास आशिल्ले लोकभाशेचो अपमान केला. ह्या अपमाना खातीर अस्नोडेंच्या तरणाट्यांनी कदंब येरादारी मंडळाच्या कारभाऱ्यांचे कान धरल्यात हें योग्य जालां. असल्या खंयच्याय एका आस्थापनाक बुद्द शिकयले बगर सरकाराच्या हेर खात्यांक, महामंडळांक आनी संस्थांक जाग येवची ना.

अस्नोडेंच्या बस-स्टॅण्डाचो चडांत चड उपेग करतले ते थळावे लोक. थळाव्या लोकांक चडांत चड बरी कळटा ती लोकभास कोंकणी. फलकांचो उपेग जातलो जाल्यार तांचे वयली भास चडांत चड लोकाक कळूंक जाय. हें सगलें कदंब येरादारी महामंडळाच्या कारभाऱ्यांक कळना? कळटा जाल्यार, हेर सगल्या

भाशांची तांकां याद जाता आनी राजभास आशिल्ले लोकभाशेकूच ते कशे विसरतात? गरजेचें तें करप ना आनी करचें न्हय तें करप हीच तांच्या वेव्हाराची रीत जाल्या.

फलकांचेर राजभास आशिल्ली लोकभास आसप हो कोणाचेर उपकार न्हय. ती सरकाराच्या दर एका खात्याची, महामंडळाची आनी संस्थेची जापसालदारकी. तें तांचें कर्तव्यूच. हेर कोणेंय सांगचे पयलींच तें तांकां कळपाक जाय. पूण तांच्यो आवयो इंग्लिश मॅडमी आशिल्ले भाशेन ते वागतात! हे अधिकारी, कारभारी गोंयकार आसत जाल्यार गोंयचे संस्कृताये विशीं ते इतले स्वाभिमानशुन्य कशे? सरकारी महामंडळां हीं लोकां खातीर घडल्यांत हें ते विसरतात कशे? महामंडळांचो उपेग कारभारी आपणाली गिरेस्तकाय वाडोवपाक करतात म्हूण लोकांक कस्पटासमान लेखचे?

ह्या विशयांत कदंब येरादारी महामंडळ ही फकत एक देख. अशीच मस्ती कितलींशींच सरकारी खातीं, हेर महामंडळां आनी कांय सरकारी संस्था करतात. तांचेरूय कडक नदर दवरपाची गरज आसा. हाचेर एक सादो आनी बरो उपाय आसा. आनी तो सरकाराच्या हातांत आसा. जाय ती तिश्ठत. ती उणी पडटा.

मुख्यमंत्री दिगंबर कामत हांणी फाटीं कांय पावलां मारलीं आनी राजभास कायदो चालीक लावपाचे नदरेन इल्ली प्रगती केली. पूण सरकारी प्रशासनाची खूब फावटी 'धांव धांव धांवलो; आनी तारी कडेन रावलो' अशी गत जाता. राजभास कायदो चालीक लावपाच्या विशयांतूय तशेंच घडलां. राजभास मंत्रालयान राजभास कायदो चालीक लावपाचे नदरेन सल्लो दिवचे पासत एक सल्लागार मंडळ नेमिल्लें आसा. सुमार दोन वर्सां फाटीं

त्या मंडळान एक उपसमिती नेमली आनी राजभास कायदो चालीक लावपाची मांडणी सुचोवपाचें काम ते उपसमितीचेर सोंपयलें. उपसमितीन त्या विशयाचो विचार-अभ्यास करून मंडळाक अहवाल दिलो. त्या अहवालाचेर विचार करून मंडळान तो मानून घेतलो आनी उपरांत राजभास मंत्रालयानूय त्या अहवालांतल्यो सुचोवण्यो मानून घेवन उतरावळी तयार करपाचो वावर चालीक लायलो.

पूण सल्लागार मंडळान आनी राजभास मंत्रालयान मानून घेतिल्ल्या अहवालांत आनीक एक वांटो आशिल्लो आनी त्या वांट्यांत, सरकाराच्यान बेगोबेग काडूंक येतीत अशीं पांच नोटिफिकेशनां सुचयल्लीं. तातुंतलें एक नोटिफिकेशन आशिल्लें फलकांच्या संबंदान. सरकारी खातीं, सरकारी संस्था, महामंडळां वा हेर खंयचीय सरकारी एजन्सी कचेऱ्यांचेर, मार्गांचेर वा हेर खंयूय जे फलक लायता त्या फलकां वयल्या भाशां मदीं राजभास आनी लोकभास आशिल्ली कोंकणी आसुंकूच जाय अशें त्या नोटिफिकेशनाचें रूप. हेर भासो वापरच्यो न्हय अशें न्हय; तर राजभास खंयचेच परिस्थितींत टाळूंक जायना अशें बंधन त्या नोटिफिकेशनांत आसा.

राजभास मंत्रालयान तो अहवाल मानून घेतकूच तीं नोटिफिकेशनां कायद्या खात्या कडेन पावलीं. हांव जाणां ते भाशेन, त्या नोटिफिकेशनांचे मसुदे तपासून आनी मान्य करून कायद्या खात्यान फुडें धाडल्यात. ते घडणुके उपरांत बरोच काळ गेला. तीं नोटिफिकेशनां प्रशासनाच्या जंवजाळांत खंय घुस्पून पडल्यांत तें खबर ना. तीं नोटिफिकेशनां रोखडींच काडिल्लीं जाल्यार कदंब येरादारी मंडळा कडल्यान जी चूक घडल्या ती

घडूंक पावची नाशिल्ली.

मुख्यमंत्री दिगंबर कामत हांणी आतां स्वता त्या विशयांत लक्ष घालपाची गरज उप्रासल्या. राजभास मंत्री ह्या नात्यानूय तांचें तें कर्तव्य थारता. तीं नोटिफिकेशनां खंय घुस्पून पडल्यांत तें सोदून काडून तांणी तीं जाता तितले बेगीन राजपत्रांत छापून हाडपाची वेवस्था करची. तशें केलें ना जाल्यार एके तरेची अस्वस्थताय पातळटली; तातुंतल्यान घडये ल्हान-व्हड आंदोलनांची कीट पडटली आनी जी सहजतायेन टाळूंक जाता ती परिस्थिती उप्रासतली.

सरकारी यंत्रणा आनीक एक चूक करता. ते वटेन नदर ओडली तरी आडनदर करपाचेंच धोरण ती आपणायता. परिणामीं, सबावीक रितीन जें सुदरप जावपाचें तें आडखळटा. ह्या संबंदान एक अणभव सांगपा सारको आसा. कांय वर्सां आदीं गोंयच्या पुलीस मुखेल्या कडेन उलोवपाचो योग आयिल्लो. अपघात वाडटात, लोक नेम पाळिनात, सुचोवण्यां कडेन आडनदर करतात असो विशय आशिल्लो. हांवें म्हणलें, 'तुमचे सगले फलक, सुचोवण्यो इंग्लिशींत बरयिल्ल्यो आसतात. इंग्लिश भास बरोवंक-वाचूंक जाणा जाल्ले लोक कितले? जांकां इंग्लिश वाचूंक येना तांचे नदरेन ते फलक व्यर्थ थारतात. तुमी लोकांची भास कित्याक वापरनात? इंग्लिशी वांगडा कोंकणीय वापरात. ती 95 टक्के लोकांक कळटा. इंग्लिश जाणा जाल्ल्या लोकांचें देशांतलें प्रमाण 5 टक्के. गोंयांत तें इल्लें चड आसत. 5-10-15 वा 20 टक्के धरुंया. उरिल्ल्या 80 टक्के लोकांचे नदरेन त्या फलकाचो कांयच उपेग ना.'

त्या पुलीस- मुखेल्यान स्पश्ट अशें कांय सांगलें ना. 'ताचो

कांय उपेग जावचो ना' अश्या अर्थाची उतरां तो पुटपुटलो आनी तो विशय ताणें फाफुडलो. तो दिल्लीचो; गोंयकार न्हय. तीन वर्सांचे पिकनिके खातीर जे अधिकारी येतात तातुंतलो. ताका खरेपणीं परिस्थिती सुदारपाची इत्सा नाशिल्ली. इतलेंच न्हय; एक सादो प्रयत्न करून पळोवपाची पसून तयारी नाशिल्ली.

गोंय सरकारांतल्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांची मानसीकताय ही त्या पुलीस-मुखेल्याचे मानसीकताये भाशेनूच. आनी कनिश्ठ अधिकारी- गोंयकार आसुनूय- त्याच सुपांतले! हेच खातीर सरकारी कचेऱ्यांनी 'नो स्मोकिंग', 'नो स्पीटिंग' असले फलक इंग्लिशींत लायिल्ले मेळटले आनी फलकां खाला वणत तांबड्या रंगाचे थुकेन भरिल्ली दिसतली. विडी फुकीत सपणांचेर बशिल्ले लोक दिसतले. हाचें कारण, ते फलक तांचे कडेन उलयनात, तांकां कांय सांगनात तांच्या संदर्भांत त्या फलकांचो कांयच उपेग ना.

लोकसंपर्का खातीर वापरपाचे भाशेच्या विशयांत सरकाराचें धोरण स्पश्ट आसूंक जाय. इंग्लिश भास आजूय राजभास आसा; ती वापरची पडटली, पूण वेंचणुकेचे खंयचेच सभेंत कोणूच इंग्लिशींत भाशण करिना. कित्याक? ती राजभास थंय उपकरना. थंय लोकभासूच जाय पडटा. देखून 100 टक्के उलोवपां कोंकणींत जातात. होच नेम लोकसंपर्काच्या हेर क्षेत्रांनीय लागू जावंक जाय. लोकां कडेन उलोवपाचें आसता तेन्ना लोकभास जाय पडटा, तेच भाशेन लोकांक कितेंय सांगपाचें आसता तेन्नाय तें लोकभाशेंत सांगप हें शाणेपणाचें थारता.

अस्नोडेंच्या तरणाट्यांनी शाणेपणान निशेध केला. ताणी हिंसा करूंक ना वा कदंब महामंडळाचें लुकसाण करूंक ना. चूक योग्य तरेन दाखोवन दिल्या. पूण सदांच अशें घडटलें हाची

खात्री ना. असल्यो चुको पर्थून पर्थून घडूंक लागल्यो जाल्यार ती थंडसाण तशीच उरची ना. जांची तकली बेगीन तापता ते फातरांनी उलयतले. तातूंत हिंसा जातली, लुकसाण जातलें. तें टाळप हें गोंय राज्याच्या आनी गोंयांतल्या लोकांच्या हिताचें. बऱ्यांत बरो उपाय म्हणचे कायद्यान धोरण थारावन दिवप. हेच खातीर तीं नोटिफिकेशनां म्हत्वाचीं थारतात. मुख्यमंत्र्यांनी बेगिनूच त्या नोटिफिकेशनांचो सोद घेवचो आनी तीं लागू करचीं.

***

इंग्लिशवादाची घुंवळ सोंपली अशें कोणेंच समजुचें न्हय

फाटल्या शुक्राराक विधानसभेच्या सभाघरांत इंग्लिशवाद उचांबळ जालो. आग्नेल फर्नांडीस आनी आलेक्स रेजिनाल्ड लौरेंस ह्या इंग्लिशवादी आमदारांनी दोन थारावण्यो मांडल्यो. त्यो फाटीं घेवपाची पाळी दोगांयचेरूय आयली आनी सभाघरांत जें घडलें ताचे वरवीं दोगांयचेंय हांशें जालें. पूण तितल्यान इंग्लिशवाद सोंपलो अशें धरूंक फावना. त्यो थारावण्यो फाटीं घेवचे आदीं इंग्लिशवादी शिक्षणमंत्री बाबुश मोंसेर्रात हांणी जें सांगलें तें मतींत धरूंक जाय. कायदो सारको आसा; सरकारी धोरण योग्य आसा; भाशे विशीं नस्ते प्रस्न निर्माण करचे न्हय; आनी देखून थारावण्यो फाटीं घेवच्यो अशें मोंसेर्रातान सांगूंक ना. तांणी म्हणलां, ह्या विशयांत सरकार विधानसभेच्या सगल्या वांगड्यांक विश्वासांत घेवन निर्णय घेतलें. म्हणचे, ह्या विशयांत

कसलोय तरी ‘निर्णय’ घेवपाचें तांचे मतींत आसा. देखून इंग्लिशवाद पर्थून एक दीस तकली वयर काडपाची शक्यताय आसा. दुसरें, शिक्षणा सारकेंम्हत्वाचें खातें एका अपात्र मनशाच्या हातांत आसा; इंग्लिशवादी कारस्थानांत आग्नेल फर्नांडीस आनी रेजिनाल्ड लौरेंस हांच्या वांगडा बाबुश मोंसेर्रात हेवूय आसात. तांणी संगनमतान त्यो थारावण्यो मांडिल्ल्यो. त्यो मताक घाल्यार भायर पडटल्यो हाची खात्री जाल्ल्यानूच तांणी त्यो फार्टी घेतल्यो. पूण इतल्यान इंग्लिशवादाची घुंवळ सोंपली अशें कोणेंच समजुचें न्हय.

आग्नेल आनी रेजिनाल्ड ह्या इंग्लिशवाद्यांनी थारावण्यो मांडटकूच तांकां विरोध करतना विरोधी पंगडाचे फुडारी मनोहर पर्रीकार हांणी एक भोव बरी देख दिली. तांणी आपणाल्या एका सांगात्याची खबर सांगली. हायस्कुलांत धावे मेरेन तो पर्रीकारा वांगडा आशिल्लो. पर्रीकार हांचें मुळावें शिक्षण मराठी माध्यमांतल्यान जाल्लें; तर त्या सांगात्याचें मुळावें शिक्षण इंग्लिश भाशेच्या माध्यमांतल्यान जाल्लें. मागीर कांय वर्सां तांची भेट जाली ना. आनी जेन्ना भेट जाली तेन्ना पर्रीकार आय आय टी इंजीनियर जाल्ले; तर तो सांगाती मोटारसायकल पायलट जाल्लो. पर्रीकार हांणी अजापान ताका विचारलें, धावी मेरेन तूं शिकला तें हांव जाणा; मागीर तूं मोटारसायकल पायलट कसो? त्या सांगात्यान प्रामाणीकपणान जाप दिली: शिकलों खरो; पूण ‘अशिक्षीत’ उरलों. इंग्लिश माध्यमान सुरू केल्लें शिक्षण बुद्दींत रिगलेंच ना.

पर्रीकार हांणी दिल्ली ही देख मुदयेर थीक कशी! मुळावें शिक्षण इंग्लिश भाशेंतल्यान घेतकूच कितें घडटा हाचेर ती बेस

बरो उजवाड घालता. तशे तरेन शिक्षण घेवपी चडशीं भुरगीं कीर जातात. आयकून उलयतात. जी 'ब्लॅक शीप' केन्ना पळयली ना आनी जें 'वूल' के न्ना वापरलें ना ताचेर 'बा बा ब्लॅक शीप' म्हणटात. मुंबय पारश्यांगेर काम करपी गोंयकार आयां भाशेन इंग्लिश उलयतात! आनी त्या इंग्लिश उलोवपाक आग्रेल-रेजिनाल्डा सारकी 'ब्लॅक शीप' हुशारी समजता! बरें शिक्षण अशें समजता!

इंग्लिश सडसडीत उलोवंक येवप ही बुदवंतकाय आनी इंग्लिश माध्यमांतलें शिक्षण हें बरें शिक्षण, इंग्लिश ही पोटाची भास ह्या भ्रमांचे बोमाडे पर्रीकार हांणी दिल्ली देख फोडून उडयता. आग्रेल- रेजिनाल्ड हांकां तें कितलें कळ्ळें कोण जाणा! कित्याक तर, पर्रीकार कोंकणींत उलयले. आनी कोंकणींत उलोवप हें उणाकपणाचें अशें लेखिल्ल्यान आग्रेल-रेजिनाल्ड हांची कोंकणी भास समजुपाची संवय मोडल्या. वेंचणुकेंत 'म्हाका मत घालात' इतलें सांगपा पुरतीच कोंकणी तांकां कळटा! मुदयेर थीक कशी सांगात्याची देख पर्रीकार हांणी सांगली. पूण आनीक दोन देखी तांच्या सामकार सभाघरांतूच आशिल्ल्यो. एक, आग्रेल फर्नांडीस आनी दुसरी, रेजिनाल्ड लौरेंस! आग्रेल फर्नांडीस फिंर्गी भाशेंत उलयले. तांकां कोंकणींत उलोवंक येना. ते संस्कृतीभ्रश्ट जाल्यात. हो परिणाम तांणी इंग्लिश माध्यमांतल्यान घेतिल्ल्या मुळाव्या शिक्षणाचो. ते भारतीय नागरीक; पूण एकूय देशी भास तांकां सारकी वाचूंक -बरोवंक वा उलोवंक येना. ते गोंयकार; पूण गोंयची लोकभास आशिल्ली कोंकणी तांकां सारकी वाचूंक-बरोवंक वा उलोवंक येना. कांदोळे येवन राविल्लो ब्रिटीश नागरीक रॉबर्ट हॅरिसन आनी आग्रेल फर्नांडीस हांचे मदीं अंतर कि

तलेंशें?!

ह्या आग्रेल फर्नांडीसान थारावणी मांडली, पूण ते मागताले तें थारावणेंत नाशिल्लें. सभापतीन तें लक्षांत हाडून दिलें आनी तें पयलीं जाग्यार घाल म्हूण सांगलें. थारावणी इंग्लिश भाशेंत आशिल्ली आनी मसुदो सारको नाशिल्लो. होवूय परिणाम मुळावें शिक्षण इंग्लिश भाशेंत घेतिल्ल्याचो! रेजिनाल्ड लौरेंस हांचेंय उलोवप फिंर्गी भाशेंत जालें. मायभास कोंकणी आसली तरी ती मतां मागपा पुरतीच येता! लौरेंस हांणी भाशण केलें तरी? ना. दुसऱ्यान कोणें तरी इंग्लिशींत बरोवन दिल्लें भाशण तांणी वाचलें. अशें कित्याक घडूंक पावलें? थारावणेंत कसली मागणी आसा हें ते जाणा आशिल्ले जाल्यार ते विशीं कोंकणी भाशेंत चार उतरां कित्याक सांगूंक पावलेनात? बरें, इंग्लिशींत उलोवपाचो हट्ट चलोवंक जाय आशिल्लोच जाल्यार ते भाशेंत आपणाले विचार कित्याक मांडूंक पावलेनात? दुसऱ्यान तयार करून दिल्लें भाशण वाचपाचो प्रसंग तांचेर कित्याक आयलो? लौरेंस संस्कृतीभ्रश्ट जाल्यात. स्वतंत्र बुद्दीन चिंतपाची आनी उलोवपाची तांकतांणी वगडायल्या. हो परिणाम तांणी इंग्लिश माध्यमांतल्यान मुळावें शिक्षण घेतिल्ल्याचो! ते कीर कशे 'बा बा ब्लॅक शीप' आनी 'लंडन ब्रीज ईज फॉलिंग' म्हणत आयल्यात! मुळाव्या शिक्षणाच्या पांवड्यार तांचे बुद्दीचो विकास जावंकूच ना. सैतानान बायबलाचो आदार घेवचो तसो आग्रेल फर्नांडीस हांणी सर्वोच्च न्यायालयाच्या न्यायमुर्तींनी उक्तायिल्ल्या मतांचो उल्लेख केलो. हो परिणाम कायद्याची प्रकिया खबर नाशिल्ल्याचो. सर्वोच्च न्यायालयान ह्या विशयांत कसलोच निकाल दिवंकना. मुळाव्या शिक्षणाच्या माध्यमा संबंदान कर्नाटक सरकाराचो एक निर्णय

कर्नाटक उच्च न्यायालयान रद्द थारायला. त्या निकालाचेर कर्नाटक सरकारान सर्वोच्च न्यायालयांत अपील केलां. उच्च न्यायालयाचो निकाल स्थगीत करचो असोय अर्ज कर्नाटक सरकारान केल्लो. त्या अर्जा वयले सुनावणे वेळार न्यायमुर्तींनी तीं मतां उक्तायल्यांत. तांचो अर्थ समजून घेवपाक कर्नाटक सरकाराचो निर्णय सारको मतींत घेवपाक जाय; कारण तीं मतां त्या निर्णयाच्या संदर्भांत आसात. मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम फकत कन्नड भास हें आसचें अशें थारावन कर्नाटक सरकारान इंग्लिश माध्यमाचेर बंदी घाल्या. त्या धोरणा प्रमाण फी फारीक करून पसून इंग्लिश माध्यमांतल्यान मुळावें शिक्षण घेवपाचो मार्ग उक्तो ना. न्यायमुर्तींनी जीं मतां उक्तायल्यांत तीं ते बंदीच्या संदर्भांत आसात. मायभास हें माध्यम आसचें न्हय वा कन्नड हें माध्यम आसचें न्हय अशें तांणी म्हणूंक ना. सरकारान आपल्या खर्चान इंग्लिश माध्यमांतल्यान मुळावें शिक्षण दिवचें अशेंय मत तांणी उक्तावंक ना.

कर्नाटक सरकाराचें तें धोरण आनी गोंय सरकाराचें धोरण हातूंत अंतर आसा. गोंयांत मुळाव्या शिक्षणांत इंग्लिश भाशेच्या माध्यमाचेर बंदी ना. आग्नेल-रेजिनाल्ड आपणाल्या भुरग्यांक इंग्लिश माध्यमांतल्यान मुळावें शिक्षण दिवपाक मेकळे आसात. ते खातीर कितल्योश्योच खाजगी शाळा आसात. मात तें शिक्षण सरकारी खर्चान मेळना. गोंय सरकाराचें धोरण मायभाशेचो सिद्धान्त मानता. आग्नेल-रेजिनाल्ड हांच्या भुरग्यांची मायभास इंग्लिश आसा असली सुरय फट मानून घेवंक तें धोरण तयार ना.

जें जें परदेशी तें तें चड बरें अशें समजुपाची मानसीकताय ह्या इंग्लिशवादाच्या मुळांत आसा. ज्या भुरग्याच्या घरांत इंग्लिश

उलयनात आनी सरभोंवतणीय इंग्लिश उलयनात त्या भुरग्याक मुळाव्या शिक्षणाच्या काळांत कितली अडचण भोगता हाची जाणविकाय ते मानसीकतायेच्या मनशांक ना. मुळावे शाळेंत वचप तें भास शिकूक अशीय तांची एक गैरसमजणी आसा. शाळेंत वचप तें गिन्यान मेळोवपाक आनी नवी भास शिकून तें मेळोवचे परस मायभाशेंत तें मेळोवप कितलेंशेंच सोपें हें समजून घेवपाचेंय शाणेपण तांकां ना. आग्रेल- रेजिनाल्डा भाशेनूच हीं विचारांचे नदरेन मागाशिल्लीं मनशां. बैलांच्यो आनी रेड्यांच्यो धिरयो जाय आनी मुळावे शाळेंत इंग्लिश माध्यम जाय ह्यो त्या मागाशिल्लेपणांतल्यान उप्राशिल्ल्यो मागण्यो.

गोंयचे सुटके वेळार गोंयांतले सगले गोरे फिंर्गी गोंय सोडून गेले. हालींसरा गोंयांत दिश्टी पडटात ते गोरे फिंर्गी म्हणचे पर्यटक , हिप्पी वा दर्या-वेळांचेर पाडे धंदे चलोवपी दुबावाचे वेपारी. पूण गोंयांत कांय सावळे फिंर्गी आसात. पुरायेन फिंर्गी जावचें अशें तांकां दिसता. मायकॅल जॅक्सना भाशेन प्लॅस्टिक सर्जरी करून सावळी कात गोरी करपाचें काम ते करिनात; पूण हेर सगल्या तरांनी ते फिंर्गी जावंक आनी जाल्ले आसत जाल्यार तशे रावंक सोदतात! कोंकणी जाणा आसले तरी ते तिका कुस्कुटावन इंग्लिश उलयतले! हें विधानसभेंत पळोवचें, कार्यालयांनी पळोवचें, भौशीक कार्यावळींनी पळोवचें! मे म्हयन्यांत वताच्या कडार सूट मारून आनी गळ्याक टाय बांदून ते भोंवतले! असले जे सावळे फिंर्गी शाळा चलयतात ते भुरग्यांच्या गणभेसांत टाय आसूंक जाय म्हणटले! आनी भुरग्याक तो मारूंक येना म्हणटकूच शर्टाक गळ्या कडेन शिंवचो म्हणटले! आकी यॅ यॅरॉप?! काय आकी यॅ सिमला?! भुरग्यांची अडेची,

कृत्रीम जीण थंय सुरू जाता. तीं नीज वगडायतात. आग्रेल-रेजिनाल्ड हे घडये त्याच अडेच्या वातावरणांत वाडल्यात! आपणें सावळे फिंर्गी जावचें आनी फुडल्या पिळग्यांकूय सावळ्या फिंर्ग्यांच्यो पिळग्यो करच्यो ही तांची दुश्ट वान्सा. ती फळादीक जातली त्या दिसा गोंय ग्रेट ब्रिटनाची 'ओव्हरसीज काउंटी' जातलें!

असले सावळे फिंर्गी गोंयांत आसतले ते मेरेन इंग्लिशवादाची घुंवळ सोंपली अशें कोणेंच समजुचें न्हय.

***

एक अबुद्दी, दुसरो दुश्टबुद्दी: दोगूय फटिंगांचे पाय

एका बरें- मागत्यान पयर विचारलें: 'चर्चिल आलेमांवान तुजेर आरोप केला. ताका जाप दिना?'

हांवें म्हणलें: 'तीन तरांच्या प्राण्यांक जाप दिवची न्हय अशें जाणट्यांनी सांगलां. ह्यो तीन तरा अश्यो: 1. मानसीक दुयेंस आशिल्लो मनीस; 2. बेब्दो; आनी 3. आलमपेड्ड्यार सुणें. चर्चिल आलेमांव पयल्या वर्गांत पडटा. ताका जाप दिली तरी ती समजुपाची अक्कल खंय आसा? दुयेंस फटी मारपाचें आनी तें 'टर्मिनल'. चर्चिल बाबडो कितें करतलो! ताका अक्कल दिली ना हो सैमान ताचेर केल्लो अन्याय. आतां तो हेर सगल्यांचेर अन्याय करीत भोंवता. काकुळट बाबड्याची!'

हांव मागीर चिंतूंक लागलों, चर्चिल आलेमांव धडधडीत फट कित्याक उलयलो? घडये, राजभास विधेयकाचो मसुदो

तयार जातालो तेन्ना चर्चिल कोंकणी सोडून हेर कसल्या तरी वेव्हारा खातीर मार्ग आडायतालो! पूण चर्चिलाचो कोंकणी विशींचो मोग खडेगांठ! खासदार निधींतल्यान भोंवतें कोंकणी ग्रंथालय घालूंक सोदपी मनशा कडेन ताणें कमिशन मागलें ना? ते खातीर संसदीय समितीन ताका दोशी थारावन कांय दीस संसदेंतल्यान निलंबीत केलो ना? असो 'मोग' फक्त चर्चिलानूच दाखोवपाचो! रोमी कोंकणी संमेलनाचे माचयेर तो भोव बरो सोबता!

चर्चिल आलेमांवाक भौशीक बांदकाम खात्याच्या कॉंट्रॅक्टरांक पिळचे कशे तें एकदम बरें कळटा. पूण कायदे कशे करतात, विधेयकाचो मसुदो कोण तयार करता, राजभास कायद्या संबंदान कितें घडलें तें ताका कांयच कळना. हातुंतूय ताचो गुन्यांव ना. देंवचारान ताका कायदे कशे मोडचे हाची शिकवण दिल्या; कायदे कशे करतात हाचे विशीं कोणेंच कांय शिकयलें ना.

तें ताका शिकयल्लें जाल्यार ताका कळटलें आशिल्लें की सरकार कायदो करता तेन्ना विधेयकाचो मसुदो सरकार तयार करता आनी तें विधेयक विधानसभेंत मांडून पास करून घेता. ताका हेंवूय कळटलें आशिल्लें की हांव विधानसभेंत विरोधी पंगडांत अपक्ष आमदार आसलों. विधानसभे भायर हांव कोंकणी प्रजेचो आवाज हे संघटनेचे वावुरपी समितीचो वांगडी आसलों. ती संघटना सरकारा आड खर आंदोलन करताली. ते संघटनेन विधेयकाचो मसुदो सुचोवंक ना. सरकारान मसुदो तयार करतना ते संघटने कडेन ताचेर चर्चा करूंक ना वा तिका विस्वासांत घेवंक ना. ते परिस्थितींत तें विधेयक सभाघरांत

मांडलां तेन्नाच ताचो मजकूर कोंकणी प्रजेचो आवाज संघटनेक आनी लोकाक कळ्ळा.

चर्चिल आलेमांवाक बुद्द आशिल्ली जाल्यार ताका कळटलें आशिल्लें की सरकार जें विधेयक मांडटा ताचो मसुदो विरोधी पंगडांतले वांगडी तयार करिनात. चर्चिल आलेमांवाक 'कॉमनसॅन्स' पसून आशिल्लो जाल्यार ताका कळटलें आशिल्लें की विधेयक मांडलें तशेंच पास जालें. सभाघरांत तातूंत बदल जालेनात. चर्चिल आलेमांवाक सारकेंऽऽ बरें वाचूंक-बरोवंक आयिल्लें जाल्यार ताका समजूंक पावतलें आशिल्लें की कायद्यांत म्हत्वाच्या उतरांच्यो व्याख्या दिवच्यो पडटात; चडश्या राजभास कायद्यांनी भाशेची लिपी सांगिल्ली आसता; इतलेंच न्हय तर संविधानांत पसून हिंदी ही संघराज्याची राजभास म्हूण सांगतना 'देवनागरींत बरयतात ती हिंदी' अशें सांगलां.

चर्चिल आलेमांवाक आतां हें सगलें सांगून कांय उपेग ना. तें ताच्या माथ्या वयल्यान वतलें. तरी पूण एक प्रस्न उरता: रोमी कोंकणी संमेलनाचे माचये वयल्यान चर्चिल आलेमांव धडधडीत फट कित्याक उलयलो? विशय फकत 21 वर्सां आदलो; 16 व्या-17 व्या शेंकड्यांतलो न्हय. राजभास आंदोलनांत कितें घडलें तें विसरपा इतलो तो म्हातारो जाला? काय ताका विसरपाचो रोग जाला? जाप एकूच मेळटा: चर्चिल आलेमांव कमिशना खातीर कितेंय करता. रोमी कोंकणी संमेलनान ताका फट उलोवपाक कमीशन दिलें?

रोमी कोंकणी संमेलनाचें आनी फटिंगपणाचें कितेंय तरी नातें आसूंक जाय. त्या संमेलनाचे माचयेर उबो रावन आड्डल्लो चर्चिल आलेमांव हो एकलोच फटींग न्हय. आनीक एक फटींग

तसोच आड्डला. चर्चिल हो अधर्माचो मनीस; पूण दुसऱ्याक धर्माचो मनीस म्हूण वळखतात: हो फा. प्रताप नायक. पूण दोगांय मर्दी मोटो फटींग कोण हें थारावप खूब कठीण! फट उलोवप, पोजडें उलोवप, बेजबाबदारपणान उलोवप हें फा. प्रताप नायकाचें खाशेलेपण. ताणें कर्नाटकांतल्यान गोंयांत येत पसून गोंयकारां मर्दी आनी कोंकणी समाजांत धोशी घालपाचो वावर चलयला. काळ्जांत धर्मवाद आनी जिबेर जातवाद. प्रताप नायकान फट मारली ती अशी: साहित्य अकादेमीक खंय रोमी आनी कन्नड लिपींतलीं पुस्तकां दाखोवन कोंकणीक मान्यताय मेळयली! तेन्ना खंय देवनागरींत पुस्तकांच नाशिल्लीं! एक पाद्री इतलीं फटींगपणां उलयता हाचेर विस्वास दवरप कठीण जावं येता; पूण प्रताप नायकाच्या नांवान फटींगपणान मूर्त रूप घेतलां.

साहित्य अकादेमीचे मान्यताये पासत अ.भा. कोंकणी परिशद, गोंयचें कोंकणी भाशा मंडळ आनी कोचीची कोंकणी भाशा प्रचार सभा ह्यो तीन संस्था वावुरल्यो. कोंकणी विशींची मागणी अकादेमी कडेन 1962 वर्सा पावली. कों. भा. प्रचार सभेन ती आनीक फुडें व्हेली. अकादेमी विचार-अभ्यास करतासर आनी तज्ञांची समिती नेमून तिचें मत घेतासर कांय वर्सां गेलीं. मान्यतायेचो विशय अकादेमीच्या बसकां मुखार येवचो आसा अशें 1974 वर्सा कळ्ळें. कोंकणी चळवळीचे गोंयांतले फुडारी मडगांवां कों.भा. मंडळाचे कचेरेंत जमले आनी तांणी कोंकणी विशीं एक पुस्तिका तयार करून ती अकादेमीच्या सगल्या वांगड्यांक धाडची अशें थारायलें. मजकूर स. मनोहरबाब सरदेसाय हांणी बरयलो. तो छापून घेवन सगल्या वांगड्यांक अ.भा. कों. परिशदे वरवीं पुस्तिका धाडली. 1975 वर्साच्या

आरंभाक कळ्ळें की अकादेमीची बसका फेब्रुवारींत जावची आसा. पर्थून बसका जाली. चंद्रकांत केणी तेन्ना मंडळाचे अध्यक्ष आनी हांव सेक्रेटरी. रवींद्रबाब केळेकारान आनी हांवें दिल्ली वचचें, अकादेमीच्या वांगड्यांक मेळचें आनी कोंकणीची केस सांगची; वतना कोंकणी पुस्तकांचे सॅट व्हरचे; ते तांकां दिवचे अशें थारलें. सुमार 15 पुस्तकां आमीच वेंचून काडलीं आनी 80 सॅट केले. सगलीं पुस्तकां नागरी लिपींतलींच आसलीं. दुसऱ्या लिपींतल्या पुस्तकांची निखालस गरज पडली ना. शणै गोंयबाबाली बरपावळ आसली, गांधी साहित्य आसलें, रवींद्र केळेकार, मनोहरराय सरदेसाय, पांडुरंग भांगी, चंद्रकांत केणी आनी हेर लेखकांचीं 1915 तें 1974 ह्या काळांत उजवाडा आयिल्लीं पुस्तकां आसलीं.

आमी दोगूय दिल्ली गेले. स. पुरुषोत्तम काकोडकार आनी स. प्रो. काशिनाथ महाले हांच्या पालवान दिल्लींत रावपी वांगड्यांक मेळ्ळे आनी तांचो पालव मागलो. पूण चडशे जाण आदल्याच दिसा दिल्लींत आयले; तांकां मेळूंक जमलें ना. देखून बसकेच्या दिसा आमी अकादेमींत गेले. ज्या हॉलांत बसका आसली त्या हॉलांत आमकां प्रवेश नासलो. दारा भायर आमी द्वारपाल कशे रावले: एके वटेन रवींद्रबाब, दुसरे वटेन हांव. भितर सरता त्या त्या वांगड्याक एक-एक सॅट दिलो आनी कोंकणीक मान्यताय दिवपाचे वटेन मत दिवपाची विनंती केली. बसका सोंपसर थंयच रावले. मान्यतायेचो निर्णय कळटकूच परतले.

पयले बसके सावन हो सगलो वावर चलतना प्रताप नायक वा आयचो खंयचोच रोमीवादी खंयच लागीं नासलो. तांचो

कसलोच सहभाग नासलो. ते खंय आसले कोण जाणा! मात आयज, आपणेंच तीं पुस्तकां व्हेल्ले भाशेन ते फटी मारतात, तीं रोमी लिपींत आसलीं आनी कन्नड लिपींत आसलीं! प्रताप नायक हो पाद्री. पाद्रींक देवा-धर्माचे मनीस म्हूण वळखतात. देवा- धर्माचो मनीस भौशीक माचयेर उबो रावन फटींगपणां उलयता? प्रताप नायक जेजुईत पाद्री. कॅथलीक धर्माच्या 'सोसायटी ऑफ जीझस' ह्या पंथाचो वांगडी. हो पाद्री सभेमाजार फट उलोवन जेजू क्रिस्ताचो अपमान करता. तो सोसायटी ऑफ जीझस ह्या पंथाक लजेक घालता आनी फटींगपणांनी आपलें हांशें करून घेता. हो थॉमस स्टीव्हन्स कोंकणी केंद्राचो संचालक. हो फटिंगांचो मुकुटमणी थॉमस स्टीव्हन्साचोय अपमान करता.

चर्चिल आलेमांवाक शिक्षण ना; प्रताप नायक शिकला-सवरला. चर्चिल आलेमांवाचो मार्ग अधर्माचो; प्रताप नायकाक धर्मीक शिक्षण मेळळां. पूण फटींगपणांच्या आनी बेजबाबदारपणाच्या मळार दोगांचेय प्रताप सारकेच! कोणाचें अध:पतन चड जालां हें थारावप कठीण.

फटींगपणाचे बुन्यादीचेर उबी आशिल्ली खंयचीच चळवळ जैतिवंत जायना. रोमी कोंकणी संमेलनान फटिंगांचो पाय आशिल्ल्या आनी कोंकणी कडसून कमीशन सोदपी मनशाक वा फटींगपणांनी धोशी घालूंक सोदपी कर्नाटकी बापाक आपले माचयेर नाचोवन कितें सादलें तें कळना. सरकारी पयसो जाय तसो फाफसूंक मेळटा म्हूण हीं भुतां नाचयलीं? सरकारानूय विचार करपाची गरज उप्रासल्या. खंयूय विधायक आनी बरें काम जाता जाल्यार दुडवांचो पालव दिवचोच. पूण जे बेजबाबदारपणान उलयतात आनी वागतात; फटींगपणांनी

दुसऱ्यांचेर रेबो शेंवटून मारतात आनी अशिश्ट भास उलोवन समाजांत धोशी घालूंक सोदतात तांकां धुमशेणां कांडपाक सरकारी पयसो- जो खरेपणीं लोकांच्या घामाचो पयसो- मेळूंक फावना. असल्या संमेलनांच्या आयोजकांनीय जबाबदारपणान वागपाक शिकूंक जाय. ज्या संमेलनाचें उक्तावण मुख्यमंत्र्यान केलां त्या संमेलनांत बेजबाबदारपणाचीं धुमशेणां दिसलीं जाल्यार मुख्यमंत्र्यान त्या धुमशेणांचें उक्तावण केलें असो अर्थ जाता. ताचे वरवीं तांचीय प्रतिश्ठा देंवता. पूण जांचेर संस्कारच बरे जालेनात तांकां प्रतिश्ठेची व्हडवीक सांगप म्हणचे उमथ्या कळशार उदक!

***

ज्ञानेश्वरांच्या जैताचो अर्थ समजूंक नाशिल्ले हे दुस्वासाचे पोटले

सूम जळ्ळो तरी पीळ वचना. दर एका पेण्यार अपेसाचे धनी जायत आयल्यात तरी शाणेपण येना. गोंयकारां मदले मराठीवादी आनी मराठीभाशी लोकांमदले विस्तारवादी कोंकणी विशींच्या दुस्वासांत इतले करमेल्यात की कोंकणी भाशेचें आनी साहित्याचें येस तांकां सोंसना, कोंकणीचो भौमान रुचना आनी कोंकणीचें जैत कशेंच पचोवंक जायना. देखून कोंकणीच्या दर एका जैता उपरांत तांकां जाळ पडले आनी बेब्द्यां भाशेन ते गाळी मारीत सुटले जाल्यार कोणेंच अजाप करपाचें ना. कोंकणीक चिड्डून मारून उडोवपाचो पयलो यत्न केलो पुर्तुगेज सत्तेन. परदेशी पाद्रींनी आग्रो धरलो म्हूण राजाचे मान्यतायेन व्हायसरॉयान 1684 वर्सा आदेश काडलो आनी सगल्या मळांचेर कोंकणीचो वापर करपाचेर बंदी हाडली. तीन वर्सां मर्दी कोंकणीक चिड्डून

उडोवन तिचे सुवातेर पुर्तुगेज हाडपाचो तांचो बेत आशिल्लो. तो निर्फळ जालो आनी कोंकणी तिगली. तो बेत फळादीक जाल्लो जाल्यार गोंयकार मराठीवादी आनी मराठीभाशी लोकां मदले विस्तारवादी हांकां कांय काम उरचें नाशिल्लें. पूण तशें घडलें ना. आनी विसाव्या शतमानांत मराठीवाद्यांनी पुर्तुगाली सत्तेची ती नश्टी परंपरा फुडें चलोवपाचो यत्न केलो. आज मराठीवादी आनी रोमीवादी हे एकामेकाक पालव दितात ताचें कारण तेंच आसुंये!

गोंयकार मराठीवादी आनी मराठीभाशी लोकां मदले विस्तारवादी हांणी कोंकणीक बोली, रखेली, हेंगाडी अशीं उतरां लावन हिणसायली. दर एका पेण्यार तिका अपशकून करपाक ते वावुरले. दर एका पावंड्यार तिचे उदरगतीक तांणी विरोध केलो. शणै गोंयबाबान कोंकणींत बरयलें जाल्यार हे खुबळ्ळे. कोण सभेंत कोंकणींत उलयलो जाल्यार हांणी फातर मारले. साहित्य अकादेमी कोंकणीक मान्यताय दिवपा विशीं विचार-अभ्यास करूंक लागली तेन्ना हांणी धमकी दिली- मान्यताय दिवश्यात जाल्यार गोंयांत रगताच्यो न्हंयो व्हांवतल्यो! लोकभास ह्या नात्यान कोंकणीक राजभास करची अशी मागणी लोकान केली जाल्यार मराठीच राजभास जावंक जाय असो हट्ट हांणी धरलो. दर एका पेण्यार फकत अपेस तांच्या पोशांत पडलें. त्या अपेसान ते कोडू जाल्यात. तांचीं मनां-काळजां दुस्वासान भरल्यांत. कोंकणी भाशेचो वा साहित्याचो भोवमान जालो की तो तांकां आपलो अपमानसो दिसता, तांचो संताप तकलेक मारता आनी ते विरार जातात.

रवींद्रबाब केळेकार हांकां ज्ञानपीठ पुरस्कार मेळ्ळो आनी

गोंयकार मराठीवाद्यांक पर्थून एक फावट मोण्णें मारून आयलें. हेरशीं, रवींद्रबाबाक तो पुरस्कार मेळप म्हणचे कोंकणी साहित्याचो भोवमान आनी तेच बराबर एका गोंयकाराचो भोवमान. कोंकणी विशींचो दुस्वास सोंपूंक नासलो तरी त्या मराठीवाद्यांक एका गोंयकाराचो भोवमान जालो म्हूण खोस जावंक फावो आसली. पूण खोस जाली ना ती नाच; दुस्वास खुबळ्ळो. हाचें कारण, तांच्या रगतांतलें गोंयकारपण आटून गेलां. तांचे गोमटेर भाशावाद, जातवाद हांचीं भुतां बसल्यांत. ते धड गोंयकार उरूंक नात आनी महाराष्ट्रीय तर जावंकूच नात. वागळां भाशेन हुमकळत आसात- तकली सकयल, पांय वयर करून!

साहित्य व्हिस्के वांगडा खातात काय चिकना वांगडा पियेतात हें जाका खबर ना आनी जाणें ज्ञानपीठ पुरस्कार मेळिल्ल्या लेखकांचें साहित्य केन्ना वाचूंक ना तो गोमंतक मराठी अकादमीचो अध्यक्ष म्हणटा, ज्ञानपीठ पुरस्काराचो दर्जो देंवला! स्वताक दर्जो आसले बगर दुसऱ्या गजालींचो दर्जो कळना हें ताका कोण सांगतलो!

कांय जाण अजून 25-30 वर्सां फाटल्या काळांत जियेतात. तांचे मदलो एक पंडित विचारता, वि.स. खांडेकर हांकां ज्ञानपीठ पुरस्कार दिल्लो तेन्ना 'ययाती' कादंबरीक तो दिल्लो. रवींद्र केळेकार हांच्या खंयच्याच ग्रंथाचो उल्लेख करूंक ना; हें कसलें गौडबंगाल? हो पंडित पोरण्या काळांत वावुरता. आदीं ज्ञानपीठ पुरस्कारा पासत एक पुस्तक वेंचून काडटाले; आतां तो समग्र साहित्याक दितात हें सभाग्याक खबर ना.

एक शाणो म्हणटा, रवींद्र केळेकार हांणी बरप केलां तें

फकत जाप दिवपाक, प्रतिक्रिया उत्तावपाक. असल्या बरपाक म्हूण ज्ञानपीठ पुरस्कार दिवप? ह्या शाण्याच्या अज्ञानाक शीम-मेर ना. रवींद्रबाबान कसल्या तरांचें साहित्य रचलां हाची ताका म्हायतती ना. ती मेळोवपाचो प्रयत्नय ना. बरोवपाक लिखणी आसा आनी बेजबाबदारपणान बरयिल्लें कित्याकितेंय छापून उजवाडावपी आसात. बरयतल्याच्या मनांत दुस्वास, लिखर्णेत दुस्वास आनी छापतल्याचेय बुद्दींत दुस्वास. हें आयचेंच न्हय. गोंयचे मुक्ती उपरांत गोंयांत जी मराठी पत्रकारिता सुरू जाली तिच्या आरंभा सावनूच ही दुस्वासाची परंपरा सुरू जाल्या.

एखाद्रो मराठी मनीस आपणाक कितलोय निःपक्षपाती समजूं, ताचे मानसिकतेंत मराठी विशीं एके तरेचो अहंगंड आसता. कोंकणीचो भोवमान जावन ती मराठीचे मांडयेक मांडी तेंकोवन बसूंक पावता तेन्ना ताचो तो अहंगंड दुखावता. मागीर तो साहित्याची व्याख्या कथा-कादंबरी-काव्य हांचे पुरती मर्यादीत करता. ललीत निबंद हेंवूय साहित्य हें तो विसरता. आनी कोंकणीक प्रतिश्ठा मेळटा म्हूण जाळ पडटकूच तो म्हणटा, हें: हो पुरस्कार कोंकणी साहित्याक नासतलो; तो रवींद्र केळेकार हांणी हिंदी, गुजराती, मराठी ह्या भाशांनी रचिल्ल्या साहित्याक आसतलो! कोंकणीक तिचे खोशेच्या वेळारूय कुस्कुटावपाची ही दुश्ट प्रवृत्ती ताच्या अहंगंडांतल्यान उप्रासता.

आनीक एक सभागो पंडित नेहरू हांणी बंदखणींत आसतना बरयल्ल्या ग्रंथाक गीता वा बायबल समजता. ताचेर हात दवरून तो सोपूत घेता; भारतांत फकत 15 भासो आसात! पंडित नेहरू भासशास्त्री न्हय आनी तांचो ग्रंथय भासशास्त्रावयलो न्हय. तांणी 15 म्हणल्यो त्यो तांचे त्या वेळावयले समजणे प्रमाण. आज

संविधानाचे आठवे अनुसुचींत आसात 22 भासो आनी साहित्य अकादेमीन मानून घेतल्यात 24 भासो. पूण कांय मनीस जिते-जिवे आसुनूय पुतळे कशे जगतात. 'पृथ्वी सपाट आसा अशें म्हज्या पणज्यान सांगिल्लें' हेंच पालुपद घेवन ते बसतात आनी अज्ञानाचो सांबाळ करपाक तेच बाणीर बोट दवरून रावतात.

आनीक कांय जाण आपूण वादी न्हय असो आव हाडून म्हणटात, रवींद्र केळेकारान ज्ञानपीठ पुरस्कार मेळ्ळो म्हूण फकत खोस प्रगटावपाची; ताणें फाटल्यो यादी काडपाच्यो न्हय, पिडापीड जाल्या तिचो उल्लेख करपाचो न्हय. कित्याक करचो न्हय? यादी काडल्यो त्यो खऱ्यो न्हय? पिडापीड जाली हें खरें न्हय? मागीर सत्य पांयपुसण्या पोंदा कित्याक धुकळचें? तुमकां तें कोडू लागता म्हणून? तुमचें दुश्टपण वाऱ्यार पडटा म्हणून? एखाद्रया दलिताचो सत्कार जाता तेन्ना ताणें गोड-गोड उलोवचें; जी पिडापीड भोगल्या ती उलोवन दाखोवची न्हय अशें सांगतले? एखाद्रे बायलमनशेचो भोवमान करपाच्या सुवाळ्यांत तिणें फक्त बरे तेच अणभव सांगचे, जो अन्याय वांट्याक आयला, जें वीख पचोवचें पडलां ताचो उल्लेख करचो न्हय अशें सांगतले? कित्याक? ते अन्याय करपी, पिडापीड करपी प्राणी तुमीच आशिल्ले म्हणून?

आनीक एक-दोन पिळग्यां उपरांतचो कोंकणी साहित्यकार घडये संघर्शाचो उगडास काडचो ना. कोंकणी भाशेन जें सोंसलां तें सांगूंक वचचो ना. आयच्या कोंकणी साहित्यकारान तशेंच करचें असो आवंडो कोणेंच धरचो न्हय. सुटके-झुजाऱ्याचीं नातरां-पण्टुरां घडये ताचे बंदखणींतले अणभव सांगूंक वचचीं नात. मात् तीच अपेक्षा सुटके-झुजाऱ्या कडसून कोणेंय धरची

न्हय. पुर्तुगेज गेलो; आतां ताचे विशीं बरें तितलेंच उलय; तुवें भोगल्यात त्या त्रासांची खबर सांगूं नाका अशें सांगपाचें सुबेजपण कोणेंच करचें न्हय. तशें सांगतकूच तुमकां तुमच्या अपेसांचो उगडास जाता हें खरें. तो उगडास जातकूच तुमकां लज जाता हेंवूय खरें. पूण गोंयांतल्या भाशावादांतले तुमी खलनायक हें सत्य टाळून खंय वतले? एखाद्रे माचयेर तें लिपोवन दवरूंक मेळत; इतिहासाच्या पाशाणाचेर तें कोरांतिल्लें आसा हें कित्याक विसरचें?

रवींद्रबाब चळवळी पसून पयस राविल्लो साहित्यकार न्हय. चळवळीच्या होमखणांतल्यान चलत गेल्लो कार्यकर्तो. हेरां वांगडा ताणेंय भोगलां आनी सोंसलां. खोशेच्या वेळारूय तें जिबेर येता हाचें कारण तें तितलेंच खर आसा. कित्या कितेंय बरोवन तें छापप, कोणाच्योय भगल्यो करप, कोणाचीय अब्रू काडप, कोणाच्याय चारित्र्याचो दुबाव घेवप, आरोप करप, आडखळी हाडप हो तुमचो खेळ आशिल्लो. तुमी खेतीं हाडून नाचयलीं तीं स्वाभिमानी गोंयकारांक 'काळोखाचे पुजारी' म्हणूंक पावलीं आनी त्या अपमानाचो जांणी निशेध केलो तांकां तुमी बडयले. ती दूख विसरात अशें आतां तुमी सांगलें म्हूण जांणी ती भोगल्या ते विसरूंक पावचेनात.

कोंकणी भाशेच्या जिवितांतलें अद्रुश्ट अजून सोंपूंक ना हाची चत्राय आयचो कोंकणी-दुस्वासाचो प्रचार दिता. गडकरी-आठवले हांची-कोंकणी दुस्वासाची परंपरा फुडें चलोवपी संपादक आजूय आसात आनी तांणी पावणेर काडिल्ल्या स्तंभांनी आपणाले अकलेचें प्रदर्शन मांडपी लिखणी- बहाद्दरूय आसात, गांव आसता थंय उश्टवारो आसता. कोंकणीचो दुस्वास ज्या

उश्टवाऱ्यार चलता तो तर सोनसडो! ह्या सोनसड्या वयलो दुर्गंध घडये आनिकूय कांय वर्सां सोंसचो पडटलो.

अखेरेक, वज्र पारखुपाकूय नदर लागता, पात्रताय लागता. पारखुपी स्वताच फातोर आसलो आनी तो वज्राक सादो खडो समजलो जाल्यार तो दोश त्या फातराचो; वज्राचो न्हय!

***

मराठी विंचू कोंकणीक चाबतलोच, तो ताचो सबावगूण!

रामकृष्ण परमहंस हांची एक खबर सांगतात. ते खंय एक दीस न्हंयचे देगेर बसून उदकांत तेळटाले. इतल्यांत तांकां एक विंचू बुडटालो तो दिसलो. ते एक- दोन पावलां फुडें सरले आनी तांणी विंचवाक वाटावपा खातीर ताका धरून वयर काडपाचो यत्न केलो. परमहंसांचीं बोटां लागतनाच विंचू चाबलो. बोटांतल्यान सुटून तो परत उदकांत पडलो. परमहंसांनी पर्थून ताका वयर काडपाक हात घालो; विंचू पर्थून चाबलो. अशें कांय वेळा घडत रावलें. दुसरो एक मनीस कांय अंतरा वयल्यान परमहंसांक बारीक पळयतालो. ताणें फुडें येवन परमहंसांक म्हणलें, ‘आगा, तो विंचू दर खेपे तुमकां चाबता. तरी ताका वाटावपाचो यत्न तुमी करीत आसात. अशें हें वागप कसलें तुमचें?’ परमहंसांनी जाप दिली: ‘चाबप हो विंचवाचो गुणधर्म. ताका वाटावपाचो

यत्न करप हो म्हजो गुणधर्म. तो विंचू आपणालो गुणधर्म सोडपाक तयार ना; तर हांवें म्हजो गुणधर्म कित्याक सोडचो?'

आमी गोंयकारांनी ही खबर घट मतींत धरपाक जाय. कोंकणीचें बरें जाता तेन्ना नखलामी करप; कोंकणीच्या मळार खोशेचें वातावरण पातळटा तेन्ना दुस्वासान जळप; कोंकणीक व्हडवीक मेळटा तेन्ना ती ल्हान कशी हें दाखोवपाचो यत्न करप हो मराठी मनशाचो सबावगूण. मराठी मनीस त्या विंचवा भाशेन तो सबावगूण केन्नाच सोडचो ना. पूण मराठी मनशा कडेन बरेपणान वागप, तांकां इश्ट मानप, तांकां सोयरे म्हूण आपोवप; मराठी साहित्याचें वाचन करप; जमलें जाल्यार त्या साहित्यांत भर घालप; बऱ्या साहित्यिकाची तोखणाय करप हो आमचो सबावगुण. देखून विंचू ताच्या सबावगुणान वागलो जाल्यार आमी आमच्या सबावगुणान वागचें. चाबता तो विंचू इतलें वळखल्यार पुरो!

शणै गोंयबाबान कोंकणींत बरोवपाक आरंभ केलो तेन्ना सावन मराठी मनीस कोंकणीचे आड वावरत आयला. हाचें मुखेल कारण, कोंकणीची उदरगत म्हणचे मराठीचें लुकसाण, कोंकणीक प्रतिष्ठा म्हणचे मराठीक लज अशें तो मानीत आयला. तेच खातीर ताका कोंकणी ही 'बोली', 'रखेली' उरिल्ली जाय आशिल्ली आनी तिची सुवात फकत रांदचे कुडींत दवरूंक जाय आशिल्ली. उपरांत तातूंत राजकी सुवार्थाची भर पडली ती गजाल वेगळी.

कोंकणीक कुस्कुटावप; तिचो दुस्वास करप; तिका चिड्डून दवरपाचो यत्न करप हो मराठी मनशाचो सबावगूण हो मराठी मनशां संबंदींचो नेम. पूण हेर खंयच्याय नेमाक आडवाद आसतात तशे त्या नेमाकूय आडवाद आर्दी आशिल्ले आनी आजूय आसात.

आचार्य काकासाहेब कालेलकर, विदर्भांतले आदले फुडारी लोकनायक मा. श्री. अणे, 'सकाळ' दिसाळ्याचे आदले धनी आनी संपादक ना. भि. परुळेकर, डॉ. ए. एम्. घाटगे हे कांय आडवाद. आचार्य कालेलकर गोंयकारांचे उत्फर्के वळखल्ले आनी कोंकणीची तांक तांणी पारखिल्ली. लोकनायक अणे आनी परुळेकर हांणी गोंयची अस्मिताय समजून घेतिल्ली आनी गोंया विशींचो खंयचोय निर्णय गोंयकारांचे इत्शे प्रमाण जावचो अशें धोरण आपणायिल्लें. मराठी मनशाचे विस्तारवादी भावनेचे झोतींत ते व्हांवन गेले नात. कोंकणी ही भास काय बोली हे विशीं मत दिवपाक साहित्य अकादेमीन भासशास्त्र्यांची जी समिती नेमिल्ली तिचे डॉ. घाटगे हे वांगडी आसले. कोंकणी ही स्वतंत्र साहित्यीक भास अशें मत तांणी मांडिल्लें. असले आडवाद आनिकूय आसुं येतात. मात् सरसकट मेळटात ते विंचवाचे मानसिकतेचे. विश्राम गुप्ते तातुंतले एक. देखुनूच रवींद्रबाब केळेकारांक ज्ञानपीठ पुरस्कार जाहीर जातकूच तांणी कोंकणी ही ल्हान, कोंकणी साहित्याक दर्जो ना, रवींद्रबाबाच्या साहित्याक ज्ञानपीठ फावना अशें सुचोवपी लेख बरयले. कोंकणीचो दुस्वास करपाची जी मराठी परंपरा आसा ते परंपरेची शेंपडी धरूनूच ते चल्ले.

कोंकणी आनी मराठी हांचो संघर्श जालो तो कोंकणीन मराठीचें वायट केलें म्हूण न्हय; तर कोंकणी वयर सरची न्हय म्हूण मराठी मनशांनी केल्ले मस्तेक लागून. ही मस्ती विश्राम गुप्ते हांकां खबर ना म्हणपाक ते तितले अज्ञानी दिसनात. तांणी ते मस्ते कडेन आडनदर केल्या आनी 'चोराच्या उलट्या बोंबा' मारल्यात. मराठी मनशांचे मस्तेक लागून कोंकणीच्या धुवांनी आनी पुतांनी जें सोंसलां आनी भोगलां ताचे घाय अजून ताज्जे

आसात. तेच खातीर त्या त्या वेळार ते ओंठांर येतात.

मराठी साहित्यिकांनी आनी हेरांनी महाराष्ट्रांत कोंकणीक कुस्कुटायली ती एक-दोन वर्सां न्हय; सुमार 20-25 वर्सां. गोंय मुक्त जातकूच तांचो सुवार्थ आनीक बळावलो आनी ते अदीक खुबळ्ळे. 1962 वर्सा पणजेंत गोमंतक मराठी साहित्य संमेलन जालें. त्या संमेलनांत आचार्य अत्रे हांणी बाकीबाब बोरकारांचो अपमान करपी भास वापरली आनी काकासाहेब गाडगिळ हांणी कोंकणीक कुस्कुटायली. स्वाभिमानी गोंयकारांनी केल्लो विरोध आनी निशेध थंय सुरू जालो.

1964 वर्सा मडगांवांत अ. भा. मराठी साहित्य संमेलन जालें. त्या संमेलनांत वि. वा. शिरवाडकर उर्फ कुसुमाग्रज ह्या मराठी मनशान स्वाभिमानी गोंयकारांक 'काळोखाचे पुजारी' ह्या उतरांनी खेपले. थंयच ताचो निशेध जालो. तेन्ना मराठी मनशांनी आनी गोंयकार मराठीवाद्यांनी कदेलां घेवन स्वाभिमानी गोंयकार तरणाट्यांक बडयले. एकल्याक चार दीस हॉस्पिटलांत रावचें पडलें.

साहित्य अकादेमींत मराठी मनशांनी कोंकणी आड केल्लीं कर्तुबां तर साहित्य अकादेमीच्या इतिहासांत बरयल्लीं मेळटात. कोंकणीक मान्यताय दिवची न्हय म्हूण तांणी हात-पांय जाता तितले धोडायले. मान्यताय दिवपा विशींचे थारावणेक जाता तितलो विरोध केलो. कोंकणीक जाता तितली कुस्कुटायली. वसंत बापट, पु.ल. देशपांडे ह्या मराठी मनशांचो त्या कर्तुबांनी फुडाकार आशिल्लो. तांणी कितेंच करचें दवरलें ना. पूण भोवमत कोंकणीक मान्यताय दिवपाचे वटेन आशिल्लें. मराठी मनीस आनी तांचे सांगाती मान्यताय आडावंक पावले नात. हें घडलें

1975 वर्सा.

महाराष्ट्रांत खवदळ मातलो. बापट-देशपांडे हांचेर आनी हेरांचेर खर टिका जाली. महाराष्ट्रांतलीं मराठी दिसाळीं म्हौंवा मूस चाबिल्ले भाशेन पिसाळ्ळीं. बापट-देशपांडे थरथरले, कडकडले. तांणी अकादेमींतल्या हेर स मराठी मनशांक बराबर घेतले. आनी आठय जाणांनी मेळून थारावणी मांडली- कोंकणीक मान्यताय फावना. ते विशीं निर्णय घेतला ताचो फेरविचार करून तो बदलचो.

कोंकणी विशींची कार्यावळ सुरू जातली आशिल्ली ती आडावली. एक वर्स फुकट गेलें. 1976 वर्सा मराठी मनशांची ती थारावणी अकादेमीचे आमसभेचे बसके मुखार आयली. आदल्या वर्सा अकादेमीच्या दर एका वांगड्याक आमी वेंचीक पुस्तकांचो एक सॅट दिल्लो. तांतुंतल्या कांय पातळश्या पुस्तकांचो वसंत बापट हांणी उपेग केलो. तांणी बसकेंत उलयतना तीं पुस्तकां टेबलार आपटिलीं आनी ते आड्डले- कोंकणी भाशेंत हीं इतलींच पुस्तकां आसात. हे भाशेंत साहित्य ना. आनी असले भाशेक तुमी मान्यताय दितात? तांच्या हेर मराठी सांगात्यांनी तीच री ओडली. कोंकणी ही उणाक दर्ज्याची भास हेंच दाखोवपाचो यत्न केलो.

परिणाम उरफाटोच जालो. अकादेमीचे हेर वांगडी त्या आठ मराठी मनशां इतले संकुचीत नाशिल्ले. तांणी म्हणलें, आमी पोरूं जो निर्णय घेतला तो कांय वर्सां लागून विचार-अभ्यास करून घेतला. आमकां तातूंत कसलीच चूक दिसना आनी तो बदलपाची गरजूय दिसना. मतदान जालें. आठ मराठी मनीस एके वाटेन आनी हेर सगले वांगडी दुसरे वटेन. बापट-

देशपांडे आनी स जाणांचे टोळयेन हाडिल्ली थारावणी भायर पडली. तांचें हांशें जालें. मराठी मनीस कितलो ल्हान हें सगल्या देशाक कळ्ळें. विश्राम गुप्ते त्या आठ जाणांचे टोळयेंत सोबता, इतलेंच न्हय तर फिट्ट बसता! तेंच रगत. तीच मानसिकता, तोच कुच्छित्री सबाव. शिरंत्रांनी भरून आशिल्लो तोच अहंगंड आनी तोच दुस्वास.

कोंकणीच्या संदर्भांत मराठी मनशाचो जो अहंगंड आसा; जो आमी गडकरी, आठवले ह्या पत्रकारांच्या विशयांत अणभवला, त्या अहंगंडाचो रुपकार म्हूण विश्राम गुप्ते हांचे कडेन पळयलें जाल्यार तांची खरी वळख मेळटा. साहित्य अकादेमींत कोंकणी मराठीचे मांडयेक मांडी लावन बसता हें त्या अहंगंडाक सोंसना. संविधानाचे आठवे अनुसुचींत कोंकणी मराठीच्या पाटाक पाट लावन बसता हाचे त्या अहंगंडाक जाळ पडटात. आनी जो ज्ञानपीठ पुरस्कार मराठी साहित्यिकाक मेळ्ळा तोच कोंकणी साहित्यिकाक मेळटकूच त्या अहंगंडाची तिडक मस्तकाक वता. हेंच विश्राम गुप्ते ह्या मराठी मनशाच्या विशयांत घडलां.

मराठी मनशांच्या वायट कर्तुबांक लागून कोंकणी मनाचेर जे घाय पडल्यात तांची दूख विसरपाक कोंकणीभाशी मनशांच्यो एक-दोन पिळग्यो वचच्यो पडटल्यो. तेच भाशेन, कोंकणीच्या संदर्भांतलो मराठी मनशाचो अहंगंड ना जावपाक मराठीभाशी मनशांच्यो एक-दोन पिळग्यो वचच्यो पडटल्यो. ते मेरेन गडकरी, आठवले, गुप्ते असली भुतावळ जल्माक येत रावतली हें आमी मतींत धरूंक जाय. तांचीं कर्तुबां आमी सोंसून घेवंक जाय अशें मात् हांव म्हणचों ना.

***

आमकां इतिहासाची इतली नसाय कित्याक काय?

आमी गोंयकार बरो वा वायट इतिहास घडयतात; पूण तो बरोवन दवरपाचो गूण अमच्या आंगांत ना अशें हांव उलयत आनी बरयत आयलां. आतां ताका आनीक एक वाक्य जोडपाची गरज उप्रासल्या. तें वाक्य अशें - 'बरोवपाचो गूण ना तो जालोच; पूण इतिहास वाचपाचो वा समजून घेवपाचोय गूण आमच्या आंगांत ना.'

हालींच डॉ. लोहिया जल्मशताब्दी समितीन काणकोणां एक कार्यावळ घडोवन हाडली आनी ते कार्यवळींत डॉ. लोहियांचेर म्हजें व्याख्यान दवरलें. व्याख्यानाचो आरंभ करतना हांवें म्हणलें, 'राण्यांचीं बंडां, पिंटोचें बंड, कुंकळ्ळेचो संघर्श ह्यो घडणुको म्हणचे स्वातंत्र्या खातीर जाल्ले चळवळीचे वांटे

असो समज कांय लोकां मदीं आसा. पूण इतिहासाच्या कसाक लायल्यार तो तिगना. ते पुर्तुगीज सत्ते कडेन केल्ले संघर्श आशिल्ले; पूण स्वातंत्र्य ही तांची मोख नाशिल्ली वा स्वातंत्र्य मेळोवपाचे भावनेंतल्यान त्या संघर्शांचो जल्म जावंक नाशिल्लो. खरेपणीं स्वातंत्र्याची चळवळ भौशीक मळार सुरू जाली ती 1946 वर्सा.' आनी व्याख्यानाच्या फुडल्या वांट्यांत उलोवप जालें तें डॉ. लोहिया आनी तांचें कार्य हाचे विशीं.

ती खबर छापून आयिल्ली वाचून कोणें एकल्यान पत्रक काडलें. त्या पत्रकांत म्हाका उद्देशून अपशब्द वापरले, जातवाद हाडलो आनी 'परिणाम वायट जातले' अशी धमकीय दिली. हें पत्रक एक-दोन मराठी दिसाळ्यांनी छापून आयलें.

हालींसरा गोंयांतल्या कांय मराठी दिसाळ्यांचें अध:पतन जायत चल्लां. पत्रकारितेचे नेम पाळपाची संवय तांणी सोडून दिल्या. म्हज्या व्याख्यानाची खबर छापलीना; पूण अपशब्द वापरून धमकावपाचो यत्न करपी पत्रक छापलें! प्रतिक्रिया छापल्यो!

पत्रक काडटल्यान आनी प्रतिक्रिया दितल्यांनी इतिहास वाचपाचे कश्ट घेतिल्ले जाल्यार चड बरें जावपाचें. कुंकळ्ळेचो संघर्श कसल्या कारणांक लागून जालो; तो कोणा मदीं आनी कसो जालो हें तांकां कळटलें आशिल्लें. कल्पनेच्या राज्यांत रावचे परस इतिहासीक सत्य जाणा जावप हें चड गरजेचें हें तांणी समजूंक जाय आशिल्लें. कुंकळ्ळेचो संघर्श जालो 1583 वर्सा. ते विशीं जें बरयल्लें मेळटा तितलेंय वाचून हांवें म्हजें मत उक्तायलां. तें चुकलां जाल्यार कशें चुकलां तें सांगूंक जाय आशिल्लें. 16 व्या शेंकड्यांत स्वातंत्र्याची

संकल्पना लोकां मदीं आशिल्ली? कोणें उच्चारलो तो स्वातंत्र्याचो मंत्र? 1583 चो संघर्श हो स्वातंत्र्य संग्राम आशिल्लो जाल्यार 1857 चें बंड हो पयलो स्वातंत्र्य संग्राम कसो? ह्या प्रस्नांच्यो जापो सोदपाचो यत्न केल्लो जाल्यार म्हजी वा त्या संघर्शांत उडी घेतिल्ल्यांची जात सोदपाचो उपद्व्याप करपाची गरज पडची नाशिल्ली.

खंतीची गजाल अशी की पत्रका वरवीं धमकी दिवपी मनीस अजून स्वतंत्र जावंक नात. गोंय स्वतंत्र जालां; भारत देशांतलें एक घटकराज्य जालां; आमच्या देशांत लोकशाय आसा, आमचें संविधान आमकां मतस्वातंत्र्याचो, उच्चार-स्वातंत्र्याचो अधिकार दिता हाची तांकां जाणविकाय ना. तांचें मत वेगळें आसुंयेता आनी तें मांडपाचो तांकांय अधिकार आसा. पूण गाळी मारप, धमकी दिवप आनी दुसऱ्यान आपलें मत बदलचें अशी अपेक्षा धरप ही सालाझारी प्रवृत्ती. आमी भोगतात त्या स्वातंत्र्यांत, लोकशायेंत आनी स्वराज्यांत ते सालाझारी प्रवृत्तीक सुवात ना. ह्या देशांत दर एकल्याक आपलें मत उक्तावपाचो अधिकार आनी स्वातंत्र्य आसा हें ज्या मनशाक कळना ताका स्वातंत्र्याचो अर्थ कळ्ळोच ना. आनी ज्या मनशाक स्वातंत्र्याचो अर्थ कळ्ळो ना ताका कुंकळ्ळेच्या संघर्शाचो अर्थ कसो कळटलो?

जात वयर काडली, गाळी मारल्यो वा धमकी दिली म्हूण हांव भीक घालिना. तें लोकशाय कळूंक नाशिल्ल्याचें दुबळेपण अशें हांव समजतां. मात एकाद्रो दुबळ्या काळजाचो मनीस भिरांतीन आपलें मत बदलीत वा तें चुकलें अशें म्हणून मेकळो जायत. पूण तशें केलें म्हूण इतिहास बदलतलो?

इतिहासीक सत्य बदलतलें?

कांय इतिहासीक सत्यां इतलीं उक्तीं आसतात की तांचो अर्थ स्पश्ट आसता. ज्यो घडणुको तितल्यो स्पश्ट नासतात तांचे एका परस चड अर्थ जावं येतात. इतिहासाच्या जाणकारां मर्दी तसल्या घडणुकां विशीं मतभेद आसतात. इतिहासाचे विद्यार्थी आसतात तांचे मर्दीय मतभेद आसतात. दर एकल्यान आपलें मत मांडपाचें आसता आनी ताचें समर्थन करपी मुद्देय मांडपाचे आसतात. जे मुद्दे पटपा सारके आसतले तें मत चड लोक मानून घेतलो. फाटलीं कांय वर्सां इतिहासकार आनी इतिहासाचे अभ्यासक हांचे मर्दी मतभेदाचो एक मुद्दो आत्रे-पयऱ्यान वयर सरता. आर्य देशा भायल्यान आयले हें एक मत; तर ते मुळचे ह्याच देशांतले हें दुसरें मत. दोनूय गटांतले जाणकार आनी अभ्यासक आपापले परीन समर्थन करतात. वाचपी वा शिकपी आसतात ते आपणाक जें मत पट्टा तें मानून घेतात. पूण मतभेद व्यक्त करपी अभ्यासक दुसऱ्याची जात वयर काडिनात, गाळी मारिनात आनी धमक्योय दिनात. तें फकत आमच्या गोंयांत घडटा!

गोंयांत स्वातंत्र्य जाय ही भावना उदेली ती विसाव्या शेंकड्यांत. ताचे आदीं पुर्तुगेजां कडेन कांय संघर्श जाले; तातूंतल्या दर एका संघर्शा फाटलो हावेस वेगळो आशिल्लो. पुर्तुगेजां कडेन जाल्लो दर एक संघर्श हो स्वातंत्र्याचो झूज असो हट्ट धरतल्याचे बुद्दीची काकुळट करची पडटली.

आमकां इतिहासाची इतली नसाय कित्याक तें कळना. कोण एकलो उठ्या दिपाजी राणेक 'क्रांतिवीर' म्हणटा! आनी थोड्या तेंपान दुसरो कोणूय उठ्ठलो आनी ताका 'स्वातंत्र्यवीर'

म्हणटलो! दिपाजी राणे शूर आशिल्लो आनी पुर्तुगेजां कडेन झुजपाची धिटाय ताका आशिल्ली. पूण तो झुजलो तो स्वताच्या अधिकारा खातीर. लोक असमाधानी आशिल्लो देखून तांचो तेंको ताका मेळ्ळो. ताणें कसलीच क्रांती केलिना आनी स्वातंत्र्यय मागलें ना. ताणें ब्रिटिशां कडेन पालव मागलो. ताच्या बदल्यांत सत्तरी सोड्डून गोंयचे सगले म्हाल ब्रिटिशांक दिवचे केले, तांकां निश्ठा ओंपपाची आनी येणावळीचो वांटो दिवपाची तयारी दाखयली. ब्रिटिशांनी तेंको दिलो ना. अखेरेक बंड निर्फळ जालें आनी दिपाजी राणे पुर्तुगेजांक शरण गेलो. शस्त्रत्याग करपाक तयार जालो. पुर्तुगेजांनी ताका 'कापितांव' हो हुद्दो दिलो, ताच्या पुतणयाक- आपाक- 'सेकंड लेफ्टनंट' हो हुद्दो दिलो आनी रावजी नांवाच्या ताच्या सोयऱ्याक 'लेफ्टनंट' हो हुद्दो दिलो. कुंकळ्ळेच्या संघर्शाक खंयचोच इतिहासकार स्वातंत्र्याचो लढो म्हणना. गोंय विद्यापीठाच्या इतिहास विभागाची मुखेली डॉ. प्रतिमा कामत हांणी पुर्तुगेजां कडेन जाल्ल्या संघर्शांचेर 'फारार फार' नांवाचो ग्रंथ इंग्लिश भाशेंत बरयला. तो इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा हे संस्थेन उजवाडायला. ह्या ग्रंथांत कुंकळ्ळेच्या संघर्शा विशींची म्हायती आसा. एक माथाळो आसा 'धर्मीक छळणूक थांबयात; नाजाल्यार कर भरचे नात.' कुंकळ्ळेच्या संघर्शाचें रुप तेंच आशिल्लें. डॉ. तेवतोनियु डिसोझा हांणीय त्या संघर्शा विशीं बरयलां. कुंकळ्ळेचो एक पूत फा. प्लॅटन फारीय हांणी कुंकळ्ळे विशीं बरयल्ल्या कोंकणी पुस्तकांत त्या संघर्शा विशीं खूबशी म्हायती आसा. कोणूच त्या संघर्शाक स्वातंत्र्य चळवळीचो वांटो लेखिना. हाचें कारण, स्वातंत्र्य ही मोख

नाशिल्ली आनी संघर्श करतल्यांची तशी मागणीय नाशिल्ली. राण्यांचीं बंडा एकुणिसाव्या शेंकड्यांतलीं; तरी स्वातंत्र्य हो त्या बंडांचो हावेस नाशिल्लो. कुंकळ्ळेचो संघर्श सोळाव्या शेंकड्यांतलो; तेन्ना तर स्वातंत्र्य जाय म्हणपाची भावना लोकां मदीं नाशिल्लीच.

कुंकळ्ळेच्या संघर्शांत गांवकारांनी येरोपेव पाद्रींक जिवेशीं मारतकूच पुर्तुगेजांनी कपट - कारस्थान केलें. गांवांतल्या 16 फुडाऱ्यांक उलोवणीं करपाक म्हूण असोळण्यां कोटांत आपोवन व्हेले. थंय 15 जाणांक कपट करून जिवेशीं मारले. एकलो न्हंयेंत उडी मारून पेंवन गेलो आनी वाटावलो. जांकां मारले ते फुडारी लोकांच्या बऱ्या खातीर वावुरताले. देखून ते हुतात्मे जाले. पूण ते हुतात्मे जाले म्हूण तेन्नाचो संघर्श हो स्वतंत्र्यतायेचो लढो जायना. आनी तो स्वातंत्र्याचो लढो नासलो तरी संस्कृताय सांबाळपाककेल्लो संघर्श ह्या अर्थान ताचें म्हत्व उणें जायना. मात जो लढो स्वातंत्र्या खातीर नाशिल्लो ताका स्वातंत्र्याचो लढो म्हणटकूच इतिहास विकृत जाता. जांचे प्राण गेले आनी जे हुतात्मे जाले तांचो अपमान जायना; जे इतिहासाच्या विशयांत अज्ञानाच्या काळखांत शेणटात तांचें मात हांशें जाता.

सोळाव्या शेंकड्यांत पुर्तुगेज राजसत्ता आनी धर्मसत्ता हांणी चलयिल्ले धर्मीक आगळिकेक कुंकळ्ळेच्या गांवकारांनी विरोध केलो आनी तो करतना खेरीत भाशेची धिटाय दाखयली ही घडणूक फकत कुंकळ्ळीकारांकूच न्हय तर समस्त गोंयकारांक अभिमानाची. तसो अभिमान दिसपा खातीर ते घडणुकेक 'स्वातंत्र्याचो लढो' हें इतिहासाचो आदार नाशिल्लें लेबल लावपाची गरज ना. जातीचें लेबल लावन त्या संघर्शाच्या

म्हत्वाक मर्यादा घालपाचीय गरज ना. तो लढो स्वातंत्र्या खातीर नाशिल्लो तरी गोंयच्या इतिहासांत आनी भोव करून त्या कठीण काळांत गोंयकारांनी केल्ल्या प्रतिकाराच्या विशयांत ताका खूब म्हत्व आसा. मात इतिहास विकृत करून लेबलां लावपाचो यत्न जालो जाल्यार तो विशय गरज नासतना वादग्रस्त जावन पडटलो.

***





लोकराज्यांत नागरीक जागृत आसूंक जाय आनी संविधानान दिल्लें अभिव्यक्तीचें स्वातंत्र्य तांणी वापरूंक जाय. विचार, मतां, प्रतिक्रिया उक्तायलीं जाल्यारूच सरकाराक आनी समाजाक लोकमानसाचो अदमास येवंक पावता. हेच जाणविकायेंतल्यान उदय भेंब्रे हांचे कडसून जाल्ले बरपावळींतलो एक वेंचीक वांटो म्हळयार हें पुस्तक. हातुंतल्या लेखांवरवीं प्रबोधन तर जालांच, पूण सरकाराक आनी गोंयकार समाजांतल्या कांय घटकांक फावो तेन्ना कोडू कसाय दिवपाचोय वावर जाला. लोकशायेक वा लोकराज्याक थंडी-भारकूण जाता तेन्ना हो वैचारीक कसाय जाय पडटा. तो कोडू आसलो तरी वखद म्हूण उपेगाचो थारता. इतिहास सांगता, आमचीं दुबळेपणां पर्थून - पर्थून वयर सरतात. अशे परिस्थितींत प्रबोधन, विचार, मतां आनी प्रतिक्रिया हांचो हो कसाय आयचे भाशेन फाल्यांय बऱ्याक पडुंयेता.

संजना
पब्लिकेशन्स

